म्हजें नीता

ले. उषा सेठ
अ. सुधा सुरेश आमोणकार

1314
Acc. No.:
1098
N → Dev
SUD
पुस्तकालय • LIBRARY

L: B01-R01 (Dev.A)

भारतीय भाषा संस्थान, मैसूर
दान प्राप्त हुवा

म्हजें नीता

लेखिका
उषा सेठ

अणकार
सुधा सुरेश आमोणकार

गीता प्रसार
म्हापशें - गोंय

Mhajem Neeta

2007

© Sudha Suresh Amonkar

Publisher
Geeta Prasar
Guru-Kunj
Mapusa - Goa 403 507

Typesetting
Tanvi Graphics
Margao - Goa 403 601

Printer
Maureen Printers
Panaji - Goa 403 001

Cover Design
Ajay Kothavale

Price : Rs. : 111

म्हजें नीता

२००७

© सुधा सुरेश आमोणकार

उजवाडावपी
गीता प्रसार
गुरु-कुंज
म्हापशें - गोंय ४०३ ५०७

अक्षर जुळोवणी
तन्वी ग्राफिक्स
मडगांव - गोंय ४०३ ६०१

छापपी
मोरीन प्रिंटर्स
पणजी - गोंय ४०३ ००१

मुखपृश्ठ डिजायन
अजय कोठावळे

मोल: रु. १११

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1314
A, USH P07
1098
N - Dev
SUD

नीता सेठ हे चलयेची आनी तिका जाल्ले असाध्य पिडे आड दिल्ल्या झुजाची सत्यकथा तिचे आवयन 'मृत्यु मरी गयुं' ह्या गुजराथी भाशेंतल्या हृदयास्पर्शी पुस्तकांत सांगल्या.

भारतीय भाषा संस्थान, मैसूर
दान प्राप्त हुवा

उपकार

जायत्या बरें-मागप्यांच्या सदिच्छांक लागून हें पुस्तक जावंक पावलें.

भौ. शीलाबाय कोळंबकार, भौ. अर्चना कामत हांणी बारीकसाणीन हातबरप वाचलें. भौ. अजय कोठावळे हांणी सोबीत आनी भोव रंगयाळें मुखपृष्ठ तयार केलें.

भौ. राजेश भाटीकार हांणी अक्षरजुळोवणी आनी मॉरीन प्रिन्टर्सचे भौ. मातियश वाझ हांणी छापणावळीचें काम आस्थेन केलें.

'गीता प्रसार' चे भौ. सुरेशबाब आमोणकार हांणी पुस्तकाचे उजवाडावणेखातीर सहकार्य दिलें.

ह्या सगळ्यांच्याच उपकारांत हांव आसां.

सुधा सु. आमोणकार

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001098

म्हजें नीता

''मम्मी, तूं एकटीच घरा बसून कितें करतली?'' नीता आनी अल्पान, भुरग्यांचे पिकनिकेक वचूंक तयार जाता आसतना म्हाका विचारलें. तांचो पप्पा आपल्या कामा निमतान भायल्या गांवांक गेल्लो.

सोमार ते शुक्रार मेरेन मम्मी घरांत एकलीच आसताली; पूण सुटयेच्या दिसा जेन्ना दनपारचें जेवण आनी सांजेचो च्या सगल्यांनी एकठांय बसून घरांत वा तळयेच्या कांठार रुखाचे सांवळेंत बसून घेवचो आसता, तेन्ना चलयांक मम्मीचें एकसुरेंपण जाणवतालें.

''हांव एकटें कितें करतलें तें तुमकां परतून येतकीच सांगतां. तुमी म्हजो हुस्को करूं नाकात. मजा मारात,'' हांवें तांचे उमे घेतले आनी तांकां मोगान निरोप दिलो.

घरा येतकीच पुरो जाल्यारय पिकनिकेच्यो सगल्यो गमती सांगचेली उमळशीक तांकां लागताली आनी तीं हुतहुतीं जातालीं. ताका लागून मम्मी एकटी कितें करता हें विचारपाचेंय तांकां दिसना.

चलयो लग्नाच्यो जातल्यो आनी घोवा घरा वतल्यो. घडये ते आदीं फुडल्या शिक्षणाखातीर परदेशांत वतल्यो, तेन्ना हांव एकटें कितें करतलें? खूब वाचतलें, बरयतलें, चित्रकला आनी शिवणकाम हो म्हजो वेवसाय जातलो. मागीर 'चलयांकडेन कोण लक्ष दितलो?' हो प्रस्नय आसचोना. ताका लागून घोवा वांगडा हुस्क्या मेकळी देश-परदेशाची भोंवडी करतलीं. नीता, अल्पा आनी तांचो पप्पा - इतलें ल्हान जग समा न्हय. घरा लागसारच एक महिलाश्रम आसा. थंय काम केल्यार कशें? बऱ्या कामाक कळाव कित्याक? हांव रोखडेंच थंय गेलें आनी म्हाका काम मेळ्ळें. थोड्याच दिसां भितर थंयच्यो मोगाक भुकेल्ल्यो अनाथ चलयो म्हाका मम्मी म्हणपाक लागल्यो.

इतले बेत करुनूय आज हांव एकसुरेंपण अणभवतां. म्हजे येवजणेंत आयचे परिस्थितीचो आस्पाव नासलो. लंडनसून एका नात्यांतल्या मनशाची चीट आयली. ''...तुमकां ही चीट मेळटली तेन्ना निता वचून एक म्हयनो जाल्लो आसतलो.'' केन्नाच विचारले बगर घरचो हुंबरो हुपनाशिल्ली चली, इतले पयसुल्ले भोंवडेक गेली, तेन्ना आपूण वचूं म्हूण विचारपाक रावलिना.

नीताक आपखोशयेन ह्या पयसुल्ल्या प्रवासाक वचपाचें नासलें. पूण जेन्ना बळयां ताका वचचेंच पडलें तेन्ना ताणें एके विरांगनेक सोबता अशे तरेन ह्या संवसाराचो निरोप घेतलो. चंद्राचे भोंवडेक गेल्लीं मनशांय परतून येतात, पूण सर्गलोकांतसून कोणूच पर्थून आयिल्लो आयकूंक ना. थंयसून कोणाचें पत्र, तार वा फोनय येना. अंवर आत्म्याखातीर एक अवतार एके भोंवडे भाशेन आसतलो. पूण निताचे भुमिकेखातीर ती एक जीण आसली. जेविशीं ताचे ठाम विचार आसले,

ध्येय आसलें, मोख आसली - जिवीत म्हळ्यार प्रगती, उदरगत, एक चेतनाभरीत जीण. तें भूतकाळांतलीं दुख्खां आनी विशमताय मनांतसून काडून उडयतालें, म्हणुनूच तें आरंभासावन भविश्याचीं सपनां रंगयतालें आनी तीं साकार करपांत सदांच गुल्ल आसतालें.

भुरगेपणासावन निताक नाचपाचें पिशें. पळोवपी आसूं वा नासूं, तें ताच्या नाचपांत गुल्ल आसतालें. पळोवपी थकताले, पूण ताका पुरो जायनासलें. तें तर आपले आवडीचें पद 'आगा हांव एक हरिणी, वझऱ्यावरी व्हांवपी...' म्हणटालें. आनी रुप्याचीं पांयजणां घालून नाचतालें. गौरी गणपती वेळार नाचपी चाकरांच्या पांयांतले घुंगूर ताणें पळयल्ले आनी ताका ते जायशे दिसले. जेन्ना दाजीन (आमच्या चाकरान) बाजारांतसून पितूळचे घुंगूर हाडून, दोरयेंत गुंथून ताच्या मापाच्यो घागऱ्यो तयार केल्यो, तेन्ना तें खोशी जालें.

नृत्याची कार्यावळ तें थकनासतना, नदर हालयनासतना पळयतालें. तातुंतूय भरतनाट्यम नर्तिकांचो वेश आनी चड करून तांचीं फुलांनी सजयल्ली लांब विणी पळोवन येतकीच तें आपल्या केंसांक लांब रिबीन वा दोरी बांदून त्या नर्तिकां वरी लांब विणी घालपाचो यत्न चुकनासतना करतालें. मान हालोवन लांब विणी हालयतालें. हारशा मुखार आपल्यो ह्यो येसायो पळोवन तें खूब खोशी जांतालें. चड करून आपलें पडबींब पळोवन तें प्रसन्न जातालें. म्हणुनूच हांव ताका अपुरबायेन 'म्हजी सुपुल्ली नार्सिसस' म्हणटालें. आपणाल्या देखण्या रुपाची ताका जाणविकाय आसली आनी अभिमान आसलो. तिट्यावयल्या फोटू काडप्यान ताचो एक रंगीत फोटू ताच्या दुकानांत लायिल्लो. बागेंत अनवळखी मनशांय 'व्हॅरी स्वीट गर्ल' म्हणून ताचें कवतूक करतालीं, पोले ओडटालीं आनी ताका उखलपाचो यत्न करतालीं.

पूण हें ताका मातूय माननासलें. ताका कोणें हात लायल्यार वा ताच्या फ्रॉकाची घडी मोडल्यार तें तिडकतालें.

लांब केंसांचें तर ताका पिशेंच. म्हजे भयणीन ताका मांडयेर घेतकीच तें ताची लांब विणी आपल्या खांदयापासून धोंपरामेरेन लावन, 'पळय, कितले लांब केंस' म्हणून सगल्यांक दाखयतालें.

स वर्सांचें जातकीच हांवें ताका भरतनाट्यम क्लासांत घालें. तें व्हड निश्टेन नृत्यकला शिकूंक लागलें. पाणीदार भावपूर्ण दोळे, अपुरबायेचो चेरो, नाजूक आंगलोट आनी नृत्याची डौलदार हालचाल पळोवन ताचे शिक्षिकेन सदांच म्हणचें, ''हें चली उत्तम नर्तिका जातलें.'' स वर्सां नृत्य शिकतकच ताचे शिक्षिकेन म्हळें, ''आमी ताच्या 'आरंगेत्रम्'चो बेत करुंया.''

१९७२चो आरंभ आसलो. तें व्हडा उत्साहान नृत्य करतालें, पूण ताचे उपरान्त तें थकतालें. ताचे पांय दुखताले, फोडटाले. ''मम्मी, हालींसरा हांव ओणवें जाल्यार म्हाका रोखडेंच तायट उबें जावंक येना,'' तें म्हणटालें. तें बारा वर्सांचें जाल्लें. भुरगेपणांतल्या तें किशोरावस्थेंत रिगतालें. चलयांक हे पिरायेंत अशेंच जाता अशें म्हणून ताचें आनी म्हजें समाधान करून घेतालें. म्हाका ताच्या दुखण्याची चिंता नासली, पूण ताची निर्शेणी म्हाका तोपताली.

वोग्गी बसून रावप, शून्य नदरेन जनेलाभायर पळयत रावप, स्वताच्याच सपन सृष्टींत शेणून वचप - किशोरावस्थेंतली सामान्य अशी ही निर्शेणी नासली. ताचे निर्शेणेंत थकिल्ल्याची

झांक आसली, स्फूर्त आनी उर्बा हांचो पत्तो नासलो. आपणाले उच्चार खरे थारावपाक धांवून शब्दकोश हाडपी हें चली, ''पुरो बाये, तूंच खरी, बस्स'' अशें म्हणून वाद टाळपाक लागलें. म्हजें शिवणकाम आसूं वा अल्पाचें चित्रकाम आसूं, तें सगल्या विशयांत रस घेतालें आनी सुचोवण्यो करतालें. आतां मात ''बरें आसा'' म्हणून वाद घेवन बसनासलें. 'काम टाळप', 'तकलेवेलो भार उतरप' असलीं निरुत्साही उतरां हाचे आदीं केन्नाच ताचे तोंडसून आयकूंक नासलीं. हे गजालीक तें सदींच विरोध दाखयतालें. 'अमूक एक काम करूंक जाय वा अमूक एक विशय शिकूंक जाय जाल्यार तो खोशयेन वा उत्साहान कित्याक करचो न्हय आनी शिकचो न्हय?' असो तें अल्पाक सल्लो दितालें.

सदीं हांसपी, खेळपी अशी ही चली अकस्मात उदास कित्याक जाली? किशोरावस्थेंत सतावपी प्रस्न तें म्हाका अनमननासतना विचारतालें. ताका लागून हुस्को करपाचें ताका कांयच कारण नासलें. अश्यो गजाली करतना स्वता कितलें व्हडलें, जशी कितें मम्मीवरीच आपूण जालां अशें ताका दिसतालें. ''अल्पा तर आजून ल्हान भुरगें आसा. आमकां दोगांकूय तर कितल्यो खाजगी गजाली करच्यो आसात, न्हय मम्मी?'' अशें तें स वर्सांचें आसलें तेन्ना पासून ताका दिसतालें. घडये मम्मीक, तिच्या काळांत अशें गिन्यान मेळूंक नासलें.

''व्हिटामीन के इज नेसेसरी फॉर दी ग्रोथ ऑफ ए चाईल्ड इन मदर्स वूम्ब (आवयच्या कुसव्यांत आशिल्ल्या भुरग्याचे वाडी खातीर व्हिटामीन 'के' गरजेचें). आज आमी शाळेंत अशें शिकलीं. आतां म्हाका कळ्ळें, भुरगें आवयभाशेन कित्याक दिसता? तें तिच्या कुसव्यांत रुजता म्हणून. गुलाबाच्या रोंप्याचेर गुलाबच फुलता, न्हय? तांबड्या गुलाबाच्या रोंप्याचेर तांबडो गुलाबच फुलतलो... पूण केन्ना केन्ना भुरगें बापायवरी कित्याक दिसता हें म्हाका सोदूंक जाय. आनी हय, मम्मी, आमी खरे कीरच. (तांचे शाळेंत युनिफॉर्म पोपटी स्कर्ट आनी टाय आसा देखून भोंवतणच्या शाळेंतले भुरगे तांकां कीर म्हणून तिडायताले). 'हेल मेरी... ब्लेसेड इज दि फ्रूट ऑफ दाय वूम्ब जीजस...' हाचो हांवें विचारच करूंक नासलो.

शाळेंतसून परतून येतकीच ताचेकडेन सदींच उलोवपासारकी कितें तरी नवी गजाल आसताली, म्हणुनूच धुवो घरा येवच्या वेळार हांवें घराच रावपाचो निश्चय केल्लो. घडये मागीर तांची उर्बा भंगतली आनी त्यो नव्यो गजाली विसरून वतल्यो आनी तांच्या गजालींतल्यान म्हाका आनंद अणभवूंक येवचो ना. अशें बोलकें आनी उत्साही चली उदास जावंक लागलें आनी शाळेंतसून येतकीच रोखडेंच न्हिदूंक वचपाक लागलें. ताच्या अशा नव्या लक्षणांनी म्हजें मन उखल्लें आनी तातूंत एक दीस एक अनपेक्षित गजाल घडली.

सांजवेळा हांव आनी म्हज्यो धुवो 'द ख्रिसमस ट्री' हो सिनेमा पळोवन घरा परततालीं. हांव आनी अल्पा रस्तो बालांडून गेलीं. फाटल्यान पळयल्यार नीता येवपी वचपी गाडयांमदीं पुतळ्यावरी उबें आसा. हांव ताचेलागीं गेलें. ''मम्मी, म्हाका पावलय फुडें घालूंक येना. म्हजें धोंपर दोडना.'' रोखडीच टॅक्सी करून आमी घरा आयलीं. घरा येतकीच तें रोखडेंच न्हिदलें. रात जाल्ली. रमेश (म्हजो घोव) भायल्या गांवाक गेल्लो. निताक जोर भरिल्लो. तें दोळे बंद करून न्हिदिल्लें. हांव

ताचे लागीं जागतूच बसलें. रमेशाक कामाखातीर सदांच देश-परदेशांत वचचें पडिल्ल्यान म्हाका चलयांच्या दुखण्यांत, एकल्यानूच तांची जतनाय घेवची पडटाली. नीताचो जोर कितें चड नासलो. शंबरूच आसलो. पूण ताच्या पांयांचें दुखणें, आनी अकस्मात रस्त्याचेरच घट्ट जाल्लो धोंपरांतलो सांधो आनी जोर ह्या सगल्या लक्षणांनी म्हजें मन उखल्लें. चडशीं आमी होमियोपथीचीं वखदां वापरतात. पूण दुखणें वाडटा अशें दिसल्यार निदान करपाखातीर ॲलोपथीचे दोतोर 'अ' हांकां आपयतालीं. फाटल्या चार वर्सांत आमकां दोतोराची गरज पडूंक नासली. रमेशान म्हणचें, ''आमी कितलीं भाग्यवान पळय. आमकां दोतोराचें एक पैचेंय बील ना.''

फाल्यां सकाळीं ॲलोपथीच्या दोतोराकडेन वचचें काय होमियोपथीच्या? म्हजें मन दोशीं जाल्लें. तितल्यान नीतान म्हजो हात धरलो. ''मम्मी, त्या 'ख्रिसमस ट्री' मदल्या भुरग्या भाशेन हांवय मरतलें अशें म्हाका सपन पडलें. तूं आनी पप्पा म्हज्यो सगल्यो इत्सा भागयतात. आमी बर्फान भरिल्ल्या पर्वताचेर सहलीक वतात...''

हांवें रोखडोच निश्चय केलो आनी सकाळीं दो. अ हाका आफयलो. दोतोरान ताचो जोर पळयलो. तशेंच छाती, पुलमांव, गळो, दोळे तपासले. हातापांयांचे सांदे वळटात काय ना, तेंय पळयलें. मातसो.जोर आसलो पूण बाकी सगलें सारकें आसलें. दोन दिसां उपरांत निता शाळेंत वचूंक लागलें. पूण घरा येतकीच तें खूब थकिल्लेवरी दिसतालें. ''मम्मी, म्हाका सदांच दनपारचो जोर येता अशें दिसता, कित्याक, तीन वरांचेर, णवव्या पिरयडाक म्हाका खूब घाम सुट्टा. जोर देंविल्ले वरी जाता.'' शेनवारा आनी आयतारा तें घराच आसतालें..त्या दिसांनी जोर पळयतकीच नीताचें अनुमान बरोबर आसलें अशें म्हाका दिसलें. म्हजो धीर सुटलो. हांवें दो. अ क म्हळें, ''दोतोर, म्हाका नीताक एका स्पेशालिस्टाक दाखोवपाची इत्सा आसा.''

''म्हाका गरजेचें दिसना, पूण तुजो आग्रोच आसल्यार दाखोवया. हांव डॉ. ब ची अपॉयन्टमेन्ट घेतां.'' दो. ब भुरग्यांचे (१६ वर्सां मेरेनचे पिरायेचे) स्पेशालिस्ट आसले. चड करून तांचो अपॉयन्टमेन्ट एका म्हयन्यान मेळटा. दो. अ चे म्हणणे प्रमाण नीताची स्थिती हुस्को करी सारकी नासली, म्हणून ताची अपॉयन्टमेन्ट एका म्हयन्या उपरान्त मेळपाची. पूण पंदरा दिसां उपरांत येवचो कोण आयलो ना म्हूण आमची पाळी तितली बेगीन आयली. अपॉयन्टमेन्टाच्या दिसा निताची भलायकी खूबच सुधारिल्ली दिसताली.

''किशोरावस्थेंत अशी दुयेंसां जातात. तातूंत भियेवपा सारकें काय ना. हाची भलायकी बरी आसा. तरीय एका म्हयन्या उपरान्त हांव परतून तपाशीन. तें मेरेन पळय, परतून जोर, सांध्यांची सूज वा सांधे दुखतात जाल्यार.'' अशें म्हणून ताणें एकूय वखद दिलें ना वा उपाय सुचयलो ना आनी एका म्हयन्या उपरान्त आमकां आपयलीं.

एका म्हयन्यांत ताका दोनदां जोर आयलो आनी पांय सुजले. पूण दोतोराक आपयल्ल्या वेळार ताका बरें दिशिल्लें. दो. ब न परतून तेंच मत दिलें आनी ताका कसलीच पिडा ना म्हूण सांगलें. ''पूण दोतोर, कसल्याच कारणा बगर जोर येता, सांधे दुखतात आनी सूज येता, अशें कित्याक?'' हांवें म्हजी खंत उकतायली.

''जोर, सूज वा दुखप हांवें तर केन्नाच पळोवंक ना. दो. अ वांगडा फोनाचेर उलोवणें जालां. तोय सांगतालो, आवय वर्णन करता इतली गंभीर स्थिती पेशंटाची दिसना.'' दो. अ न स्वताचें मत दो. ब चे तकलेंत भरिल्लें. हांव 'एक फसी मदर' (गरजे भायर बोवाळ करपी आवय) अशें तांकां दिसतालें आनी हांव ल्हानशा दुखण्याचो वोगीच व्हड बोवाळ करतां. ताणें म्हाका एक दीस म्हळें लेगीत, ''तुमी तुमचें मन दुसऱ्या छंदांत रमवचें आनी नीताकडेन लक्ष मात्शें उणें दिवचें.'' दोतोरापरस एका इश्टा भाशेन ताणें म्हाका ही बुद्द दिली. हांव नीताचे चड लाड करून ताचो फुडार इबाडटां अशें तांकां दिसतालें.

चलयो उमथ्यो पडपापासून तें तांणी पयलें पावल मारी मेरेन तांची भुरगेपणांतली सगली उदरगत हांव एकचित्तान, आनंदान आनी उमेदीन नियाळटालें. तांची विद्यार्थी जीणय हांव तशीच नियाळटालें. तांचे वांगडा खबरो मारतालें, गजाली करपांत आनी तांच्या छंदांत वांटेकार जावपांत म्हाका तितलीच खोस जाताली. अशे तरेन म्हजें आवयपण हांव खऱ्यांनीच जियेतालें. पूण एका स्वतंत्र व्यक्ती भाशेनय हांव जिवीत जगूंक शिकिल्लें. म्हजे निजाचे छंद जायते आसले. तातूंत हांव तान-भूक आनी न्हिदूय विसरतालें. म्हजें रमेशा वांगडा जिवितय तितलेंच रसभरीत आसलें. रमेशा वांगडा भोंवडेची मजा तर हांवें भोगिल्लीच, पूण शेनवारा-आयतारा चलयो आजोळा वेताल्यो तेन्ना आमी दोगांय शांतपणान संगीत आयकतालीं वा पयस पयस भोंवंक वतालीं वा फकत झांकड्यो मारपांत खोस मानतालीं. म्हजेकडेन आस्रमाचो अणभव आसलो, जाल्यार रमेशाकडेन भोंवडेच्यो खबरी. आमच्यो गजाली केन्नाच सोंपनासल्यो. देखून नीताक कसली पिडा आसा अशें येवजून ताका तेंकून बसून जावं दसून रावपाचें म्हाका कांयच कारण नासलें.

दो. ब कडेन अशे वाद घालपाक म्हाका बरें दिसलें ना. म्हणून हांवें ताका इतलेंच विचारलें, ''दोतोर, नीताची भलायकी जेन्ना इबाडटा वा ताचे पिडेचीं लक्षणां दिसूंक लागतात, तेन्ना ताका तुमचे लागीं हाडूं?'' ताणें म्हजी विनंती मान्य केली.

१ एप्रिल, १९७२चो दीस. शेनवार आशिल्ल्यान रमेशाक अदर्या दिसाची सुटी आसली. वर्सुकी परिक्षा आशिल्ल्यान चलयो अभ्यासांत गुल्ल आसल्यो. म्हूण आमी दोगांय भोंवंक भायर सरलीं, पूण म्हजें मन घरांतूच आसलें. ''चल, आमी परंतुया. आमची वावराडी गांवांतसून एक दोन दिसां भितर परतताली. मागीर आमी मेकळ्या मनान फिरूंक वचुंया. आयज घरांत बसून स्क्रॅबल खेळुंया.'' चलयांक घरांत एकटेंच दवरप म्हाका पसंद नासलें. आमी परतल्लीं पळोवन चलयो एकमेकांकडेन पळोवन हांसूंक लागल्यो. ''पळय अल्पा, हांवें सांगूंक नासलें, आवयच्या जिवाक थार नासतलो. तिंका आपलेपरस तिची बुद्दु वावराडी, जी बुराकांतल्यान पळयले बगर दार उगडटा, तिचो चड भरवंसो.'' मागीर म्हजेकडेन तोंड करून ताणें म्हळें, ''एक खोशये खबर आयक. तुजी ती लाडकी वावराडी आयज दर्शन दिवन गेली. फाल्यां पासून कामाक येतली. तूं गेली आनी ती आयली.''

हांवें म्हळें, ''खरेंच सांगता? म्हजो विश्वास बसना. तूं म्हाका नक्कीच एप्रील फूल करता.''

उलोवणें इतलेंच जालें. पूण इतल्यांत तें रडूंक लागलें आनी म्हणपाक लागलें, ''म्हजी

तकली फोडटा, दोळे चुरचुरतात. तरी लेगीत दोतोर म्हजें दुखणें खरें मानिना. आतां तूंय म्हजेर विश्वास दवरुंनाका. हें अती जालें. हांवूच फटी उलोवपी. हांवूच धोंगी.''

ताचे हे फडफडणेन आमी आबोलार जालीं. (हायपर सेन्सिटिविटी हें, हे पिडेचें एक लक्षण हें म्हाका खूब म्हयन्यांनी कळ्ळें.) ताका खरेंच जोर चडिल्लो. दोळे तांबडे गुंज जाल्ले. तें तयार नासतना लेगीत आमी ताका डॉ. ब कडेन व्हेलें. दोतोरान ताका ॲस्पिरीन आनी प्रेडनी सोलोनचो तीन म्हयन्यांचो कोर्स बरोवन दिलो आनी चिंता करपाची कांयच गरज ना अशें सांगलें. तांचे सांगणेप्रमाण तीन म्हयने जतनायेन वखदां दिवनय कांयच फरक दिसलो ना. ॲलोपथी दोतोरांच्या मताप्रमाण ताचें दुखणें भौतेक कल्पनेंतलें आनी मनांतलें आसलें. खंयच्याच दोतोरान एक्स-रे काडात वा रगत तपासात अशें सुचोवंक नासलें. दुयेंस कसलें तें कळनासलें. निमाणें, वाज येवन आमी परतून होमियोपथीचो पालव घेतलो. जोर म्हयन्यांतल्यान एक-दोन फावटी येतालो. आंगाची कडामोड जाताली. सांध्यांचेर सुजय येताली. पूण ताची नीताक आतां संवय जाल्ली. तें शाळेंत नेमान वतालें आनी अभ्यासय वेळार करतालें.

सगलो दीस हांव कामांतूच घुसपून आसतालें. पूण रातचीं, चड करून रमेश भायल्या गांवाक वतकीच, खूब उसरां मेरेन वैजकी पुस्तकां आनी म्हयनाळीं वाचतालें. ताचे वयल्यान नीताक 'ऱ्हुमेटॉइड आर्थरायटिस' तर जावंक ना मू, अशें दिसपाक लागलें. ह्या दुभावान म्हज्या मनाक चरो पडलो. पूण दोतोरांनी हो दुभाव भायर मारलो. तांकां नीताचें दुखणें काल्पनीक आसा हाची खात्री आसली. ताची पिडा ही भौतेक मनाची आसली, आनी वैजकी पुस्तकां वाचून म्हजे तकलेंत अशे नाका जाल्ले विचार रिगून बशिल्ले.

८ एप्रिल १९७३च्या 'सन्डे स्टॅन्डर्ड' मदले एके बातमेन म्हजें लक्ष ओडून घेतलें. टोनी फे नांवाचे एका नांवाजिल्ले नर्तिकेन आपले पिडेचेर जैत मेळयल्ल्याची ती बातमी आसली. तिका जाल्ले पिडेचें नांव हांवें पयलेच फावटी आयकल्लें - सिस्टमिक ल्युपस ॲरिथ्रोमेटोसस्. (थोडक्यांत, एस्.एल्.इ.) टोनीचे आनी नीताचे पिडेचीं कांय लक्षणां सारकींच आसलीं; देखीक, जोर येवप, सांदे दुखप आनी पुरो जावप. पूण नीताचे किडनींत वा नदरेंत कांयच दोश दिसनासलो. आनी ताका संदचो जोर येनासलो. ताचें वजनूय उणें जावंक नासलें. ल्हान आसतना ताच्या आंगाचेर पिताम येताली, पूण सात वर्सां जातकीच ताच्या आंगार पिताम केन्नाच आयलिना. आदीं सांगिल्ले प्रमाण ताच्या सात ते बारा वर्सांचे पिरायेंत ताका केन्नाच दोतोराकडेन वचचें पडूंक नासलें. एस्.एल.ई हें दुयेंस २० ते ५० वर्सां मदल्या बायलांक जाता. टोनी वीस वर्सांची आसली. पूण म्हजें नीता तर बारा वर्सांचेंच आसा. हेंऽऽ, हें जावंकूच शकना. म्हज्या नीताक हो रोग जावचोच ना. दोतोराचें म्हणणें बरोबर आसा. म्हजें मन पुस्तकां वाचून वाचून दुभावलां. म्हाका आतां हीं पुस्तकां वाचप बंद करूंक जाय. हांवें मनांतलो दुभाव फाफुडलो, पूण ती बातमी मात फायलींत दवरली.

एस्. एल. ई.चो दुभाव हांवें तकलेंतसून निखालूस काडून उडयलो. पूण नीताचें दुखणें सामान्याभायलें आसलें, हाची मात म्हाका खात्री जाली. हांव ताचें खावप जेवप आनी सुशेग

घेवप ह्या गजालींकडेन खूब बारीकसाणेन पळयतालें. ताका आतां अन्न रुचनासलें. देखून हांव ताका दूद आनी फळांच चड दिवंक लागलें. ताचेखातीर केल्लें पुडिंग, सुफ्ले, जॅली ताणें खालें ना जाल्यार हांव ताचेर रागार जायनासलें आनी तें न्हिदूनच रावलें जाल्यारूय हांव ताचेर आड्‌डनासलें. ताका एकलेंच सोडून वचपाक म्हज्या जिवार येतालें.

म्हजो भाव आनी भावजय अमेरिकेसून एका म्हयन्याखातीर आयिल्लीं. हांव तांकां मेळूंक फकत तिनूचदां गेलें, तेंवूय नीताक घेवनूच. नीताचें हांव जितलें सोसतालें, तितलीच तिडक हांव हेरांचेर काडटालें. "हांवें म्हज्या वेवसायाकडेन लग्न केलां. ताजेखातीर म्हाका खूब भोंवचें पडटलें देखून म्हजेलागीं लग्न करतलेक एकटी रावंक शिकचें पडटलें." पयलेच भेटेंतल्या उलोवपांत रमेशान म्हाका हें सांगिल्लें. आनी साखरपुड्या उपरान्त एका वर्साभितर हांवें हें अणभविल्लेंय. ह्या एका वर्साच्या काळांत आमच्यो भेटो उण्यो जाल्ल्यो पूण पत्रवेव्हार खूबच जाल्लो. ताका लागून ताच्या भोंवड्यांबद्दल शिणूंक म्हाका मातूय हक्क नासलो. हांवें ही जीण आपखोशयेन आपणायल्ली. तरीय रमेशाचो पैसावो सोंसनासलो. शक्य आसल्यार चलयांक आजोळा सोडून हांव रमेशा वांगडा प्रवासाक वतालें. पूण आतां रमेश केन्ना भोंवडेक वचूंक भायर सरता हाचीच वाट हांव पळोवंक लागलें. तशें हांव खुबच चिडचिडें जालें.

"नीता इतलें सोंसता आनी तुमकां सिनेमा, पार्ट्यो आनी भोंवप कशें सुचता?" हांव लटकें तिडकतालें. खरें म्हळ्यार रमेश म्हाका खोशी करपा खातीरूच अशे बेत करतालो. कित्याक म्हाका भोंवप, लोकांक मेळप आवडटालें. ताचें जग म्हळ्यार आमी चौगां. तो हेरांत रमनासलो. सुटी आसता तेन्ना तर ताका प्रवासांत खळिल्ले न्हिदेची भरपाय करची आसताली. पुस्तकां वाचपाचीं आसतालीं आनी स्वताच्या विशयांचो अभ्यास करपाचो आसतालो.

"उषा, तूं कोल्ड कॉफी थर्मासांत भर आनी सॅन्डवीच तयार कर. नीता, अल्पा, बेगीन भायर सरात. आमकां आतांच वचूंक जाय." पुस्तकांतसून तकली वयर काडिनासतना अशें सांगून पिकनिकेच्चो उत्साह दाखोवचेलो यत्न तो करी. आमी भायर सरपाक तयार आसतालीं तेन्ना तो म्हणी, "प्लीज, आतां म्हजीं हीं दोनूच पानां उरल्यांत." चलयो ताच्या हातांतसून पुस्तक ओडटालीं. "पप्पा, व्हाय डिड यू मॅरी ॲण्ड हॅव अ फॅमिली?" "तुवें लग्न जावन घराबो कित्याक केलो?"

"ह्या तीन बायलांफुडें म्हजें कांयच चलना. चलात पळोवया. हो शोफेर तुमचे सेवेक हजर आसा." अशें म्हणून तो उठ्ठालो.

"हय, हय, तूं शोफेरूच. मम्मी ड्रायव्हिंग शिकल्यार आमी तुका मातूय विचारचिंनात." चलयो अशें म्हणून पप्पाक ओडीत हाडटाल्यो. अशे तरेन 'हम दो, हमारे दो' पिकनिकेक वचूंक भायर सरतालीं.

घरची वावराडी लक्ष्मीबाई आयदनांचो आवाज वा सामान पुसतना कांकणांचो किणकिणाट करताली. तेन्ना हांव तिडकतालें. "नीता न्हिदलां. तुका कळना?" घडये तो आवाज म्हाकाच सोंसनासलो. नीताक कोणाक दाखोवचें आनी ताका खंय व्हरचें? म्हजे तकलेंत सदींच चलतल्या विचारांक ताका लागून खंड पडटालो, म्हणून लक्ष्मीबाई लग्न करून

कायमची गेली तेन्ना म्हाका सूऽऽ जालें. कुडीच्या कश्टांनी हांव थकनासलीं. पूण मनाचे उतळताप म्हाका सोंसनासलें. दाजी बोवाळ करिनासतना आयदनां घांसून आनी ओलीं उमळून वतालो.

म्हाका जिणेंत पयलेच फावट एकलेंपण जाणोवंक लागलें. कोणाचेंच दु:ख कोणाच्यानच घेवंक नज. आपल्या अडचणीं कडेन आपणाकूच झुजचें पडटा. आदीं निर्शेणी आनी तातुंतल्यान आयिल्ले समजणेक लागून, सगल्या आपत्तींकडेन एकटेनूच झुजपाचें बळ म्हाका मेळ्ळें.

* * *

१९७३ची गिमाची फेरयाद आसली. आंबो, दूद, स्ट्रॉबेरी, क्रीम खावन आनी सुसेग मेळिल्ल्यान नीताची भलायकी सुधारिल्ली. तें मात्शें उमेदी आनी खोशी दिसतालें. णवेच्या पुस्तकांक कव्हरां आनी लेबलां लावन ताणें शाळेची तयारी सुरू केल्ली. जून म्हयन्याच्या दुसऱ्या सप्तकांत शाळा सुरू जाली. मात पंदरा दिसूच तें शाळेंत गेलें. ताचें दिसपट्टें आंग तापूंक लागलें. जोरूय दिसान दीस वाडूंक लागलो. जोराचीं लक्षणां मातशीं विचित्र आसलीं. जोर चडटकीच ताका खूबच गरम दिसतालें आनी तें घुसमट्टालें. तें, ताचे कुडीचीं सगलीं जनेलां उगडूंक लायतालें. तें पंखो फुल स्पिडीचेर लावंक लायतालें. रातचें शेजारी लेगीत उठत, इतल्या मोट्यान किळांच मारून उठ्ठालें. चादरीचे मिरयेंत ताका पाल दिसऽ आनी हँगराचेर लायिल्ले मुस्तायकेंत ताका भेसूर आनी आवडनाशिल्लीं मनशां दिसतालीं. हरशीं तें धीट आसलें. ल्हानपणासावन तें आपले वेगळे कुडींत न्हिदतालें. काळखाकूय तें भियेनासलें. देखून ताचे वागणुकेंत जाल्ल्या अचानक बदलाक लागून म्हजो हुसको वाडलो. हातूंत दुयेसाचें आनीक एक लक्षण म्हाका दिसलें.

ताका थंडी जायनासली. खांकूय येनासली. छाती आनी पुलमांव सुके आसले. डॉ. अ ताका नेमान तपासून वखदां दिवन वच. पूण दिसान दीस ताची दशा इबाडूंक लागली. ताचें दु:ख तें सोंसतालें आनी म्हज्यान कांयच करूंक जावंचें ना म्हूण हांव पळयत रावतालें.

पंदरा दिसां उपरान्त ताचो जोर खूबच वाडलो. आंग जड जालें आनी पांयाचे सांदे आनी फाट खूब फोडपाक लागली. ताच्या पुलमांवांत उदक भरूंक लागलें. एक खिणूय ताका फाटीचेर न्हिदूंक जायनासलें. स्वास लागपाक लागलो. डॉ. अ न स्पेशालिस्टांक आपोवंक लायले. सगल्यांत पयलीं मुंबयच्या एका फामाद दोतोराक आपयलो. आयले बराबर तो सगल्यांचेर आड्डूंक लागलो. ''पुलमांवांत खूबच उदक भरलां. प्लुरसी इतली वाड मेरेन तुमी कितें करतालीं? फाल्यां पुलमांवांचो एक्स-रे काडचो पडटलो.''

ताचे तिडकीच्या तडाख्यांत पयलो मेळ्ळो तो डॉ. अ आनी मागीर म्हजी पाळी आयली. ''नीताचें सगलें दुखणें बनावट आसा. तुमी ताका वोगीच जळ दिवन आनी लाड करून माथ्यार बसयलां. हात लायल्यारच तें आड्डता जाल्यार ताका तपासचें कशें?'' मागीर ताणें वखदां आनी इंजेसांवां हांची मोटी यादी दिली आनी वर्सभर हांतरुणार न्हिदून रावपाक सांगलें.

दोतोर तर गेलोच, पूण आमची सगल्यांची रात सामकी पेड्ड्यार करून गेलो.

एके कुडींत अल्पा आनी ताचो बापूय न्हिदिल्लीं आनी दुसरे कुडींत हांव आनी नीता. नीताक

न्हिदेचें वखद दिवनूय ताका न्हीद पडनासली. देखून तें उशाक तेंकून बशिल्लें. दोतोर वचून पांच वरां जाल्लीं. तरीय ताची तिडक उणी जावंक नासली. म्हजे वांगडा तेंय तिडकीन उलयतालें.

"मम्मी, म्हजी बॅग हाड."

"आतां, इतले राती?" हांवें अजापून विचारलें.

"हें पळे, दुयेंतीक चड उलोवंक लावंचें न्हय. हांव सांगतां तशें मुकाट्यान कर."

हांवें रोखडीच बॅग हाडली.

"बॅग उगड. पुस्तकां भायर काड आनी म्हजे कडेन दी."

हांवें ताका पुस्तकां दिलीं. नवीं कवरां घाल्लीं पुस्तकां ताणें मायेन पोशेलीं आनी पुस्तकां उगडून वाचपाचो यत्न केलो. मागीर ताणें पुस्तक सट् करून धांपलें आनी म्हजे मांडयेर उडयलें.

"सगलीं पुस्तकां भायर उडय. नाका, नाका. भायर उडोवं नाका. खंयच्या गरीब भुरग्याक उपकरा पडटलीं. वाचूंक नासलींय, तरीय वारो घेवंक. कितलो उजो जाता. नीताक हीं पुस्तकां केन्नाच वाचूंक मेळचिंनात. ताका एक वर्स हांतरुणार न्हिदून रावंक जाय. कळ्ळें? म्हजे कडेन अशी कित्याक पळयता? नीता पिशें जालां न्हय? पळय, पळय मगे, ताका आपलेंच दुखणें खरें काय फट हेंवूय कळना." मागीर तें एकदम रडूंक लागलें.

"मम्मी, हांव ढोंग करिना हो भरवंसो तुका तरी आसा मगे?"

हांवें ताच्या हातार ल्हवू ल्हवू थापटिलें. कुडिच्या दुसऱ्या खंयच्याच भागाचेर हात लावंक येना आसलो. ताचे बाकीचें सगलेंच आंग खूबच फोडटालें. नीताचो बापूय उठून आमचे कुडींत येवन बशिल्लो. आमी दोगांय जाणां एकामेकां कडेन लाचारीन आनी असहाय्यपणान पळयत रावलीं.

दुसऱ्या दिसा दोतोर आयलो. ताणें नीताक एका वर्सा आदीं तपाशिल्लें. ताचे कडेन नीताचो सगलो मॅडिकल रिपोर्ट आसलो. दोतोराक पळोवनूच नीता तिडटालें. तरी लेगीत दोतोरान अपुरबायेन आनी धिरान ताका प्रस्न विचारले आनी ताच्यो केशी आयकल्यो. दोतोरान नीताक अळंगपणान तपासलें. दुसरे कुडींत वचून डॉ. अ वांगडा चर्चा केली आनी मागीर आमकां आपयलीं.

"चड करून हें दुयेंस ऱ्हुमेटॉयड दिसता. पूण पुराय तपासणी करून ताका ओस्पितालांत घालचें पडटलें." मागीर म्हज्या पडिल्ल्या चेऱ्याकडेन पळोवन ताणें म्हळें, "तूं धीर सोडूं नाका. तुका हाची सेवा करचेली आसा. आमकां व्हडली लडाय लडपाची आसा. तुमचें चली दुभाव नासतना बरें जातलें." ते परतून नीताकडेन गेले.

"नीता, तुका कितें सांगचें आसा? पळय, फटीची चिंता तूं करूं नाका. तुजें सगलें दुखणें बरें जातलें. तूं बेग्गीन शाळेंत वतलें."

"दोतोर, म्हाका न्हिदेचें वखद नाका. ताणें म्हजे तकलेंत गोंदळ जाता. हांव पिशें जातलें असो भंय म्हाका दिसता." नीतान दोतोराक सांगलें.

अंतीं तें दुयेंस 'ऱ्हुमेटॉयड'च थारलें. दोतोरांनी म्हज्या दुभावाक मात्शें म्हत्व दिल्लें आशिल्लें जाल्यार? कितले म्हयने फुकट गेले? तशें पुस्तकांत म्हणिल्लें कीं हे पिडेचें निदान

करप कठीण. हे पिडेविशीं हांवें खूब वाचिल्लें. ह्या रोगाक लागून काळजाक आनी दोळ्यांक धोको जावंक येता. कातीचेर पिडेचो परिणाम जाता. अपंगूळ जावपाचो भंय आसता. म्हाका खरेंच व्हडलें झूज झुजपाचें आसलें.

दुसऱ्या दिसा, म्हळ्यार १७ जुलय १९७३क सकाळीं आमी ऑस्पितालांत वचूंक भायर सरलीं. नीताक १०४ जोर आसलो. फाटींत आनी पांयांत खूबच फोडाफोड जाताली. स्वास लागतालो. दोळे जळजळटाले. तकली दुखताली. चुकून लेगीत कोणेंय ताच्या पांयांक वा फाटीक हात लायल्यार तें किळांच मारतालें. तरी ताका जगपाची उमळशीक आसली. आपूण बरें जातलें हाची ताका सामकी खात्री आसली. ''अल्पा, तूं अशें समजूं नाका की हांव मरतलें.'' आनी मागीर ताणें रमेशाक म्हळें, ''पप्पा, म्हज्या सगल्या वस्तूंकडेन बारीकसाणीन लक्ष दवर. पळय हां. अल्पा म्हजे कपडे आनी जोतीं वापरचें ना. म्हजे कादेर्न, पुस्तकां इबाडचें ना. म्हज्या स्टँप आनी सुकण्यांच्या आल्बमाक हात लावचें ना.'' एका कादेर्नांत ताणें सवण्यांचीं चित्रां आनी पांखां आनी तांची तरांतरांची म्हायती बरयल्ली.

नीताक चलूंक येनासलें. जमनीचेर पांय तेंकयल्यारूच ताच्या पांयांचो तळवो खूब दुखतालो. नीताक कदेलाचेर बसयलें. कदेलाक फाट लागतकीच तें आड्डूंक लागलें. ''नीता, अशें आड्डुचें न्हय...'' म्हजें वाक्य अर्दकुटें आसतनाच ताणें म्हळें, ''वोगी राव. तुका दुखलें म्हणटकीच कळटलें.''

नोकरान आनी चड करून दाजीन, जो पिरायेन ५० वर्सांवयर आसलो, आपणाक उखलून व्हरप नीताक पसंत नासलें. ''पप्पा, तुंवूय हात लाय न्ही. तांणीच कितलें वजन उखलपाचें?'' नीता मोटारींत बसतकीच रमेशान नोकरांक पयशे दिवंचे. ''पप्पा, पांच पांच रुपया दी. तांकां कितलें वजन उखलचें पडलें. दाजी, सॉरी हां.'' सॉरी, थँक यू हीं चलयांचीं सदच्या वापरांतलीं उतरां आसलीं. देखून नोकरय हीं उतरां शिकिल्ले.

दाजीन पयशे घेतलेनात. ''नीताबेन, बरें जावन तूं रोखडेंच घरा यो. मागीर तुज्या हातांनीच पयशे दी.'' ताणें म्हळें. सगल्यांच्या दोळ्यांत उदक आयलें. शेजारची मीनाबेन म्हाका धीर दिताली. ''उषाबेन, नीता सामकें बरें जातलें.''

ओस्पितालांत स्पेशल रूम रिकामी नाशिल्ल्यान आमकां जनरल वॉर्डांत वचचें पडलें. शेजारचे बाज्जेर सात वर्सांचो भुरगो आसलो. ताका दुसरो दोतोर पळयतालो. ताची पिडा नीताभाशेनूच कसली तरी आसली. ताकाय नीतावरीच तपासपाचें आसलें. पूण हें दुसरे फावटी अशें दिसलें, कित्याक ताका सगल्या तपासण्यांची (टॅस्टींची) खबर आसली. ''नीताबेन, ह्या मशिनाक भियेवचेलें कांयच कारण ना. तें काळजाच्या स्पंदनांचें चित्र काडटा.'' कार्डियोग्रामच्या यंत्राक भियेल्ल्या नीताक ताणें धीर दिलो.

नीताच्या काळजाचो आनी पुलमांवांचो एक्स-रे घेतलो, रगत तपासलें आनी रोखडोच उपचार सुरू केलो. ताच्या रगताचें पातळ जावपाचें प्रमाण (सेडिमेंटेशन) ५३ जाल्लें. हरशीं तें १२-२० आसता. ताचें आर.ए. (न्हुमेटॉयड आर्थराइटिस) आनी एस्.एल्.ई. टॅस्टीचे परिणाम न्हयकारी (नेगेटीव्ह) आसले. तरी रिपोर्टांत पिडेक 'कॉलेजन डिसीझ' अशें नांव

दिल्लें. न्हुमेटॉयड आनी एस्.एल्.ई. ह्यो दोनूय पिडा कॉलेजन ह्या वर्गांत येतात. ह्या दोनूय पिडांचीं खुबशीं लक्षणां सारकींच आसतात. मात एस्. एल्. ई. भितर मूत्रपिंडाचें (किडनीचें) नुकसान जाता आनी पिडा चडशी घातकी आसता. न्हुमेटॉयडांत मरणाचें भंय उणें. एका वैजकी पुस्तकांत तांकां बापोलभावंडां म्हळां.

एस्.एल्.ई. पिडेंत कॉलेजन म्हणजे कोशाक जोडपी मज्जाजंतू तुट्टात. परिणामीं कुडीचो खंयचोय भाग सुजता, तातूंत बदल जाता वा ताचें लुकसाण जाता. पिडेंत कूड ॲन्टिबॉडीज (पिडेच्या जंतूंकडेन झगडपी रगताचें तत्त्व) पिडेच्या जंतूंकडेन झगडचे बदला कुडींतल्या निरोगी कोशाकूच नश्ट करता. परिणामीं, ॲन्टिबॉडीजांनी नश्ट करूंक नाशिल्ले घटक किडनींत इबाडटात. जेन्ना ही पिडा कातीचेर परिणाम करता तेन्ना चेऱ्याचेर एक फूलपाकुल्याच्या आकारांत पितामेवरी तांबशी खूण उदेता. नाकाच्या शेंड्यार, दोनूय पोल्यांचेर पाखांट्याच्या आकारांत ती पसरिल्ली दिसता.

नीताचे बाबतींत जालें तशें, भोव करून पिडा आंगांत आसतनाय एस्. एल्.ई. आनी आर.ए. तपासणीचे परिणाम न्हयकारी येतात. म्हूण पिडेचें निदान जावपाखातीर पिडेखोराचो वैजकी रिपोर्ट आनी पिडेखोर आनी दोतोर ह्या दोगांकडसून दुयेंसाच्या लक्षणांची नियाळणी म्हत्वाची आसता. नीताक १०० टक्के खंयची पिडा आसा तें कळनासलें आनी दोतोरांक ती कळिल्ली आसल्यारूय, तांणी आमकां, नीताक 'न्हुमेटॉईड' आसा अशें सांगिल्लें जावये.

तेच्च सांजे एक स्पेशल रूप मेळ्ळी. आमी नीताक थंय व्हेलें. दुसऱ्या दिसा नीताच्या पुलमांवांचो एक्स-रे परतून घेवचो आसलो, जाका लागून पुलमांवांतल्या उदकाची वाड-उणाव कळटली आसली. एक्स-रे कुडींत वतना वाटेंत जायतीं भुरगीं रडटालीं. ''हीं सगलीं कित्याक रडटात?'' नीतान व्हील कॉट धुकलपी वॉर्डबॉयाक विचारलें. आठ मेरेन येवपी पॅथॉलॉजिस्टाचो पत्तोच नासलो आनी भुरगीं दुदाखातीर तडफडटालीं. तांकां उपाशीं पोटाचेरूच तपासूंक जाय आसलें. आमचे कुडींत पावतकच नीतान म्हळें, ''मम्मी, हे दोतोर काय कसाय? अशे तरेन रडून रडून सगलीं भुरगीं मरतलीं. अश्या दोतोरांक तासपी एक लेख वर्तमानपत्राक धाडून दी.'' दोतोरांची ताका आशिल्ली तिडक अजून न्हिवंक नासली. ''नीतू बेटी, आतां आमकां दोतोरांची इश्टागत करूंक जाय.'' हांवें ताका शांत करीत म्हळें.

म्हज्या सभावा आड म्हाका ही शांतताय आपणावंची लागिल्ली. खुबदां म्हाका व्हडल्यान आड्डून सांगचें आसलें की दोतोर, हांव 'फसी मदर' (भोवस्ताळे करपी आवय) न्हय वा म्हजी तकली पुस्तकां वाचून दुभावीत जावंक ना. हांव तर फकत एक आवय, जी आपल्या भुरग्याची व्यथा समजूंक शकतां, जाणूंक शकतां. म्हजी चली ढोंग करिना, ती खरेंच दुयेंत आसा. तुमचेंच कितेंय तरी चुकता. तुमचे हे चुकीक लागून हांवें ताका होगडायलें तर हांव तुमकां गुन्यांवकारी थारायतलें.

पूण हे बदला हांव मोन्यांनी दोतोरान दिल्लो दोश आनी टिका आयकून घेतालें.

त्याच दोनपारां, तो सात वर्सांचो भुरगो ताच्या पुलमांवांतलें उदक ओडून काडटना

भायर पडलो. ताचे आवयचो आक्रोश बंद दारांतल्यानूय आमकां आयकूंक येतालो. आमी खबर घेवचे पयलींच, जनरल वॉर्डांतली आमची अर्द्या दिसाची शेजान्न आमकां ही बातमी दिवन गेली.ह्या दोन प्रसंगांनी नीताच्या मनाचेर परिणाम केलो. दुसऱ्या दिसा सावन डॉ. ब न "कितें खबर सांगता?" अशें विचारतकीच हे दोन प्रसंग सांगले.

दोतोरान सामकेंच थारायलें की हे चलयेक जाता तितले बेगीन घरा धाडूंक जाय. नीताक हो दोतोर मानवल्लो. तें ताचे वांगडा खूब उलयतालें. नीताची पिडा सामान्य नाशिल्ल्यान तिका मेळूंक आनी तिचो वैजकी रिपोर्ट आयकूंक थंयचे कांय इन्टर्न्स येताले. नीता तांचेय कडेन गोड उलयतालें.

होमियोपथींत पॅथॉलॉजिकल चिकित्सा (म्हळ्यार गू, मूत, रगत आदींची तपासणी) करची गरज नासता. दुयेंतीक स्टेथोस्कोपासारके सामान्य साधनांचे स्पर्शय सोंसचे पडनात. दुयेंतीच्या लक्षणां वयल्यान वखदां दितात आनी तीं म्हळ्यार साकरेच्यो गुळयो वा पूड. नीता चड करून होमियोपथीचीं वखदां घेतालें. ताका लागून ताका ॲलोपथी वखदां विशीं नापसंती आनी इंजेसांवाचो भंय आसलो. ही गजाल डॉ. ब च्या लक्षांत आसली. देखून दोतोरान नीताक शक्य तितल्यो गुळयोच गिळूंक दिल्ल्यो. नीतान दोतोरांवयलो राग विसरून वचचो अशी दोतोरांची इत्सा आसली. नीताच्या पुलमांवांतलें उदक खंयचीच शस्त्रक्रिया करिनासतना मुतांतल्यान भायर काडपाचो तो खास यत्न करतालो. ताचे खातीर ताणें कोर्टिझोन, लेसिक्स (मूत चड जावंचें म्हूण), पेनिसिलीन, डायजीन आनी विटामीन बी तशेंच सी सुचयिल्लीं. दम्याच्या पिडेस्तान कोर्टिझोन हरशीं ५ ते १० मिलीग्राम घेवचें आसता, तर नीताक दिसाक ३० मिलीग्राम दिल्लें. परिणामीं जावपी ॲसिडिटी (आम्लपित्त) जावंनये म्हूण डायजीन आनी खूब प्रमाणांत दूद घेवचें लागतालें. कोर्टिझोन पिडेस्ताची प्रतिकारशक्त (इम्युनिटी) उणी करता, म्हणून भारता सारकेल्या देशांत जंय घाण आनी रोगांचें प्रमाण खूब आसता, थंय पेन्टीड (पेनिसिलीनच्यो गुळयो) घेवचें पडटा. हेविशीं दोतारांमदीं मतभेद आसात. पूण दोतोर ब न सामकेंच सांगिल्लें की जोमेरेन कोर्टिझोन दितात तोमेरेन पेन्टिड दिवंकूच जाय. सुरवातीक पयले पंदरा दीस नीताक पेनिसिलीनचीं इंजेसांवां दिलीं, मागीर पेनिसिलीनच्यो गुळयो.

चार दिसांनी फकत वखदांनीच नीताचे पुलमांव सुके जाले. सुयेन उदक ओडून काडपाची गरज नासली. पुलमांवांत इतलें उदक भरुनूय सुदैवान ताच्या काळजाक बादा जाली ना. जोर आनी सांदे दुखप बंद जाल्ले. म्हज्या जिवांत जीव आयलो. भोंवतणच्या जगाकडेन हांव लक्ष दिवंक लागलें. स्पेशल रूम आसुनय आमची कूड लींप नासली. दुयेंतीचें मन प्रसन्न करपी वातावरण तर नासलेंच. पूण गरजेची सामान्य लिपेंजूय नासली. हॉस्पिटलांत आसता तशी डिसइन्फेक्टन्टच्या (फिनेलाच्या) वासा बदला मळ-मुताची दुर्गंधी येताली. मूस तर खूबच त्रास दिताले. दिसा फर्निचराचे खांचींत लिपिल्ले जल्ले काळोख जातकीच भोंवंक भायर सरताले. लिंपेज करपी कामगार आळशी आनी ऐदी आसले आनी दुयेंतीची काळजी करपी तांचे घरचे लोकूय खूब बुरशे आनी निष्काळजी आसले. एकाद्र्या दुयेंतीक मेळूंक कितलेशेच लोक येवन खेंट आनी बोवाळ करताले. पियेवपाखातीर काडिल्ल्या रोसाच्या फळांच्यो साली

वचत थंय उडयताले. म्हजेकडेन दिल्ल्या सुचना पत्रकांत ह्या सगल्या गजालींची हांवें तक्रार केली. दुयेंतीचें मन प्रसन्न करपी चित्रां नासल्यारूय जातात, पूण दुयेंतीक लिंपेज मात गरजेची.

हॉस्पिटलांत, राती नीता म्हज्यांत हांव एकलेंच रावतालें. नीताक गर्दी आनी बोवाळ सोंसनासलो.नीताक हांवें हेरांकडेन उलोवचे परस ताका कांय गजाली सांगिल्ल्यो आवडटाल्यो.

दर फांतोडेर स वरांचेर नर्स स्पंज करपाक येताली. डॉ. ब दिसपट्टो राऊंडाक साडे संक येतालो. सकाळीं बेगीन उठपाचें आशिल्ल्यान राती सगलेच बेगीन न्हिदताले. सुमार णव वरांचेर सगळे दिवे वाडयताले.

आमकां हॉस्पिटलांत येवन चार दीस जाल्ले. २१ जुलयची रात आसली. साडे णव जाल्लीं. दिवे वाडोवन आमी आवय-धूव न्हिदपाची तयारी करतालीं, इतल्यांत दारार टक्टक् आवाज जालो. म्हाका अजाप जालें. दार उगडचें काय ना असो विचारय आयलो. दार उगडें आनी दिवो आसल्यार ट्रेनी दोतोर आमचे कडेन गजाली मारपाक येताले. पूण दार बंद आसल्यार कोणूच टक्टक् करून दार उगडी नासले. चड उशिरूय जावंक नासलो. आनी शेजारच्या दाराचेर टकटक केल्लें हांवें आयकल्लें. उपरान्त दिवो लावन दार उगडिल्ल्याचो आवाजय हांवें आयकल्लो. आमच्या दोन कुडीं मदले वयले वटेन कांच आसली. ताका लागून शेजारचे कुडींतलो उजवाड आमचे कुडींत येतालो. तरीय हांवें दार उगडचे पयलीं 'कोण?' अशें विचारलें.

''सुपरिंटेंडेंट सायबा कडल्यान हांव आयलां.'' म्हाका जाप मेळ्ळी. आयिल्ल्या मनशान एक सुंदर फुलांचो हार हाडिल्लो. हाचे वांगडाच हांवें सकाळीं सुचनापत्राक धाडिल्लें.

''तुमचें सुचनापत्रक वाचून सुपरिंटेंडेंट सायबान दर भुरग्याचे कुडींत असो हार धाडला.''

''फुलांचो तुरो धाडपाचो, हार कित्याक धाडलो? आनी तोवूय बी एदे रातीचो?'' हांवें अजापान म्हळें.

''सायबाच्या घरचो कोण परदेशांत गेला. ताका मेळिल्ले हार धाडल्यात.'' आयिल्ल्या मनशान म्हाका स्पश्टपणान सांगलें.

''थँक यू'' म्हणून हांवें हार घेतलो आनी तोरण लायिल्लेवरी तो जनेलाचेर लायलो. खूब म्हयन्यांनी लेगीत याद जातकीच नीता ह्या प्रसंगाची याद जावन हांसतालें. रीडर्स डायजेस्टांतल्या असाध्य पिडेवांगडा झगडून जैतिवंत जाल्ल्यांच्यो गजाली वाचून नीता म्हणटालें, ''मम्मी, हांव जेन्ना सामकें बरें जातलें आनी म्हज्या वेवसायांत फुडें वचून नांव जोडटलें, तेन्ना हांव अशेंच पुस्तक बरयतलें. तातूंत पिडे आड म्हजें झूज आनी ताचेवयलें म्हजें जैत हाची गजाल आसतली. त्या पुस्तकांत ही वयलीय घडणूक हांव बरयतलें.''

पूण जिणेंत हो वेळ आयलोच ना. आनी ताणें आपल्या जिविताची कथा बरोवचे बदला आयज ताच्यो ह्यो यादी हांव बरयतां.

* * *

ओस्पितालांत पांच दीस रावन सव्या दिसा, २३ जुलयक, आमी घरा आयलीं. नीता एका

मोट्या धोक्यांतसून वाटावल्लें. ताचो पुनर्जल्मूच जाल्लो म्हणुंयेता. आदल्या नीताचो ताच्यांत एक अंशय उरूंक नासलो. दिसपांत, वागपांत आनी सभावांत तें सामकेंच बदलिल्लें; तरीय तें म्हजेंच नीता आसलें. म्हजें अपुर्बायेचें नीता, जाका हांव मोगान म्हजे म्हऱ्यांत काडूंक शकतालें. आयज ताच्यो फकत यादीच उरल्यात. याद करून दिवपी ताची मुस्तायकी आनी पुस्तकां आसात. ताचो फोटो आनी टेप केल्लो आवाजय. ताचे पिरायेच्या चलयां वांगडा तेंवूय म्हजे कल्पनेंत वाडटलें, पूण आतां तें म्हजे वेंगेंत येवन ''ओह, माय स्वीट मम्मी'' अशें केन्नाच म्हणचेंना.

कोर्टिझोन खावन, एका सप्तकांतच ताचो कंवळो चेरो फुगून दुदया भाशेन जाल्लो. पोल्यावेली सुंदर खळी दिसनाशिल्ली. लांब विणी वचून केंस मोटवे आनी थोडेच उरिल्ले. लुसलुशीत कुडीचेर दाट ल्हंव आयिल्ली. इल्लेशे कोर्टिझोनचे गुळयेन पिडेस्ताच्या रुपांत इतलो बदल घडटा हाची म्हाका कल्पनाच नासली. घडये हे पिडेचेंच कितेंय लक्षण आसत म्हणून भियेवन हांवें दोतोराक फोन केलो.

''हो फकत कोर्टिझोनचो परिणाम (रिएक्शन). हातूंत भियेवचें कांयच ना. वखद उणें करतकीच ताचें रूप पयलीं भाशेन जातलें. आतां आमकां ताच्या जिविताची चिंता करूंक जाय, रूपरंगाची न्हय. ओगीच दुभाव काडूं नाका. ताच्या मनाक मातूय धक्को लागूंक दिवं नाका.'' दोतोर ब न म्हाका सल्लो दिलो.

एका सप्तकाभितर इतलो बदल जावं येता हाची कल्पनाय करप कठीण आसलें आनी तरीय हें कठोर सत्य नीताक आपणावचें आसलें.

एका वेळार केन्नाच थंड बसनाशिल्लो हो देह, कांयच हालचाल करिनासतना हांतरुणांत पडून रावतालो. नीताचे कुडींत, ताका मेळूंक वचपाची कोणाकूच परवानगी नासली. थंडी (बारकूण) सारकिल्या सामान्य दुयेंसा पसूनय ताणें पयस रावंक जाय आसलें. त्याशिवाय, ताच्या रुपांत जाल्लो बदल पळोवन कोणूय ताच्या तोंडारच आपलें प्रतिकूल मत उक्तायल्यार तेंवूय सारकें जावचें नासलें. तें म्हजो हात धरून पडून रावतालें. हांव ताका जाय जाल्यार पद म्हणटालें वा काणी सांगतालें. तें जागें आसता तेन्ना हांव जागें रावतालें, आनी तें न्हिदतकीच हांव न्हिदतालें. वखदाच्या वेळेचो हुस्को जावन म्हाका सारकी न्हीद येनासली आनी घडयाळीचो अलार्म जातकीच तें भियेवन उठत हाचोय म्हाका भंय दिसतालो. ताच्या मनाक तसो कुडीक मातूय धक्को बसचो न्हय हाची म्हाका खूब जतनाय घेवची आसली.

लेसिक्स सोडल्यार ओस्पितालांत सुरू केल्लीं वखदां म्हळ्यार दिसाक कोर्टिझोनची ३० मि.ग्रॅमची गुळी तीन फावटीं, पेन्टिड ४०० मि. ग्रॅ. दोन फावटीं, डायजीन दोन फावटीं आनी विटामीन बी आनी सी एक फावट अशीं चालू आसलीं. हाचेर चार कप दूद, एक वाटी पुडींग, एक वाटी फ्रूट सॅलड, दोन कप जॅली, चार ते स केळीं आनी हाचेर ताका जें खायनशें दिसतालें तें खावपाक दिल्यार जाता म्हूण सांगिल्लें. ताका जितली पुश्टीक जेवणाची गरज आसली, तितलीच कॅलरीजची आसली.

दोतोर सद्दां ताका तपासूंक आनी इंजेसांवां दिवंक येतालो. ''नीता, तुजें खरें जालें. तूं

खरेंच बरें नासलें. खरी पिडा व्यथा भोगतालें तूं. आतां तरी दोतोरांवयलो राग गेलो न्हय तुजो?'' नीताक अशें विचारून दोतोर ताचेकडेन इश्टागत करपाचो यत्न करी.

अल्पा नीतापरस तीन वर्सांनी ल्हान. पूण तांचीं मापां सारकींच आशिल्ल्यान कपड्यां वयल्यान तीं सदांच झगडटालीं. नीता कपडे जतनायेन वापरतालें तर अल्पा कपडे पिंदून वा दाग घालून घरा येतालें. नीता कपडे कशे वापरचे हाचेर व्हडलें भाशण दितालें, पूण ताका न्हेसूंक आपलो एकूय ड्रेस दिनासलें. त्या दिसा त्याच नीतान म्हाका म्हळें, ''म्हाका तुवें अस्मानी रंगाचें टेरिकॉट हाडिल्लें न्हय? ताचो अल्पाक फ्रॉक शींव. म्हाका आतां खंय भायर सरपाचें आसा? म्हाका खूब दीस भायर वचूंक मेळपाचें ना.'' ताका आपल्या दुयेंसाची ज्युस्त कल्पना आसली. कपड्यांचे बाबतींत तें अल्पाकडेन उदार जाल्लें. पूण हेर बाबतींत अल्पाकडेन ताचें वागप कडक आसतालें. आजुनूय तें आपल्या पुस्तकांक आनी छंदाच्या आनी हौसेन एकठांय केल्ल्या वस्तूंक हात लावंक दिनासलें. कारण नासतना तें अल्पाचेर तिडटालें. हांवें अल्पाक मायेन आपयल्यार वा अल्पा म्हजेकडेन अपुर्बायेन चल्ल्यार तें एकदम फुगार जातालें. ताची अल्पाविशींची असुया उक्ती दिसताली.

''सगलो दीस मम्मी मम्मी कितें करता? तुका भोंवंक हेडूंक येता, नाचूंक येता, तूं इश्टिणींक मेळटा. म्हाका फकत मम्मीच आसा आनी तातुंतूय तूं वांटो घेता?''

ह्या प्रसंगा उपरांत अल्पा कुडींत केन्नाय येतालें. नीता न्हिदिल्लें आसतना ल्हवूच येतालें, ताका पळोवन वतालें.

नीता देखणें आनी विवेकी आसलें. देखून ते शाळेंत इश्टिणींक आनी सोयऱ्यांक जंय वतां थंय सगल्यांक जाय आसलें. देखून अल्पाक वायट दिसतालें आनी ताचो मत्सरय दिसतालो. म्हणून हांव अल्पाकडेन अदीक लक्ष दितालें. हाची नीताक पर्वा नासली. तें आपणांतूच गुल्ल आसतालें. हें म्हजें धाकलें नार्सिसस (नार्सिसस ही ग्रीक पुराणांतली व्यक्ती आपल्याच मोगांत पडिल्ली). कोणाचें आपलेकडेन लक्ष आसा काय ना हाची चिंता तें करिनासलें. नीता ल्हानपणा सावन आजोळा वा मैत्रिणीच्या घरा रावंक वतालें. अल्पाक म्हजे पसून पयस रावपाक खूब यत्न करचो पडटालो.

नीता चड करून वोग्गी पडून रावतालें. पूण तें रोखडेंच तिडटालें. तें तिडचें न्हय म्हणून आमी ताका खूब राखतालीं. अल्पा हें समजून कुडींत वचनासलें. नीता गाड न्हिदलां अशी खात्री जातकूच रमेशाक ताचेकडेन बसोवन हांव अल्पाची अपुर्बाय करूंक वतालें. अल्पा म्हाका वेंगावन उमे घेतालें आनी म्हणटालें, ''मम्मी, म्हजो हुस्को तूं मात्तूय करूं नाका. म्हाका वायट दिसना. तूं नीता कडेन लक्ष दी. नीता इतलें सोंसता म्हणून तें चिडचिडें जालां. तें बरें जातकीच तूं म्हजे सुशेगाद लाड कर.'' णव वर्सांचें अल्पा म्हाका थातारून धीर दितालें.

आमकां घरा येवन पंदरा दीस जाल्ले. नीताचेर उपचार पयलीं भाशेन चलताले. मात पेनिसिलीनच्या इंजेसांवा बदला गुळयो दिल्ल्यो. ताका तसो व्हडलो गूण पडूंक नासलो. पूण तिडक आनी चिडचीड उणी जाल्ली. पंदरा दिसांच्या ह्या इल्ल्याशा काळांत ताणें आपलें नवें

जग निर्मिल्लें. आनी तांतूंत हांवूय भरसून गेल्लें.

"मम्मी, अल्पा शाळेंतसून आयलें? ताका हांगा आपय. ताका हांवें खूब दीस पळोवंक ना. हांव ताची वासपूस करतां आनी ताचेकडसून इस्कोलाच्यो खबरो घेतां." नीतान अल्पाक मेळपाची इत्सा उक्तायली.

"मम्मी, खरेंच म्हाका नीतान आपयलां?" अशें विचारतना अल्पाच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं.

एक म्हयनो नीताक हांतरुणांतूच रावन सामको सुशेग घेवंक सांगिल्लो. ताका लागून हांव ताका गजाली सांगतालें वा वाचून दाखयतालें. जेराल्ड ड्युरेलच्या प्राणी जिणेंतल्या पुस्तकांतले कांय प्रसंग हांवें ताका वाचून दाखयले. 'प्राइड ॲन्ड प्रेज्युडीस,' 'रिबेका,' 'पिक्चर ऑफ डोरियन ग्रे,' 'टेल ऑफ टू सिटीझ,' 'द गुड अर्थ,' आदी सगल्या पुस्तकांतल्यो गजाली हांवें ताका विस्तारान सांगल्यो आनी तातूंतले कांय संवादय वाचून दाखयले. ओ हेन्री, सॉमर्सेट मॉम, मोपासां, मॅक्सिम गॉर्की, रवीन्द्रनाथ टागोर, प्रेमचंदजी, इत्यादींच्यो लघुकथा ताका खूब आवडटाल्यो. जेन्ना तें परतून इश्कोलाक वचूंक लागलें, तेन्ना पी.टी.च्या पिरियडाक लायब्ररींत बसून तें हीं पुस्तकां वाचतालें. ताका व्यायाम वा कुडीचे कश्ट करपाक मनाय केल्ली.

ल्हानपणांत जेन्ना ताका हुरहुरें आनी गालगुटां आथिल्लीं तेन्ना हांव भजन वा प्रार्थना म्हणटालें. तें ताका खूब आवडटालें. पूण ह्या दुयेंसा उपरांत तें तीं म्हाका म्हणपाक दिनासलें. "मम्मी, म्हाका भीक मागपी रडकीं पदां नाकात; कितें तरी नेटान, जिणेंत चैतन्य हाडटलीं अशीं पदां म्हण." आज मेरेन भजनच म्हणून दाखयतले म्हजे खातीर हें मात्शें कठीणच आसलें. म्हणून वाचनाचेर आमी अदीक भर दिवंक लागलीं.

चार सप्तकां उपरांत, १४ ऑगस्टपासून नीताक दिल्ल्यो कोर्टिझोनच्यो गुळयो उण्यो केल्यो. आतां तें दिसाक दोन गुळयो म्हळ्यार २० मि.ग्रॅम कोर्टिझोन घेवंक लागलें. परिणामीं तांच्या तोंडाची सूज मात्शी उणी जाली. सगल्यांच्या आवडीच्यो तोंडावेल्ल्यो खळ्यो परत्यो दिसूंक लागल्यो. आंगार आयिल्ली दाट ल्हंव गेली आनी कात पयलीं भाशेन तिकतिकीत जाली. हारशांत आपलें पडबिंब पळोवन तें खोशी जालें आनी ताका जिवीत परतून जियेवपासारकें दिसपाक लागलें.

"मम्मी, आतां गोश्टी बंद, हांव जागें आसतां तेन्ना आमी शाळेचो अभ्यास करुंया. पयलीं आमी वाचपाचे विशय घेवया आनी म्हजे हात काम करूंक लागले म्हणटकीच गणितां सोडोवया." आपले बद्दलचे निर्णय तें आपुणूच घेतालें आनी ताच्या मोगाच्या डॉ. ब कडसून ते तरेन चलपाची परवानगी घेतालें. दोन म्हयन्यां उपरांत तें शाळेंत वचूंक लागतलें अशी दोतोर ब ताका खात्री दितालो.

"तो मेरेन तूं घरा शीक. जिवितांतलो दर एक खीण मोलाचो. वर्स कित्याक फुकट वचूंक दिवंक जाय?" दोतोर ताका उमेद दितालो.

"मम्मी, दोतोर ब कितलो समजिकायेचो. ताका सारकें कळटा की पिडेस्तांचीय कांय ध्येयां आसत जाल्यार तीं पुराय करपाक ते रोखडेच बरे जावचे. मेंदूक शीण दिवंक जायना, एक वर्स उसरां शिकप सोंपल्यार कितें फरक पडटलो? ह्या वर्सा तूं सुशेगूच घे... अशें आयकून कोण बरो जातलो? आनी एका वर्सांत खुबूच फरक पडटलो. म्हज्यो मैत्रिणी फुडें वतल्यो

KONKANI CENTRE LIBRARY

आनी हांव फाटीं उरतलें.'' ताच्या मनांतले विचार तें म्हाका सांगतालें.

आजुनूय आमी नीताक कोणाक मेळूंक दिनासलीं. नीताची नर्स, आया आनी शिक्षिका हांवूच जाल्लें. नीताची चवकशी करप्यांकडेन हांव उलयत बसल्यार हीं म्हजीं तिनूय कर्तव्यां म्हाका करपाक येवचीं नासलीं. कोणूय कसल्या अविचारान उलयल्यार नीताच्या मनाचेर परिणाम जातालो. 'नीता फाटल्यान राविल्ल्यान उषाचीय परवड जाल्या' वा 'नीता वांगडाच ताचे मम्मीकय बंदखण भोगची पडल्या' अशीं वाक्यां उलोवपी उलोवन गेले. पूण ताचे उपरांत जायतो वेळ नीता पाश्टा कडेन पळयत वोग्गी पडून राविल्लें. कॉलेजनच्या पिडेस्ताक चड करून पिडा बळावतकीच मातूय मानसिक धक्को लागूंक जायना. कित्याक, त्याच काळांत पिडेस्त आपल्या जिवाक खूबच लावन घेता, हें आमी दोनदां अणभविल्लें.

नीताक मात्सो गूण पडिल्लो आनी इंजेसांवा बदला तें पेन्टिडच्यो गुळयो घेतालें. देखून दोतोर अ न नीताक तपासतकूच, दोतोर ब क फोनाचेर ताचे भलायकेची खबर कळयली. दोतोर ब खोशी जालो. आनी ताणें म्हळें, नीताक असोच गूण पडत जाल्यार, जोर, आंग सुजप बी बंद जाल्यार २८ ऑगस्ट पासून ताणें कोर्टिझोनची गुळी दिसाक एकूच घेवची आनी ताका घरांतल्या घरांत भोंवंक दिवचें.

दोनूय दोतोरांनी नीताचे भलायकी बद्दल ते समाधानी आसात अशें सांगिल्ल्यान नीताच्या दुयेंसा उपरांत रमेश पयलेच फावटी भायल्या गांवांत गेलो. तेंवूय दोन-तीन दिसां खातीर. तो गेलो आनी नीताचो जोर परतलो. म्हणून २४क सांजे हांवें दोतोर अ क घरा आपयलो. ताचे वरवीं दोतोर ब क कन्सल्ट केलो. कोर्टिझोनची मात्रा वाडोवचे बदला एकेच गुळये वांगडा क्विनाईन घेवंक सांगलें.

कॉलेजन पिडेंत, पिडेचीं लक्षणां आनी वखदां थारायल्लीं नासतात. सगल्या पिडेस्तां मदीं एक सारकींच लक्षणां दिसनात. आनी सारकीं लक्षणां आशिल्ल्या पिडेस्तांत एकाचें वखद दुसऱ्याक लागना. हातूंत वेगवेगळे प्रयोग करून पळोवचे पडटात. क्विनाईन चालू करतकीच नीताची भलायकी चड इबाडूंक लागली. तोंड तांबडें गूंज जालें आनी कूड थरथरूंक लागली. हांवें दुसऱ्या दिसा ताका क्विनाईन दिलेंच ना. आनी ताच्या तोंडावयली लाली उणी जाली आनी थरथरोय उणो जालो. २६क आयतार आसुनय दोतोर अ ताका पळोवंक आयलो आनी म्हाका क्विनाईन बंद केलें म्हूण उलोवंक लागलो. परतून ताचें तोंड तांबडें दिसूंक लागलें आनी दनपरां जोर ९९चो १०० डिग्री जालो. सांजे ६ वरांचेर जोर वाडून १०२चेर पावलो आनी तोंड तांबडें गूंज जालें. तें थरथरूंक लागलें आनी हातपांय वावडूंक लागलें. ताच्या ताळ्या सकयल उदक लेगीत देंवऽ नासलें. तेन्ना वखद वा जेवण घेवपाचो प्रस्नच नासलो. ताच्या तळव्याचेर आनी हाताचेर तांबडे चट्टे उदेल्ले.

आयतारची सांज आसुनय हांवें दोतोर अ क आपयलो. ताका नीताची स्थिती दोतोर ब क आपोवपा इतली पेरीग दिसली ना. हें आयकून म्हाका मात्शें समाधान दिसलें आनी हांवें म्हजे आवयक आपोवपाचो विचार सोडून दिलो.

दाजी ओलीं-आयदनां करून गेल्लो. घरची वावराडी लग्न करून गेल्यार म्हयनो जाल्लो.

रमेश भायल्या गांवाक गेल्लो. घरांत आशिल्लीं हांव, नीता आनी अल्पा. नीताच्या दुयेंसाक लागून अल्पा बेगीन पोक्त जाल्लें. तें घरांत आपल्या मैत्रिणींक आपोवन बोवाळ करिनासलें. आपलो अभ्यास करतालें आनी म्हाका गरजेक पावतालें. रातचीं धा वरां जाल्लीं. नीताक १०३ जोर चडिल्लो. ताच्या पोटाचेर आनी कपलाचेर हांव कोलोन उदकाच्यो घडयो दवरूंक लागलें. र्‍हुमेटॉईड पिडेंत वायटकाराच्या हाताचीं बोटां आनी पांय कायमचे वांकडे जाल्ले हांवें पळयल्ले. घडये मोण्णां मारून आंगाची दशा अशीच जाली जाल्यार? नीताची स्थिती म्हाका गंभीर दिसताली. ताका सोडून कोणाक फोन करपूय कठीणच आसलें.

दोतोरा बगर कोण उपाय करतलो आसलो? रमेशाक फोन करपांतूय अर्थ नासलो. तो ज्या विमानान येवपाचो, ताचे आदीं दुसरें विमान नासलें. कॉले केल्यार ताका हुस्क्या शिवाय आनीक कांय एक करूं येवचें नासलें.

कोलोन उदकाच्या घडयांनी नीताचो जोर १०१ जालो आनी हात पांय वावडुवपय बंद जालें. थरथरपय उणें जालें. पूण ताका दोळे उगडूंक येनासलें आनी ताची तकली खूबच फोडटाली. अल्पाक हांवें खूब यत्न करून न्हिदयलें. तें आमकां हे स्थितींत सोडून न्हिदपाक तयार नासलें. हांव नीताची तकली दामीत, घडयो बदलीत, फांतोड जावंची वाट पळयत बसलें. नीता दोळे बंद करून न्हिदिल्ल्यान तें जागें आसा काय न्हिदलां तें कळनासलें. रातभर ताची परिस्थिती नियाळीत हांव बशिल्लें.

दुसऱ्या दिसा २७ ऑगस्टाच्या फांत्यार दोतोर ब क सगली खबर हांवें सांगली आनी घरा येवन वचपाची विनंती केली. दोतोर ब सकाळीं साडे स ते आठ ओस्पितालांत आनी उपरान्त आपले प्रायव्हेट कोंसुलतरींत आसता. थंय कितलेशेच गंभीर स्थितींत आशिल्ले वायटकार तांची उमळशिकेन वाट पळयतात. देखून दनपरां १ वरांपयलीं तो नीताक पळोवंक येतलो अशी म्हाका आशा नासली. ताचे आदीं कांय उर्जेंत उपायांची गरज लागल्यार कितें करचें, हाची सूचना तो दोतोर अ क दितासलो. आनी ताचेकडेन आमच्या घरा येवपाची वेळय थारायतासतलो.

अल्पान शाळेक वचचे पयलीं म्हजे आवयक फोन करून आपयली. सुमार १ वरांचेर रमेश, १-१०क दोतोर अ आनी १-१५क दोतोर ब एका फाटोफाट आयले. दोतोर ब न नीताचो तांबडोगुंज चेहरो आनी हातावयले तांबडे चट्टे नियाळ्ळे. मागीर विचार करूंक लागलो.

''पिडा परती उखल्ल्याशी दिसता, आनी क्विनाईनची रिॲक्शनय जाल्याशी दिसता. रिॲक्शन आसल्यार तातूंत आईसक्रीम आनी एकदम थंड कोका कोला घेतल्यार खिणाक फरक पडटलो.'' दोतोर ब न आपलें मत्त दिलें.

''एक दीस क्विनीन दिवंक नासलें तेन्ना तोंडावयली तांबसाण आनी थरथरप उणें जाल्लें.'' हांवें परतून एकदां ताका म्हजें मत सांगलें.

दोतोर ब वतां वतां हुंबऱ्या वेल्यान परतून आयलो आनी ताणें म्हाका परत विचारलें, ''तुजी खात्री आसा की हें सगलें क्विनिनाक लागून जालां?''

हांव जाप दिवचे आदींच ताणें फुडें म्हळें, ''धा वरां भितर ह्या उपायान फरक पडलो ना जाल्यार ताका ओस्पितालांत व्हरचें पडटलें.''

नीताच्या ताळ्यांतसून उदकय देंवऽ नासलें. पूण आईस्क्रीम ल्हवू ल्हवू देंवंक लागलें. तें कोका कोलाय कुलेर कुलेर घेवंक लागलें. चार वरां उपरान्त ताणें दोळे उगडले. तें उलोवंक लागलें. कुडकुडो बंद जालो आनी जोर देंवलो. हातावयले चट्टे वचपाक एक सप्तक लागलें. परतून ताका दिसपट्टो जोर येवंक लागलो. आनी परतून कोर्टिझोनचो दोज वाडोवन दिसाक ३० मि.ग्रॅम करचो पडलो. शाळेंत वचपाचें फुडें धुकलचें पडलें. दर दिसा ताची वर्गमैत्रीण ज्योत्स्ना अभ्यास घेवन येतालें आनी शाळेंतल्यो खबरो सांगून वतालें. अल्या बरोबर नन्स आनी टिचरी शुभेत्सा धाडटाल्यो. एके टिचरीन आपल्या धर्मगुरूचें चित्र आशिल्लें लॉकेट आनी मंतरिल्लें उदक धाडलें आनी तें उदक स्पंज करपाच्या उदकांत भरसूंक सांगलें.

रूप-रंग बदलप हाचे शिवाय कोर्टिझोनचो दुसरो म्हत्वाचो परिणाम जाता वायटकाराचे भुकेचेर. आतां, म्हणचे पिडा परतून उप्रासतकीच नीताक इतली भूक लागताली की आमकां - आवय-धुवेक आमचो मुक्काम शेजारचे कुडींत व्हरचो पडलो. तें सकाळीं स वरांचेरूय खावंक मागतालें आनी रातीं बारांकूय. "मम्मी, म्हाका तुका त्रास दिवंक आवडना, पूण हांव कितें करूं? पोटांत कितेंय गेले बगर म्हाका न्हीद पडना."

चड करून ऱ्हुमेटॉईडच्या वायटकारांक थंडगार जिनस उणे दितात. पूण नीताक तर आईस्क्रीम आनी कोका कोला पियेवन हुशारी आयिल्ली. म्हणून त्या दिसा पसून तें फकत दुदांत केल्ले थंड काफये वांगडा कोर्टिझोनची गुळी गिळटालें. कित्याक, ताणें कोर्टिझोनाक लागून जाल्ली ॲसिडिटी उणी जाताली. ॲसिडिटी जावंची न्हय म्हणून घेवपाचें डायजीन ताणें बंद केल्लें. ताका तळिल्ले जिन्नस आनी मसाल्याचे पदार्थ सोडून हेर सगले पदार्थ खाल्यार जाताले. दोतोर ब ताका आवडटालो कित्याक तें ताका खावपाक रुचीचे अशे खूब जिन्नस सुचयतालें - जॅली, पाईनॲपल-केक, कटलेटस्, पुलाव, रगडा-पॅटीस आदी जिन्नस नीताक आवडनासले. तें फकत जीव तगोवपाखातीर खातालें. आया, नर्सीच्या कामांतसून (म्हळ्यार बॅड-पॅन लींप करप, जोराचो चार्ट बरोवप, नाडी पळोवप आदी) म्हाका मात्सो विसव मेळिल्लो. पूण रांदपाचें म्हजें काम वाडिल्लें. म्हाका हाचो वाज येनासलो. नीताक सगले पदार्थ आवडीन खातना पळोवन म्हाका आनंद दिसतालो. इतलें सगलें खावन नीताचें वजन ४० कि.ग्रा. वयल्यान ४५ कि.ग्रा.चेर गेलें. ताची उंचाय १५० सें.मी. आसली.

कोर्टिझोनच्यो गुळयो नेमान घेवच्यो पडटात. हीं वखदां चड प्रमाणांत सुरू केल्यार तांचो दोज ल्हवू ल्हवू उणो करचो पडटा. नीताक दोन सप्तकां खातीर दिसाक ३० मि.ग्रॅम आनी मागीर १५ मि.ग्रॅम म्हळ्यार ५ मि.ग्रॅमच्यो गुळयो दिसांतल्यान तीनदां दिताले. पिडा चड खर आसता तेन्ना एकाच वेळार व्हडल्या दोजांनी वखद दिताले. २० मि.ग्राम दिवचो आसल्यार ५ मि.ग्राम चारदां दिवचे बदला २० मि.ग्राम एकदां दिताले. व्हड दोज दिल्यार परिणाम बेगीन जाता.

नीताक गूण पडटालो. ताचें सेडिमेन्टेशन प्रमाण ५३ वयल्यान २७ जाल्लें. ताचो कोर्टिझोनचो दोज उणो करून दिसाक १५ मि.ग्रा. केल्लो. हाका लागून ताचें रूप, ताचो रंग परतून सुधारलो. मनांत दडिल्ल्यो आवडी परतून जाग्यो जाल्यो.

''मम्मी, दिवाळी मेरेन हांव भोंवंक लागतलें. तेन्ना तूं रूथ मामीन (म्हजी अमेरिकन वयनी) दिल्ल्या कपड्याची एक सोबीत मॅक्सी शींव. ताचेर कानांत घालपाक तूं म्हाका तुजीं माणकां आनी हिऱ्याची वेड दितली? आतां तर हांव व्हड जालां. हांव 'टीनएजर' जालां न्हय?''

चलयांक वस्ती आनी उंची कपड्यांचो शोक लावन तांणी तांचे गुलाम जावचें हें आमकां पसंत नासलें. रमेशान आपखोशयेन आपल्या कुटुंबाची गिरेस्तकाय सोडिल्ली. आमी आमचो घोंटेर काडया-काडयांनी बांदिल्लो. ताचो आमकां अभिमान आनी आनंद आसलो. चलयांनीय असोच आनंद-अभिमान मेळोवचो अशी आमची इत्सा आसली. पूण नीताच्या ह्या दुयेंसा उपरांत म्हाका खलिल जिब्रानचें एक वाक्य भौन भौन याद जातालें - 'तुमची भुरगीं हीं (खरींच) तुमचीं भुरगीं न्हय.' हांव मागीर विचार करतालीं, कोणाक खबर कोण कितल्या दिसाचो हांगा पावणो! नीताच्यो सगल्यो इत्सा, हावेस हांव पुराय करपाचो यत्न करतलें. म्हजी इत्सा, म्हजे हावेस हांव म्हज्या चलयांचेर थापचेंना.

पूण भुरगीं ल्हानपणा सावन आपले भोंवतणीं पळोवन व्हड मनशांची देख घेतात. ल्हान भुरग्यांचे आनी चलयांचे कपडे शिंवपाचो म्हजो वेवसाय आशिल्ल्यान नीताक कपड्यांचो खूबच शौक आसलो. हांवें हेरा खातीर शिंविल्लो फ्रॉक दाखोवन जेन्ना हांव ताका विचारतालें, 'तुका असो फ्रॉक जाय गो?' तर तें म्हणटालें, ''ही फकत पयशे वगडावपाची गजाल. असलो फ्रॉक हांव कितले फावटी वापरतलें? इतल्यान पयशांतल्यान, आश्रमांतल्या एका भुरग्याक वर्सभर शिकोवपाक येतलें. एका विद्यार्थ्याक वर्सभर फ्रीशीप मेळटली वा ओस्पितलांतल्या वॉर्डांतल्या भुरग्यां खातीर स्पिरीटाच्यो बाटल्यो घेवपाक मेळटल्यो. थंयचे दोतोर इंजेसांव दितना कितलें थोडें स्पिरीट वापरतात! मागीर भुरगीं रडटलींच न्हय?'' ओस्पितालांत फकत पांचूच दीस काडिल्ले तरीय नीताक ओस्पितालाची याद भौन भौन येताली.

नीताक ल्हवू ल्हवु गूण पडटालो. ताका घरांत भोंवपाक दिल्लें. दिवाळेंत नवी मॅक्सी आनी हिऱ्याची वेड घालून, घरांत बसून ताणें इश्टिणी आनी पावण्यांक येवकार दिल्लो. आजुनूय ताका आमचे बिल्डींगेच्यो तीन इस्कादी चडपाची आनी जंय दुसरे पिडेचो वसो लागूं येता थंय वचपाक बंदी केल्ली. अदीं मदीं ताका जोर येवचो, पूण तो एक-दोन दिसां खातीर. ताका आजुनय सुशेग घेवंक सांगिल्लो. ताच्या काळजाक बादिकार जावंचो न्हय हे विशीं जतनाय घेवची पडटाली.

ताच्या १५० सें.मी. उंचायेंत ५ किलो वजनाची वाड दिसून येताली. पूण तें मोटें दिसनासलें. ताची कमर ५७ सें.मी. (२२ इंच) वयल्यान ६१ सें.मी. (२४ इंच) जाल्ली. कोर्टिझोन चालू आशिल्ल्यान ताचो चेरो आजुनूय सुजमट दिसतालो, पूण विद्रूप दिसनासलो. आजुनूय तें सुंदरच दिसतालें.

शेकीं स म्हयन्यां उपरांत १९७४च्या जानेवारी म्हयन्यापासून तें शाळेंत वचूंक लागलें. शाळेंत ताची गरजे इतली हजेरी जावंक नासली, म्हूण सरकारी शिक्षण खात्याकडसून खाशेली परवानगी घेवन ताणें णववेची परिक्षा दिली आनी ताचो नंबर पांचवो आयलो. तें खूब खूब खोशी जालें. दोतोर अ य बी खोशी जालो. ''दोतोर, आतां म्हाका नृत्याच्या क्लासाक वचूंक

मेळटलें?'' दोतोर खोशी जाला हें पळोवन ताणें ताची परवानगी विचारली.

''आनीक थोड्या म्हयन्यां उपरांत. आतांच तूं नाचपाक लागल्यार म्हाका, तुजे मम्मीक आनी दोतोर ब क तिगांकूय नाचचें पडटलें.'' दोतोरान ताका हांसोवपाचो यत्न केलो पूण तें मात्शें जड जालें.

दोतोर वतकीच ताणें म्हाका म्हळें, ''मम्मी, आतां म्हाका केन्नाच नाचपाक मेळचेंना. दोतोरान दिल्ली थोड्या दिसांची मुदत केन्नाच सोंपचिना आनी म्हाका आतां ताची आवडय उरूंक ना. आतां हांव खूब अभ्यास करतलें. दोतोर ब भाशेन बरें दोतोर जातलें.'' अशें म्हणून तें म्हजे कुशींत रिगलें.

तें सदींच म्हणी की जिवीत म्हणचे खळखळून व्हांवपी वझरो. वाटेंत आडखळ आयल्यार उदक नवें मोडण घेता, पूण ताचें व्हांवप थांबना.

त्या दिसा नीतान नवीन मोडण घेतिल्लें; ताका घेवचें पडिल्लें.

नीताची भलायकी आतां हुस्को करीसारकी नासली, पूण तशी हुस्क्या मेकळीय राव सारकी नासली. दोतोरा पासून पयस वचपाचो धीर आमकां जायनासलो आनी दोतोरय आमकां भायर वचपाचो सल्लो दिनासले. देखून गीमाचे सुटयेंत आमी मुंबयंतूच रावलीं. नीता भायर चड वचनासलें. घराच इश्टिणींक आपोवन मजा करतालें वा वाचन, भरतकाम, कोडीं सोडोवप असल्या छंदांनी गुल्ल जातालें. अमेरिकेंतसून ताच्या मामान ताका गणितांतल्या कोड्यांचें पुस्तक धाडिल्लें. तीं कोडीं सोडोवपांत वा पुस्तकांतल्या गणितांच्यो गमती वाचपांत वा पाठ करपांत तें वेळ सारतालें. ताच्या जिवाक हाचे चड कश्ट जायनासले; तातूंत तें खूब खोशी जातालें.

१० जून १९७४क शाळा उगडली. नीता धावेंत म्हळ्यार नवे एस्.एस्.सींत. गेलें. आजुनूय ताका चड कश्ट घेवंक जायना म्हण सांगिल्लें. ताका अदीं मदीं जोर येतालो. दोळे चुरचुरताले. केन्नाय पांय फोडटाले तर केन्ना तकली. ह्यो सदच्योच गजाली म्हूण तें ताच्या दुखण्याची चड अपुरबाय करिनासलें. पूण आपले भलायके कडेन तें लक्ष दितालें. आंग मातशें हून लागल्यार दुभावानूच तें आपुणूच तेर्मामित्र लावन जोर आसा काय ना पळयतालें. मध्यानेर हांतरुणांतसून उठून हांगा थंय भोंवतालें, पुस्तकां वाचतालें, बरयतालें, गणितां सोडयतालें आनी हें सगळें करून आपलें आंग आनी बळ सारकीं आसात हाची खात्री जातकूच न्हिदतालें. हांव हें ल्हवूच पळयतालें. आवय बापायच्या छत्रा सकयल मेकळेपणान जीण जगचे बदला, ताका कितले गहन विचार करचे पडटाले.

म्हज्या दुयेंसाची मातूय चर्चा करपाची ना, पप्पा वांगडा तर अजिबात ना. म्हजी जापसालदारकी म्हाका ज्युस्त समजता. कृपा करून म्हजे पिडेची वासपूस करून म्हाका म्हजे पिडेची याद करून दिवं नाकात, अशी ताणें म्हाका ताकीद दिल्ली. ताका न्हुमेटॉइडच्या गंभीरपणाची ज्युस्त म्हायती आसली. तें रीडर्स डायजेस्ट नेमान वाचतालें. मे १९७४च्या आंकांत ताणें न्हुमेटॉइड वेलो लेख वाचिल्लो. तें आपलो मॅडिकल रिपोर्ट, वखदाचें नांव आनी ताचे वांगडा दिल्लें सुचना पत्रक वाचपाचो आग्रो धरी आनी म्हणून ताका ताचे पिडेबद्दल

अज्ञानांत दवरप खूब कठीण आसलें.

रगताच्या 'सेडिमेन्टेशन' प्रमाणा वयल्यान दुयेंसाची तांक कळटा. हाका लागून दर तीन म्हयन्यांनी नीताचें रगत तपासचें पडटालें. डॉ. ब न ताच्या हातावयले दाग बारीकसाणेन तपाशिल्ले आनी मागीर तो कांय वेळ विचार करीत बसलो. ही गजाल म्हज्या लक्षांत आसली. देखून, एक दीस जेन्ना नीताक घेनासतना हांव फकत ताचो रिपोर्ट दाखोवंक दोतोर ब कडेन गेल्लें, तेन्ना हांवें ताका विचारलें, ''दोतोर, नीताक एस्.एल्.ई. जावंक ना मू?''

मात्सो वेळ रावन ताणें म्हळें, ''आमकां पिडेच्या नांवाकडेन कितें संबंध? आमकां तर ताका सारको त्रातामेंत दिवंक जाय. ऱ्हुमेटॉइड आसूं वा एस्.एल्.ई., दोनूय पिडांचो त्रातामेंत एकूच.'' कांय खिणां उपरांत ताणें म्हळें, ''पीडा ऱ्हुमेटॉइडूच.''

म्हाका निर्शेणी नाका आसली म्हूण हांवेंय ताची सांगणी खरी मानली.

तशें भायल्यान पळयल्यार, आमी पयलीं भाशेन जिवीत सारतालीं. रमेशाच्यो भोंवड्यो सुरूच आसल्यो. हांव घरांतूच रावन बरयतालें, वाचतालें, चित्रां काडटालें आनी शिवण करतालें. भरतकामाचें प्रदर्शनूय भरतालें. पूण प्रदर्शनाच्या दिसा नीता हांतरुणांत न्हिदून आसचेंना मू, असो भंय म्हज्या मनांत रिगतालो. हांव घरा भायर चडशें वचनासलें. केन्नाय शाळेंतसून फोन आयल्यार, नीताक रोखडेंच टॅक्सींतसून शाळेंत वचून हाडपाक हांवें घरांतूच रावप बरें अशें म्हाका दिसतालें. असो प्रसंग एकदांच आयलो, जेन्ना शाळेंतच नीताची भलायकी इबाडली. पूण तेन्ना तें आपुणूच जेवणाचे सुटयेंत इश्टिणी वांगडा टॅक्सींतसून घरा आयलें. शाळेंतल्यो टीचरी आनी चलयो ताची चवकशी करून ताका बेजार करिनासल्यो. उरफाटें, ताका मदत लागल्यार सट्ट करून मदत करताल्यो. वर्सभर ताका कुडीचे कश्ट आनी वजन उखलपाक मनाय केल्ली. तेन्ना इस्कोलांतलीं भुरगीं ताची बॅग स्कूलबसींतल्यान ताच्या क्लासींत आनी क्लासींतल्यान बसींत पावयतालीं. देखून आमी लिफ्ट आशिल्ल्या घरांत रावंक वचपाचो विचारूच केल्यार एकदम ताचे आड येतालें. ''मम्मी, अश्यो समजिकायेच्यो आनी मोगाळ इश्टिणी म्हाका सोडपाच्यो नात.'' आमच्या विभागांत लिफ्ट आशिल्लें घर मेळप कठीण आसलें.

नीताक आवडत अशीं गुजराती, हिन्दी आनी मराठी पुस्तकां आनी मासिकां सुरू केलीं. तांचे पयलीं कांय लेखांचे हांवें इंग्रजींत आनी इंग्रजींतल्यान गुजरातींत अणकार केल्ले. तातुंतले कांय अणकार कांय मासिकांतय आयिल्ले. हो म्हजो एक नवो छंद आसलो. म्हजें शिक्षण इंग्रजी माध्यमांतल्यान जाल्ल्यान हांव चडशीं इंग्लीशींतल्यान बरयतालें आनी वाचतालें. पूण आतां हांव हेर भासांतलीं पुस्तकांय आवडीन वाचूंक लागलें. जेन्ना नीता म्हाका सांगतालें की ताका लागून म्हजी प्रगती थांबिल्ली, तेन्ना हांव ताका विश्वासान सांगी, ''नीता, तुका लागून तर म्हाका हे नवे छंद मेळ्ळे आनी म्हाका वावर करूंक नवीं मळां मेळ्ळ्यांत.''

हांव म्हजें मन उद्येगांत सतत घुसपावन दवरतालें. कॉलेजन म्हणजे घडये जिवीतभरचें झूज. म्हजेखातीर निर्शेवप, धीर सोडप, नाका आशिल्ले विचार तकलेंत हाडप, रडप आनी स्वताची शक्त फुकट खर्चप योग्य नाशिल्लें.

आमी आदलेवरीच जीण जियेतालीं. देखून सगल्यांक दिसतालें, नीता बरें जालें. जर कोणेंय वासपूस केल्यार आमीय ''तें आतां बरें आसा'' अशेंच सांगतालीं. हाका लागून लोकांकडेन आमचे वेव्हार आदलेवरीच चलताले. दाजी सोरो पियेतालो, जुगार खेळटालो आनी ताचे खातीर तो म्हजेकडसून पैशे मागूंक लागलो. ''नीताबेन, तूं ओस्पितलांतसून बेगीन बरें जावन यो आनी मागीर तुजे हातसून म्हाका पयशे दी'' अशें म्हणपी दाजी आतां म्हाका धमकी दिवपाक लागलो. ताचे धमकेक हांव मातूय भियेनासलें, कित्याक, म्हाका घरच्या वावराची संवय आसली आनी आमची जानकीबाईय परतून आयिल्ली. पूण दाजीन आमच्या संकटांत जें मनीसपण दाखयल्लें तें म्हाका विसरपाचें नासलें. ताच्या धमक्यांक भियेनासतना, ताका थंडसाणेन, समजिकायेन सांगपाचें हांवें थारायलें. जानकीबाई घरचो वावर आनी रांदप बेस बरी करताली. म्हजी ग्रहदशा आतां सुधारता अशें म्हाका दिसलें.

नीताचे प्रकृतींत इल्लो इल्लो गूण पडटालो. तें एस्.एस्.सी.चो अभ्यास खूब उमेदीन करतालें. पेन्टिड आनी व्हिटामिन्स आदलेवरीच चालू आसलीं. फकत कोर्टिझोनचो डोझ उणो अदीक करचो आसता. आतां तें कोर्टिझोनची दिसपट्टी एक गुळी (१० मि.ग्रॅम) घेतालें. ज्या दिसा कोर्टिझोनची मात्रा उणी करतालीं, त्या दिसा ताच्या जिवाक बरें दिसनासलें आनी 'फ्ल्यू' येतकीच जाता तशें आंग फोडटालें आनी गळिल्लेवरी दिसतालें. देखून अदीक करून कोर्टिझोनच्या डोजांत उणाव आमी शेनवाराकूच करतालीं. कित्याक, दुसरो दीस आयतार आशिल्ल्यान तें उसरांय उठल्यार जातालें. वनस्पतीशास्त्राच्या प्रयोगाखातीर ताणें एका वाजांत वालाचें बीं रोयिल्लें. तातूंतल्यान रुजिल्ले रोंपयेचें, तें दिसपट्टें एकाच थारिल्ल्या वेळार माप घेवन कादेर्नांत 'ग्राफ' काडटालें.

त्या दिसा आयतार आसलो. आदल्या दिसा ताचो कोर्टिझोनचो डोज उणो करून १० मी.ग्रा. केल्लो. सकाळीं सात वरांचेर अलार्म वाजलो. तो आसलो रोंपयेचो मेजपाचो वेळ. नीताचे दोळे चुरचुरताले, हांतरुणांतसून उठपाक जाय नासलें आनी तरीय तें उठपाक पळेतालें. म्हाका ताची अवस्था कळटाली. ताका आदार दिवचो म्हणून हांवें ताका म्हळें, ''आगो, हांव तुजे रोपयेचें माप काडूं?''

''तो प्रयोग हांवें करचेलो, देखून माप म्हाकाच घेवंक जाय.'' ताणें रोखडीच जाप दिली.

''बरें, तूंच माप घे. हांव तुका रोंपयेचो वाज तुजे बाज्जेसरीं हाडून दितां.'' अशें म्हणून हांवें रोपयेचो वाज, टेप, पेन्सिल आनी ताचो ग्राफ बूक हाडलो. ताणें तें सगलें काम आपल्या हातांनी केलें, तेन्नाच ताच्या मनाचें समाधान जालें. तें सगल्याच विशयांचो अभ्यास इतलेच उमेदीन करतालें. केन्नाय तें खूबच थकल्यार दोळे धांपून आड पडून रावतालें आनी हांव ताका धडे व्हडल्यान वाचून दाखयतालें. ना जाल्यार चडशें हांव ताका ताचें काम ताकाच करूंक दितालें.

आजुनय ताका व्यायाम करपाक आनी खेळपाक दिवंक नासलें. पूण चर्चा वा डिबेट सारकिल्या सर्तींनी, जातूंत एकल्यानूच वांटो घेवचो आसता, तातूंत तें चुकनासतना वांटो घेतालें. नाटका सारकिल्या समूह प्रयोगांत, आपणाक लागून सगल्यांचो कार्यक्रम इबाडत, हाचो ताका भंय दिस: म्हणून जेन्ना ताचे वर्ग शिक्षिकेन आनी चलयांनी ताका नाटकांत भाग

घेवपाचो खूबच आग्रो केलो, तेन्ना तें तयार जालें. ताणें घरा येतकच म्हाका म्हळें, ''मम्मी, हांव नेमान इस्कोलांत वतां न्हय, म्हणून लोकांक दिसता म्हाका सामको गूण पडलो म्हूण. आनी म्हाका तर हेंच जाय. लोकांक हांव सामकें निरोगी दिसूंक जाय. पूण अशा वेळार म्हजी स्थिती विचित्र जाता. हांवें लोकांक कशें समजावचें की म्हजे हे कुडीचो कांयच भरवंसो ना म्हूण...'' आनी मागीर तें आपुणूच फुडें सांगपाक लागलें,

''नाटकाचो प्रयोग जावंकूच जाय असो संकल्प हांवें केल्यार ते मरेन हांव सीक जावचें ना.'' आनी खऱ्यांनीच, शाळेच्या बक्षीस समारंभाच्या दिसा नाटकाचो प्रयोग जातकीरच तें दुयेंत जालें. तरीय दोतोर ब ताका अश्या प्रयोगांत वांटो घेवपाक फुडें काडी. तो म्हणटालो, ''हें चली खूब समंजस आनी जापसालदारकेचें. आपले शक्ती भायलें काम तें करचें ना. म्हणून ताचेर चड बंधनां घालूं नाकात. एका दिसा खातीर ताका सुसेग घेवचो पडल्यारय कांय नज. पूण ताका जीण जगूंक दियात, भोगूंक दियात.'' दोतोर ब न सांगिल्ल्यानूच तें शाळेचे पिकनिकेक गेलें.

सांजे स वरांचेरच हांवें ताचें हांतरूण घालें आनी उमळशिकेन ताची वाट पळयत हांव बाल्कनींत उबें रावलें. तें आयलें तेन्ना येवजिल्ले भाशेन ताका पुरो जाल्लें. ताणें धांवपळ करूंक नासली जायत, तें वोतांत भोंवंक नासलें जायत, पूण एकेच सुवातेर बसून ताणें टीचरी वांगडा गजाली मारल्या जातल्यो हाची म्हाका खात्री आसली. पिकनिकेची खोशी आनी नेट हांकां लागून ताचे पिडेचीं लक्षणां बळावतलीं हाची म्हाका खात्री आसली. घरांत पावल दवरता म्हळ्यारच तें हांतरुणार आड पडलें. तें न्हिदिल्लें आसतनाच हांवें ताचें तोंड आनी हातपांय ओल्या नॅपकिनान पुसले. एका वरान तें उठलें तेन्ना ताका ९९ जोर आसलो. ताणें कोल्ड कॉफी वांगडा पेन्टिडची आनी व्हिटामीन बी ची गुळी घेतली. कपडे बदलले आनी परतून रोखडेंच न्हिदलें. गजाली मारपाचें आनी जेवपाचेंय त्राण ताच्यांत उरूंक नासलें.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं जेन्ना तें उठलें तेन्ना ताका जोर नासलो. ताच्या आंगांत चैतन्य आसलें. व्हडले उमेदीन ताणें आदल्या दिसाचे पिकनिकेच्यो गजाली आमकां सविस्तर सांगल्यो. त्या दिसा डिसेंबराची १५ तारीख आसली. त्या दिसा पसून ते ८ मार्च मेरेन ताका केन्नाच जोर वा आंगाची फोडाफोड जाली ना. देखून दोतोर ब न कोर्टिझोनचो दोज उणो करून दिसपट्टो ५ मि.ग्रॅम केलो. पूण ताका कसली तरी याद जावन ताणें म्हळें, ''नीताची एस्.एस्.सी. ची परिक्षा फुडल्या सेमानांतूच सुरू जाता न्हय? ती पयलीं सोंपूं दी. मागीरूच दोज उणो करुंया.''

दोतोर ब क नीताच्या वखदाचो चालू दोज आनी ताचे येजामीची तारीख हांची सारकी याद आसताली. तें मतींत दवरूनूच तो ताच्या त्रातामेंतांत बदल करतालो.

मार्च म्हयन्याच्या तिसऱ्या सेमानांत नीताची येजाम सुरू जाली. आतां ताका आमच्यो तीन इस्कादी दिसांतल्यान दोनदां चडपाची मेकळीक दिल्ली. परिक्षेच्या दिसांनी दोनपारच्या दोन वरांचे सुटयेंत तें जेवपाक, वाचपाक आनी सुशेग घेवंक घरा येतालें.

निमाणो पेपर बरोवन तें घरा आयलें तेन्ना ताच्या उजव्या हाताचें तळट आनी बोटां सुजिल्लीं आनी दुखतालीं. ताचे दोळे चुरचुरताले. सगलें आंगच कडक जाल्लें आनी ताका

खूब पुरो जाल्लें. घरा येवचे येवन तें आड पडलें. एका वराचो सुसेग घेवन ताणें म्हाका आपले म्हऱ्यांत बसयलें आनी ताणें म्हळें,

''काम, म्हळ्यार स्वताचे आवडीचें काम, हाच्या ताणान कोणूय दुयेंत जाता ही गजाल म्हाका फट दिसता. म्हजीच देख पळय. फाटल्या तीन म्हयन्यांत हांव दुयेंत जालां? म्हाका हे परिक्षेंत बरें करुंकूच जाय तो मेरेन हांव सीक जावचें ना असो म्हजो संकल्प आसलो. देखून तो मेरेन हांव दुयेंत जालें ना. परिक्षा जातकच आसाच हांतरुणांत पडप. आतां तुजी देख पळोवया. म्हजे खातीर तूं कितलीं जागरणां करता वा चिंता करता. तरीय तूं दुयेंत पडना. तुजी सदचीच थंडी, पूण ती आतां तुजे पसून पयस धांवल्या. कित्याक? तर हो तुजो संकल्पः नीताक म्हजी थंडी जावंक जायना. नीताची सेवा करूंक हांव सामकें बरें आसूंक जाय. ज्या दिसा हांव बरें जातलें तेन्ना तुका पुरो जालां अशें दिसतलें आनी म्हाकाच तुजी सेवा करची पडटली...'' परतून एकदां ताणें ताची संकल्पाची 'थियरी' म्हाका आयकूंक लायली.

म्हजी धूव सामकी नाजूक, भोळी, जिणेकडेन आशेन आनी विस्वासान पळोवपी. ताचें दुयेंस आसलें भिरांकूळ आनी घातकी. केन्ना, खंयचे दिकेन, खंयच्या रुपान तें ताजेर घुरी घालीत हाचो भरवंसो नासलो. केन्ना तें जोराचें रूप घेतालें, तर केन्ना सूज आनी दुखणें. केन्ना दोळ्यांचेर, तर केन्ना कातीचेर. केन्ना फुफ्फुसां, काळीज ना जाल्यार सांध्यांचेर. खंय आनी कसो हल्लो करीत हाचो कांयच नेम नासलो. दोन वेगवेगळ्या गजालींमदलीं हीं झगडीं आशिल्लीं.

ह्या दुयेंसा उपरांत नीताक कसलोच आवाज सहन जायनासलो. तातूंत परिक्षा लागीं आयिल्ली आनी तें अभ्यासाक बसलें जायत जाल्यार ताका मनापसून आवाज चलनासलो. तें नेमान अभ्यास करपी विद्यार्थिनी आसलें. गणेशोत्सव, नवरात्र जावं दिवाळी अशा सणांवेळार व्हडाव्हडान वाजपी रेकॉर्डस आनी माराण ह्या आवाजांपसून सुरक्षित रावचें म्हूण तें कानांत कापसाचे गुळे घाली. ताची परिक्षा लागीं येतकच तर आमकां घरांत सादो आवाज करपाची बंदी आसली. चडशें तें आपणाक आपणाले कुडींतच बंद करून घेई. तरीय मातपसून आमी दुसरे कुडींत व्हडान हांसलीं, उलयलीं जावं जानकीचीं मुस्तायकी पुसतना कांकणां वाजलीं जावं ती पदां गुणगुणली जाल्यारय तें तिडटालें. ताची परिक्षा सोंपली आनी आमी सुटलीं. आमकां मेकळेपणान हांसपाची, उलोवपाची, अल्पाक रेडियो आनी टेलिव्हिजन लावपाची आनी जानकीबायक गुणगुणपाची मेकळीक मेळ्ळी.

अल्पाची सातवेची वार्षिक परिक्षा सोंपपाची आमी वाट पळयतालीं. ताचे उपरांत आमकां कुलू-मनालीक वचपाचें आसलें. बर्फान पांगुरिल्ल्या पर्वतांमदीं. चलयांक हिम पळोवपाची खुबच इत्सा आसली. आतां नीता सदची ५ मि.ग्रॅम कोर्टिझोनची गुळी घेतालें. हें उणें प्रमाण ताका बऱ्याक पडिल्लें आनी डॉ. ब न ताका भायल्या गांवाक वचपाची परवानगी दिल्ली. परिक्षा सोंपतकीच नीतान वाचपाखातीर कांय पुस्तकां आनी मासिकां एकठांय केल्लीं. 'टाईम' आनी रीडर्स डायजेस्ट तें नेमान वाची. तें स्वता वायटकार आसलें आनी ताका दोतोर जावपाचें आसलें, म्हूण वैद्यकीय लेख ताका चड आवडटाले.

१९७४च्या सप्टेंबर म्हयन्याच्या रीडर्स डायजेस्टांत टोनी फे (जिचेबद्दलचो लेख हांवें ८

एप्रिल १९७३च्या 'सन्डे स्टँडर्ड'त वाचिल्लो) विशीं 'शी लिवड् टू डान्स' असो लेख आशिल्लो. ताणें 'कॉलेजन' रोगाविशीं फॅमिली मॅडिकल एन्सायक्लोपीडिया लेगीत वाचिल्लो.

"म्हाका एस्.एल्.ई. ना. म्हाका तर ऱ्हुमेटॉइडच आसा. म्हजी किडनी निरोगी आसा." तें आपणाक आनी म्हाका आश्वासन दितालें.

कांय बाबतींत तें खूब हटी आशिल्लें. आमी जर घरांत पुस्तक लिपयलें तर इश्टांकडल्यान, लायब्ररींतल्यान वा दुकानांतल्यान विकतें हाडून तें वाचतालें. आपणाले मॅडिकल रिपोर्टांतलें वखदांचें सूचनापत्रक वाचपाचो लेगीत तें हट धरी. ताचेकडेन रागान जावं फटोवन वागप खूब कठीण जातालें.

तें चार वर्सांचें आसलें तेन्नाची ही गजाल. आमचे होमिओपथीचे डॉक्टर भायल्या देशांत गेल्ले आनी तेन्ना नीताक कोपरार जाल्लो घाय पेखिल्लो. ॲलोपथीचीं वखदां तें सोंपेपणान कशें घेतलें, म्हणून आमी चॉकलेटच्या कुडक्यांत बुराक काडून तातूंत वखद लिपयलें आनी ताका खावंक दिलें. चॉकलेट भायल्यान तर पयले सारकीच दिसताली. पूण नीताचे डिटॅक्टीव्ह तकलेन विचार केलो की आयज ही मंडळी इतल्या मोगान चॉकलेट दितात म्हळ्यार तातूंत सेर्तच कितेंय पूण फटोवप आसतलें. ताणें चॉकलेटचो वास घेवन पळयलो आनी रोखडेंच म्हळें,

"शी, हाका लागून तर हांव सकाळीं ओकिल्लेंच. हें घाणयारें वखद." आनी मागीर स्वता लायिल्ल्या ह्या व्हड सोदाचेर प्रसन्न जावन ताणें म्हळें, "ल्हान भुरग्याक फटोवंक भायर सरल्यांत."

त्याच वेळार ही आनीक एक घडणूक. ताणें हट धरलो, "म्हाका काकी लागीं आसा तशीच खऱ्या हिऱ्याची एक मुदी जाय." हांवें ताका एक फटीची पूण काकीचे मुदयेसारकीच खड्याची मुदी हाडून दिली.

"खरें सांगता मगे, ही खरी?" ताणें खबर काडली.

"आगो, एकदां सांगलें न्हय तुका?" हांवें जाप दिली. तें खूब खोशी जालें आनी शेजारच्या रुपाक मुदी दाखोवपाखातीर धांवत गेलें. एका वरान तें परतें आयलें. तेन्ना सांज जाल्ली म्हूण ताणें विचारलें, "मम्मी, हांव आनी रुपा आमचे बाईक घेवन बागेंत पासयेक वचूं?"

"हय चल! पूण पयलीं तूं हात-तोंड धूय, कपडे बदल, सारकें तयार जा." हांवें म्हळें. ताणें म्हाका अजापित करीत अचकीत एका न्यायाधिशाच्या रुबाबांत म्हळें,

"मम्मी, तूं फट उलयता. ही मुदी खरी न्हय. त्या दिसा हांवें तुज्या गळ्यांतली सरपळी घाल्ली तेन्ना तूं थोड्या थोड्या वेळान येवन पळोवन वताली, ती सरपळी म्हज्या गळ्यांत सुरक्षित आसा न्हय म्हूण. आनी तुवें म्हाका शिटकावणीय दिल्ली, सरपळी घालून हांवें घराचे भायर सरप ना म्हूण. आनी आयज तुवें एकदांय चवकशी केली ना मुदी म्हज्या बोटांत आसा काय ना ती!"

तें तर संवसार सोडून गेलें. आतां उल्ल्यात फकत ताच्यो यादी.

एप्रीलचे २३ तारखेक अल्पाची परिक्षा सोंपली आनी दुसऱ्याच दिसा आमी सिमला आनी कुलू-मनाली वचपाक भायर सरलीं. सिमला आनी मनालीची चडटी नीता सहजतायेन

चडटालें. शिंयाक लागून ताचे पोले गुलाबी जाल्ले. जोर, दुखणें आनी सूज ह्या रोगाचें एकूय लक्षण दिसनासलें. मनालींत नीताचे एके इश्टिणीची भेट जाली. त्यो तीन भयणी आनी ह्यो दोन, तांचो एक बरो कंपू जालो. आमी पासयेक वचचें थारायलें काय चलयो म्हणी, "आमो पांचूय जाणां हांगाच हॉटेलांत रावतात. आमी भेंडयो, स्क्रॅबल्स जावं इस्पिको खेळटात आनी मनाक मारल्यार भोंवकय वतात. पूण तुमचे वांगडा आमकां येवपाचें ना."

भायल्या भोंवडेकारांखातीर 'ऑफिशियल सीझन' सुरू जावपाक अजून वेळ आसलो. म्हणून रोहतंग खिंडीक वचपाखातीर वाहनांची सोय नासली. आमी सिमल्या सावन मनालीक जे टॅक्सीन आयिल्लीं तेच टॅक्सीन थंय, दुसऱ्या दिसा वचून आयिल्लीं. खरें म्हळ्यार तो मार्ग जिपींखातीर आशिल्लो. पूण आमचो ड्रायव्हर धाडशी आशिल्लो. बर्फाक लागून रोहतंग खिंडी मेरेन पावप शक्य नाशिल्लें. पूण मरी मेरेन पावतकच, चारूय वाटांनी बर्फ दिसूंक लागलो. चलयांचे खोशयेक शीम नासली. तांणी बर्फाचो एक मनीस घडयलो आनी बर्फाचे गुळे करून एकामेकांचेर मोखूंक लागलीं. परतीचे वाटेर आमचे टॅक्सीचो टायर पंक्चर जालो. ही सुवात दोंगरांनी रेवडायल्ली नाशिल्ल्यान थंय थंड आनी आंगाक शिरशिरो हाडपी वारें सुटिल्लें. चलयांक तर हांवें तकलेपसून पांयांमेरेन लोकरी कपड्यांनी गुठलायल्लें. तरूय वाऱ्याक लागून थंय उबेंय रावप कठीण जालें. आमी धांवंक लागलीं. दोंगराचो आडोस मेळ मेरेन आमी धांवतच रावलीं. आमकां धांवतना पळोवन चलयांक हांसूंक येतालें.

इतले श्रम घेवनूय नीताचे प्रकृतीचेर कसलोच वायट परिणाम जालो ना. उरफाटें, ताका बरी भूक लागली आनी थंय सांसवांच्या तेलांत केल्ले जिन्नस लेगीत ताणें पोटभरून खाले.

परतून एक फावट चलयांक इश्टिणीं वांगडा मरीलाक वचपाचो योग आयलो. सांजचो काळोख जाले उपरांत तीं परतीं आयलीं तेन्ना जीपींत बशिल्ल्या सगळ्यांचीं हाडां खिळखिळिल्लीं. म्हाका नीताची चिंता दिसली. पूण ताणें कांयच तक्रार केली ना. पोर चड करून पिरंगनासलें. पूण ताच्या तोंडावेल्यान जावं आंगार म्हाका चिंता करपासारकीं कांयच चिन्नां दिसलींनात. फकत जतनाय घेवची म्हूण तें बेगीन न्हिदलें. दुसऱ्या दिसा सकाळीं जेन्ना उठलें तेन्ना तें बरें हुशार दिसलें.

मनालीचो बर्फान धांकिल्लो पर्वत, खळखळ व्हांवपी ब्यास न्हंय, तातूंत लखलखपी फांतुल्ल्यो, शेतांनी चरपी मेंढरां, गंधकाचे हून वझरे आनी न्हाणीघरां, फरचे ऊंच ऊंच रूख आनी तातुंतल्यान तकली वयर काडिल्लीं सुपुल्लीं लाकडी घरां. नीताक मनाली खूब आवडलें. "मुदासाखातीर जवाहरलाल नेहरू हांगा येताले हातूंत कसलेंच अजाप ना." ताणें म्हळें. सिमला साकून मनाली मेरेनचो मार्गय खूब मनभुलोवणो आसलो.

रेल्वेचे कामगार संपाचेर वचपाचे आसले आनी म्हूण आमकां थोडें पयलींच परतुचें पडलें. मनाली साकून चंडीगढाक आमी टॅक्सीन गेलीं. चंडीगढाक खूब उजो जातालो. म्हजी तकली कणकणूं लागली आनी ओंकूंक येवंक लागलें. नीता आनी अल्पा मजेंत आशिल्लीं. ह्या चलयांच्या पोल्यावेले गुलाब सुकचे आदींच मुंबय पावलीं जाल्यार बरें अशें म्हाका दिसलें.

६ मे १९७५ क आमी दिल्ली आयलीं आनी रेल्वे कर्मचाऱ्यांचो संप सुरू जालो.

दुसऱ्या दिसा दिल्ली सावन जम्बो विमान वचपाचें आसलें. विमानांतल्यान प्रवास करपाची चलयांची उमेद आसली. हांव आनी चलयो जम्बोंतल्यान मुंबय आयलीं. रमेश ताच्या कामाक लागून दिल्लीक रावलो.

१० मे ची रात. रमेश अजून दिल्ली साकून परतूंक नासलो. अल्पा गाढ न्हिदिल्लें. नीताक न्हीद लागनासली. ''मम्मी, यो मगे. आमी खबरी करुंया.'' ताणें म्हळें.

आमी ताच्या भुरगेपणाच्यो, म्हजे विद्यार्थीजिणेंतल्यो, आमच्या लग्नाच्यो, प्रवासाच्यो आनी अल्पाची भुरगेपणांतली मस्ती, हेसंबंधीं तरेकवार गजाली केल्यो. तें हें सगळें मन लावन आयकतालें. मदींच ताणें म्हळें, ''मम्मी, जर हांव परतें दुयेंत जालें आनी जर म्हाका असह्य त्रासाक लागून हांवें डॉक्टराक 'म्हाका शांतीन मरूं दी' अशी विनंती केली तरीय तुवें धीर सोडूंक फावना. तुवें सगळे उपाय करून पळोवचेच. म्हाका खूब जगचें आसा.खूब शिकपाचें आसा. निष्णात डॉक्टर जावपाचें आसा.''

भुरगेपणासावन ताका खूब जियेवपाची इत्सा आसली. तें भुरगें आसतना, ताका शिंको आयल्यो काय हांवें म्हणचें, 'बरें राव गो बाये भलायकेन.' तें फट् करून म्हणी, 'खूब जिये गो म्हजे बाये अशें म्हणपाचें.' पोराची आज्जी अशें म्हणी.

एस्.एस्.सीं.त नीताक ७४ टक्के मार्क मेळ्ळे. हांव आनी नीता केक घेवन डॉ. ब क मेळूंक गेलीं. तांणी नीताक वेंगायलें आनी म्हळें, ''नीता, तुका खबर आसा, आज हांव कितलो खोशी आसां? नीता, तुका अशें तुज्या पांयार उबें राविल्लें पळोवन म्हाका खूबच आनंद जाला.''

'अशें' म्हळ्यार खंयच्याय व्यंगाबगर? खीणभर म्हजें आंग शिरशिरलें. नीताचें म्हणणें कितलें खरें आसलें. जोमेरेन ताच्या जिवाक धोको, तोमेरेन म्हाका चिंता करपाक उसरपत नासली. ताचो विचार करपाक लेगीत वेळ नासलो. म्हाका ताच्या दुयेंसा कडेन झगडपाचें आसलें. नीताची जतनाय घेवपाची आसली. हातूंत म्हजी तांक एकठावल्ली. आनी आतां 'हें सगळें कितें जालें? कितें जावपाचें?' ह्या विचारांनी म्हाका थरथरो भरतालो. हांव रडटालेंय बी. आतां हे खातीर म्हाका वेळ आनी शांती, दोनूय जाय आशिल्लीं. आनी एकांतूय मेळ. कारण म्हळ्यार नीता आतां शाळेंत वतालें, भोंवंक जावं इश्टिणीच्या घराय वतालें.

नीता आतां इकरावी म्हळ्यार ज्युनियर कॉलेजच्या पयल्या वर्सांत आसलें. ताणें विज्ञानाचे विशय घेतिल्ले. ताची भलायकी बरे तरेन, बरे गतीन सुधारताली. आतां ताका ५ मि.ग्रॅम कोर्टिझोन आळीपाळीन दिसांतल्यान एकूच फावटी घेवपाचें आसलें. ताच्यांत पयलीचें तेजय दिसतालें. पूण अजूनय तें खूब शांतशें आसलें. जेन्ना पळोवचें तेन्ना पुस्तक वाचपांत गुल्ल आसतालें. ''मम्मी, ह्या वर्सा म्हाका एकाचित्तान अभ्यास करूंक जाय. फुडल्या वर्सा म्हाका बरे कॉलेजींत प्रवेश मेळोवंक जाय. म्हजे भलायकेचो भरवंसो ना. म्हूण पयलीं सावन अभ्यास केल्लो बरो.''

नीता आपणालें वखद नेमान घेतालें. आतां म्हाका ताची कांयच सेवा सुश्रुशा करची

पडनाशिल्ली. म्हणून हांव आठवड्यांतसून एक फावट आश्रमांत वचूंक लागलें. हाचे परस चड वेळ भायर रावप म्हाका समा दिसनाशिल्लें. नीताची प्रकृती बरी आसतना लेगीत ताची जतनाय घेवप गरजेचें अशें दिस म्हाका. घरांत ताची तक्रार आयकुपासारको कोणूच नाशिल्ल्यान ताच्या मनांत निर्शेवणी उप्रासची न्हय अशें म्हाका दिस. तें केन्नाच उदास दिसनासलें. पूण तें बेकार आसल्यार मात उदास दिस. म्हूण नीताविशीं म्हाका तोच भंय दिसतालो.

हांव आपूण जावन केन्नाच बेकार रावनासलें. मंगळारा हांव आश्रमांत वच. आयताराक रमेशाक आनी चलयांक सुटी आशिल्ल्यान तांचेवांगडा भायर वचचें नाजाल्यार इश्ट-इश्टिणींक घरा आपोवचें, खेळचें, गजाली करच्यो. हेर पांच दीस शिवण करपांत वचचे. म्हाका मदत करपी तीन बायलांक काम दिवपाखातीर म्हाकाय खूब वावर करचो पड. हांव फ्रॉक्स आनी बाबासूट कापून दितालें आनी त्यो ते शिंवतालीं, भरतालीं. केन्नाय तांकां शिवपांत मात्सो गोंदळसो दिसलो काय मशीन मारपाचें कामय हांवूच करतालें. आपणाल्याच घरांत बसून काम करपी बायलांखातीर साड्यांचेर भरपाखातीर डिझाईन्स छापून वेगवेगळ्या तरेकवार कोरांचे धागे आनी टांके घालून नमुने तयार करचे पड. ऑर्डरी दिवपाक नाजाल्यार तयार कपडे विकते घेवपाक येवपी गिरायकां वांगडा गजाली आनी हिशेब करचो पड. इतलो उद्देग आसुनय म्हाका नीताचो सदांच हुस्को आसतालो. केन्नाय हांव सगळे उद्देग सोडून म्हजे कुडीचीं दारां बंद करून बसचें. केन्ना फकत दुखां गळोवचीं, तर केन्ना नाकाशिल्ले विचार करचे. नीतान कितें जल्मभर कोर्टिझोन खायत रावपाचें? तेन्ना असले विचार मनांत येताले. आतां दिसता, अशे स्थितींत लेगीत नीता आयज आशिल्लें जाल्यार? ताच्या दुयेंसाक होमियोपथी वा आयुर्वेदांत कांयच इलाज आसचो ना काय? आमचे होमियोपथीचे डॉक्टर खूब जाण्टे जाल्ले. तांच्या पांयाचें हाड मोडिल्लें म्हूण ते आपणाल्या वेवसायांतल्यान निवृत्त जाल्ले. पूण ते निश्णात डॉक्टर आशिल्ल्यान म्हाका तांचो सल्लो घेवपाचो आसलो. हांव तांच्या घरा गेलें.

''बाये, तुका तर आतां डॉक्टर ब कच तुजो देव मानचो पडटलो. हें पळय, तुजी धूव व्हड संकश्टांतल्यान वाटावल्या. तूं देवाचे आनी डॉ. ब चे उपकार मान आनी भलतेसलते प्रयोग करूं नाका.'' चड करून ॲलोपथीक विरोध करपी डॉक्टरान म्हाका हो सल्लो दिल्लो. ह्या दोतोराकडेन ॲलोपथीचीय डिग्री आशिल्ली.

ताचे उपरांत हांव निश्णात वैद्यांक मेळ्ळें. ते कॉलेजांत शिकयताले आनी संशोधनाचें कामूय करताले. तांकां ह्या पीडा रोगाचें खूब ज्ञान आशिल्लें आनी ताचेर ते संशोधनय करताले. म्हाका अजाप दिसलें. कारण ॲलोपथीच्या जनरल प्रॅक्टीस करपी कांय दोतोरांनी तर ह्या रोगाचें नांव लेगीत आयकूंक नासलें. आनी आयकल्ल्यांपैकीं खूब जाणांचें ज्ञान सामकें उणें आसलें. आनी तेविशीं वाचपाची जावं म्हायती मेळोवपाची उत्सुकताय लेगीत तांच्यांत नासली. नीताचे रिपोर्ट पळोवचे पयलींच ताच्या रागाच्या चिन्नांचें वर्णन आयकून त्या वैद्यान रोगाक कॉलेजन डिसीझ म्हूण वळखल्लें. कारण पयलीं म्हणिल्लें तशें, ह्या रोगांत रक्ताची एस्.एल्.ई. टेस्ट नाजाल्यार आर्.ए. फॅक्टर विस्वासपात्र नासता. नीताचे बाबतींत ह्या दोनूय चिकित्सांचे

परिणाम सदांच नकारात्मक आसचे. देखून म्हजो भाव एस्.एल्.ई.च्या निदानाखातीर रक्ताची ॲन्टीबॉडी, ॲन्टीन्युक्लीअर टॅस्ट करून घेवपाचो आग्रो करतालो. पूण हांगा चडशा डॉक्टरांनी ह्या चिकित्सांचें नांव लेगीत आयकूंक नांसलें. तेविशीं खबर काडटकच आमकां कळ्ळें की मुंबयंत ती चिकित्सा जायनासली. ४ ऑगस्ट १९७७ पासून ही चिकित्सा करपाक बॉम्बे हॉस्पिटलांत सुरवात जाली. पूण ताचे पयलींच नीता हो संवसार सोडून गेल्लें.

नीता आनी अल्पा हुशार विद्यार्थिनी आशिल्ल्यो. रमेशाक तांचो खुब्ब अभिमान दिस. तिगांय एकठांय बसून भविश्याचीं कितलीं तरी सपनां रंगयतालीं. दोतोर जावपाचें काय पप्पा भशेन इंजिनियर जावन देश-परदेशांत भोंवपाचें? पप्पांचे तयार गादयेर बसपाचें काय आपणालें स्वतंत्र 'सेठ सिस्टर्स इंजीनिअरींग कंपनी' स्थापून पप्पाक दाखोवपाचें? चलयो अशो सुंदर कल्पना करताल्यो.

''म्हजेभाशेन कन्सल्टिंग इंजिनिअर जावप कितें सोपें न्हय. तुमकां कितें दिसता, तुमचे पसून पयस वचून हांव एकलोच फायव्ह स्टार हॉटेलांत मजा करतां म्हूण? आगो, कितले फावट तर म्हाका जंगलांत विंचू आनी सोरपांचे वांगडा रावचें पडटा.'' रमेश तांकां सांगी.

हांव तांच्यो बढायो ओग्गी रावन आयकतालें. हांव तांचे भासाभाशेंत चडसो वांटो घेनासलें. आतांपसूनच भांगराळें सपन पळोवंक हांव शकनासलें. भविश्याची येवजण लेगीत करूंक शकनासलें. देवाक लेगीत कळ्ळें ना, फाल्यां सकाळीं कितें जातलें तें, राज्याभिशेक काय वनवास. आयची लढाय बरे तरेन लढूंक पावलीं जाल्यार पुरो.

१९७५च्या दरम्यान नीता नेमान शाळेंत वतालें. एक दिसय ताणें शाळा बुडयली ना. घरांत एकेच खुर्चेर बसून तें वरांचीं वरां अभ्यास करतालें. भायले कुडींत सोयरे येवं, तांच्यो गजाली चलूं, टीव्ही लागूं. ताका कसलीच पर्वा नासताली. फकत ताचे कुडींत आवाज येना जातकच जालो. ताचें एकूच ध्येय आशिल्लें. खूब अभ्यास करचो आनी बरे तरेन परिक्षा पास करची. कारण हे सर्तींत वांटो घेवनच ताका फुडें मेडिकल कॉलेजांत प्रवेश मेळोवपाचो आशिल्लो.

ताका अभ्यासाची आनी ज्ञान मेळोवपाची खरी आवड आशिल्ली. तें गाईड नाजाल्यार प्रायव्हेट ट्यूशन घेतालें. स्वताच्या विशयांची ताका खऱ्यांनीच आवड आशिल्ली. ताच्या विशयांच्या पाठ्यपुस्तकांशिवाय तें हेर पुस्तकां आनी म्हयनाळींय वाची. ताचो मामा अमेरिके सावन ताका बक्षीस म्हूण पुस्तकांच धाडटालो. रमेश लेगीत भायल्या गांवासावन आयलो काय ताचेखातीर पुस्तकांच हाडी.

बागेंतल्यान दशणीचें फूल हाडून तें कापून ताका सूक्ष्मदर्शक यंत्रासकयल दवरून तें ताचो अभ्यास करी. म्हाकाय सगळें शिकयतालें, कारण कॉलेजांत हांवें विज्ञान घेवंक नासलें. बेबकी, किडो हांव ताका घरांत हाडूंक दिनासलें. ताच्या प्रयोगाखातीर तें ताचे इश्टिणीगेर वच.

आमी पिकनीकेक वतालीं थंयूय तें तरेकवार रोप्यांची तपासणी करतालें आनी तांचेविशीं रसभरीत म्हायती आमकां सांगतालें. डॉक्टरांनी एखाद्र्या वखदाचें नांव सांगलें काय तें सट् करून म्हणी, ''म्हाका हें वखद खबर आसा. तें हे वनस्पतीं पसून जाता, जावं तें ह्या रसायनांतल्यान तयार जाता. खंयच्च्या वखदाचो कितें परिणाम जातलो ताचीय ताका म्हायती

आसताली. म्हणूनच ताचे खातीर अमूक एक वखद सुचयतना डॉक्टर ब म्हणी, "बाये, तुमकां आयज एक कठीण काम करपाचें आसा."

इकरावीच्या वर्गांत आसतना नीतान शाळा एकूय दीस बुडोवंक नासली. पूण एक ना दुसऱ्या रुपान रोग आपणालें अस्तित्व दाखयत आसतालो. नीताक हांसप, हांसोवप खूब मानवतालें. पूण ताका जांभयो आयल्यो जावं तें व्हडाव्हडान हांसूंक लागलें तर ताचे छातयेंत आनी पोटांत मदींच दुखचें. केन्ना केन्ना तर ताच्या दोळ्यांत उदक लेगीत येतालें आनी तें म्हणी, "नाऊ प्लीज स्टॉप इट."

नीता, जेन्ना कोर्टिझोन चड प्रमाणांत म्हणजे दिसाचे २०-३० मि.ग्रॅम घेतालें. तेन्ना ताची मासिक पाळी थांबताली. पूण मात्रा उणी करून दिसाची १० मि.ग्रॅम केली की ती नियमीत जाली. सध्याची मात्रा आळीपाळीन ५ मि.ग्रॅम आशिल्ल्यान ताची मासिक पाळी वेळचेवेळ जाताली. पूण ती येवंच्या वेळार ताच्या रोगाचें लक्षण खर जातालें. ताचे पांय दुखचे आनी ताका सूज येवंची. दोळ्यांकूय सूज येवंची आनी ते जळजळचे, चुरचुरचे. कपल दोनूय वटांनी फुगचें आनी ९९-१०० जोर येवंचो. हाचेखातीर डॉ. ब न ताका एस्पिरीन, माइक्रोपाईरिन जावं मॅटासिन घेवंक सांगचें आनी आपणें जावन कोर्टिझोनची मात्रा वाडोवंची न्हय अशी सुचोवणी दिवंची. कोर्टिझोनान ताबडतोब फायदो जाल्ले वरी दिशिल्ल्यान व्यथा भोगणाऱ्या रोग्यांक तें परतें परतें घेवपाचो मोह जाता. पूण नीतान तर ताचे विपरीत परिणामय पळयल्ले आनी भोगिल्ले. म्हूण ताका तसो मोह केन्नाच जालो ना. उरफाटें कोर्टिझोनची मात्रा वाडोवपाची जाल्यार ताचें मन बंड करतालें.

म्हजो धाकटो भाव निखिल, नीतापरस सात वर्सांनी व्हडलो आशिल्लो. नीताचें वाचन खूब आनी भासाभास करपांत हुशार. ताका लागून निखिल आनी ताच्या इश्टांबरोबर ताचें बरें पडटालें. अल्पा ताका तिडायतालें लेगीत, "नीता, तुका हातुंतलो एखादो न्हवरो मेळटलो." १६ ऑगस्ट १९७५क निखिल अमेरिकेक वचपाचो आसलो. म्हजे दुसरे दोग भाव तर थंयच स्थायिक जाल्ले.

"आजो आनी आज्जी आतां एकटीं पडटलीं. म्हजी भलायकी बरी आशिल्ली जाल्यार हांव आजोळा रावन तांच्या घरालागच्या कॉलेजांत अभ्यास करतलें आसलें." निखिलचें अमेरिकेक वचपाचें थारिल्लें, तेन्नापसून नीताक आज्या-आज्जेची चिंता लागिल्ली. निमणें निखिलाची वचपाची १६ ऑगस्टाक रात आयली. विमानाभितर सरचे पयलींचो कस्टम्स आनी सॅक्युरिटीचे तपासणेखातीर निखिल आमकां सोडून भितर गेलो. विमानांतल्यान वचपी आनी तांकां पावोवंक येवपी हांचे मदीं आशिल्ल्या कंवचेच्या दारांतल्यान निखिल दिसलो. तो मेरेन आमी ताका हात हालयत रावलीं, तेन्ना खबर नासलें की निखिलाक नीताचें हें निमणें बाय-बाय आसतलें म्हूण.

निखिल दिसना जालो. तो खऱ्यांनीच अमेरिकेक वतालो. आजो-आज्जी एकटीं जातलीं ह्या विचारान नीता सामकें उखलिल्लें. परिणामी, ताचे पांय अचकित दुखूंक लागले आनी घट जाले. निखिलचें विमान उडपाची वाट पळयले बगर आमी ताबडतोब घरा येवपाक भायर सरलीं. रमेशान आनी हांवें मेळून नीताक कशेंय करून आमच्या तिसऱ्या मजल्यार चडयलें आनी ताका ताच्या हांतरुणाचेर न्हिदयलें. ताचे कपडे बदलले. ताका १०० जोर आयिल्लो.

एक एस्पिरीन आनी एक ग्लास थंड कॉफी दिली आनी ताका न्हिदयलें.

ती शुक्रारची रात आसली. शेनवार आनी आयतार तें हांतरुणाचेरच पडून आशिल्लें. पूण सोमारा पसून तें परतें इस्कॉलाक वचूंक लागलें. हें सगळें वर्सभर अशेंच घडटालें. सुटयेच्या दिसा तें हांतरुणाचेर आसतालें. म्हूण ताच्या वर्गांतल्यो चलयो, शिक्षिका आनी लागींच्या लोकांक दिसचें की नीता आतां सामकें बरें जालें. लोकांचे हे समजुतींतलो बदल पळोवन नीताक समाधान दिसतालें, आनी आमकांय बी.

एप्रिल म्हयन्याचे अखेर मेरेन दोगूय चलयांच्यो परिक्षा सोंपिल्ल्यो. "म्हाका ह्या वर्सा नीताक भायल्या गांवांत व्हरपाचेंचआसा. वर्सभर ताणें खूब त्रास घेतल्यात. ताका आतां मात्सो बदल जावंकच जाय. हय, आनी एक अट लेगीत आसा. एकेच सुवातीचेर शांततायेन रावप. आमी भोंवपाक न्हय, तर सुसेगाखातीर वतात ही गजाल आमी मतींत दवरपाची." चंचल स्वभावाच्या रमेशाक हांवें म्हळें.

चलयांक काश्मिराक वचपाची खूबच आवड आसली. पूण थंय वचून एकेच सुवातीर रावप भोव कठीण. श्रीनगर, सोनमर्ग, गुलमर्ग, खिलनमर्ग, पेहलगाम सारक्यो सैमीक सौंदर्यान नटिल्ल्यो कितल्यो तरी भोंवपासारक्यो सुवाती आसात थंय. नीताक कॉलेजींत ॲडमिशन मेळोवपा खातीर बेगीन परतें येवपाचें आसलें. रमेशाकय भायल्या देशांत वचपाचें आसलें. म्हूण आमचे लागीं सुटये खातीर चड दिसय नासले. निमणें आमी डलहौसीक गेलीं. तीय खूब शांत सुवात आसली. मनशांपसून पयस एकसुरी जिणेची संवय जाल्ल्या आमकां आवय-धुवां खातीर तर ती एक आदर्श सुवात आसली. भोंवडेकार खूब उणे आसले. थोड्या दिसांतच अल्पाक हो गांव 'डल' आनी 'लाऊझी' कसो दिसूंक लागलो. रमेशाकय लागसरल्या गांवांत भोंवडी मारून येवपाची उमळशीक लागिल्ली. आनी एक दीस तो सकाळ ते सांजवेळ मेरेनच्या 'टूरा'र एकटोच चम्बा पर्यंत फिरून आयलो. आनी एक दीस आमी सहकुटुंब खजियारची भोंवडी केली. ही खूब सुंदर आनी मनभुलोवणी सुवात आशिल्ली. तण पांगुरिल्ली पाचवीचार दरीच पारो करताली. उंच फराचे रूख आनी मदीं आशिल्ली सुपुल्ली तळी. एक सुंदर सैमिक दृश्य आशिल्लें. माया म्हयन्याची सुरवात आशिल्ली. दिल्ली आनी हेर उत्तर प्रांतांत जून म्हयन्या पर्यंत गिमाची सुटी पडटा. ताका लागून भोंवडेकारां खातीर निवासस्थानां उकतीं जावंक नासलीं. खावपा पिवपाची कांयच सोय नासली. उस्तवारी सारकी नाशिल्ल्यान थोडी घाणय आसली. फर रुखांसकयल शेतांनी चरपी मेंढरां एक मनभुलोवणो देखावो निर्मितालीं. पूण जंय थंय पडिल्ल्या तांच्या लेंडयांचे घाणीक लागून वीट दिसतालो. उकत्या पांयांनी कुरळांत चलप तर शक्यच नासलें, पूण पांयवाटेचेर आनी घराच्या सोपणांर लेगीत लेंडयो आसताल्यो आनी किडीय खूब आसल्यो. खंयच्योच किडी नीताक चाबच्यो नात हाची विशेश जतनाय घेवंची पडटाली. कित्याक, ताचे कुडीचेर जाल्लो ल्हानसो घावो लेगीत पेखपाक वेळ लागतालो.

म्हाका आनी नीताक तर डलहौसींतल्या हॉटेलांतसून दिसपी हिमान पांघुरिल्ले पर्वत आनी बागेंत फुलिल्लीं फुलां रंगोवपांत आनंद दिसतालो. ह्या थंड प्रदेशांतली कांय वनस्पत नीतान

पयलेच फावटी पळयिल्ली. म्हणून ती नियाळपांत नीताक आनी म्हाका मजा दिसताली. ताची भलायकी आनी उर्बा पळोवन, भविश्याचे बेत ना करपी हांवूय म्हणटालें, ''नीता, झाडापानांची इतली आवड तुका आसा जाल्यार तूं वनस्पतीशास्त्रांत निश्णात जावपाचें कित्याक थारायना? मागीर तर तुका रानखात्याचे नोकरींत सदांच अशा सोबीत सुंदर थळांत रावपाक मेळटलें.''

''मम्मी, तशें पळोवंक गेल्यार म्हाका गणित विशय खूब आवडटा. तो म्हजेखातीर अभ्यासा परस चड गमतीचो विशय. पूण हांव दोतोरच जातलें.'' तें जाप दितालें.

म्हज्यांत असो खिणयाळो उत्साह अदींमदीं उप्रासतालो. पूण ताका चेपपी ल्हान व्हड प्रसंग घडटाले आनी म्हाका नीताचे प्रकृतीच्या मर्यादांची वास्तविकताय आपणावची पडटाली. ७ मे दिसा पर्यटकांचो एक व्हडलो गट थंय आयलो. तातूंत नीता आनी अल्पाचे पिरायेच्यो जायत्यो चलयो आसल्यो. तांचे पैकीं कांय चलयांकडेन नीता अल्पाची वळख जाली. तांचे वांगडा तीं खबरी मारतालीं, खेळटालीं, फिरूंक वतालीं. खूब भोंवडेकार आशिल्ल्यान 'स्केटिंग रिंग' उगडिल्लें. अल्पा ताच्या नव्या इश्टिणीं वांगडा स्केटिंग करूंक वतालें. चलयो नीताकय आग्रो करताल्यो, ''नीता, आगो चल मगो. तशें कितें पडूंक जायना, आनी पडल्यारय चड लागना. चल चल गो, भियेवंक नाका.'' नीताक हें आयकून वायट दिसतालें. 'तें भश्टें जालां' अशें म्हणून अल्पा चलयांची समजूत घालतालें. तीन चार दीस रावपी भोंवडेकारांक ही बतावणी चलताली. पूण चड दीस रावप्यांक पटोवप कठीण जातालें. हॉटेलांतले नोकरय विचारताले, ''बेबी, तुम क्यों नहीं जाती?'' वा ''वह बेबी डरती है.'' लोकांनी आपल्याक भिवकुरें समजुचें हे गजालीचें नीताक दुःख जावचें आनी म्हाकाय बी. ल्हवुल्हवू लोकांच्या मनांची पर्वा केलेबगर आमी जियेवंक शिकलीं. एका वेळार आमी बहिर्मुख आसलीं, आतां अंतर्मुख जालीं. आमचो सभावच जालो. समारंभ, पाट्यांक वचचे परस आमकां आमच्या खाजगी उद्देगांतच चड आनंद मेळटालो.

कुडीचे श्रम आनी दुखापत जावचे न्हय देखून नीताक व्यायाम आनी खेळांत वांटो घेवंक मना केल्ली. खूब दीस कोर्टिझोन घेवपी पिडेस्तांक जखम वा मोडिल्लें हाड बरें जावपाक वेळ लागता. खूब वेळ एकसारकें बरोवप नीताक कुस्तार जातालें. ताचे हातपांय दुखताले. हाताचीं तळटां आनी बोटां सुजतालीं. ताका लागून ताका भाशेंचे पेपर केन्नाच पुराय करूंक येनासले. गणित आनी विज्ञान विशयांत ताका णव्वद टक्क्यांपरस चड गूण मेळटाले. पूण ताची एकूण टोटल ७४-७५ टक्के आसताली. तातूंत ताच्या बारावीच्या स म्हयन्यांचे परिक्षेचो इंग्रजीचो पेपर अजुनय म्हजेकडेन आसा. तातूंत टीचरीन बरयल्लें,

''पेपर पुराय बरोवन जाल्लो जाल्यार, सगळ्यांत चड गूण मेळटले आसले.'' इकरावीची परिक्षा नीता ७४ टक्के मेळोवन पास जालें आनी ताका आपले आवडीचे रुईया कॉलेजींत प्रवेश मेळ्ळो. तेरा वर्सां उपरांत तरेकवार कपडे घालूंक मेळटले म्हणून नीतान खोस दाखयल्ली. आमी ताचे खातीर ताचे पसंतीचें कापड विकतें हाडलें. हांवें तें बेतलें आनी ताणें तें शिंवलें. पांयमशीन चलोवपाची परवानगी मेळिल्ल्यान ताणें माक्नाचेर हातरुमाल भरले. खूब वर्सांनी ताचे कपडे रंगयाळ्या कपड्यांनी भरले. ताच्यांत आदलें चैतन्य परतें दिसूंक लागलें. अल्पाक

नृत्याची प्रॅक्टीस करतना पळोवन तेंय नाचूंक लागतालें. तेन्ना हांव अकस्मात पावल्यार तें सट् करून कुशीक बसतालें आनी म्हणटालें, ''मम्मी, खरेंच म्हाका नाचपाची आवड ना. डॉक्टर जातकच म्हाका खंय फुरसद मेळटली? हांव हें फकत अल्पाक दाखयतालें.''

पांच वर्सां उपरांतय, ताका भौतेक नृत्य लक्षांत उरिल्लें. ताणें तें लक्षांत दवरिल्लें. तें नृत्याचे प्रोग्राम टेलिविजनाचेर लक्ष दिवन पळयतालें. आनी अल्पाची प्रॅक्टीसय. इकरावी मेरेन तें शाळेंत बसीन वतालें. पूण कॉलेजांत चलूनच वतालें आनी सायन्स प्रॅक्टिकलाच्या वेळार कांय वरां ताका उबेंच रावचें पडटालें. हाका लागून म्हाका ताचो हुस्को जातालो आनी हांवें हुस्को उक्तायल्यार तें रागार जावन म्हणटालें, ''इल्ल्याशा श्रमान पुरो जावपाक हांव कितें म्हातारें जालां?''

एक दीस तांच्या प्राणिशास्त्राच्या प्राध्यापकान तांकां मत्स्यालयांत वचून अमूक एके तरेचें नुस्तें पळोवन येवपाक सुचयलें. नीतान थंय वचपाखातीर इश्टिणींक विचारलें. ''आगो, इतल्या वतांत? आज तर प्रॅक्टिकल करून थकल्यांत आमी.'' इश्टिणींनी नखरे केले.

''तुमी सगळीं जाणां तरणीं आसात काय म्हातारीं जाल्यांत? आतांच इतलीं थकलीं जाल्यार दोतोर कशीं जातलीं? खरें म्हळ्यार कोणाक ताची आवडच ना. स्टुपिड! हिन्दी सिनेमा पळोवंक वचुंया म्हळ्यार सगळ्यांत शक्ती येतली आसली.'' तें रागान म्हणटालें आनी बळयां तांकां सगळ्यांक आपले वांगडा ओडून व्हरतालें. आयज लेगीत ताच्यो इश्टिणी ताची परती परती याद काडून म्हाका सांगतात, ''आमी कोणूच कल्पना करूंक शकनासलीं की तें इतलें बरें ना, इतली व्यथा तें सहन करतालें. खरेंच तें आमकां फटोवन गेलें.''

तशें ताचें मित्रवर्तुळ व्हडलें नासलें. पूण तें मर्यादीत आशिल्लें तरीय ताचें ताका वायट दिसनासलें. आमी चडशीं हिन्दी सिनेमा पळयनासलीं. ताका लागून अल्पाची सदांचीच तक्रार आसची की शाळेंत दनपारचे सुटयेंत जेन्ना चलयो सिनेमाच्यो आनी नटनटयांविशीं गजाली करतात तेन्ना ताका एकटें पडिल्लेवरी दिसता.

''तशें एकटें कित्याक दिसचें? अल्पा, तूं तर सामकें गरीब गाय. तुका तर घरांतच रावंक आवडटा. नाजाल्यार इतल्या व्हडल्या ६० विद्यार्थिनींच्या वर्गांत आपणाल्यो आवडीच्यो दोन तीन मैत्रिणी तर नक्कीच मेळूंक शकतात.''

नीताचें कॉलेज सकाळीं ७ वरांचेर सुरू जातालें. म्हूण तें आदले राती आपणाले कपडे, ताका फावशीं चपलां, पर्स, कानांतलीं, केंसांखातीर बकल आनी हातरुमाल तयार करून दवरी. आमी सकाळीं दांत घांशी मेरेन तें नटून थटून आमकां 'मम्मी पप्पा, अल्पा बाय बाय' म्हणीत भायर सरतालें. कॉलेजांतल्यान तें ११-१२च्या सुमाराक परतें येतालें. तेन्ना आमी आवयधूव एकठांय बसून जेवतालीं. कितल्या वर्सांनी दनपारच्या जेवणा वेळार म्हाका कोणाचो तरी वांगड मेळटालो. तें म्हाका ताचे नवे सहाध्यायी, प्राध्यापक, कॉलेज जिणेविशीं गजाली सांगी. आनी आमी दोगांय आनंदान जेवतालीं. थोडो वेळ विसव घेवन तें ताच्या पुस्तकांत आनी हांव म्हज्या शिवणकामांत गुल्ल जातालीं.

२१ जून १९७६ पासून नीताचें कॉलेज सुरू जावपाचें. ताचे पयलीं १७ तारखेक ताचे

सदचे तपासणेखातीर आमी डॉ. ब ची भेट घेतली. डॉक्टर ताची तब्येत पळोवन खोशी जाले. उत्साहान तांणी नीताक म्हळें, ''जर तुजी प्रकृती अशीच उरली जाल्यार तुज्या सतराव्या वाडदिसा उपरांत आमी तुजें हें वखद बंद करुया.''

कोर्टिझोनान रोग्याची दुयेंसाची प्रतिकारशक्त उणी जाता. नीताक मॅडिकल कॉलेजांत वचपाचें आसत जाल्यार ताणें ही प्रतिकारशक्त वाडोवंक जाय म्हूण ताणें कोर्टिझोन ल्हव ल्हव उणें करूंक जाय अशें डॉक्टराचें मत आसलें.

ज्युव्हेनाईल ऱ्हुमेटॉईड आर्थरायटिस (ल्हान भुरग्यांक जावपी संधिवात), जो किशोरावस्थेंत पयलींच जाता, तो चड करून फुडेंय चालू उरता. पूण कांय वेळार रोगी पोक्त वयांत येतकच हो रोग अदृश्य जाता. अशे दोन रोगी म्हाका खबर आसले. एकाचो रोग सातव्या वर्सा आनी दुसऱ्याचो इकराव्या वर्सा कळिल्लो. हो रोग केन्ना जालो ते परस ताचें निदान केन्ना जालें हें सांगप चड म्हत्वाचें. तांकांय तांचें वय सतरा जायमेरेन सगळे उपचार चालू दवरपाचे आशिल्ले. ते उपरांत कांय तक्रार नासत जाल्यार उपचार बंद करपाचें आशिल्लें.

नीताच्या दुयेंसान एका वर्साखातीर जून १९७५-७६ पर्यंत विश्रांती घेतिल्ली. म्हूण डॉ. ब क ताचे बाबतींत आशा दिसली जावंये. आनी तांणी आमकां नीताच्या सतराव्या वाडदिसाची वाट पळोवंक सांगलें. नीताच्या मर्णा उपरांत आमच्या सांत्वनाखातीर बरयल्ल्या पत्रांत तांणी बरयल्लें: ''भुरगेपणांतल्या त्या गंभीर दुयेंसा उपरांत नीता बरे तरेन जियेतालें. अशा वेळार अकस्मात ह्या रोगान तकली वयर काडली हाचें दुःख उकतें करपाखातीर म्हजेलागीं उतरां नात.''

नीता खूबशें बरें जाल्लें. झूज जिखिल्लें. नीता सेर्त दोतोर जातलें अशी खात्री जातकच पिडेन परत तकली वयर काडप हें डॉ. ब खातीर, नीताच्या मर्णाचे खबरे परस चड धक्को दिवपी आसलें. कांय म्हयन्यांआदीं जेन्ना पिडा परती वयर सरली तेन्नाच घडये दोतोरांनी येवपी मरणाक वळखिल्लें. पूण पिडेचें परतप तांकांय अनपेक्षित आसलें. त्या दिसा, म्हळ्यार १७ जूनाक डॉ. ब चे कुडीभायर पिडेस्तांची खूब गर्दी आसली. दुयेंत भुरगीं रडटालीं. अशा वेळार 'डॉक्टर, नीताचें वखद, तें सतरा वर्सांचें जातकच बंद कित्याक करपाचें?' हो प्रस्न विचारप म्हाका फावोसो दिसलो ना. दुसरे खेपेक, जेन्ना उणीं मनशां आसतलीं, तेन्ना विचारीन अशें हांवें थारायलें. पूण फुडें तो प्रस्न विचारपाची गरजच पडली ना.

७ जुलै १९७६चो दीस. नीताक कॉलेजींत वचून फक्त सतरा दीस जाल्ले. ताच्या सतराव्या वाडदिसाक, २९ नोव्हेंबराक, पावणेपांच म्हयने बाकी आसले. इतले म्हणसर सकाळीं उठून पळयत जाल्यार नीताक जोर चडिल्लो. सात वरां जावन गेल्लीं, तरूय तें घरांतच आसलें. हांवें विचारचे पयलींच ताणें सांगलें, ''मम्मी, आयज पयलो तास हिन्दीचो. तो चुकयल्यार जाता. आयज उठपाक मातसो वेळ जालो.'' ताचे सुजिल्ले दोळे पळोवन हांवें ताच्या गळ्यार हात दवरलो. ताणें फट् करून म्हळें, ''हय, म्हाका जोर आयला. १०० आसा.'' ताणें पयलींच जोर पळयल्लो.

''हो काय चड जोर न्हय. म्हज्यो दुसऱ्यो कसल्योच तक्रारी नात. हांव कॉलेजीक वतलेंच. प्रॅक्टीकल्स चुकोवप म्हाका परवडचें ना.'' ताणें आपणालो निश्चेव कळयलो.

''चल, हांव तुका टॅक्सींतल्यान सोडटां.'' हांवें सुचयलें. रमेश दुबयक गेल्लो. आनी हांव ड्रायव्हिंग करिनासलें.

''नाका, नाका. इतल्या चलपान म्हाका कांयच जावंचें ना. पूण कॉलेजीचे भायर म्हाका टॅक्सींतल्यान देंवतना कोणेय पळयलें आनी विचारलें, 'तूं टॅक्सींतल्यान कित्याक आयलें?' वा 'इतल्या साप्प उण्या अंतरा खातीर तुवें टॅक्सी कित्याक केली?' तर हाची जाप दिवपाक म्हाका चड त्रास पडटले.''

तें कॉलेजींत चलतच गेलें. पयलीं, तें जेन्ना बरें आसलें आनी ताचें मन दुयेंसाचे दुखीपसून मेकळें आसलें तेन्ना लेगीत ताका शाळेंत मोटारीन वचपाक आवडनासलें. लोकां सामकार आपणाले गिरेस्तकायेचें प्रदर्शन करप ताका मानवनासलें.

दनपरां बारा वरांचेर तें घरा आयलें तेन्ना ताका खूब पुरो जाल्लें. ताका जोर तर आशिल्लोच, शिवाय फाटय दुखताली. त्या दिसा तें सारकें जेवलें ना. हांवें ताका थंड कॉफी करून दिली. तें पियेलें. मागीर ताणें न्हिदपाचो यत्न केलो. पूण दुखीक लागून तें फाटीर न्हिदूंक पावलें ना. ताका तशी फाटीरच न्हिदपाची संवय आशिल्ली. एकदां न्हीद लागली काय तें कुशीरय वळनासलें. म्हूण तर तें न्हिदून उठ्ठकच ताच्या कपड्यांचेर एक लेगीत मिरी नासची. थोडो वेळ तें कुशीचेर न्हिदून रावलें. आनी मागीर उठून ताच्या अभ्यासाच्या कदेलार बसलें. ताका तें सरळ फाटीचें कदेल मानवतालें. अभ्यास तर सरळ बसूनच करपाचो आसता, असो ताचो भुरगेपणासावनच विश्वास आसलो. दुयेंसा उपरांत ताचेखातीर मुद्दम हाडिल्ले आरामखुर्चेंत तें केन्नाच बसनासलें. तातूंत एकदां बसतकच परतें उठपाक त्रास जातालो. ताका बरें नासत आनी ताका आरामांत बसपाचें आसत जाल्यार तें आपूण जावन बाज्जेरच पांय पातळावन, उशाचो आदार घेवन बसतालें.

डॉ. ब चे दनपारचे भेटीचो वेळ ३ ते ६ आसतालो. ३ वरांचेर हांवें तांकां फोन केलो. नीताची फाट दुखता हें कळ्ळेबरोबर म्हाका एक खीण लेगीत रावपाचें नासलें. हरशीं डॉ. ब ची भेट म्हयन्यापयलीं मेळनासली. पूण नीताचे बाबतींत तांणी कांयच आडखळ करूंक नासली. हांवें फकत ''डॉक्टर, हांव नीताची मम्मा'' इतलेंच म्हळें काय टेलिफोनाच्या दुसऱ्या तोंकावेल्यान प्रस्न आसचो, ''कितें जालें परतें नीताक?'' हाचे उपरांत हांव नीताच्या सगळ्या तक्रारींचीं यादी सांगतालें. तें आयकून ते रोगाची खरसाण थारायताले आनी ते प्रमाण तांचे भेटीची वेळ आमकां सांगताले. केन्ना त्याच दिसा, केन्ना एकदोन दिसांनी, तर केन्ना पंदरा दिसां उपरांत. पूण तोमरेन करपाचे उपाय ते आमकां फोनारच सांगताले. पूण आयज (७ जुलै १९७६) तांणी आमकां ताबडतोब येवंक सांगलें. थोड्याच वेळांत आमी टॅक्सीन तांचे कोसुलतोरींत पावलीं.

डॉ. ब न नीताक तपासलें आनी ताचें स्क्रिनिंग करून पळयलें. ''कांय भियेवपासारकें ना. स्नायूचें दुखणेंशें दिसता.'' अशें म्हणून फाटीक लावपाखातीर एका मलमाचें नांव बरोवन दिलें. डॉक्टरांचो अभिप्राय आयकून बरें दिसलें. तेच खोशयेंत घरा परततना आमी एका मिल्कबारांत बसून आयस्क्रिम खालें आनी अल्पाखातीर केक घेतलो.

रात जाली आनी नीताची फाट चडच दुखूंक लागली. मलम लायतकच तर ताची दूख चडच वाडली. तें फाटीर तर न्हिदूंकच शकनासलें. सबंद रात आमी आवय-धुवेन बसून काडली. परतें हें कितें जालें? हांवें मनांतच विचार केलो आनी ताका विचारलें, "नीता, तूं पप्पा भायल्या गांवांत वता तेन्नाच दुयेंत पडटा. ताचो विरह तर तुका धोंशिना मगो? जर तशें आसत तर आमी ताका भायल्या गांवाक वचुंनाका अशें सांगुंया. तुजेपरस काम व्हडलें न्हय ताका."

"हांव दुयेंत पडटां तेन्ना पप्पा भायल्या गांवांत आसता हें खरें. पूण तो भायल्या गांवांत आसता त्या सगळ्याच खेपेंक काय हांव दुयेंत नासतां. म्हूण तुजो अदमास सारको न्हय." तर्कशास्त्र ताचो विशय नासूनय ताणें म्हज्या अंदाजाची चूक दाखयली आनी म्हळें, "कृपा करून तूं आनी पप्पाचे तकलेंत असलो कसलोच दुभाव भरोवन घालिनाका. म्हजे तकलेंत तर असल्या दुभावाक सुवातच ना म्हणून बरें." मागीर ताणें हांसत म्हळें, "म्हाका तर अशें दिसता की फाटल्या जल्मांत हांवें तुजी खूब सेवा-सुश्रूषा केल्ली आसुं येत. ती तूं ह्या जन्मांत फेडटा."

तें असल्यो गजाली फकाणां म्हूण करी. दुयेंसा उपरांत देव, प्रार्थना, पयलींच्या जन्माचें कर्मफळ भोगप जावं फुडल्या जन्माखातीर पुण्याय एकठांय करप, असले खंयचेय गजालीचेर तें विश्वास दवरनाशिल्लें. ताचो एकेच गजालीचेर विश्वास आसलो - 'वर्क इज वरशिप'. वावर हीच पुजा. हे श्रद्धेच्या बळारच तें जियेतालें.

"मम्मी, आमी ह्यो सगल्यो नस्त्यो गजाली सोडून कामाच्या गजालींचो विचार करुंया. पळय, फाल्यां सकाळींच आमी पॅथॉलॉजिस्टाकडेन वचुंया आनी म्हज्या रगताची तपासणी करून घेवंया. केन्ना केन्ना डॉक्टरांचेंय चुकता. पूण आमी आमच्या अणभवान शाणीं जावंया." ताची ही समजिकायेची सुचोवणी आयकून म्हाका मातसो धीर आयलो.

नीताची फाट अजुनय दुखताली. डॉ. ब क तर ताचे चिकित्सेंत हुस्को करीसारकीं कसलींच चिन्नां दिसूंक नासलीं. अशे परिस्थितींत कितें करपाचें? म्हाका खूबच हुस्को जातालो. तितल्यांत नीतान सुचयलें तें अशें. रिपोर्ट बरे आसत जाल्यार चिंता करपाची गरज ना, आनी कितेंय दोश आसत जाल्यार डॉ. ब क रिपोर्ट दाखोवन परतो तांचो सल्लो घेवंया, असो विचार करून, फांतोडेर फोन करून सात वरांचेर, रिकाम्या पोटाचेर करून घेवपाचे रगत तपासणेखातीर आमी पॅथॉलॉजिस्टाकडेन पावलीं. ताचे आर्.ए. फॅक्टर आनी एस्.एल्.ई. खातीरचे चिकित्सेचे परिणाम नकारात्मक येताले. ताका लागून सेडिमेन्टेशनच्या प्रमाणावेल्यान ताच्या रोगाची खरसाण मेजची पडटाली. त्याच दिसा सांजचो रिपोर्ट मेळ्ळो. नीताचें सेडिमेंटेशन प्रमाण वाडून ५५ जाल्लें. १९७३च्या गंभीर दुयेंसांत लेगीत तें ५३ आसलें. (चडशें तें १२-२० आसूंक जाय.) डॉ. ब क हांवें फोनारच तो रिपोर्ट कळयलो. तांणी कोर्टिझोनची मात्रा वाडयली. दिसाची २० मि.ग्रॅम केली.

हांव नीताचे पिडेच्या ह्या येवजूंक नाशिल्ल्या हल्ल्यान खूब भियेल्लें. नीताचे प्रकृतीचे बाबतींत हांव तशें निश्चिंत नाशिल्लेंच, पूण पिडा इतली वयर सरत हें मानपाक मन तयार नासलें.

रमेश खूब फावटी भायल्या गांवां वच. पूण दोन चार दिसांखातीर आनी परदेशाक गेले जाल्यार, आठवड्याखातीर. पयलेच फावटी ते एका म्हयन्याखातीर दुबयक गेल्ले. ते चारूय

वटांच्या कितल्यातरी वाठारांत फिरपाचे आसले. परते केन्ना ऑफिसांत, केन्ना घरांत, केन्ना सायटीचेर आसतले हें सांगप कठीण आसलें. म्हूण तांणीच आमकां फोन करचो अशें आमी थारायल्लें. पूण तांच्या कामाच्या नादांत ते आमकां विसरले अशें आमकां दिसतालें. वर्सभर नीताक कांयच चिंता करीसारकें दुखणें जावंक नासलें, म्हूण रमेश निश्चिंत आशिल्लो जावंये. हेंय सभाविकच आसलें. हांव तांचे इतलें निश्चिंत जावंक पावलें ना. हांव आश्रम सोडून घराभायर केन्नाय वच. आनी तरूय खंय वचचें पडलें जाल्यार त्या ठिकाणाचो फोन नंबर घरा बरोवन दवरी.

नीता आतां खूबच समजिकायेचें जाल्लें. तें म्हाका चत्राय, धीर आनी थाकाय दितालें. रमेश घरांत नासतना हांव ताचेकडेन म्हजें मन उकतें करी. केन्ना म्हाकाय अशें लेगीत दिस की रमेशापरस तें म्हजें मन चड वळखता.

८ जुलयचे राती हांवें ताका म्हळें, ''नीता, आयज आमी पप्पाक कॉल करुंया. आठवडो जालो ताचो कॉलय ना, टॅलॅक्सय ना.''

नीतान फट् करून म्हळें, ''आतां कालच मिस्टर मिस्त्रींचो फोन आयिल्लो की ते दुबयंत पप्पाक मेळिल्ले म्हूण आनी पप्पा खुशाल आसा. तुका घडये म्हजे भलायकेची खबर दिवपाची आसत. पूण तूंच विचार कर, पप्पा येवन कितें करतलो? तो कितें दोतोर? म्हजे बाबतींत तर दोतोर लेगीत चुकतात.'' खीणभर थांबले उपरांत ताणें म्हळें, ''म्हज्या दुयेंसाच्या दरम्यान पप्पा चडसो भायल्या गांवांत आसता हेंच चड बरें. नाजाल्यार थर्मोमीटर घेवन, निर्शेल्लो जावन म्हजे भोंवतणी भोंवत रावतलो आसलो. आनी ताच्या सभावाप्रमाण सगळ्या आप्तांक कळयतलो आसलो. आनी मागीर हांव 'बाबडी दुयेंत चली' सगळ्यांचे दयेक पात्र जावन जियेतलें आसलें. अशी जीण म्हजेखातीर मरणाभाशेनच.''

नीताचे सांगणेप्रमाण ते राती हांवें रमेशाक फोन केलो ना. २५ एप्रिल १९७५ पसून ७ जुलय १९७६ मेरेन नीता कोर्टिझोन ५ मि.ग्रॅम आत्र्या-पयऱ्यान घेतालें. एका वर्साभितर दिसाची २० मि.ग्रॅम कोर्टिझोन शरिरांत गेले बराबर ताचो जादू कसो परिणाम जालो. ताची फाट दुखपाची थांबली. जोर देंवंक लागलो. ताचे दोळे चुरचुरपाचेंय उणें जालें. पांच दिसांचे विश्रांती उपरांत तें कॉलेजीक वचूंक लागलें. गैरहजर आसतना जाल्ले प्रयोग ताणें कशेय करून, दुसऱ्या डिविजनाच्या विद्यार्थ्यांवांगडा केले.

* * *

नीतान ८ जुलय सावन २० मि. ग्रॅम कोर्टिझोन सुरू केल्ली. ताचे प्रकृतींत सुधारणा जायत रावली, जाल्यार ताणें १५ जुलैसावन दिसाची १० ग्रॅम आनी २२ जुलय सावन ५ मि.ग्रॅम कोर्टिझोन घेवपाची आसली. ताचे कुडींत हुमकळायल्ले कॅलेंडरांत, नीता तारखेचे चौकटींत सी-२ (म्हळ्यार कोर्टिझोनच्या १० मि.ग्रॅमच्यो २ गुळयो), सी-१ जावं सी१/२ बरोवन दवरी. डॉ. ब न सांगिल्ली नवीन मात्रा बरोवपाखातीर नीतान कॅलेंडराकडेन पळयलें जाल्यार १३ जुलैचे चौकटींत बरयल्ले ''पम्मी''चेर ताचें लक्ष गेलें.

पम्मी म्हजे शालेय जिणेंतली इश्टीण आसली. १३ जुलयक हांवें ताका आमच्या घरा जेवणाक आपयल्लें. नीताच्या दुयेंसांत आठवड्याआदीं दिल्ल्या आमंत्रणाविशीं हांव विसरिल्लेंच. पूण नीतान ताची याद करून दिली.

त्या दिसा १३ तारीख आशिल्ली. दनपारचीं १२ वरां जाल्लीं, पूण अजून पम्मी येवंक नासलें. म्हाका दिसलें, ताका एक्स्ट्रा क्लास घेवंचो पडलो जायत. पम्मी कॉलेजांत शिकयतालें. १ वर जालें तरी तें आयलेंना म्हूण ताच्या घरा फोन केलो. ताच्या घोवान फोन घेतलो. आयज ऑफिसच्या वेळार ते घरा कशे? म्हाका अजाप जालें. तांणी म्हज्या अजापाक धक्कोच दिलो.

''पम्मी टाटा हॉस्पिटलांत आसा. ताचें कालच ऑपरेशन जालें.''

पम्मीक हड्ड्याचो कॅन्सर जाल्लो.

पम्मी सामकें टणटणीत दिसतालें. रमेश दुबयक गेल्लो ताच्या आदल्या दिसा आमी मेळिल्लीं. तें कॉलेजींत शिकयतालें, टॅनिस खेळटालें, पेंवतालें. आपणाल्या भुरग्यांची जतनाय घेतालें. शरिराचो कितें भरवंसो आसा? म्हाका व्हडलो धक्को बसलो. नीताच्या दुयेंसा दरम्यान सामक्या थोड्या इश्टिणींकडेन म्हजे संबंध उरिल्ले. पम्मी तांतलें एक आसलें.

रमेश मुंबय सोडून पंदरा दीस जाल्ले. दुबयसाकून येवपी लोकांकडल्यान आमकां तांची खुशाली कळटाली. पूण आमी कशीं आसात हें विचारपाखातीर तांचेकडल्यान एकूय फोन नासलो.

नीता आनी अल्पा न्हिदिल्लीं. नीताचें दुयेंस त्या खिणाक उणें म्हत्वाचें जाल्लें. पम्मीच्या दुयेंसाचो आघात सामको ताजो आसलो. तातूंतच रमेशाचो कॉल आयलो. ''कशीं आसात तुमी सगळीं?'' ताणें विचारलें.

जाप दितना हांव तिडकलें. ''आयज तरी तुका आमची याद जाली? म्हजी इश्टीण पम्मीक तुमी हांगसून गेल्ल्या आदल्या दिसाच आमी मेळिल्लीं न्हय? ताका कॅन्सर जाला. ताचे सुवातीर हांवूय आसूं येतालें. तुका आमची इल्ली तरी चिंता आसा?''

''उषा, हो लाँग डिस्टन्स कॉल. कितली तरी वाट पळयतकच हो कॉल लागला. मदींच कट जालो ना जाल्यार नशीब. देखून कृपा करून तूं आपणाल्योच गजाली सांग. तुमी सगळीं बरीं आसात मगो? हांव आनीक पंदरा दीस हांगा रावलों जाल्यार तुमची हरकत ना न्हय?''

''ना.'' हांवें एका उतरान जाप दिली.

''पळय, फाल्यां ऑफिसांत चार रकाद दिवपाचे. मातशे बरोवन घे.'' आनी ताणें निरोप सांगले. उपरांत म्हाका म्हळें, ''ऑफिसची कितें खबर?'' जालें, फोन सोंपलो.

आसात न्हय सगळीं आपापल्यांत मग्न? आनी हेंच बरें. रमेश आपणाल्यो भावना लिपोवंक शकना. नीताच्या दुयेसांत तो कितलो बारीक जाल्लो. सगळे लोक, म्हजी आवय लेगीत, म्हाका एकसारकी रमेशाची जतनाय घेवंक सांगताली. जणूं काय नीताच्या दुयेंसाची गंभीरताय कोणाक कळूंकच नासली.

अठरा वर्सांच्या आमचे विवाहीक जिणेंत, फ्लू जाल्ल्यान फकत चार दीस ताणें घरा रावन आराम केल्लो. इतले तरेकवार प्रदेशांतलें उदक पचोवप, कडक हवामान सहन करप,

दुबयची उष्णता आसूं नाजाल्यार इंग्लंडची थंडी, मध्यानराती मुस्तायकी उखलून सपणां चडप असले शारिरीक श्रम. पूण तो कितलो सहन करता. नैतिक बळूय ताच्यांत खूब आसा. तो फकाणां म्हूण म्हाका तिडायतालो, लग्नांत तुज्या बापायन रजिस्ट्रारचो पांच रुपयांचोय खर्च करूंक ना. पूण खरे म्हळ्यार ताका म्हज्या बापायकडल्यान एक पैय मेळोवपाचो मोह नासलो. पातक जावपाच्या भंयान जावं पुण्यप्राप्तीच्या लोभान सत्कर्म करपाचें नासता. पूण सत्कृत्य करपांतच जिणेचो आनंद दिसचो. आपणाले कृतीनूच तो चलयांक देख दितालो. होच ताचो सभावधर्म. तो केन्नाच म्हूर्त पळयनासलो वा गाऱ्हाणें-नवस करीनासलो. गंडे दोरे, काळे मणी हांचो तर ताका खूब राग. आनी तरीय तो भावूक आसा, हळवो आसा. आमचेपैकीं कोणूय दुयेंत पडलो की तो सामको हळुवार जातालो. रमेशासंबंदी असो विचार करतां करतां हांव न्हिदलें.

दुसऱ्या दिसा १४ जुलयक चार वरांचेर अल्पा शाळेंतसून घरा आयलें तेन्ना घोग्यांनी पावस पडटालो. अल्पाचो आवाज आयकून नीतान अभ्यासांतल्यान तकली वयर काडली आनी म्हळें, ''मम्मी, आयज तर म्हाका खूब बरें दिसता, आनी अल्पाय घरा आसा. आज ताका नाचाचो क्लासय ना. तर तूं पम्मीमावशीक मेळून यो. ती तुका पळोवन खोशी जातली. आयज इतल्या पावसांत तिका चडसो वांगडय नासतलो.''

हांव पम्मीक मेळूंक गेलें. तें म्हाका पळोवन खूब खोशी जालें. ''असो तुका वेळ मेळत तेन्ना म्हाका कंपनी दिवंक यो,'' ताणें म्हळें. ताका वांगड दिवपाची म्हजीय तीव्र इत्सा आसली, पूण नीताचे नाजूक प्रकृतीक लागून हांव तशें करूंक पावलें ना.

१५ जुलयक कोर्टिझोनची मात्रा २० मि.ग्रॅमावयल्यान १० ग्रॅमाचेर आनी २२ तारखेपसून ५ मि.ग्रॅमाचेर आयली आनी जोर परत आयलो. कोर्टिझोनची मात्रा उणी केले उपरांत एका दिसाखातीर येवपी हो जोर समजून आमी ताचेकडेन लक्ष दिलें ना. पूण २२, २३ आनी २४ तारखेकय जोर तसोच आसलो. पिडेन आपले हातपांय परते पातळावपाक सुरवात केल्ली. नीताक बारीक जोर सदांच येतालो. केन्ना ताची तकली दुखताली, केन्ना ताचे दोळे चुरचुरताले. ताच्या खावपांत आनी वजनांत घट जावंक नासली. तरी ताका थकवो जाणवतालो पूण तें दाखयनासलें. तें सदचेंच कॉलेजाक वच. ताणें अभ्यास करचो आनी वरा कणकणीं प्राणिशास्त्राच्या जर्नलांत चित्रां काडचीं. वर्सुकी परिक्षेंत ह्या जर्नलाखातीर फकत तीन गूण आसले. ताच्या इश्टिणींक हांव बेबकेची बी आकृती काडून दितालें. पूण नीताक म्हजें काम आवडनासलें. तें म्हणटालें, ''मम्मी, तूं चित्रकाराप्रमाण 'रियालिस्टिक' चित्र काडटा खरें, पूण आमकां अभ्यासाखातीर स्पश्ट, बारीक, एकसारक्या वळींनी आकृती काडपाची आसता. तूं काडटा तशी जाड-बारीक आनी फिकट, गडद लायनी थंय चलनात.''

ताच्या आंगाचो जोर सदांच ९९-१०० आसतालो. तें ताका चड म्हत्व दिनासलें. आपणालें काम तें करीत रावी. डॉ. ब कोर्टिझोनची मात्रा वाडोवचे आड आसले. तांणी जोर आनी दुखणें उणें करपाखातीर दिसांतल्यान दोन फावटी मॅटासिन घेवंक सांगिल्लें. पंदरा दीस गेले. पूण नीताचे प्रकृतींत कांय सुधारणा दिसनासली. उलट, ताच्या हातार आनी तोंडार पित्त उठिल्लेवरी तांबडो

पुळेर दिसतालो. ह्या पुळेराक खाज नासली. पूण तितलो भाग खूपच हून आसचो.

जोराकडेन तर तें दुर्लक्ष करी. ह्या तांबूस पुळेराचे परसय, ताका लागून कुरूप दिसपी तोंडाक लागून तें चड पिकार जातालें. आतां तें बारा वर्सांचें सुपुल्लें चली नासलें, सोळा वर्सांचें वयावेलें तरणाटें चली आसलें. केन्नाच तोंडाक पावडर लायनाशिल्लें चली, आतां लोशन पावडर लावन आपणाल्या तोंडावेले तांबडे दाग लिपोवपाचो यत्न करी. ताच्या दाव्या पोल्यावेले खळयेलागीं एक गांठ जाल्ली. दोळ्यांक ती दिसनासली, पूण हाताक लागताली. हें एक नवेंच लक्षण आशिल्लें. आमी बेगोबेग डॉ. ब म्हन्त्यांत गेलीं.

''जोर १००चे वयर वचना मू? म्हणटकच आतां कसलींच वखदां वाडोवपाचीं नात. हें लोशन लाय आनी कांयच चिंता करुं नाका.'' अशें म्हणून लोशनचें नांव बरयल्ली चीट ताणें नीताक दिली. आनी नीताकडेन वळून म्हळें,

''नीता, आगो तुजी मम्मा तर कितली ऊंच आनी तूं कित्याक मोटवें? (दुयेंसा उपरांत नीताची उंचाय एक कुस्कूटभर लेगीत वाडूंक नासली.) चल, आमी तुजी उंची वाडोवपाखातीर कितेंय उपाय करुंया. जर वाडली नाच तर दोन इंच ऊंच खोंटांच्या बुटांनी ती वाडोवया.'' अशें म्हणून डॉक्टरान नीताचें मन हेर गजालींत घुस्पावपाचो यत्न केलो. मागीर ताणें म्हाका म्हळें,

''नीताचे पांय आतां जर दुखता जाल्यार ताका जाय तितले ऊंच खोंटांचे बूट घेवंदी.'' (नीताक खूब ऊंच खोंटांचे वा पायांचीं बोटां दोडटात अशे बंद बूट घालपाची परवानगी नाशिल्ली. शाळेंतय डॉक्टराचें सर्टिफिकेट दिवन बोटां उकतीं उरतात अशे सॅन्डल्स तें घालतालें.) अप्रत्यक्ष रितीन डॉक्टरांनी म्हाका, नीता आनंदान रावतलें तशें करपाक सांगिल्लें. त्या दिसा तांणी आम्मची फी घेतली ना. ताचे उपरांत केन्नाच घेतली ना. 'आमी मागीर सुशेगादीन हिशेब करुंया' अशें ते म्हणी. पूण असो थंडसाणीचो दीस केन्नाच आयलो ना.

तोंडार तांबडे दाग दिसूंक लागले तेन्नापसून नीता पावडर आनी लोशन लायतालें. ना जाल्यार, तें समजिकायेचें जाल्ले पसून केन्नाच सौंदर्य प्रसाधनांचो उपेग करी नासलें. तें म्हणटालें, ''सैमान म्हाका खूब बरें रूप दिलां. तें रूप वाडोवंचे यत्न करतना तें इबाडूंक फावना.''

१९७३च्या दुयेंसा उपरांत तें हारशामुखार साप्पच वेळ वगडायनासलें. सौंदर्य प्रसाधनांत ताका फकत नेल पॉलिशची आवड आसली. तें नाखटां वाडयी आनी ताच्या ड्रेसासारक्या कोरान रंगयी. त्या दिसा डॉ. ब कडल्यान परतें येतना म्हजें मन उदास आसलें. तांणी नीताक खूश दवरूंक सांगिल्लें आनी तांणी फीय घेवंक नासली.

परतें परततना रस्त्यारच हांवें नीताक ऊंच खोंटांचे सॅन्डल्स आनी नेल पॉलीश घेवन दिलें. नीताक खूश दवरपाक, ताका सुशेगादशें दिसचें अशे जाता तितले यत्न हांव करतालें.

कॉलेजच्यो नव्यो इश्टिणी आनी नवो अभ्यासक्रम ताका आवडटालो. म्हणून सकाळीं हारशांत पळयल्ल्या तोंडावेल्या तांबड्या दागांचें दुःख तें कॉलेजांतल्यान परतें येईमेरेन नासतालें. आनी हेर उरिल्ल्या दिसांनी तें प्रफुल्लित आसतालें.

दिवाळेची सुटी सुरू जाली. वोतापसून पयस, घरांतच रावन आनी भरपूर आराम

मेळिल्ल्यान ताचो जोर आनी तांबडे दाग उणे जाले. कोर्टिझोन परतें आत्र्यापैच्यान ५ मि.ग्रॅम केलें. तें खोशयेंत आसलें.

"मम्मी, थोड्याच दिसांनी दिवाळी येतली. ताचे उपरांत म्हजो वाडदीस. मागीर येतलो क्रिसमस. आनी ते उपरान्त नीलमाचें लग्न. (नीलम आनी नीता के.जी. पसून वांगडा शिकतालीं.) म्हाका एक असो ड्रॅस शिवन दी की जाचेबरोबर दर फावटी हांव तरेकवार वस्ती घालूंक पावतलें."

हांवें ताका एक धवो गरारा शिंवन दिलो. ताचे वांगडा तरेकतरांच्या रंगाचे आनी डिझायनाचे ताच्या वस्तींक फावशे चार दुपट्टे घेवन दिले.

दिवाळे आदले एकादशीचो दीस आशिल्लो. ताणें म्हळें, "मम्मी, ह्या वेळार आमी आमचे परंपरेन चलत आयिल्ली दिवाळी करुंया. आमी नेवऱ्यो, बियांचीं कापां, चकल्यो, चिवडो बी करुंया. हांव तुका मदत करतां. दिवाळेंत सगळ्यांकडेन हींच खाणां आसतात. पूण म्हाका हें सगळें शिकपाचें आसा. म्हज्यो इश्टिणी हेर प्रांतांतल्यो आशिल्ल्यान तांकां हे नवे प्रकारच आवडटले."

नरकचतुर्दशी दिसा रांगोळी काडपांत ताणें पांच वरां घालयलीं. तोरणय ताणेंच निवडलें. "फकत पानांचें तोरण चलचें न्हा. सुंदर फुलांचें तोरण नासत जाल्यार फुलांचो हारच दी." ताणें फुलवाल्याक सांगलें.

खूब उमेदीन ताणें ती दिवाळी मनयली. इश्टिणींक घरा आपयलीं आनी तें नवे कपडे, वस्ती घालून इश्टिणींच्या घरा गेलें. ताचो उत्साह पळोवन म्हाका दिसलें, ताची प्रकृती सुदारता. तेन्ना म्हाका मातूय खबर नासलें की हो तर ताचे निमणे दिवाळेचो उत्साह आसलो. ताका सगळें भोगून घेवपाचें आसलें. म्हणजे फाटल्यान उरतल्याक दुःख जावचें न्हय की नीताची अमूक एक हौस तृप्त जालिना.

दिवाळेची सुटी सोंपली. कॉलेज सुरू जालें आनी तें परतें पुस्तकांच्या विश्वांत बुडलें. मजेच्या वेळार मजा. अभ्यासा वेळार अभ्यास. कॉलेज परतें सुरू जातकच इश्टिणी मजेखातीर एकठांय जायनासल्यो, कित्याक परिक्षा लागीं आयिल्ली.

२९ नोव्हेंबर. नीताच्या जन्मदिसा पयलीं परिक्षा सोंपिल्ली म्हूण चलयांचें मन मेकळें आशिल्लें. तांचो मजा करपाचो मूड आसलो. सगळ्यो इश्टिणी आमच्या घरा जमल्यो आनी भेळपूरी, आईस्क्रीम, गजाली आनी उमेदीन तांणी नीताचो वाडदीस मनयलो.

नीताक उष्णता सोंसनासली. डिसेंबर म्हयनो सुरू जातकच हवामान थंड जालें. ताका लागून नीताक जोर आनी चट्ट्यांची उष्णता सोंसपाचो तितलो त्रास जायनासलो. जोर तर ९९-१०० आसतालोच. पूण चट्ट्यांत बरीच सुधारणा दिसताली. भायल्यांक तर ते दिस लेगीत नासले. खबर आशिल्ल्यांक, बारीकसाणेन ते पळयले तरूच दिसताले. क्रिसमसची सुटी सुरू जातकच नीताक अशा निरिक्षणाक वेळ मेळचो. हारशा सामकार उबें रावन तें आपणालें पडबिंब निरखितालें आनी जेन्ना तोंडार तांबडे चट्टे दिस तेन्ना तें पिकार जातालें. पूण आपणाक दिसता तितलें काय आपणालें रूप इबाडूंक ना अशी खात्री जाली काय ताचो मूड मुदार जातालो. ताचे

इश्टिणींचें, सुनीताचें लग्न जालें [illegible] पयटेंतल्यान तें जेन्ना घरा आयलें तेन्ना तें खूब खुशेंत आसलें.

"मम्मी, आज तुजें हें प्रेझेंट। सगळ्यांत सुंदर-सोबीत कोण ताची निवड करतात। हातूंत सगळ्यांत देखणी चली म्हूण म्हजी निवड जाली." ताणें खुशेंतून म्हळें.

[illegible] आसली. पूण ताचें तोंड अपुर्बायेचें आनी [illegible] आसलें. तें [illegible] आयिल्लें तेन्ना [illegible] म्हणिल्लें, 'उषा, हे तुजे चलयेक [illegible] दिल्ल्यांत.'

सुनेच्या [illegible] म्हणी, '[illegible] देखणी चली लक्षांत आसली जाल्यार सांग.' [illegible] खुळयो निसुंपी ताचें स्मितहास्य सगळ्यांक आकर्शीत करतालें. ताका पळोवन लोक म्हणी, "बरें हांसें हेंच खरें भुशण." 'सकाळचे पाळींत नीता कॉलेजांत वच तेन्ना ताका हांसतें पळोवनूच खात्री जाताली, आयचो दीस आनंदांत वतलो.' "तुमच्या नीताचें हांसतें मुखामळ पळयलें काय सगळ्या दिसाचो थकवो ना जाता. ताचें हांसें सामकें म्होंवाळ."

नीताक पळोवन खूब [illegible] अजाप जातालें, इतलीं दुख, व्यथा सोंसूनय हें चली इतलें प्रफुल्लित कशें उरता, आनी तोंड हांसतें दवरता? हांव म्हजाकच म्हणटालें, "दुसरें कांय ना जाल्यार तूं तुजे धुवेकडल्यान दुःख हांसून सोंसूंक शीक."

हांव असो विचार करतालें आनी म्हजी निर्शेवणी नाशी जाताली. सुप्त जाल्ली म्हजी चेतना अचकित जागी जाताली आनी म्हजेर आयिल्ल्या संकटाक हांव धिटायेन तोंड दितालें. जेन्ना जेन्ना म्हाका प्रेरणेची गरज पडटाली तेन्ना तेन्ना हांवूय ताचें हांसपी मुखामळ दोळ्यांमुखार हाडटालें.

१९७६च्या क्रिस्मसचे सुटयेच्या दरम्यान हो घडणूक. आमच्या नात्यांतले एके अस्तुरेक लग्नां जुळोवपाचो छंद आसा. त्या दिसा ती आमच्या घरा आयली आनी तिणें म्हळें,

"उषा, नीताखातीर एक सामको नकसूद चलो आसा. मनशांय बरीं आसात. आनी गिरेस्तय आसात. त्या लोकांक नीता सामकें पसंत आसा. हांवेंय ताची नोखणाय केली. चली दिसपाक जशी आसा तशी गुणानय आसा."

हांवें मर्दोच म्हळें, "आगो, अजून नीता खूब ल्हान आसा. गिरेस्त लोकांक तर ताच्या वस्तींनी सजोवपाक एखादी बावली जाय जावंये. पूण ताका तर खूब शिकपाचें आसा. इतल्या भुरगेपणांत कितें लग्न करपाचें?

'पूण तूं चलो तरी पळय' [illegible] तिणें तिचो आग्रो चालूच दवरलो.

'ज्या गांवाक वचपाचें ना ताची वाट कित्याक विचारची?' हांवेंय म्हजो उप्र विचार कळयलो.

नीता घरांतच आशिल्लें. भितल्ले कुडींतल्यान ताणें आमचें उलोवप आयकल्लें. ती भायर सरली सात, तें भायर आयलें आनी म्हाका विचारूंक लागलें, "मम्मी, तिणें म्हजेखातीर चलो पळयला?"

"हय. ती एक सँपलच." हांवें म्हळें.

"तातूंत ती सँपल कित्याक? हांव कितें आतां ल्हान ना. म्हजे इश्टिणीचें लग्न थारलां

न्हय? तें तर म्हजेपरस दोन म्हयन्यांनी ल्हान. कितेंय व्हडलें करपाचें जांचें ध्येय नासता ते बेगीन लग्न करतात. म्हाका डॉक्टर जावपाचें आसा. तातूंत म्हजे भलायकेचो भरवंसो ना. म्हजेभाशेन रोग आशिल्ल्याक लग्न करपाचें आसता काय ना, कोणाक खबर?''

ताचें उलोवप आयकून अचकीत म्हजे दोळे उकते जाले. म्हाका समजलें, नीता आतां ल्हान चली नासलें. तें व्हडलें, खूब समजिकायेचें जाल्लें.

नीलमाच्या लग्नाचे केळवणेखातीर इश्टिणींच्यो कितल्यो तरी सभा भरल्यो, चर्चा जाल्यो, पयशे एकठांय करून जाले, बाजारांत जायत्यो फेरयो जाल्यो. आनी निमणें तो अहेर विकतो घेवप जालें. हांव हें सगळें पळयतालें. मनांत विचार उप्रासताले, ह्या सगळ्या चलयांनी नीलमाच्या अहेराखातीर आपणाल्या अभ्यासाचो जायतो वेळ, शक्त आनी पयशे होगडायले. घडये फुडल्या वर्सा नीलमाचो हांचेपैकीं कोणाकडेनच संबंधय नासतलो. तें ताच्या नव्या संवसारांत गुल्ल जावन वतलें...

नीलम संबंध विसरचेपयलीं नीताच सगळे संबंध सोडून गेलें. खरेंच, फाल्यां कितें जातलें हेंय देवाक कळ्ळें ना काय? आनी तरी लेगीत भविश्याचो विचार केलेबगर रावं नज. फुडाराची येवजण करपाची ना, तरूय ती करची पडटा. डॉ. ब चे मुलाखतीचो वेळ एक म्हयनो पयलीं थारावचो पडटा. सुटयेंत भायल्या गांवांत वचपाखातीर ट्रेनीच्यो तिकिटी आनी हॉटिलांत जागो मेळोवपाखातीर, म्हयनोभर आदींच वेवस्था करची पडटा.

क्रिसमसाची सुटी सोंपली. १९७७चें वर्स सुरू जालें. मौजमजेचे दीस सोंपिल्ले. कश्टांचे दीस सुरू जाले. ''मम्मी, आतां म्हाका तीन म्हयने खूब कश्ट करचे पडटले. ह्या वर्सा तर मॅडिकल कॉलेजांत प्रवेश मेळोवपाखातीर खूब सर्त जातली. कारण प्रवेशाखातीर आमचे आमी इंटर सायन्सचे अशे दोन गट एकठांय येतले.'' ताणें गंभीरपणान अभ्यास करपाचें थारायल्लें. आनी पिडेन ताका सतावचें. ९९-१०० जोर येतच रावतालो. उणें-चड प्रमाणांत तोंडार आनी हातार तांबडे चट्टे दिसताले. दाव्या पोल्यावेली गांठ उणी जावचे बदला वाडतच वताली आनी ताचे मोहक खळयेक ना करपाचो यत्न करताली. ताच्या दाव्या पांयाच्या धोंपरा सकयल तशोच दोन गांठी जाल्ल्यो. पयलीं त्यो फकत स्पर्शान कळटाल्यो, पूण आतां त्यो तांबश्यो जाल्ल्यान दिसताल्यो.

डॉ. ब च्या एकाय वखदान आनी लोशनान कांयच फायदो जायनासलो. 'आतां हातूंत कांयच जावंक पावचें ना' अशें तांचे वागणुकीवेल्यान दिसतालें. डॉ. अ चेंय तशेंच मत आसलें. तांणी तर स्पश्ट उतरांनी कळयल्लें की हो रोग असाध्य आसा आनी ॲलोपथींत ताचेखातीर कोर्टिझोना शिवाय दुसरे कांयच उपचार नात. कोर्टिझोनान लेगीत ही पिडा बरी जायना, पूण ते परती परती वयर सरपी पिडेच्या त्रासापसून रोग्याक आराम दिता. हो आराम कितलो तेंप तिगतलो ताचो कांयच नेम नासता. पिडेचो हो विश्रांतीकाळ (रेमिशन पिरियड)

कांय दिसांखातीर आसूं येता, जावं वर्सांखातीरय.

जणूं काय हो त्रास उणो आशिल्लो, तातूंत वाड करपाखातीर आतां नीताचे केंस गळूंक लागले. ताच्या उशार, अभ्यासाच्या कदेलाचेर, ड्रेसिंग टेबलाचेर, बाथरुमांत सगळेकडेन ताचे गळिल्ले केंस दिश्टी पडटाले. तें तिडकून म्हणी, ''मम्मी, म्हज्या जोराचेर न्हय तर म्हज्या केंसांचेर कितेंय पूण उपाय कर.'' रमेशाकय नीताच्या केंसांचो खूब हुस्को जातालो. ताचे उणे जाल्ले केंस सट्करून नदरेंत वताले. पूण ताच्या ९९-१०० जोराक नीतान आनी डॉक्टरांनी जशें कितें ताचें सामान्य उश्णतामान म्हणूनच मानून घेतिल्लें जावंये.

हांव देश-परदेशांतल्यान नीताचे पिडेविशीं म्हायती एकठांय करून, तिचो अभ्यास करतालें. तशेंच, म्हज्या जायत्या डॉक्टर इश्टांकडल्यानय सल्लो घेतालें. होमियोपथी वा आयुर्वेदाच्या खांप्या डॉक्टराचें नांव आयकल्यारय हांव तांकां मेळूंक वतालें. तांचें मत आयकतालें, पूण नीताचेर ताचे प्रयोग मात उणे करतालें. खरें म्हळ्यार, कोणूच खात्रीन एकूय उपाय सुचयनाशिल्लो. उलट, कांय डॉक्टरांनी आनी वैद्यांनी अशा प्रयोगाचे आड म्हाका भंय घाल्लो. हांव मॅडिकल पुस्तकां वाचतालें आनी डॉक्टरांक मेळटालें म्हूण रमेशय म्हाका सांगतालो, ''उषा, तूं नीताच्या केंसांविशीं कितेंय तरी कर. दुसऱ्या खंयच्याय डॉक्टराक दाखोवया, नाजाल्यार आयुर्वेद वा होमिओपथीचे उपचार करून पळोवया.''

नीताची बारावेची वार्षिक परिक्षा लागींच पाविल्ली म्हणून नव्या उपचारांखातीर म्हाका हो वेळ फावसो दिसलोना. अभ्यासाचे ओडीन नीता ह्या सगळ्या संकटांकडेन झगडटालें. ताच्या अभ्यासांत आडमेळीं आयिल्लीं जाल्यार तें निर्शेतलें आसलें. त्या काळांत तें हारशांत आपलो चेहरो आनी केंसांची दशा पळोवन खंती जातालें. फांतोडेच्या अंधुक उजवाडांत लेगीत, ताच्या दोळ्यांत आयिल्लीं दुकां दिसतालीं. परिक्षेच्या तोंडार नीताक आपल्या रुपाची जतनाय घेवंक वेळ मेळनाशिल्लो. पूण सुटी पडटकच तें बेचैन जावंक लागलें. निखटें बसून रावप जावचें ना, कितें तरी उपाय करूंक जाय. आतां परिक्षाय सोंपल्या, हांव मनांत येवजितालें.

नीताचे ८ जुलय १९७६चे रगताचे परिक्षेंत सेडिमेंटेशन (जें सामान्यपणान १२-२० आसता) प्रमाण ५५ आशिल्लें तें आतां उणें जावन २२ जाल्लें. ताका दुयेंस जाल्ल्यापासून तें केन्नाच २७चे सकयल वचूंक नाशिल्लें. सेडिमेंटेशऩ प्रमाण चड वाडूंक नाशिल्लें म्हणून नवो प्रयोग करूंक म्हाका धीर आयलो.

त्याच काळांत पम्मीच्या (जिका कॅन्सर जाल्लो) घरा तिच्या मामाकडेन तिची भेट जाली. ते होमिओपथीचें वखद दिताले. सेडिमेंटेशनचें प्रमाण चड जावंक नासल्यार कोर्टिझोनावांगडा होमिओपथीचें वखद दिल्यार ताका डॉ. ब विरोध करिनासले. म्हणून तांबडे दाग, गांठी आनी केंसांखातीर हांव नीताक पम्मीच्या मामान सुचयल्लीं वखदां दिवंक लागलें. ह्या वखदांनी गांठींत आनी जोरांत चडसो फरक पडलो ना. पूण दाग थोडे उणे जाले आनी केंस गळपाचे रोखडेच थांबले. नवे केंसूय येवंक लागले. एका सप्तका उपरांत नीताची तकली केंसांनी परती काळी दिसूंक लागली. नवे केंस नव्या तणावरी उबे राविल्ल्यान नीता खूब खोशी जालें.

नीताची परिक्षा सोंपली. हांवें म्हजे सगळे उद्वेग सोडून दिले. नीताक आनंदी दवरप हेंच म्हजें ध्येय आसलें. डॉक्टरापसून पयस मुंबयचे भायर वचप शक्य नासलें देखून मुंबयंतच रावन म्हाका नीताक खूब मजा करूंक दिवपाची आसली. पूण नीताची येवजण वेगळी आसली. ताका घरांत बसून शिवण, चित्रकला आनी रांदप आदि शिकपाचें आसलें. पंजाबी, सिंधी, मराठी आनी म्हैसूरी इश्टिणींवांगडा तांचे पद्धतीचे पदार्थ करपाचें, खावपाचें, पियेवपाचें आनी गजाली करपाच्यो आसल्यो. दर सकाळ-सांजे तें फिरूंक वतालें. अदीं मदीं चलयो सिनेमाक़ वताल्यो. ताका म्हजे खातीर एक साडी भरपाची आसली. फाटले सुटयेंत डलहौसीच्यान परतीं येतकच ताणें एक साडी भरून आपल्या लंडनच्या आत्याक धाडिल्ली.

''म्हाका तुज्या दोळ्यांक आनी बोटांक त्रास दिवपाचो ना.'' अशें म्हणून म्हाका ताचे पिडेची याद करपाची नासली. म्हणून हांवें म्हळें, ''अशी खटपट केल्यार तूं इश्टिणीवांगडा भोंवंक केन्ना वतलें?'' तरी ताणें आपली एक मॅक्सी भरली, बॅलबॉटम पँट शिंवली आनी म्हजेखातीर लेंस भरले. तें म्हणटालें, ''मम्मी, म्हाका सगळ्यो कला शिकपाच्यो आसात. घडये हांव दोतोर जावंक पावलें ना, म्हजी कूड सारकी उरली ना वा म्हाका तुजेभाशेन घरांत बसचें पडल्यार? म्हाका ह्या सगळे परिस्थितीखातीर तयार रावंक जाय.''

५ एप्रिल १९७७च्या दिसा रमेश परतून परदेशाच्या लांब प्रवासाक भायर सरलो. दुबय, शारजा, पॅरीस, कॅमरून आनी इंग्लंड. तो केन्ना खंय आसतलो तें थारिल्लें नासतालें. खूबदां तो शारापसून पयस आसतालो, जंयसून आंतरराष्ट्रीय फोनाची सोयय नासताली. म्हणून शक्य तेन्ना ताणेंच आमकां फोन करचो अशें आमी थारायलें. फाटले फावटीची म्हजी धमकी आनी तिडकपाचो ताचेर परिणाम जातलोच अशी म्हजी खात्री आशिल्ली.

रमेश भायर गेल्ल्यान चलयांनी आपणाल्या इश्टिणींक आमगेर रावंक आपयल्लीं. दिल्लीच्यान रुपा आयिल्लें. रुपा आनी नीता मेळटकच घरांतच कपडे आनी दागिन्यांचें प्रदर्शन भरयतालीं.

''उषाआंटी, तुवें नीताक हो ड्रेस ह्या दागिन्यांखातीर शिंवला काय वस्त ड्रॅसाखातीर घेतल्या?'' कपड्यांक फावशी वस्त पळयतकच रुपा म्हाका विचारतालें. तीं दोगांय तर सगळ्यो वस्ती घालून पळयतालींच, पूण म्हाकाय घालूंक लायतालीं आनी मजा करतालीं. त्या दिसा अजापान रुपान म्हळें, ''आंटी, म्हजो तर विश्वासच बसना की तूं कानांत अशे झुमके घालता म्हणून!''

''त्या वेळार ती कुमारी उषा आशिल्ली. आज ती नीता-अल्पा ह्या दोन टीनएजर चलयांची आवय आसा.'' नीतान म्हळें. आनीक एक कानांतली वेड दाखयत म्हळें, ''रुपा, ह्यो म्हजे आज्जेन, म्हळ्यार मम्मीचे आवयन, हांव एस्.एस्.सी. पास जालें तेन्ना बक्षीस म्हूण दिल्ल्यो.''

''एस्.एस्.सी. पास जालें म्हूण हिन्याच्यो वेडी? तुजी आजी तर खूब गिरेस्त आसा दिसता.'' रुपान म्हळें.

''ना, तशें कांय ना. तिणें तर ह्यो म्हज्या लग्नांत दिवपाखातीर सांबाळून दवरिल्ल्यो. पूण मागीर तिका अशें दिसलें, म्हजें लग्न जायम्हणसर रावचें कित्याक? तेन्ना आपूण जिवी आसत नासत. ताचेपरस आतांच नीताच्या कानांत पळोवन खोस कित्याक भोगची न्हय?'' नीतान अशी

जाप दिली. पूण सगळें जावंचे पयलीं तेंच हो संवसार सोडून गेलें.

"देवान म्हाका सुबुद्धी दिली आनी नीताक ह्यो वेडी हांवें पयलींच दिल्यो." म्हजे आवयची अजूनय देवाचेर श्रद्धा आसा.

रुपा गेलें आनी अहमदाबादे साकून माया आयलें. एप्रिल म्हयन्याचो तो निमणो आयतार. २४ तारीख. मायान, आदल्या दिसा नीताक बक्षीस दिल्लें पुस्तक 'द फायनल डायाग्नोसिस' हातूंत ही तारीख घाल्ली आसा.

मायाक मेळपाखातीर मुंबयच्या आय.आय.टीं.त अभ्यास करपी ताचो भाव नरेश आमच्या घरा आयिल्लो. माया मेडिसीनची विद्यार्थिनी आशिल्लें आनी नरेश इंजिनियरींगचो विद्यार्थी आशिल्लो. नीताक अजून ताचो वेवसाय थारावचो आसलो. म्हूण खंयचो वेवसाय बरो हाची चर्चा चलिल्ली. नीताक जावंचें आसलें डॉक्टरच. पूण ताका गणितय खूब आवडटालें.

"बायोलॉजी आनी गणित ह्या दोनूय विषयांचो संयोग करपी कसलोय वेवसाय ना काय" हाची जाप म्हूण नरेश 'बायोइंजिनियरींग'विशीं म्हायती सांगतालो. हें नांव नीतान पयलेच फावटी आयकल्लें. म्हूण तें हें सगळें लक्ष दिवन आयकतालें. ह्या विशयाचेर शास्त्रज्ञ रोगी आनी अपंगांखातीर फर्निचर, कृत्रिम अवयव आनी शरिरीक व्यंग सुधारपाखातीर यंत्रां, देखीक सारकें आयकूंक येवपाखातीर 'हिअरिंग एड' तर काळजाचे ठोके सुधारपाखातीर 'पेसमेकर' तयार करतात.

नीता गजाली आयकुपांत गुल्ल जाल्लें. ताचो चेरो आनी दाव्या दोळ्या सकयलो चडसो भाग सुजूंक लागिल्लो. नीताचें ताचेकडेन लक्ष नाशिल्लें. दुसऱ्या कोणाचेंय बी. ताचे उपरांत चर्चा सोंपतकच तांचें भायर फिरूंक वचपाचें थारतालें. नीताचें लक्षण म्हाका बरें दिसलें ना.

"आयतारचे गर्देंत भायर खंय वतलीं? ताचे परस घराच बसून गजाली करात. हांव तुमचेखातीर खावपाक करून हाडटां."

तांणी म्हजी ही सुचोवणी मानली आनी हांव त्या तरूण कंपूंतल्यान उठून भितर गेलें.

दुसऱ्या दिसा माया तांच्या एका सोयऱ्याकडेन गेलें. आमी डॉ. ब क मेळूंक गेलीं.

"तुवें काळींग खाल्लें गो?" नीताच्या सुजिल्ल्या तोंडाकडेन पळोवन डॉ. ब न विचारलें.

"हय." नीतान जाप दिली.

"ताचीच ॲलर्जी दिसता." अशें म्हणून तांणी विशेश कसलो उपचार सांगलो ना. पूण सगळें खावपाची परवानगी दिवपी डॉक्टरांनी पयलेच फावटी नीताक वर्ज्य अशा पदार्थांची यादी बरोवन दिली. हे यादींत आशिल्लीं चॉकलेट, तांतयां, काळींग, काजू, बदाम आनी भिकणां. हे आदीं नीता तांच्याच सल्ल्याप्रमाण कॅलरीज भरपूर आशिल्ल्यो बियो आनी बदाम खातालें आनी ताचो ताचेर कांयच वायट परिणाम जावंक नासलो.

डॉ. ब न आमकां काळंगाची ॲलर्जी म्हूण थाकाय दिली. पूण तांचो आनी तांच्या मदतनिसाचो संवाद हांवें आयकलो.

"तुमकां ही कॉलेजन डिसीजची कुरू दिसता? म्हाका तशें दिसना" अशें म्हणून डॉ. ब न जनेलाचे पडदे सरकावन, चड उजवाडांत नीताचो चेहरो बारीकसाणेन पळयलो. मागीर नीताची

फाट थापटून तांणी म्हळें, ''चल बाय, चल. आगो, दोन दिसांत तूं बरें जातलें.'' पूण तांच्या त्या उलोवपांत सेर्तेज नासली. घडये तांकांय दिसपी कटू सत्य तांकां आपणावपाचें नासलें जावंये.

दोन दिसां उपरांत नीताच्या तोंडावेली तांबडी खूण सारकी पाख्याच्या आकाराची दिसली. ही आसता एस्.एल्.ई. रोगाची कुरू. चडशा रोग्यांचे बाबतींत हीच सगळ्यांत पयली कुरू. पूण नीताच्या तोंडार ह्या चट्ट्यांनी पयलेच फावट पाख्याचो आकार धरिल्लो. कांय रोग्यांचे बाबतींत हो दाग इतलो तांबडो आसता की पयलीं ह्या रोगाक 'वूल्फ फेस' लेगीत म्हणटाले. कांय वेळार हो इतलो पुसट आसता की रोगाचो संशय दिसलो म्हूण जर कोणेंय बारीकसाणेन लक्ष दिवन पळयलें तरच तो दिसता.

सुमार एक म्हयन्याउपरांत ४ मेक रमेश परदेशांतल्यान परतो आयलो. इंग्लंडासाकून ताणें २० एप्रिलाक कॉल केल्लो. तेन्ना नीताची स्थिती तो वता आसतना पळोवन गेल्लो तशीच आसली. आतां मात ताच्या तोंडावयले दाग चड जाल्ले. स्वदेशी मालाचो आग्रो धरपी रमेशान पयलेच फावटी चलयांखातीर कॅमेरा, परफ्यूम्स, नेल पॉलीश आदि आनी आपणाल्या वेवसायाखातीर थोड्यो वस्तू हाडिल्ल्यो. तो हें सगळें चलयांक दाखोवपाक उत्सुक आशिल्लो. आनी तेय परस चड उत्सुक आशिल्लो इतल्या दिसांच्या विरहा उपरांत आपणाल्या मनशांक मेळपाक. न्हिदिल्ल्या नीताचो चेहरो पळोवन ताका धक्कोच बसलो. नीताचे कुडींतल्यान भायर येवन ताणें म्हाका म्हळें, ''उषा, हाका हें कितें जालां गो?''

नीता जागें जाल्लें. ताणें पप्पाचीं उतरां आयकल्लीं. आपणाले कुडींतल्यान भायर येवन ताणें म्हळें, ''पप्पा, म्हजो चेहरो भिरांकूळ दिसता न्हय?''

रमेशाक खूब वायट दिसलें. ताच्या तोंडांतसून नकळयां उतरां भायर सरिल्लीं. पूण आतां तो एकूय उतर उलोवंक शकलो ना.

पप्पाक धीर दिवपाखातीर ताणें म्हळें, ''पप्पा, आमी डॉ. ब क मेळून आयलीं. पॅथॉलॉजिस्टा कडेनय वचून आयलीं. म्हजें सेडिमेंटेशन प्रमाण आतां बरेंच उणें आसा. फकत ३२ आसा. आनी एस्.एल्.ई. टेस्टचे परिणामय नकारांत्मक आसात.'' त्यावेळार ताका खबर नाशिल्लें की एस्.एल्.ई.चे परिणाम शंबर टक्के खात्रीचे नासतात.

रमेशाक व्हडलो धक्को बसलो. ताणें म्हळें, ''उषा, तुवें फोनार तरी सांगचें आसलें. तुमच्या सगळ्यांपरस म्हाका म्हजो धंदो व्हड आसा?''

हांवें ताका समजावन सांगलें की ताणें इंग्लंडासाकून फोन केल्लो तेन्ना नीता ताचे इश्टिणीवांगडा मजा करतालें आनी तेन्ना दिसभर घराच आशिल्ल्यान ताचे दागय उणे जाल्ले. ह्या सप्तकापसून घरांत रावनय ताचे दाग चड तांबडे दिसताले. वताक लागून ते वाडटात म्हणून वतांत वता आसतना नीता सदांच लांब हाताचे कपडे घाली. ह्या सप्तकापसून दाग, दनपारापरस सांजचे, सुमार पांच-स वरांचेर चड जावंचे. चेहऱ्यावांगडा हातय तांबड्या तांबड्या दागांनी भरताले म्हणून तें सांजेचेंय भायर वचनाशिल्लें. आमी दोगांय कॅरम आनी स्क्रॅबल्स खेळटालीं. केन्नाय तें काणयांचें पुस्तक वाची. ताच्या एकट्याचो हांसपाचो आवाज आयलो

काय म्हाका कळचें की तें एखादें पी.जी. वूडहाउसचें पुस्तक वाचता म्हूण.

नीताच्या दुखण्याचें दृश्य पळोवन रमेश थर्त भियेल्लो. ताका आतां नीताच्या दुयेंसाचो सिरिअसनेस जाणवल्लो. नीताक, ताचे लाडके चलयेक असो भिरांकूळ रोग जावप शक्यच ना. पयलीं तर तो अशी कठोर कल्पना पयसच दवरतालो. पूण आयज ताका ती सत्य म्हणून आपणावची पडली. त्या दिसापसून ताणें नीता बरें जायमेरेन प्रवास करचो न्हय म्हूण थारायलें. तो हांवें एकठांय केल्लीं पुस्तकां, मासिकां आनी म्हायतीपत्रकां वाचूंक लागलो. मागीर तर आमी घोव-बायलेमदीं एकूच संवाद जातालो. तो विचारतालो, ''तुका कितें दिसता? डॉ. ब कितें म्हणटा? एस्.एल्.ईच आसतलो काय? दुसऱ्या तज्ञांक दाखोवया?''

हांव जाप दितालें, ''हें पळय, जें कितें करपाचें आसा तें जतनाय घेवन करपाचें. नीताक ताचो मातूय दुबाव येवंक जायना. ताका मातपसून मानसिक त्रास जावंक फावना. म्हाका ताका खूब आनंदांत दवरपाचें आसा. तुमीय मातशे हांसूंक शिकात.''

नीता, ताच्या निमण्या दिसांत खूब फावटी म्हणी, ''पप्पा, यू मेक मी फील एज इफ आय एम इन ए ग्रेव्ह.'' (पप्पा, तुमी म्हाका हांव मरणा फोंडांत आशिल्ले भशेन पळयतात.)

अल्पाक घडये नीताच्या दुयेंसाची गंभीरताय खबर नासत, पूण ताच्या हालचालींनी नीताच्या मनाक जावपी त्रासाची ताका कल्पना आसली. म्हजी मनस्थिती ताका सारकी कळटाली. म्हूण सुटी आसूनय तें आमचेपसून पयस वचपाक तयार नासलें. खूब समजायतकच तें चार दिसांखातीर म्हज्या आई-बाबावांगडा लोणावळ्याक गेल्लें. तें ताच्या इश्टिणींक घरा आपयनासलें आनी आपूण जावन तें तांच्याय घरा वचनासलें. सगळो दीस तें म्हजी सावळी जावनच रावतालें. ताका लागून हांवूय बेजार जातालें. म्हाका रडपाची लेगीत संद मेळनासली. हांव बाथरुमांतल्यान भायर आयलें काय अल्पा म्हजेखातीर हून च्याचो कप धरून उबें रावतालें. म्हजे फाटीर हात ओडीत ताणें म्हणचें, ''पिवन घे.'' हाचे पेल्यान आमचे मदीं खूबच उणें उलोवप जातालें. एकदां ताणें म्हाका विचारिल्लें,

''मम्मी, नीताक कितें जालां?''

''म्हाका खबर ना.'' इतलें उलयतनाय म्हजे दोळे भरिल्ले. ते उपरांत ताणें निमणे मेरेन म्हाका हो प्रस्न विचारलो ना. घडये ताका हें सगळें खबर आसुंये. आमच्या सगळ्यां परस ताचें वाचन चड आसा. ताका तर घराच एक ग्रंथालय करपाची हौस आसा.

१८ मे १९७७ची सांज. दुसऱ्या दिसा अल्पाचो वाडदीस आशिल्लो. ''अल्पा, फाल्यां तूं तुज्या इश्टिणींक जेवंक आपय.'' हांवें म्हळें.

''मम्मी, म्हाकाय इल्ली जाणविकाय आसा.'' जड अंतकरणान ताणें म्हळें. म्हाकाय खूब वायट दिसलें. हांवें रोखडेंच म्हळें, ''अल्पा, म्हाका क्षमा कर. तुका दुखोवपाचो म्हजो उद्देश नासलो. उरफाटें, हांव तर तुका खुश करपाचो यत्न करतालें.''

१९ तारखेक सकाळपसून नीताक १०२ जोर आशिल्लो. तें हांतरुणांतल्यान उठलें लेगीत ना. सांजवेळा ताचो जोर उणो जालो आनी ताका मातशें बरें दिसलें. ताणें म्हळें, ''मम्मी, तूं आनी

अल्पा देवळांत वचून येयात. जानकी म्हजे म्हऱ्यांत बसतली.''

अल्पा ताच्या वाडदिसा देवळांत वच. नीता ताच्या १९७२च्या दुयेंसा उपरांत केन्नाच देवळांत वचूंक नासलें.

१९ मेचे सांजेपसून नीताचो जोर उणो जावंक लागिल्लो. २० तारखेक १०० आसलो आनी २१क ९९. आनी उपरांत खूब दीस तो ९९ अंशांचेरच थांबिल्लो. ताच्या चेऱ्यावेले दागय नाशे जाल्ले. पूण पोले आनी पांयांवेल्यो गांठी आनी हातावेल्या दागांत कांयच फरक पडूंक नासलो. डॉ. ब न काय नवे उपचार सुचोवंक नासले. म्हूण पंदरा दिसां पसून आमी तांचो संपर्क सादूंक नासलो. तें होमियोपथीचें वखद घेतालें आनी ताच्या हाताक हांव कोडुलिंबाचीं उकडिल्लीं पानां बांदतालें (भुरगेपणांत ह्या उपचारान ताच्या आंगार उठिल्ल्या पित्ताचेर फायदो जातालो.) आनी गांठीचेर आयुर्वेदिक वैद्यांनी दिल्लो लेप लायतालें. कितें तरी उपचार केल्ल्यान मनाक समाधान मेळ्ळेबगर दुसरो कांयच फायदो जायनासलो. नवे उपचार करून पळयले काय दोन दीस थोडी सुधारणा जाल्ल्याचो भास जातालो, पूण बेगीनच हे फकत भासच आशिल्ले हाची जाणविकाय जाताली. स्पश्ट दिसता असो फायदो आसलो तो माथ्यावेल्या केंसांचे वाडींत. केंस इतल्या प्रमाणांत वाडिल्ले की ताच्यो इश्टिणी केंस वाडोवपाखातीर होमिओपथीचीं वखदां घेवंक लागल्यो. पूण सगळ्यांकच इतलो फायदो जालो ना. दुयेंसाक लागून गेल्ले केंस परते येताले.

तोंडावेले दाग नाशे जाल्ल्यान आनी तकली केंसांनी भरिल्ल्यान नीता परतें आनंदीत जाल्लें. ३ जुनाक ताणें म्हाका म्हळें, ''मम्मी, या गो आमी बाजारांत. पांचशें रुपया घेवन दवर.''

म्हाका अजाप जालें. हांवें विचारलें, ''येदी व्हडली कसली खरेदी करूंक जाय तुका?'' आमी ताचे खातीर एकाच वेळार जर दोनशें रुपयांचे कपडे घेतले तरीय ताका ते चडूच दिसताले. म्हज्या प्रस्नाची जाप दीत ताणें म्हळें, ''म्हजेखातीर न्हय, तुजेखातीर आमी खरेदी करपाची. म्हजेलागीं तर खूब कपडे आसात. फुडल्या सप्तकांत तुजो वाडदीस आसा. आयज जर आमी साडी घेतली तर ताचेर फॉल लावन आनी ताचेर सोबसो पोलको शिवन तूं ती तुज्या वाडदिसाक न्हेसूंक शकतली.''

''म्हजेलागीं खूब साडयो आसात.'' हांवें म्हळें. ताचेर ताणें म्हळें,

''मम्मी, म्हज्या दोळ्यांक दिसता हां. पळय आतां म्हजी भलायकी बरी आसा. म्हाका हीं तुजीं आपणावेलीं बंधनां पसंत नात. आतांपसून तुवें नवे कपडे घेवपाचे, न्हेसपाचे आनी भायर सरपाचें. हांव नटून थटून फिरतां आनी तुवें म्हजेखातीर घरांत बंदी जावन रावपाचें?''

ताणें म्हाका बळयां बाजारांत व्हेलें. हांवें ताका वता आसतनाच सांगलें, ''पळय नीता, हांव सिल्क जावं म्हारग साडयो घेवचेंना. हांव पार्टेक बी वचना आनी वचचेंय बी ना. म्हूण त्यो ओगीच आरमारींत दवरच्यो पडटल्यो. तूं जर न्हेसतलें तर आमी तुजेखातीर तुजे आवडीची साडी घेवंया.''

''मम्मी, तुवें पार्टेक वचूंक जाय. हांवें तुका सांगलें न्हय हांव आतां बरें आसां म्हूण.'' ताणें आपणालो हट चालूच दवरलो. हांवें म्हळें, ''आगो, पूण हांवें तुका केन्ना म्हळां की हांव तुका लागून पार्टेक वचना म्हूण? म्हाका आतां वयलेचाराचें आनी औपचारीक 'तुमी कशीं

आसात? बरीं आसात.' इतलें म्हणपाखातीर एकठांय जावपाचे समारंभ मानवनात. हांव म्हज्या इश्ट-इश्टिणींकडेन मुजरत वचन. पूण थंय वचूंक इतल्या म्हारग साडयांची गरज ना.''

निमणें आमी ऑरगंडीच्यो दोन साडयो आनी नीताचे मॅक्सीखातीर तांबडो कपडो घेतलो आनी घरा आयलीं. ताचेखातीर घेतिल्लो कपडो आरमारींत दवरता आसतना ताणें म्हळें, ''मम्मी, सध्या म्हजेलागीं खूब कपडे आसात. हाचो म्हज्या वाडदिसाक ड्रेस शींव. थंडेचोच रंग हो.'' गिमांत तें धवे वा लेव कोराचे कपडे घालतालें.

'दी फायनल डायग्रोसिस' पुस्तक वाचपाक ताका दोन दीस लागले. तोमेरेन ताची कूड परिक्षेच्या वेळार करतालीं तशीच सायलन्स झोन (शांतता वाठार) म्हूण जाहीर केल्ली. ताची इश्टीण आरती ताचे वांगडा फोनाचेर अर्द वर चिकटून आसतालें. मागीर दोनूय वटांनी 'हाचे बदला इश्टिणीक घरा आपय' अशा आमच्या आड्डींक लागून कंटाळून तें फोन बंद करतालें पूण त्या दिसा ताणें म्हळें, ''आरती, हांव एक खूबच इंटरेस्टिंग पुस्तक वाचतां. म्हजें वाचून जातकच तुका दितां.'' आरतीक वाचपाचो तितलोच नाद म्हूण तेंय कांय चड उलयलें ना. पूण अनीताक इतले बेगीन पटोवंक सोंपें नासलें.

अनीता नीताची कॉलेजांत मेळिल्ली नवीच इश्टीण आसली. तें नीताक सिनेमा पळोवपाक वचपाचो आग्रो करतालें आनी नीता ताका आपणालो वाचपाचो नाद लावपाचो यत्न करतालें. फोन बंद जातकच हांवें नीताक म्हळें, ''इतली खटपट करचे परस, अनीताक सांगचें आशिल्लें की आयज आपणाक आजोळा वचपाचें आसा म्हूण.''

ताणें फट् करून म्हळें, ''फटी कित्याक उलोवपाचें? आज म्हाका खटपट करची पडली. पूण आतां ताका म्हजो सभाव कळ्ळो. तेन्ना दर खेपेक नवीं कारणां सोदचीं पडचिंनात.''

तें जें खरें मानता, ताचोच हट धरी. ताचे सगळे शालेय जिणेंत म्हाका ताचेविशीं तक्रार आयकूंक एकदांच शाळेंत वचचें पडिल्लें. तेन्ना तें धावेंत आसलें. शाळेचे बसींत सगळ्याच चलयांक जागो मेळनासलो. बसीची वेवस्था पळोवपी एके शिक्षिकेन एके मोटे चलयेक म्हळें, ''आगो मोट्या, आंग चोरून बस.'' नीतान म्हळें, ''पळय कोण उलयता हें.'' (ती शिक्षिकाय आंगान खूब मोटी आनी मोटवी आशिल्ल्यान चलयो आपणाभितर तिका 'मिनी बॉल' म्हणटालीं.) शिक्षिकेन नीताचें उलोवप आयकल्लें. नीतान 'सॉरी' म्हळें ना आनी म्हाका शाळेंतल्यान आपोवणें आयलें.

''जर बाईक वायट दिसता जाल्यार ते चलयेकय वायट दिसलेंच आसतलें न्हय?'' नीतान प्रस्न केलो.

''तुका तांचें उलोवप आवडलें ना तरीय तुवें तांकां तशें सगळ्या चलयांमुखार म्हणपाचें न्हय. तुवें तुजें मत बाईक प्रत्यक्ष सांगपाचें.''हांवें ताका समजायलें. प्रिन्सिपॉलान बाईक सांगलें, ''हालींच्या काळांत शिक्षकांचें अरेरावी वर्तन, हेंच खरें अशें चलचें ना.'' अशे तरेन निमणें त्या झगडयाचो शेवट जालो.

चड करून नीता शिक्षिकांची लाडकी विद्यार्थिनी आशिल्लें. केन्ना केन्ना ताचे वटेन पक्षपात लेगीत जातालो. तें पयलेच्या वर्गांत आसलें तेन्ना नीतान मस्ती केल्ली पूण बाईन ताचे शेजारचेच

चलयेक ख्यास्त दिल्ली. ते चलयेन मागीर जेवणाचे सुटयेंत नीताच्या पोल्याक सामको सणसणीत घांस मारिल्लो. त्या दिसा तें शाळेंतसून परतें आयलें तेन्ना ताचो पोलो तांबडो जाल्लो.

त्याच वेळार शाळेंत शिकिल्ल्या बालगीताची एक वळ यादीन हांव ताका म्हणी, "तुजो चेरो हेंच तुजें भाग्य." पूण ह्या दुयेंसांत जेन्ना त्याच चेऱ्याक पळोवन म्हणटाले की हें चली दुयेंत आसूंकच शकना तेन्ना हांव म्हणी, "नीता, तुजो चेहरो हेंच तुजें दुर्भाग्य."

'द फायनल डायग्नोसिस' ह्या पुस्तकांत लेखक एका व्हडल्या हॉस्पिटलांत काम करपी कांय डॉक्टरांचे व्यावसायिक जिणेचित्र दाखयतात. ह्या डॉक्टरांमदीं पिरायेचें, ज्ञानाचें, शिक्षणाचें आनी सभावाचें वेगळेपण आसता. एक जाण्टो डॉक्टर आपणाल्या जायत्या वर्सांच्या अणभवान दोन विरोधी मतांत रोग्याचे पांय कापपाचो कठीण निर्णय घेतात, जो पोस्टमॉर्टम करतकच खरो थरता. पूण होच डॉक्टर नवे पिळगेच्या सुचोवण्यांक कांय न्हयशें करून आपणालोच निर्णय खरो अशें म्हणून एके गुरवार बायलेची फावो ती रगताची तपासणी करिना. ताका लागून ते बायलेचें नवजात बालक मरता.

हें पुस्तक वाचून जातकच नीता सायलन्स झोनांतल्यान भायर आयलें. "मम्मी, तुवें हें पुस्तक वाचूंकच जाय. डॉक्टरांचे चुकीखातीर भुरगें मरता. चुकीपरस हांव तर म्हणटां, तांचे हटीपणान. जाण्टे डॉक्टर आपूण शिकलां तेंच खरें अशें समजतात. नवें कितें वाचपाचें, शिकपाचें तांकां गरजेचें दिसचना. आनी नवे पिळगेचें तांकां कांयच आयकुपाचें नासता. पळय मगे, म्हज्याय रोगाक डॉक्टरांनी मानसिक रोग, प्लुरसी अशीं कित्याकितेंय नांवां दवरलीं. म्हज्या मतान, मॅडिकल क्षेत्रांत, जांकां त्या विशयाची खरी आवड आसा, नवें नवें शिकपाची, जाणून घेवपाची इत्सा आसा, तांणीच वचचें. फकत सेवाभाव आसून चलना."

सतरा वर्सांचें जावनय, नीताचो वयले वटेनचो एक दुदाचो दांत पडपाचो उरिल्लो. ताका लागून ताका त्रास जातालो. आमी दांतांच्या दोतोराकडेन गेलीं आनी तांचे सुचोवणेप्रमाण ह्या दांताचो एक्स-रे काडून घेतलो. ८ जूनाक सांजवेळा तो दांत काडपाचो आसलो. दनपारां म्हज्या मनांत विचार आयलो की नीताचे प्रकृतीचो भरवंसो ना. देखून अशे कांय उपचार करचे पयलीं डॉ. ब चो सल्लो घेतिल्लो बरो. हांवें तांकां फोन केलो. तांणी रोखडेंच म्हळें, "नाका नाका, सध्या अशें कांयच करुं नाका. घडये ताचो घाव बरो जावंक पावचो ना वा रक्तस्राव बेगीन थांबचोय ना. ताची स्थिती बरी ना. सध्या जशें चल्लां तशेंच आसुंदी. ताका आनंदांत दवरात..."

आयज तर तांणी सगळें स्पश्ट उतरांनी सांगलें. सगळें काय सांगप जालें. फोनाचेर तांकां खंय म्हज्या तोंडावेले भाव दिसतले?

नीता खऱ्याचो आग्रो धरपी आनी ताकाच समजावपाखातीर म्हाका फट उलोवचें पड. हांव डॉ. ब वांगडा फोनाचेर उलयलें आनी ते उपरांत फोनाचेरच दांतांच्या दोतोराची अपोयंटमेन्ट रद्द केली. तेन्ना नीता ताचे कुडींत इश्टिणीकडेन गजाली मारतालें. इश्टिणी गेले उपरांत हांवें

ताका म्हळें, "नीता, आयज तुजो दांत काडून घेवपाचो ना. फाल्यां म्हजो वाडदीस. घडये तो मेरेन तुजी सूज देंवली ना वा घाव भरून आयलो ना जाल्यार तुका कांयच खावंक येवचें ना."

९ जुनाक, खूब उत्साहान सगळ्यांनी म्हजो वाडदीस मनयलो. आदले रातीपासून बापूय आनी धुवांची गडबड चलिल्ली. सकाळीं उठून पळेत जाल्यार म्हजे सामकार फ्लावरपॉटांत सुंदर फुलांचे गुच्छ आशिल्ले. ते सांजेचीं आमी जेवपाक भायर गेलीं. थंय जेवता आसतना नीतान म्हाका विचारलें, "मम्मी, आयज तर तुजो वाडदीस. मदर्स डे सारको जालो ना न्हय?"

हांवें म्हळें, "ना", आनी तरीय म्हज्या दोळ्यांत दुकां आशिल्लीं. खोशयेचीं काय दुःखाचीं? घडये हो म्हजो निमणोच वाडदीस आसुंये जो आमी चौगांनी मेळून मनयल्लो.

नीतान आपणें भरिल्ली मॅक्सी दिवाळेखातीर सांबाळून दवरिल्ली. म्हजेलागीं तितलो धीर नासलो म्हूण त्या दिसा, म्हज्या वाडदिसाखातीर कितें न्हेसचें हाचो विचार तें करतालें तेन्ना हांवें ताका म्हळें, "नीता, आयज तूं तुजी भरिल्ली मॅक्सी घाल. तुका दिसना, दिवाळे परस मम्मीचो वाडदीस व्हडलो सण म्हूण?" बेगोबेग अल्पान म्हळें, "कोणाक खबर, दिवाळे मेरेन मॅक्सीची फॅशन उरतली काय ना? हांव तर सगळें उजार करपांतच खोस मानतां."

आनी दिवाळे पयलींच तें हें जग सोडून गेलें. ताणें व्हडा आवडीन एकठांय केल्ल्यो वस्तू आमचे खातीर ताचें 'स्मृतिधन' म्हूण सोडून.

एम्.डी. जाल्ली एक डॉक्टर भयण तिच्या भुरग्यांचे कपडे विकते घेवपाक आमचेसरीं येताली. तिचो घोवय एक निष्णात डॉक्टर. तिणें आनी घोवान धा वर्सां इंग्लंडांत काम केल्लें. एक दीस तीं घरा आयलीं तेन्ना हांवें तिका विचारलें, "एस्.एल्.ई. रोगासंबंधीं तुजें कितें मत?"

नीताच्या तोंडार पांख्याच्या आकाराचो दाग पळयलो त्या दिसापसून ताका तोच रोग आसा अशी म्हजी खात्री जाल्ली.

"कित्याक? कोणाक जाला?" डॉक्टर भयणीन विचारलें.

"आमच्या एका लागींच्या इश्टाचे चलयेक." हांवें म्हळें.

"हें दुयेंस भिरांकूळ. एक फावट हें जालें काय तें बरें जायना, उरफाटें वाडतच वता. तो एक प्रगतशीळ रोग. तातूंत रोग्याक खूब दूख सोंसची पडटा. ते मरणाखातीरच जगतात. तो एक असाध्य रोग. देखून दुयेंतीक उण्यांत उणी दूख कशी सोंसची पडटली हेंच पळोवपाचें आसता."

आमचें हें उलोवणें चालू आशिल्लें इतल्यांत नीता उदक पियेवपाखातीर ताचे कुडींतल्यान भायर आयलें. डॉक्टराक पळोवन 'तुमी कशीं आसात?' अशें मुमुरख्या हांश्यान म्हणीत तें रांदचे कुडींत गेलें. ताका पळोवन डॉक्टरान म्हळें, "तुमची ही चली खूब अपुरबायेची, मोगाळ आनी उत्साही आसा. सकाळचे पाळीवेळार हांव हॉस्पिटलांत वतां तेन्ना तें सडसडीत कॉलेजांत वतना दिश्टी पडटा."

हांवें मनांत म्हळें, 'हय डॉक्टर, हेंच तें चली जें मरपाखातीर जियेत आसा...'

म्हज्या एका डॉक्टर इश्टाच्या मताप्रमाण एस्.एल्.ई. हो कॅन्सर परसूय भयांकूळ रोग. केन्ना खंयच्या अवयवाचेर तो हल्लो करीत हाचो कांयच नेम नासता. अमेरिकेंतल्यानय अशीच

निर्शेवणेची जाप मेळटाली. गेल्ले इकरा म्हयने डॉ. ब फी घेनाशिल्ले. आमचें समाधान करपाखातीर ते नीताक दिता त्या व्हिटामिन्सांभितर मातसो बदल करी. उंची वाडोवपाखातीर तांणी कॅल्शियम आनी मल्टीव्हिटामिनाचें नांव बरोवन दिल्लें. हाचेबगर दुसरे कसलेच उपचार तांणी सुचोवंक नासले आनी निमणे खेपेक तर फोनार स्पश्टपणान सांगिल्लें की नीताची स्थिती बरी ना.

नीताक खोशी दवरपाक हांवें म्हजे सगळे उद्देग सोडिल्ले. पूण नीताक म्हजी चडशी गरज लागनासली. तें आपणाल्याच छंदांत जावं इश्टिणीवांगडा गुल्ल आसतालें. ताका लागून नीताची चिंता करपाक म्हाका खूब वेळ मेळटालो. आतां रमेश लेगीत मॅडिकल पुस्तकां वाचतालो. देखून आमच्या दोगांमदीं कॉलेजन रोगासंबंधीं उलोवप जातालें. हांव नीताचें दुयेंस विसरपाचो यत्न करतालें. तर रमेश परती परती ताचीच याद काडटालो. ह्या सगळ्या कारणांक लागून, पयलीं दिसनासली ती निर्शेवणी म्हाका दिसताली. निर्शेवणेचे विचार नीताचे फाटल्यान येताले. नीता लागीं आसतालें तेन्ना ताच्या उत्साहाचो वसो म्हाकाय लागतालो. हांव आपणाकच म्हणी, 'तूं कितलें मूर्ख! दोळ्यांमुखार हांसपी चली आसा ताचो सहवास पुरायेन भोगचे बदला रडत कित्याक बसता? अजूनमेरेन एकाय डॉक्टरान स्पश्टपणान रोगाचें नांव सांगूंक ना. हालीं तें केन्नाच उदास दिसूंक ना. केन्नाच ताची उमेद उणी दिसली ना. घडये ताका हो रोग नासूं येत...' आनी म्हजे आशेक परते आंकुर फुट्टाले. अशे तरेन आशा-निराशा हातूंत म्हजें मन हुमकळटालें.

हांव त्या हय-न्हयशा संशयाचे परिस्थितींतच रावंक सोदी. डॉ. अ न जेन्ना सांगलें की आतां हाचेर कांयच उपचार ना, आनी डॉ. ब न म्हळें 'सध्या जशें चललां तशेंच चलुंदी, ताची स्थिती बरी ना', तेन्ना हांवें ते सांगणेचें स्पश्टीकरण विचारलें ना. हांवें ताका विचारलेंय ना की डॉक्टर हाचो अर्थ कितें? आनी ताचे स्थितींत कितें बिघाड जाला? म्हाका म्हजे लाडक्े अपुरबायेचे धुवे संबंधीं एस्.एल्.ई. अशे अशुभ शब्द आयकुपाचे नासले. डॉक्टरांनी ते उलोवन दाखयले नात म्हणून म्हाका इल्लें बरें दिसलें. दुयेंसाचें गंभीरपण हांवें आपणायल्लें. पूण सेर्त अशे हताश परिस्थितीपरस हयन्हयशी आशा दिवपी स्थितींत रावप म्हाका चड मानवतालें.

११ जुनाक बारावेचो निकाल जालो. नीता बरे गूण मेळोवन पास जालें. सकाळसावन लोक ताका परबीं दिवंक येताले. "नीता बरे भशेन पास जालें. तुमकां तर तो चलोच म्हणा. सांगात, केन्ना पार्टी दितात?" लोक आपणाली खुशी उकतायताले आनी पार्टी मागताले. रमेशाक आनंद आनी अभिमान दिसतालो. म्हजें हांसप मात जीव नाशिल्ले वरी जाल्लें. म्हाकाय रमेशा इतलोच आनंद जावचो, अभिमान दिसचो अशें म्हाका दिसतालें. पूण मनांत नकळयां भंय रिगिल्लो जो म्हजे उमेदीक गिराण लायतालो.

ते राती म्हाका एक विचित्र, वायट सपन पडलें. सकाळीं पार्टी मागपी शेजारी, इश्ट, आप्त अशा असंख्य मनशांनी आमचो हॉल भरिल्लो. पूण पार्टेच्या रंगीत कपड्यांचे बदला सगळ्यांनी धवीं वस्त्रां घाल्लीं. हांव धडपडून जागें जालें. आनी हॉलांतलो दिवो लावन नीताचे कुडींत गेलें. ताचो श्वासोच्छ्वास सारको जातालो. दिवाणखान्यांतलो उजवाड ताचे न्हिदेक बादिकार जायनासलो. तें शांत न्हिदिल्लें. ताच्या चेहऱ्याचेर शांतताय आनी प्रसन्नताय

आशिल्ली. सबंध दीस जायत्या कॉलेजांचीं प्रवेश पत्रकां एकठांय करपांत घालोवन लेगीत ताच्या चेहऱ्याचेर थकवो नाशिल्लो. हांव ताचो शांत चेहरो तोखेत उरलें. ताचे धांपिल्ले दोळे, नाक, ओंठ, खाडकी हांवें बारीकसाणेन पळयली. तें खऱ्यांनीच सुंदर आसलें. हांवें मनांतच म्हळें, ''देवा, तुका जर म्हाका लुटपाचेंच आशिल्लें जाल्यार इतल्या ऐश्वर्याचो, सुंदरपणाचो तरतर कित्याक केलो? इतलें रूप, गूण आनी ममता कित्याक दिली तुवें ताका? हांवें तर तुजेकडेन एक बरे बलायकीचें भुरगें मागिल्लें. तेंय हांव आवय जातलें अशें कळळे उपरांत.''

आमचे मायलेकीचे आवडीचें अशें एक अंगाई पद आशिल्लें. ताचो अर्थ असो आशिल्लो: ''देवाघरच्या ह्या मोल नासपी दिवप्याक अमरत्व प्राप्त जावं.'' अंगाई गीताचो हावें जायते फावटी जप केल्लो.

म्हजे तकलेंत अचकित अशे अमंगळ विचार येवपाक एक सांगपासारकें कारणआशिल्लें. १० जूनाक सकाळीं आनी दनपरां आनी ११ जूनाक सकाळीं नीता न्हिदून उठलें तेन्ना ताच्या तोंडांतल्यान रगत येतालें. तें छातयेंतल्यान येता अशी शक्यता नासली. रगत इतल्या उण्या प्रमाणांत येतालें की डॅन्टिस्टान काडूंक सांगिल्ल्या दातांतल्यान येता जावंये अशें दिसतालें. तरूय १० तारखेच्या सांजवेळा आमी डेन्टिस्टाक मेळ्ळीं. ताकाय तशेंच दिसलें. बारावेचे परिक्षेच्या निकालाचे गडबडींत ह्या नव्या लक्षणांकडेन मातशें दुर्लक्ष जाल्लें. दुसऱ्या दिसा आयतार आशिल्लो. १३ जूनाक सकाळीं रगत मातशें चड, म्हळ्यार दोन ल्हान कुलेरां इतलेंच आयलें. सकाळचीं णव वरां जाल्लीं. डॉ. अ चो दवाखानो उकतो जालेबराबर आमी थंय पावलीं. ताकाय रगत दातांतल्यान येता अशें दिसलें. चड प्रमाणांत व्हिटामीन सी आनी कॅलशियम घेवपाक सुचयलें. चार दीस हे उपचार करून पळयले. पूण कांय लाव जालो ना. उरफाटें, रगत चड प्रमाणांत व्हांवंक लागलें. डॉ. अ चे सांगणेवेल्यान आमी मुंबयच्या एका फामाद हॅमेटोलॉजिस्टाक (रगताच्या निष्णात दोतोराक) मेळपाक वचपाचें थारायलें.

डॉ. ब भुरगीं आनी किशोरांच्या (१७ वरसांमेरेनच्या) रोगांचे तज्ज्ञ आशिल्ले. नीताक नोव्हेंबर १९६७त १७ वर्सां पूर्ण जाल्लीं. सुमार गेल्ल्या आठ म्हयन्यांपसून डॉ. ब न कांय नवे उपचार सुचोवंक नाशिल्ले. जावं चालू आशिल्ल्या वखदांच्या प्रमाणांत कांयच फरक करूंक नाशिल्लो. आमच्या डॉक्टर इश्टाचें म्हणणें आशिल्लें की दुसऱ्या निष्णात डॉक्टराचें मतूय घेतल्यार बरें. रमेशाकय तशेंच दिसतालें. हांव तशें करपाक मातशें फाटीफुडें जातालें. डॉ. ब चेर श्रद्धा दवरपाची कांय कारणां आसलीं. डॉ. ब सारक्या निष्णात डॉक्टराची भेट जावंक नाशिल्ली जाल्यार घडये ह्या रोगाचें निदानच जावंचें नासलें. डॉ. ब च्या कॉलेजन रोगाच्या रोग्यांची म्हाका म्हायती आशिल्ली म्हूण तांच्या त्या रोगासंबंधीच्या अणभवांकडेन हांव परिचित आशिल्लें. डॉ. ब चो अभ्यास बरो आनी परदेशांत तांचे संबंधय बरे आशिल्ले. ताका लागून मॅडिकल मळार सगळ्यांत आधुनिक संशोधनाचे ते बरे जाणकार आशिल्ले.

''डॉक्टर, नीताक अमेरिकेक व्हेलें जाल्यार?'' हांवें अशें विचारतकच ते विश्वासान म्हणटाले, ''थंय हाचेशिवाय दुसरे कसलेच उपचार नात. थंय नवे उपचार मेळिल्ले जाल्यार हांवूच तुमकां थंय

वंचपाची सुचोवणी दिता आसलों. तुमचो भाव थंय आसा हें म्हाका खबर आसा.''

ही पिडा केन्ना, खंय आनी कितल्या नेटान हल्लो करतली हें कळना. म्हणून रोगी एकाच डॉक्टराच्या सतत निरिक्षणाखाला आसप गरजेचें. नीतान ह्या दुयेंसाची सुरवात जावचे पयलीं पांच वर्सां कसलेंच वखद घेवंक नासलें. आनी ते पयलीं म्हणजे ताचे जिणेची पयलीं सात वर्सां ह्या दरम्यान ताणें चड करून होमियोपथी वखदांच घेतिल्लीं. तें अडेच वर्सांचें आसतना ताका एक म्हयनोभर सदांच जोर येतालो आनी तें धोंपरां दुखता म्हूण तक्रार करी. तेन्ना कितल्या तरी निष्णात डॉक्टरांची आमी भेट घेतिल्ली. ताच्या रक्ताची तपासणी केल्ली आनी एक्स-रेय काडून घेतिल्ले. रोगाचें कांयच निदान जालें ना. तेन्ना ताका कॉन्स्टिट्युशनल जोर अशें नांव दिल्लें. त्या वेळार मात ताका ॲन्टिबायोटिक वखदां दिल्लीं पूण त्या वखदांनी कांयच सुधारणा जायनासली. उरफाटें, नीता दिसान दीस चड अशक्त जावंक लागलें. निमणें, वाजेवन आमी परतो होमिओपथी वखदांचो आश्रय घेतलो. तांक येवची म्हूण, गंव भिजोवन, ताचें सत्व काडून तें ताका दिवंचें. एका म्हयन्या उपरांत ताचो जोर गेल्लो आनी ल्हव ल्हव तें परतें चलूंक लागिल्लें. हाचे उपरांत ताका परतो कसलोच असो पळोवंक नाशिल्लो रोग जावंक नासलो.

नीताचो वैद्यकीय इतिहास सांगतना हांव सगळ्याच डॉक्टरांक ताच्या भुरगेपणाच्या ह्या दुयेंसाविशीं सांगिल्लें. तें रागार जालें, फुगार जालें, ताणें अनस वा चोज खातकूच ताचेर पित्त उठ्ठालें ही गजालय हांवें तांकां सांगिल्ली. तरूय सगळ्यांचें मत असें आशिल्लें की भुरगेपणाच्या ताच्या ह्या आजाराकडेन ह्या रोगाचो कसलोच संबंध ना. दोन दुखण्यांच्या मदल्या काळांत जे रितीन तें नाच करतालें आनी कश्ट घेतालें, तें ज्युवेन्नाईल ऱ्हुमेटॉइड (भुरग्यांचो संधिवात) आशिल्ल्या रोग्यांखातीर शक्य नासलें. हाचेबगर ताच्या एक्स-रे आनी रगत तपासणेंतूय तशें चिन्न दिसूंक नासलें.

नीताचे टॉन्सिल्स इतले बारीक आशिल्ले की तीं का तपासपी सगळे दोतोर विचारताले ताचे टॉन्सिल्स काडल्यात काय म्हूण. ताका थंडी-खोंकूय जायनासली.

रोगी जर एकाच डॉक्टराच्या सतत निरीक्षणाखाला आसत, तर ताका खंयचीं वखदां कशीं फाव जातलीं, खंयच्या गजालींची ॲलर्जी जातली, खंयचे घडणुकेन ताका मानसिक धक्को बसूं येता, खंयच्या गजालींनी ताचो उल्हास वाडत आनी रोगाकडेन झुजपाची तांक ताच्यांत येत हें सगळें कळप डॉक्टराक सोपें जाता. डॉ. ब क नीताचे शारीरिक प्रकृती इतलीच ताचे मानसिक स्थितीची जतनाय घेवप तितलेंच म्हत्वाचें आसता म्हूण हांव दुसऱ्या नव्या डॉक्टराकडेन वचूंक भियेतालें.

१८ जूनाक थारिल्ल्या वेळार, आमी जेन्ना हेमेटॉलॉजिस्टाकडेन पावलीं तेन्ना ते थंय नासले. अर्द्या वरा उपरांत ते आयले. ताचे उपरांत तांणी तांच्या मदतनीस टॅक्निशियनाची भेट घेतली आनी मागीर आमकां तांचे कुडींत आपयलीं. तांणी नीताचो वैद्यकीय इतिहास विचारलो आनी नीताचे सगळे रिपोर्ट पळयले (जातूंत नीताक एस्.एल्.ई. आसपाचो दुबाव उकतो जातालो). हाचे उपरांत तांणी नीताक आपणाले कुडीभायर थांबूंक सांगलें. जी गजाल रमेशाक

स्पश्ट शब्दांत समजून घेवपाची आशिल्ली आनी म्हाका ना, ती गजाल तांणी आमकां ठणकावन सांगली: ''नीताक एस्. एल्. ई. आसा. नीताक एस्. एल्.ई.च आसा.''

रोगाविशीं तांची शंबर टक्के खात्री आसूनय तांणी जायत्यो तपासण्यो करपाच्यो सुचोवण्यो दिल्यो. ह्या सगळ्या तपासण्यांचीं नांवां तांणी वेगवेगळ्या कागदांचेर बरयलीं. म्हूण म्हाका मातशें अजाप जालें. पूण कांय खिणांतच तांचें स्पश्टीकरण जालें. त्यो सगळ्यो तपासण्यो वेगवेगळ्या सुवातींचेर करून घेवपाच्यो आशिल्ल्यो.

''ह्या सगळ्या तपासण्यांचे रिपोर्ट येतले, मागीर हांव उपचार सुरू करतलों. तो मेरेन पेनिसिलीनच्यो गुळयो बंद करात.'' तांणी सुचयलें.

'इतलें पेनिसिलीन कित्याक?' हो प्रस्न जायते डॉक्टर विचारताले. अमेरिकेचे म्हज्या भावाचे डॉक्टर इश्टय हेंच विचारताले. डॉ. ब न म्हाका पयलींच समजावन सांगिल्लें की कोर्टिझोनान नश्ट जावपी प्रतिकारशक्तीक लागून आमच्या देशांत, जंय हेर रोगांचो सुळसुळाट जावपाचो चड भंय आसता, थंय पेनिसिलीन घेवप खूब गरजेचें आसता. हेर डॉक्टरांचें मत जाणून घेतिल्ल्यान, जतनाय म्हणून तांणी खास सांगिल्लें की कोर्टिझोन चालू आस मेरेन 'पेन्टिड' (पेनिसिलीन) बंद करप ना. दुयेंसाच्या पांच वर्सांत नीताक केन्नाच सादी थंडी जावं, अतिसार जावं ओंकारो कांयच जावंक नासलें. तें मेकळेपणान भोंवंक शकतालें, लोकांक मेळूंक शकतालें. मागीर नीताच्या पॅथॉलॉजिस्टान तांच्या एका रोग्याची देख दिल्ली. ती तरणाटी अमेरिकेंत स्थायिक जाल्ली. कुटुंबांतल्या लग्नानिमतान ती भारतांत आयिल्ली तेन्ना दोन दिसांत अतिसार आनी ओंकारो जावन ती भायर पडली.

''डॉक्टर, नीताचे जिणेचो तुमकां कितलो भरवंसो दिसता?'' रमेशान हेमेटॉलॉजिस्टाक विचारलें.

''तें हांव कशें सांगूं? इतलीं वर्सां काडलीं तशीं आनीक वर्सांय काडीत. दुयेंसाच्या इतल्या भयांकूळ हल्ल्याउपरांतय तें इतलें तेजिश्ट जीण जियेलें हीय एक अजापाची गजाल.'' डॉक्टरांनी म्हळें.

आमचें उलोवप सोंपतकच आमी कुडीचे भायर आयलीं. उपरांत हांव, नीता आनी डॉक्टर नीताचे शारिरीक तपासणेखातीर दुसरे एके ल्हान कुडींत गेलीं. तांच्या मताप्रमाण नीतांत 'क्लिनिकली' कांयच उणेपण नासलें. ताचो रक्तदाब, काळजाचें स्पंदन, ताळो, दोळे, कान आनी शरीराचे सांदे व्यवस्थित आशिल्ले. त्या वेळार नीताक जोर आनी दागय नासले.

''डॉक्टर, ह्या सगळ्या तपासणींचे परिणाम ये म्हणसर म्हज्या तोंडांतलें रगत थांबपाखातीर कितें तरी वखद सांगात. हे तरेन तर म्हजें कितलें तरी रगत व्हांवन वतलें.'' नीतान डॉक्टरांक सांगलें.

ताचेर तांणी म्हळें, ''सदचें कितलें रगत वता? एक ग्लासभर तर न्हय न्ही? बायलांचें तर इतलें रगत दर म्हयन्याक वता.''

नीताक डॉक्टराची उलोवपाची पद्धत मानवली ना. ताका कुडीभायर काडलें म्हूणय तें नाराज जाल्लें. डॉ. ब अशे केन्नाच वागूंक नासले. कांय वेळार ते डॉ. अ चें हजर रावप गरजेचें मानताले आनी तांचेकडेन ते गरजेचो तो निरोप सांगताले.

हेमेटॉलॉजिस्टाची ही उर्मट वागणूक म्हाकाय आवडली ना. पूण हाचेपरस चड म्हाका तांची व्यापारी वृत्ती धोंसताली. डॉक्टरान सरळ रितीन चड फी मागिल्ली जाल्यार हांव समजूं शकतालें, पूण हे खातीर रोग्याक गरज नाशिल्लो त्रास दिलो तर तें म्हाका सोंसना. डॉक्टरांच्या चक्रव्यूहांत सांपडिल्ल्यांक हें खबरच आसता की डॉक्टर बदलले की सगळ्यो तपासण्यो परत्यो करून घेवंच्यो पडटात. प्रत्येक डॉक्टराची विश्वासपात्र लॅबोरेटरी वेगळीच आसता.

नीताचे सदचे पॅथॉलॉजिस्ट डॉ. प तांच्या मळार निष्णात आसात. तांणी एम्.डी.ची पदवी घेवन कांय वर्सां इंग्लंडांत काम केल्लें. परदेशांतल्या आधुनिक साधनांनी आनी माक्नांनी तांची लॅबोरेटरी सुसज्ज आसा. सगळ्यो तपासण्यो तांचे स्वताचे देखरेखीखाला जाताल्यो आनी म्हत्वाची तपासणी ते स्वता करताले. 'बोन मॅरो' सोडून सगळ्योच तपासणी तांचेकडेन जाताल्यो. हाचे आदीं आमकां मेळिल्ल्या सगळ्या डॉक्टरांनी डॉ. प.चेंच नांव सुचयल्लें. ते म्हणटाले की व्हड सार्वजनिक हॉस्पिटलांत रगत आनी हेर नमुन्यांची अदलाबदल जावपाची शक्यता आसता देखून ते डॉ. प.न केल्ले तपासणेच्या निकालाचेर विश्वास दवरताले.

डॉ. प.ची लॅबोरेटरी आमच्या घराच्याच रस्त्याचेर आशिल्ली. आमचें घर, डॉ. अ.चो दवाखानो, डॉ. ब.ची कन्सल्टिंग रूम आनी डॉ. प.ची लॅबोरेटरी हीं एक देड किलोमीटराच्या परिघांत आशिल्लीं. ताका लागून आमची जाताली. ह्या डॉक्टरांची पयली भेट घेतली तेन्ना सोयींचो विचार लेगीत करूंक नाशिल्लो. तेन्ना कल्पना लेगीत नासली की तांची भेट वयलेवयर घेवंची पडटली.

हॅमेटॉलॉजिस्टाक नीताची शारीरिक स्थिती एकंदरीत बरी दिशिल्ली. ह्यो सगळ्यो तपासण्यो ताबडतोब करून घेवपाचो ताणें आग्रो करूंक नाशिल्लो. तांचेकडल्यान करून घेवपाचे तपासणेखातीर तांणी २२ जूनाक सकाळची वेळ दिल्ली. नीताच्या रगतांत जर कांय उणाव दिसलो तर तांच्याच हॉस्पिटलांत रावन उपचार करून घेवपाचें आसलें. नीताचो ह्या डॉक्टरांसंबंधीं पूर्वग्रह वायट जाल्लो. ताका तांचेकडल्यान उपचार करून घेवपाचे नासले. आमीय द्विधा मनस्थितींत आसलीं. हें दुयेंस फकत रगताचेंच नासलें. तें दुसरे सुवातेर वेगळ्याच स्वरुपांत केन्ना प्रगट जायत हाचो कांयच भरवंसो नासलो. अशीच गंभीर परिस्थिती उप्रासली तर ताका तोंड दिवपा बदला बाकीचे निष्णात डॉक्टर त्या खाजगी हॉस्पिटलांत येवपाक तयार जातले काय ना, होय एक प्रस्न आसलो. शिवाय, त्या ल्हान हॉस्पिटलांत तशे गंभीर परिस्थितींत गरजेचीं अशीं उपकरणां, सोयी आसत काय कितें, हो दुसरो प्रस्न आसलो.

आमी खंयच्याय निष्णात डॉक्टराक घरा आपोवंक शकतालीं, जावं व्हड हॉस्पिटल जंय सगळ्या विशयांच्या निष्णात डॉक्टरांची सेवा मेळटली, अशा सुवातींक आमी नीताच्या उपचाराखातीर फाव कश्यो समजतालीं.

ऱ्ह्युमेटॉइड आनी एस्.एल्.ई.क बापोलभाव म्हळां. कारण दोनूय दुयेंसांनी खूब तेंप सदचो जोर येता, दोळ्यांचेर ताचो परिणाम जाता. केन्नाकेन्ना कुड्डेपणय येता, सांदे दुखतात-सुजतात, फुफ्फुसां आनी काळजाचेर लेगीत रोग हल्लो करता. नीताचे एस्.एल्.ई. तपासणेचे परिणाम सदांच नकारार्थी येताले. हेमेटॉलॉजिस्टान नीताक पळयलें तेन्ना ताच्या आंगार चट्टे

नासले, जोरय नासलो. तोंडांतल्यान रगत खंयसून येताले, हेंय कळनासलें. तरूय तांणी आमच्या उलोवपावेल्यान आनी रिपोर्टांवेल्यान नीताक शंबर टक्के एस्.एल्.ई.च आसा अशें गंभीर निदान केलें आनी आमकां प्रत्यक्ष सांगलें. हाचे उरफाटें, दुखण्याचे सुरवातीक डॉ. ब. रोगाचें चित्र प्रत्यक्ष पळयले बगर म्हज्या सांगपाचेर विश्वास दवरूंक तयार नासताले आनी जेन्ना स्वताची खात्री पटली तेन्ना लेगीत फाव ते तपासणे पयलीं ते तांचो सेर्त अभिप्राय सांगपाक तयार नासताले. निमणें, जेन्ना ते गंभीर निदान तांणी आमकां सांगले, तेन्ना लेगीत आमकां उण्यांत उणो धक्को बसतलो हाची तांणी जतनाय घेतली.

खूब चिंतले उपरांत आमी थारायलें की नीताची सगळी रगत तपासणी डॉ. प. कडल्यान करून घेवंची. परिणामांत कितेंय गंभीर चित्र दिसलें जाल्यार डॉ. ब वा एखाद्र्या व्हडल्या हॉस्पिटलाकडेन संबंधीत आशिल्ल्या हेर तज्ज्ञांचो सल्लो घेवंचो.

सगळ्या तपासणींचे निकाल येवंचे पयलींच नीताची प्रकृती इबाडूंक लागली. (रगताच्या प्रोटीन टॅस्टाक पांच दीस लागतात.) ताचे जिबेर काळे दाग दिसूंक लागले आनी हातपांयांचेर तांबडे दाग दिसूंक लागले. डॉ. अ. ताका सदचो तपासून वतालो आनी ताचो रक्तदाब, पल्स सारकीं आसात अशें सांगचें. आतांपसून विश्रांती घेवप, पुस्तकां वाचप, टाइम्स ऑफ इंडियाचे क्रॉसवर्ड भरप आनी केन्नाकेन्नाय म्हजेवांगडा स्क्रॅबल्स खेळप ह्यो ताच्यो दिसभराच्यो कार्यावळी आसच्यो.

२४ जुनाक परिक्षेंत पास जाल्ल्याच्या निमतान ज्योत्स्नान आपणाल्या घरा पार्टेची येवजण केल्ली. दनपरां नीता न्हिदिल्लें आसतना. म्हज्या वाडदिसाक ताणें विकतो घेतिल्ल्या तांबड्या कपड्याची हांव ताका मॅक्सी शिंवतालें. म्हाका थंडेच्या दिसांची वाट पळयत बसपाचें नासलें. हांवें सगळेकडेन मशीन मारून दवरलें. हातशिलाईक वेळ खंय आशिल्लो? म्हाका खंयच्याय अमंगळ विचाराक थारो दिवपाचो नासलो. तरूय ते येत रावताले. सध्या नीताच्या आंगार दुखण्याचें उण्यांत उणें चित्र दिसतालें, पूण एकदां पांख्याच्या आकाराच्या दागांनी मातशें दर्शन दिल्लें. गांठी मोव जायनासल्यो. ताची भूकय उणी जाल्ली. डॉ. ब. फी घेनासले आनी कोर्टिझोन वाडोवपाचे आड आसले.

नीताची मॅक्सी शिंवन जाल्ली. तें न्हिदेंतल्यान जागें जाल्लें. तयार मॅक्सी पळोवन ताणें म्हळें, ''मम्मी, तुवें इतली घाई कित्याक केली? हांव कितें बेगीनच वतलें?''

हांवें ताबडतोब म्हळें, ''कितें पिश्याभशेन उलयता तूं? तूं इतले उत्तम तरेन परिक्षेंत पास जालें, सगळ्यांनी तुका बक्षिसां दिल्यांत. हांवेंय तुका कितेंय तरी दिवंक नाका?''

तो निमणो दीस तें स्वता सपणां उतरून सकल गेलें. कॉलेज प्रवेशाखातीर फोटो काडून आयलें. त्या दिसा तें खूबच सुंदर दिसतालें. ताचें मुखामळ सामकें तेजिश्ट आनी गुलाबी दिसतालें. ताणें घाल्ल्या तांबड्या ड्रॅसाचें पडबिंब ताच्या मुखामळाचेर पडिल्लें अशें दिसतालें. भोंवतणच्या लोकांचे यादींत ताचें हेंच चित्र उदेल्लें. ''आरे, त्या दिसा तर त्या तांबडे मॅक्सींत नटून हांसत हांसत तें वतालें.''

शेनवारा, २५ जूनाक डॉ. अ. नीताक दनपरांच पळोवन गेल्ले. जिबेवयले काळे दाग आनी हातावेले तांबडे बारीक दाग तशातशे आशिल्ले. तातूंत कांयच वाड जावंक नासली. पूण सांजवेळच्या सुमाराक ताच्या दोळ्यांत लेगीत तांबडे दाग दिसूंक लागले. रातीं एक वराचेर ताचो जोर १०३चेर पाविल्लो. हांवें ताच्या कपलाचेर आनी पोटाचेर कोलनवॉटराच्यो घडयो दवरल्यो तरी लेगीत जोर मातूय उणो जालो ना. ताका दोळेय उकते करूंक जायनासलें. हांव थर्त भियेलें. भविश्याचे अमंगळ विचार करपाक लागून हांव सत्य स्थितीकडेन झगडूंक चुकिल्लें. आमी डॉ. ब.कच धरून रावंक जाय आसलें. नीताच्या तोंडांतल्यान पयलेच फावट रगत आयलें तेन्नाच डॉ. ब.कडेन वचूंक जाय आसलें. तांचे शक्तीभायली गजाल आशिल्ली जाल्यार तेच दुसरे डॉक्टर सुचयतले आसले. फाटीं केन्नाय नीताचे शारिरीक जावं मानसिक प्रकृतींत मातूय फरक दिसलो काय हांव बेगोबेग तांकां कळयतालें. पयलीं अशे परिस्थितींत रमेश भायल्या गांवाक आशिल्ल्या कारणान नीताची सगळी जापसालदारकी म्हजे एकलेचे तकलेर आसताली आनी हांव सट्करून निर्णय घेतालें. चडच जालें जाल्यार नीता म्हाका कितेंय सुचयतालें. फाटल्या कांय म्हयन्यांपसून नीताचे दाग आनी जोरासंबंधीं डॉ. ब.च्या उदासीनपणाक लागून तांचेकडेन संपर्क दवरप जालो ना. जें जालें ताचेर शोक करून नीताची प्रकृती थोडीच सुधरतली आशिल्ली. आतां फुडलो विचार करपाचो आशिल्लो. आनी जर सगळ्यांनी आशा सोडिल्लेवरी केल्यारय हांवें धीर सोडून दिवप योग्य नासलें.

दोन तास सतत घडयो दवरुनय नीताचो जोर मातूय देंवलो ना. ताचो आवाजय सामको ल्हव आनी अशक्त कसो जालो. ताणें म्हजो हात घट्ट धरून दवरलो. "मम्मी, तुजे हातसून म्हाका कोणूच व्हरूंक शकचो ना." ताणें म्हणिल्लें. तेन्ना रमेश म्हजे म्हऱ्यांत बशिल्लो. नीताक खूब भंय दिसतालो. ताणें रमेशाक सांगलें, "पप्पा, अल्पाक आपय." रमेशान ताबडतोब अल्पाक ताचे कुडींतल्यान आपोवन हाडलें. "तुमी तिगांय म्हजो हात घट धरून दवरात. म्हाका वचूंक दिवं नाकात." नीता सामक्या निर्जीव आवाजांत उलयतालें. आमी तिगांनी ताचो हात धरून दवरलो. तें डॉ. ब.चें सतत नांव घेतालें. "मम्मी, तूं तांकांच आपय. तांच्याच हातांत म्हजी जीण आसा." ताची डॉ. ब.चेर अपार श्रद्धा आशिल्ली.

रातीचीं तीन वरां जाल्लीं. डॉ. ब.क इतले रातीं उठोवंक जिवार येतालें. ते फी घेनाशिल्ले म्हूण न्हय, पूण तीन सप्तकांपसून तांचो संबंध उणो जाल्लो. अशीं नवीं चिन्हां दिसलीं तरूय तांकां कळोवंक नासलें. डॉ. ब. इतले रातीं येत काय? घडये इतले राती उठयल्ल्यान सकाळींय आयले ना जाल्यार? हाका लागून अर्दे राती तांकां उठोवपाची हिंमत जाली ना. १९७३त क्विनाईन घेतकच ताची स्थिती जेन्ना गंभीर जाल्ली तेन्ना आयतारची रात आशिल्ली. डॉ. ब. भायर गेल्ले. हांव तांचे वांगडा संपर्क करूंक पावलें ना आनी सगळी रात तांची वाट पळयत घालयली. पूण आयज रातभर तांची वाट पळयत बसप म्हाका खूब जोखमीचें दिसतालें. १०३ अंशांचेर राविल्ल्या जोरापरस ताचो अशक्त जायत चलिल्लो आवाज आनी तेय परस चड, आमकां तिगांकय ताचो हात घट्ट धरून, ताका आमचेपसून पयस वचूंक न दिवपाचे ताचे विनवणेन म्हाका साप्पच

भेश्टावन सोडिल्लें. डॉ. ब.ची भेट जायमेरेन कितेंय तरी करूंक जाय. देवाचें नांव घेवन हांवें ताका १० मि.ग्रॅम कोर्टिझोनच्यो दोन गुळयो आनी एक मॅटासिनची गुळी दिली. एका तासांतच ताचो जोर ९९ अंश जालो आनी ताचे दोळे उकते जाले.

हेर दिसांनी डॉक्टर सात वरांचेर हॉस्पिटलांत पावताले. पूण २६ जूनाक आयतार आशिल्लो म्हूण फांतोडेर ६ वरांचेर हांवें तांच्या घरा फोन केलो. ''डॉक्टर, हांव नीताची मम्मी. नीताक सामकें बरें ना. ताचे आवाज आनी उलोवपाची तराय बदल्ल्या. रातभर तें तुमची याद करतालें. तुमी ताका पळोवपाक येतात? प्लीज?'' हांवें म्हळें.

''हांव णव वरांचेर येतां. डॉ. अ.कय आपोवन हाडात.'' तांणी सांगलें. हेपरस ते अदीक कांयच उलयले नात.

हांवें थारायल्लें की हांव तांकां आमच्या सगळ्या प्रयोगाविशीं सांगतलें. ते चुकलें म्हूण दोश दितले, घडये आमचेर रागारय जायत, पूण हांव तें सगळें मुकाट्यान आयकून घेतलें, विनवणी करतलें, क्षमा मागतलें. कितेंय करून म्हजें नीता बरें जालें की बस्स.

णव वरांचेर दोगूय दोतोर येवन पावले. डॉ. ब. नीताच्या हांतरुणाचेर बसले. खूब बारीकसाणेन तांणी ताका तपासलें आनी ताका धीर दीत तांणी म्हळें, ''नीता, तूं अशी हिम्मत सोडटा?''

नीतान उमेदीन तांकां आपलो बारावेचो रिझल्ट दाखयलो. डॉक्टरांनी ताका हुनहुनीत परबीं दिलीं. ताची तोखणाय केली. आतां ह्या दुखण्याक लागून तें मॅडिकल कॉलेजांत वचूंक शकनासलें हाची आमकां सगळ्यांक खात्री आशिल्ली. नीताक लेगीत. कारण तेंय त्यासंबंधीं डॉक्टरांकडेन एकूय उतर उलयलें ना.

नीताकडल्यान उठून डॉ. ब. भायले कुडींत गेले. थंय तांणी डॉ. अ. वांगडा थोडी भासाभास केली आनी मागीर आमकां आपयलीं. डॉ. अ.न हेमेटॉलॉजिस्टा बरोबरच्या आमच्या भेटीसंबंधीं तांकां सांगलांच जातलें, म्हूण तांणी डॉ. अ आनी रमेश हांकां उद्देशून सांगलें, ''नीताक हें कांय नवें दुयेंस जावंक ना. हें ताचें पयलींचेंच दुयेंस. ताणें आतां रक्तवाहिन्यांचेर हल्लो केला.''

''पयलीं आमी ऱ्हुमेटॉइड म्हणटालीं, पूण... पूण हेमेटॉलॉजिस्टाच्या मताप्रमाण तो एस्.एल्.ई.'' डॉ. ब.न म्हळें. तांचो आवाज थरथरिल्लो. डॉ. ब.न मातूय गडबड करीनासतना धिरान समजायलें की दोनूय कॉलेजन रोगांचे उपचार ठराविक टप्प्यामेरेन एकूच आशिल्ल्यान तांणी रोगाचें नांव आयज मेरेन सांगूंक नाशिल्लें. तरूय नीताचे मम्मीक ह्या दुखण्यासंबंधीं म्हायती आशिल्ल्या कारणान नीताक एस्.एल्.ई. आसा असो तांच्या मनांत दुभाव आशिल्लो तेंय तांकां खबर आशिल्लें. म्हूणच रोगाचें नांव घेनासतना ती नीताची फाव ती जतनाय घेवंक पावतली अशी तांकां खात्री आशिल्ली.

शेनवारा सांजवेळा नीताच्या रगताची प्रोटीन टेस्ट सोडून, हेर सगळ्या तपासण्यांचे परिणाम मेळिल्ले. तांचे रिपोर्ट पळोवन डॉ. ब.न म्हळें की नीताच्यो तांबड्यो रक्तपेशी मातश्यो उण्यो जाल्ल्यो आनी तांचो गोठेवपाचो वेळ (क्लॉटिंग टायम) वाडिल्लो. परिणामी ताच्या आंगार रगताचे बारीक बारीक तांबडे ठिपके दिसताले. रगताचो गोठेवपाचो वेळ वाडलो आसत जाल्यार

रोग्याक घावो वा हेर कारणांक लागून रक्तस्राव जावंक फावना.

हे परिस्थितींत तांका जोर आनी दुखपाच्या उपचाराखातीर फकत मेटासिन दिवपाची. दुसऱ्या गुळयांनी केन्नाय हॅमरेज (रक्तस्राव) जावपाचो भंय आसता. डॉ. ब.न म्हाका समजावन सांगलें आनी मागीर सद्दां ४० मि.ग्रॅम कोर्टिझोन, पयलीं इतलेंच पॅंटिड, व्हिटॅमिन बी आनी सी आनी कोर्टिझोनान ॲसिडिटी जावंनये म्हूण डायजीन सारक्या वखदांची यादी बरोवन दिली. खावपाक सगळें. फकत मीठ उणें आनी तळिल्ले पदार्थ बंद. आनी पंदरा दिसांचो हांतरुणाचेर पुराय सुशेग. इतलें सुचयले उपरांत तांणी म्हाका विचारलें, ''नीताचो आवाज आनी उलोवप सामकें मुदार जाल्लें? कित्यावेल्यान तुमकां अशें दिसलें?''

''गेले फावटीच्या दुखण्यांत ताका खूब असह्य वेदना जाताल्यो. तरूय तें सगळ्यांचेर तापतालें, आड्डी मारतालें. काल तें सामकें हताश जाल्लें. ताच्या उलोवपांत पयलेच फावटी अशी लाचारी दिसताली. 'म्हाका धरून दवरात, म्हाका सोडूं नाकात...' '' हांवें डॉक्टरांक म्हजो अणभव सांगलो.

तांणी तकली हालयली. तांकां कसली तरी जाणविकाय जाल्ली. ते उपरांत ते कांयच उलयले नात. आमकां एकाय उतरान तांणी आशा जावं निराशा दाखयली ना. रमेशान फी दिवपाचो यत्न केलो. ''सध्या आसुंदी. मागीर पळोवया.'' अशें म्हणीत ते घरा भायर सरले.

२७ ऑगस्ट १९७३क क्विनाइन घेतकच नीताची प्रकृती गंभीर जाल्ली. त्या वेळार डॉ. ब. घरा आयिल्ले. ते उपरांत, २६ जून १९७७च्या दिसा पयलेच फावटी रमेश डॉ. ब.क मेळ्ळो. एकदां डॉ. ब.न म्हणिल्लें लेगीत, ''नीता, तुज्या पप्पाक तर हांवें कितलींशींच वर्सां पळोवंक लेगीत ना.''

नीतान ताबडतोब म्हणिल्लें, ''ते आमचे खातीर पयशे जोडटात आनी मम्मा आमचो सांबाळ करता. कोणेंतरी एकट्यान जोडूंकच जाय न्हय?''

तीन दिसांतच, २९ जूनच्या सकाळपसून नीताच्या तोंडांतल्यान रगत येवप बंद जालें आनी ताच्या हातापांयावेले तांबडे ठिपकेय नाच्च जाले. ३० जूनच्या रगताच्या रिपोर्टाप्रमाण रगताच्या गोठेवपाचो वेळ आतां नियमित जाल्लो. आतां ताका हांथरुणाचेर पडून रावप मानवनाशिल्लें. तें म्हाका एकसारकें म्हणी, ''मम्मी, प्लीज, डॉक्टरांक विचारून पळय, हांव आतां घरांत भोंवंक शकतां काय म्हूण.''

''तांणी पंदरा दिसांचो आराम घेवंक सांगला न्हय, म्हणटकच चारच दिसांत हांव ही परवानगी कशी मागूं? हांवें ताका समजावपाचो यत्न केलो.

''तांकां घडये इतले बेगीन सुधारणा जायतशें दिसलें ना जायत. तूं विचारून तरी पळय. चडच जाल्यार ते ना म्हणटीत.'' ताणें ताचें टुणटुणें चालूच दवरलें.

नीता अश्यो विचित्र मागण्यो करी आनी डॉ. ब ताका आवडनाशिल्ल्यो सुचोवण्यो दिताले तेन्ना म्हजें मध्यस्थाचें काम खूब कुस्तार जातालें. भियेत भियेत हांवें डॉ. ब.क फोन केलो आनी तांणी ताबडतोब परवानगी दिली. ''हय, हय. बरें जालें आसत जाल्यार तें खुशाल घरांत भोंवंक शकता. सप्तका उपरांत भायले उकते हवेंत लेगीत भोंवंक व्हरात. पूण थिएटरांत

वा गर्देंत मात वचपाचें ना आनी तुमचीं सपणां चडपाचीं नात. पयलींभाशेन कदेलाचेर बसोवन ताका वयर चडोवपाचें.''

तांची निमणी सुचोवणी नीताक मानूंक नाशिल्ली. ताणें म्हळें, ''म्हाका सगळ्या गांवांत जायरात करपाची ना की हांव दुयेंत आसां म्हूण. आमचे घराचे भायले वटेनचें वातावरण बागेभशेन आसा न्हय? हांव बाल्कनींत बसून हीं पाचवींचार झाडां आनी तातूंत रावपी सुकणीं आनी मार्गावेल्यान चलपी मनशां पळयन.'' ताणें म्हळें.

आमच्या घरा सामकारच्या वाठारांत जायत्या वर्सांचो पोरणो, चार मजल्यां इतलो ऊंच, दाट पेल्टोफोरमचो रूख आसा. उजवे वटेन लिंबाचीं, चिकवाचीं, आंब्याचीं जायतीं झाडां आसात. ह्या झाडांचेर जायतीं सवणीं रावतात. जुलैची सुरवात आशिल्ली. अजून पावसान नेट धरूंक नासलो. सवणीं आपणाले घोंटेर बांदपांत गुल्ल आसलीं. एका दयाली पक्ष्यांचे जोडयेन तर नीताचें मन रिझोवचें म्हूण थारायल्लें जावंये. नीता ताच्या हांतरुणाचेर न्हिदिल्लेकडेनच, मान वळय नासतना आनी दोळ्यांक त्रास दिनासतना, अचळय पळोवंक शकता अशे एके खांदयेर ते बसताले. नर दयाली आपणाली शेंपडी वयर करून करून पद म्हणटालो. जणूं काय एखादो तरणाटो खोशयेंत येवन शिळोणी घालता. त्या दिसा जेन्ना ताणें झाडाच्या खोडांत घरटें बांदलें तेन्ना हांवें म्हळें, ''आयज तर ह्या दोगांनी ज्यो फावटी मारल्यात, तें पळोवन लेगीत आमकां पुरो जातलें.''

नीतान ताबडतोब म्हळें, ''दोगां कित्याक? बाबडी मादीच खरी कश्ट करीत आसा. तो तर चड वेळ शेंपडी हालयत उडयो मारता आनी पदां म्हणटा.''

''आगो, अशें म्हणुंया की नर तिका मॉरल सपोर्ट दिवपाचें काम करता.'' हांवें म्हळें.

खूब फावटी दनपारच्या वेळार कीर विकपी भुरगे झाडार चडून खोडांतल्यान किरांची पिलां धरताले. नीता अशक्त जाल्लें. चड करून आड्डुपाचो ताचो सभावय नासलो. म्हूण तें म्हाका म्हणी, ''मम्मी, ह्या भुरग्यांक मातशें भेश्टावन सकयल देंवय. ना जाल्यार तांच्या भंयान सगळेच पक्षी हांगच्यान उडून वचत.''

अजून पेल्टोफोरमचीं हळडुवीं फुलां साप्प गळूंक नासलीं, म्हूण शिंपी पक्ष्यांपरस ल्हान फूल-चिमण्योय येताल्यो. शिंप्याचें तर सकाळ जायनाफुडें मोठ्यामोठ्यान पद सुरू जातालें. इल्लोसो जीव आनी इतलो मोठो आवाज. तो पद म्हणी आनी चिकवाच्या झाडावयल्यान आंब्याचेर आनी थंयसून चिकवाच्या झाडाचेर आनी केन्ना केन्ना पेल्टोफोरमपर्यंत फावट मारी.

''मम्मी, बेगीन यो. पळय तो बुलबुल.'' व्हडा उत्साहान म्हाका तें पक्षी दाखोवपाचो यत्न करतालें. पूण म्हाका तो दिसनासलो. ताणें परत म्हळें, ''पळय थंय. त्या फुलांनी भरिल्ले खांदयेफाटल्यान. तुका दिसचे पयलींच तो उडून वतलो.'' आनी जालेंय तशेंच. ताणें पळयल्ले नवे पक्षी हांव पळोवंक पावलें ना जाल्यार तें तिडकून म्हणी, ''अल्पाक दिसले आनी तुका दिसले नात?''

दनपारां उपरांत आंब्यार नाचण येताली. ती आपणालीं पंख्याभाशेन पांखां हालोवन खांदयांचेर नाचताली. मदींच जमनीर झाडाच्या खोडालागीं कोयर पडल्यार ताचेवेले मूस

धरूंक वताली. चड करून ती चक्‌चक् आवाज करताली. पूण रंगांत येतकच ती तिच्या मधुर स्वरांत शिळोणी घाली. ताची वळख जावंचे पयलीं आमकां दिसतालें की एखादो चलो रस्त्यावेल्यान आपणाल्या इश्टाक शिळोणी घालून आपयता आसुंये.

नीता बाल्कनींत दुर्बीण घेवन बसतालें. ताणें पक्ष्यांच्यो तरेकतरांच्यो खोडी बारीकसाणेन निरखुंच्यो आनी आपणाले वहींत तांची नोंद करची. आमी पक्षी पळोवपाखातीर घरापसून पयस कर्नाळा अभयारण्याची धांवपळ करतालीं. पूण थंय पांजऱ्याचे भायर आमी इतले पक्षी केन्नाच पळोवंक नासले. नीताच्या दुयेंसान आमकां चारूय वटांनी सैमाची मजा चाखूंक आनी ताचें निरीक्षण आनी तोखणाय करूंक शिकयल्लें.

रगत व्हांवपाचें थांबतकच आनी रगत गोठेवपाचो वेळ नियमीत जातकच नीताच्या आंगांत परती तांक आयली. ताच्या बोटांत शक्ती आयली. दनपरां आमी कॅरम खेळटालीं. केन्नाय तें ताचो स्टँप आल्बम घेवन बसतालें वा पुस्तकां वाचतालें. ताच्यो इश्टिणीय खूब फावटी घरा येताल्यो. तांचेकडेन गजाली करपांतच ताचो वेळ वतालो. हांव ताका चड वाचूंक दिनाशिल्लें. हांवें वर्साआदीं पळयल्ल्या सिनेमांच्यो आनी वाचिल्ल्या पुस्तकांतल्यो काणयो ताका सांगतालें. सांजचीं उसरां बापूय आनी चलयो कॉलेजांच्यो प्रवेशपत्रिका भरत बस. व्यावसायिक कॉलेजांखातीर जाय आशिल्लीं अशीं जायतीं प्रमाणपत्रां एकठांय करपाखातीर रमेश आनी तांच्या ऑफिसांतलीं मनशां धांवपळ करतालीं. नीताक खोशी दवरपाक आनी ताची भलायकी तिगोवन दवरपाक सगळे आपूण जावन जाता तितले यत्न करताले.

नीताचो आनंद आनी उत्साह पळोवन म्हज्या मनांत परत आशा उप्रासूंक लागली. पूण म्हजी विवेकबुद्धी म्हाका भविश्याचो विचार करपापसून फाटीं ओडटाली. मनाच्या कोनशांत दडून बशिल्ली आशा म्हणटाली, 'फाटल्या दुयेंसांतल्यान तें कशें सांवरिल्लें? ते उपरांत इतलीं वर्सां डॉक्टरांकूय अजाप दिसतलें अशी क्रियाशील जीण तें जियेलें. हे फावटीय तशेंच जातलें. सगळ्या कॉलेजांच्यो प्रवेशपत्रिका भरूंकच जाय.'

नीता आता मॅडिकल कॉलेजांत वचूंक पावचें नासलें. डॉक्टरांनी ताका खूब समजावन सांगलें. पूण तांच्या सांगपा पयलींच ताची तब्येत परती इबाडली. तेन्नापसूनच नीताक तें समजिल्लें. आनी कोर्टिझोनची मात्रा वाडयतकच तर ताका ताची खात्रीच जाल्ली. तरीय एके रातीं ताणें म्हाका विचारलें, ''आज मेडिकल कॉलेजांत फॉर्म भरपाचो निमणो दीस आशिल्लो न्हय?'' आनी मागीर म्हजेकडेन फाट करून ताणें न्हिदपाचें सवंग केलें. तें आपणाली निर्शेवणी अशीच लिपयतालें.

'जीण म्हळ्यार खळखळून व्हांवपी झर. मार्गांत कांय आडखळी येतकच झर आपणाली दिका बदलता, नवें वळण घेता. पूण व्हांवप चालूच दवरता' हो ताचो जिणेचो मंत्र आसलो. ताणें परती एकदां दिका बदलिल्ली. नवें वळण घेतिल्लें.

२७ जूनापसून नीताक मात लेगीत जोर नासलो. वर्सभराच्या जोरान पयलेच फावटी अशी विश्रांती घेतिल्ली. ताच्या माथ्यारय भरपूर केंस आयिल्ले. आंगावेले. तोंडावेले तांबडे दागूय

गेल्ले. गांठी हात लायल्यार कळटाल्यो. पूण दोळ्यांक दिसनासल्यो. तें पयलीं भाशेन सुंदर आनी तेजिश्ट दिसतालें. त्या वेळार कोर्टिझोनचो कांयच विपरीत परिणाम दिसनासलो. ४० मि.ग्रॅ. कोर्टिझोन घेवनय ताची भूक मातूय वाडूंक नाशिल्ली. ताका मीठ उण्या प्रमाणांत खावपाचें आशिल्लें आनी ताका तशे मीठ मसाल्याचे पदार्थ खावपाची इत्साय जायनासली. पूण केन्ना तसलेच पदार्थ तें चाखून पळयतालें. ते ताचे जिबेक झोंबताले. रगत व्हांवपाचें थांबिल्लें, पूण ताका लागून तोंडांतआनी जिबेर जाल्लो बारीक घाव अजून पुरायेन पेखूंक नासलो. तें वखदावांगडा थंड कॉफी आनी सरबत घाल्लें दूद गटागटा पियेवन उडयी. आपूण जावन कितेंय खावपाची ताका इत्सा जाय़नासली. जेवपांत फुलके, केळीं, इल्ली दाळ भात आनी भाजी घेतालें. ताचेखातीर मुजरत केल्लें पुडिंग, आइस्क्रीम, जॅली आनी फ्रूटसॅलड ताचे परस ताच्यो इश्टिणीच चड खाताल्यो. तें इश्टिणींक कंपनी दिवपाक आनी म्हाका खुश करपाक एकदोन चमचे तोंडांत घाली.

अशें आसूनय, रगतांत उण्यो जाल्ल्यो तांबड्यो पेशी परत फावो त्या प्रमाणांत वाडिल्ल्यो. चड करून ह्या रोगांत जाता तसो ॲनेमिया ताका केन्नाच जावंक नासलो. ताचो चेहरो केन्नाच फिकट दिसूंक नासलो, आनी म्हणूनच डॉक्टर निदान करपांत चुकताले जावंये. तें केन्नाच मरतुकडें दिसनासलें. देखून भायल्या हेर लोकांकय ताच्या दुयेंसाची कल्पना येनाशिल्ली. म्हज्या कुळारचीं मनशां म्हाका सदांच म्हणटालीं, ''सदांच अल्पाकच काम सांगता तूं, केन्ना केन्नाय नीताकय खुर्चेंतल्यान उठय.'' नीता आपूण जावन मदत करी तेन्ना हांव ताका आडायनासलें. पूण तें स्वस्थ शांत बसलां जायत तर ताका हांव उठयनासलें. अल्पा समजिकायेचें आसलें देखून म्हाका जड जायनासलें. आजाराची खरसाण आनी प्रतिक्रिया समजुपाखातीर डॉ. ब.न सप्तकी रगत आनी मुताची तपासणी परिक्षा करूंक लायिल्ली. आतां पॅथॉलॉजिस्टाकडेन रमेश वतालो आनी डॉ. ब. कडेन आमी दोगांय वतालीं. घडये कांय अशुभ खबर आयकुची पडली तर ती एकट्यानच आयकुपाची हिंमत म्हज्यांत नासली. हांव नीताकडल्यान पयस वचपाक मागी, पूण तें म्हाका बळयां धाडी. तें म्हणी, ''मम्मी, तूं म्हजें वखद विरसद करता, सेवा सुश्रुषा करता म्हूण डॉक्टरांची सुचोवणी तुवें आयकल्ली बरी.'' ताका आपणाली खूबच काळजी आसताली. इल्लीशी चूक ताका सोंसनासली. ताचो वखदाचो वेळ इल्लो लेगीत फाटीं फुडें जावंक जायनासलो. गुळयो घेवचे पयलीं तें खात्री करून घेई. ताका चुकीच्यो गुळयो बी दिवप जायना मू? १९७३च्या दुयेंसांत एक वेळ रमेशान कोर्टिझोनचे बदला पेन्टिड फुडें केल्ली तेन्ना तें खूबच तिडकल्लें.

''पप्पा, तुमकां म्हजी सुश्रुषा करपांत मम्मीक पालव करपाची इत्सा आसा. पूण तुमकां तें जमचें ना. तुमकां ताची मातूय संवय ना.''

त्या दिसापासून वखद दिवपाचें काम हांवूच सांबाळी. आतां तें काम परतें रमेश करी. सदां वेगळे वेगळे खण आशिल्ले एके डबयेंत सुपारी, बडीशेपेचे सुवातीर, त्या सबंध दिसाचीं वखदां आनी विटॅमिन्स ताच्या वेळापत्रकाप्रमाणं भरून दवरतालें. ताका लागून म्हाका एका फाटल्यान एक खण फकत रिकामो करचो पडटालो. आनी नीताचे कुडींत वखदांच्या बाटल्यां आनी डब्यांबदला एकूच डबो आसतालो. ताका लागून दुयेंसाचें वातावरण उणें जातालें.

त्या दिसा ४ जुलै आसलो. दनपारचीं तीन वरां जाल्लीं. नीताक घटसाण आनी उमेद दिसताली. ताका जाता तितले बेगीन घराभायर सरचें आसलें. ''मम्मी, आज म्हजो रिपोर्ट बरोच येतलो. डॉक्टर कोर्टिझोनची मात्रा नक्कीच उणी करतले. हांवें कितले दीस अशें घरांत कोंडून घेवपाचें? तूं आतांच चल आनी डॉ. प. कडल्यान म्हजो रिपोर्ट घेवन डॉ. ब.क मेळून यो. म्हाका पप्पाची वाट पळोवपाची ना. तो ये म्हणसर रात जातली. मागीर डॉ. ब.न परवानगी दिली तरूय हांव कशें भायर सरतलें?''

ताका दोन वरांय थांबपाचो थार नासलो. तें आनंदाची खबर आयकूंक खूब उत्सुक आसलें. नीताचो चेहरो पळोवन म्हजीय तीच अपेक्षा आशिल्ली की रिपोर्ट बरोच आसतलो. देखून डॉ. प. कडेन वचून मागीर डॉ. ब.क मेळपाक हांव एकटेंच गेलें. लाल पेशी वाडून फावो त्या प्रमाणांत जाल्ल्यो म्हूण हांव खोशी आसलें, कारण त्या वेळार होच एक चिंतेचो विशय आशिल्लो. पूण डॉ. ब.क मेळून म्हाका एक व्हडलो धक्को बसलो. म्हजें खोशी जाल्लें मन तांणी सांगलें तें आयकुपाक तयार नासलें.

''रगताचो रिपोर्ट बरो आसा. पूण मुतांत प्रोटीन वता.'' तांणी सांगलें. निमणें, रोगान किडनीचेर हल्लो केल्लो आनी किडनीच्या कोशांक मार बशिल्लो. निरोगी किडनी मुतांतल्यान प्रोटीन वचपाचें थांबयता. शरिरांतलें प्रोटीन मुताबरोबर भायर गेल्ल्यान रोगी अशक्त जायत वता. डॉक्टरांनी कोर्टिझोनचें प्रमाण वाडोवंक सांगलें. पयलेच फावट म्हाका इतलो तीव्र धक्को बसलो की म्हज्या पांयांत त्राणच उरलें ना. पांय मोडिल्लेवरी जाले. म्हज्या सबंद आंगाक घाम सुटलो. आनंदाचे खबरेची वाट पळयत आशिल्ल्या नीताक हांव हें सगळें कशें सांगतलें?

हा हू करत हांव टॅक्सीलागीं पावलें आनी तातूंत स्वताक घालून घेतलें. टॅक्सी सुरू जाली. हांवें म्हजो घाम पुसलो, दोळे पुसले आनी तायट जावन बसलें. हांवें निश्चेव केलो. म्हाका व्हडलें नाटक करपाचें आसलें, दुकां गळोवपाचीं नासलीं. आपणाक हांसोवपाचें आसलें, नीताक हांसोवपाचें आसलें. म्हाका भियेवपाचें आनी थकोवपाचें नासलें. हिंमत करून झुजपाचें आसलें. हांवें झुजपाचे नेम तयार केले. कोणेंय घरांत पडिल्लें तोंड घेवन वावुरपाचें ना. हेर कोणायकडेन नीताचे प्रकृतीविशीं कांयच उलोवप ना. जर कोणाक तेसंबंधीं कळ्ळें जाल्यार तांणी घरा येवन वा फोन करून चौकशी करपाची ना. जांकां हांसपाक आनी हांसोवपाक येता तांचेच खातीर आमचें दार सदांच उकतें आसतलें.

किडनीक इजा जाल्ली. म्हणजे आतां दुयेंस १०० टक्के एस्.एल्.ई.च आसलें. किडनीचेर रोगाचो परिणाम जावप ही एस्.एल्.ई. रोगाची टर्मिनल स्टेज (निमाणी अवस्था) अशें समजतात. हाका लागून निराश जावन म्हाका ह्या झुजांतल्यान माघार घेवपाची नासली. म्हाका तर उरफाटें नीता आपणाली जीण निमणेमेरेन खोशयेन जियेवंक पावचें म्हूण ताका खुब्ब आदार दिवपाचो आसलो.

टॅक्सीचे गतीवांगडा म्हजे विचारय धांवताले. घर आयलें. टॅक्सी थांबली. म्हजे विचारय थांबले. नीता म्हजी वाट पळयत जनेलाकडेनच उबें आसलें. हांव सोपणां चडून वयर आयलें तेन्ना दार उकतें करून म्हाका येवकार दिवंक तें उबें आसलें. म्हाका पळयले बरोबर ताणें

म्हळें, ''मम्मी, रिपोर्ट कसो आसा? डॉक्टरांनी कोर्टिझोन उणें केलें न्हय?''

''नीता, म्हाका मातसो श्वास घेवंदी. जिने चडून हांव...''

ताणें म्हाका मदींच थांबयलें. ''बरी खबर आशिल्ली जाल्यार तूं ताबडतोब सांगतली आशिल्ली.'' इतलें म्हणीत तें फट् करून आपणाले कुडींत धांवलें आनी जनेला सामकार तोंड करून उबें रावलें. अशे तरेन तें आपलीं दुकां लिपयतालें. हांवें ल्हवू ताच्या खांदार हात दवरलो. ताणें तो धुकल्लो आनी म्हळें, ''म्हाका कोणाचीच सहानुभुती नाका. म्हाका सोड. म्हाका सामकें एकलेंच रावंदी.''

हांवें भायले कुडींत येवन रोखडेंच ज्योस्त्नाक चीट बरोवन घरा आपयलें. फोन केल्यार नीताक आयकूंक येतलें आशिल्लें. ज्योत्स्नाक नीताच्या गंभीर दुयेंसाची खबर आशिल्ली. लागीं लागीं वीस दिसांआदीं जेन्ना नीताच्या तोंडांतल्यान रगत येवंक लागिल्लें तेन्ना ज्योत्स्ना आनी आरती मुखार हांव रडिल्लें. नीता तेन्ना न्हिदिल्लें. दुसऱ्या दिसा, म्हाका धीर दिवंक प्रत्येकाचे आवयचो फोन आयिल्लो. तांकां नीताक घरा येवन मेळपाचें आशिल्लें, पूण आमच्या घरा केन्नाच ना येवपी त्यो अकस्मात आयल्यार नीताक आपणाली परिस्थिती गंभीर आसा हाचो दुबाव येत म्हणून हांवें तांकां येवं नाका म्हणिल्लें. पूण ताचे उपरान्त ज्योत्स्ना आनी आरती नेमान नीताक मेळूंक येतालीं. त्या दोगांयनी म्हज्या ह्या नाटकांत व्हडलो पार्ट घेतिल्लो.

खुब्ब पावस आसून लेगीत, म्हजी चीट मेळटकच ज्योत्स्ना रोखडेंच आयलें. नीताचो मूड बदललो. ताणें म्हळें, ''पळय न्ही, आसा न्हय ही म्हजी खरी मैत्रीण? इतलो पावस आसतनाय म्हाका कंपनी दिवंक आयलां.'' दोगीय इश्टिणी गजाली करपांत गुल्ल जाल्यो.

आमी जेवलीं. सदचेवरी जेवलीं. हांवूय सदचेभशेन जेवलें. रमेशाक मातूय दुबाव येवंक दिलो ना. जेवतकच हांवें ताका नीताचे रिपोर्ट दाखयले. डॉ. ब.ची सुचोवणी आनी म्हजी घरांत वागपाच्या नेमांची म्हायती करून दिली. तशें पळयल्यार म्हजे हे नेम कितें सामकेच नवे नाशिल्ले. पूण आतां काळ बदलिल्लो. तेन्ना नीता तेरा वर्सांचें आशिल्लें, आज सतरा वर्सांचें जाल्लें. चड समजिकायेचें जाल्लें. आनी देखूनच आज ते नेम अदीक खरायेन पाळपाचे आसले. 'नीताच्या दुयेंसाची आमकां सुनशा लेगीत लागूंक दिली ना' अशें म्हणटल्यांच्या राग-लोभाची पर्वा करपाची नासली. नीताक कशें खोशी दवरपाचें, हेंच पळोवपाचें.

हांव आनी नीता एके कुडींत न्हिदिल्लीं. ताचो राग शांत जाल्लो. ताणें म्हजी मोगान पापी घेतली आनी म्हळें, ''मम्मी, म्हज्या रिपोर्टांत कितें आसा? मम्मी, खरें सांग हां! हांव आयकुपाक तयार आसां.''

''मुतांत मातसो गोंदळ आसा.'' हांवें भियेत भियेत म्हळें. म्हाका सकाळ मेरेन वेळ काडपाचो आसलो. पूण जाप मेळ्ळेबगर तें न्हिदत अशें दिसूंक नासलें. घडये म्हजी जाप आयकून ताका न्हीद सुद्धां लागत. घडये फुडले आपत्तीक तोंड दिवपाचें बळ ताच्यांत येत. म्हजी धिटाय ताका धीर दिताली आनी ताच्या मनाचें बळ म्हजे भितर धिटाय निर्मितालें. अशे हे प्रक्रियेन संकटाच्या वेळार आमची धिटाय वाडटाली.

''मम्मी, शेवटीं म्हजे किडनीचेर परिणाम जाला. म्हाका एस्.एल्.ई. जाला. हांव हांतुतल्यान वांचन?'' ताणें विचारलें.

तें न्हिदिल्लें. हांव उठलें आनी ताका म्हळें, ''हें पळय बाये, फाल्यां म्हजे तकलेर हो व्हडलो पंखो पडचो ना वा म्हजें काळीज बंद पडचें ना हाची कितें खात्री? मरण कोणाचें, केन्ना, खंय, कशे तरेन येतलें, कोण सांगतलो? मरणाचो विचार करचो नासता. आपणें आपलें काम करीत रावचें.''

''तर आतां पसून म्हाका कितलें कोर्टिझोन घेवचें पडटलें?''

''साठ मि.ग्रॅम.'' हांवें म्हळें.

खीणभर ताणें विचार केल्लेवरी केलो आनी मागीर एकदम कितें याद जावंची तशें म्हजे हात धरून म्हळें, ''मम्मी, तुका याद जाता त्या भुरग्याची?''

तीन वर्सां आदीं डॉ. ब.च्या क्लिनिकाचे भायर हांव आनी नीता आमची पाळी येवपाची वाट पळयत बशिल्लीं. तेन्ना तो आमकां दिशिल्लो. ताचो चेहरो खूबच सुजिल्लो. गोलपणाचीय शीम बलांडून आडवो तांतयाच्या आकाराचो जाल्लो. तो भुरगो बारा एक वर्सांचो आशिल्लो, कित्याक तर ताचो आवाज बदलूंक नाशिल्लो. तरी ताचे खाडकेर दाढी फुटिल्ली आनी सगळी मान दाट ल्हंवेन धांकिल्ली. ताचें उरिल्लें शरीर कपड्यांनी धांकिल्लें. लोक ताका निरखून पळयताले आनी ताका जायते प्रस्न विचारून सतायताले.

''हो भुरगो कोर्टिझोनाचेर आसा?'' हांवें ताचे बराबर आयिल्ल्या ताच्या बापायक विचारलें.

''तें म्हाका कांयच कळना. हांव कितें शिकलां? तूं हें सगळें भुरग्याकच विचार. तो शिकला. हांवें ताका इंग्रजी शाळेंत घाला.'' बापायन म्हळें. ताचो बापूय एक साधारण दर्जाचो कामगार दिसतालो. भुरगो खूबच हुशार आशिल्लो. आपलें दुयेंस जाणपी कोणूय आसा म्हूण कळटकच ताणें आपलें सगळें दुखणें म्हाका सांगलें. ताका किडनीची पिडा जाल्ली. तो दिसाक ६० मि.ग्रॅम कोर्टिझोन घेतालो. तो भुरगो सामको म्हजे यादींत आसलो. डॉ. ब.न कोर्टिझोनचो नवो डोझ सांगलो तेन्ना म्हाकाय त्याच भुरग्याची याद जाली. म्हाका आनी नीताक एकामेकांच्या मनांत चलिल्ली खळबळ रोखडीच कळटाली. नीताकय त्याच भुरग्याची याद जाल्या जायत अशेंच म्हाका दिसतालें. तरी खात्री करून घेवंक हांवें विचारलें, ''खंयचो भुरगो?'' नीताचे जापेन म्हजी कल्पना खरी थारली.

पयलीं तर नीतान इतल्या व्हड प्रमाणांत कोर्टिझोन घेवंक विरोध केलो. ''म्हाका कशेच भाशेन जगपाचें ना. म्हाका कोण वळखुचे लेगीत ना. हाव हांवूच रावतलें. तें तर म्हजें मरणच जातलें. थोडेंच खरें, पूण बरे भाशेन जगचें ही म्हजी एकूच इत्सा. म्हजी सगळ्यांनी एक सुंदर, तेजस्वी, आनंदी चली म्हूण याद काडची.''

हांवें म्हळें, ''सगळ्यांचेर काय एकाच भाशेन परिणाम जाता अशें ना. एकाच मनशाचेर लेगीत सदांच एकेच भाशेन परिणाम जायना. तुजीच देख घे. हे खेपेक ४० मि.ग्रॅम कोर्टिझोन घेवनय तुजी भूक वाडली ना आनी तुज्या रुपांतय फरक जालो ना.''

तें ओग्गी रावलें. घडये म्हज्या उलोवण्याकडेन ताचें लक्ष नासलें. थोडो वेळ आमी दोगांय ओगीच रावलीं. मागीर ताणें एकदम म्हळें, ''मम्मी, हांव वखद घेतां. आमी खंयतरी

पयस एकांतांत वचून रावंया. मनालीक वचुंया. मागीर, परतें हांव आसा तशेंच दिसूंक लागतकच आमी परतून येवंया. मम्मी, अजून हांव खूब ल्हान आसां. घडये थोड्या वर्सांनी नव्या उपचाराचो सोद लागत आनी हांव वांचनय बी. मम्मी, म्हाका जियेवपाचें आसा आनी खूब खूब शिकपाचें आसा.'' थोड्या वेळान ताणें म्हळें, ''मम्मी, तें जागृतींतलें पद म्हण - चलो चले माँ, सपनों के गाँव में, काँटों से दूर कहीं, फूलों के छाँव में... ऐसा न हो कि बिछुड जाये हम.''

सिनेमांत हें गीत गावपी भुरगो मरता आनी कायमचो आपले आवयक 'बिछडून' सोडून वता. तरी नीताचें हें आवडटें गीत आशिल्ल्यान म्हाका तें परतें परतें म्हणचें पडटालें. शंका-कुशंकांक मनांत थारो दिनासतना हांव तें परतें परतें म्हणटालें. हाका लागून कोणें तरी सुचयलें, ''तुमी म्हणटा तें पद टेप करून घेयात न्हय!'' नीतान सट् करून म्हळें, ''मागीर आशा भोंसलेची रिकॉर्डच कित्याक नाका? मम्मीचो ताळो तिचे इतलो बरो नासत, तितलो कमायल्लो नासत, पूण आवयची माया कितें ती निर्जीव टेपींत आसतली? मम्मी म्हाका अशी म्हऱ्यांत घेवन, सांसपित सांसपित पद म्हणटा. म्हाका न्हीद लागतकच तिचो आवाज बारीक जाता आनी हांव न्हिदतकच ती ओगी जाता. म्हजे तोंडावेलो हांसो पळयतकच तिका कळटा, हें कडवें म्हाका खूब आवडटा. देखून तें ती परतें परतें म्हणटा. टेपीक अशी जाणविकाय आसता? ती सगळी अस्तंती संस्कृताय आमकां नाका. हांव दोळे धांपून पडटकच, मम्मी पद म्हणटकच, म्हाका खात्री दिसता, ती सामकी म्हजे म्हऱ्यांतच आसा.

४ जुलयच्या नीताच्या मुताच्या रिपोर्टांत प्रोटीनचें प्रमाण १ आशिल्लें. त्या दिसापसून हांव ताच्या पोटांत वचपी पातळ पदार्थ आनी मूत मापतालें आनी ताची नोंद करतालें. दर सकाळीं, मापचे आदीं हांव बाटलेंतलें मूत हालोवन पळयतालें (कित्याक, प्रोटीन तळाक वचून बसतालें आनी तें खोदूळ दिसतालें). मागीर तें मूत तपासपाखातीर 'डीप अॅन्ड रीड' टॅस्टाची पट्टी बुडोवन पळयतालें, तर तातुंतलो प्रोटीनचो चौकोन, मूळ रंग बदलून १चो रंग धरतालो. मुतांत भिजयतकच ज्या चौकोनाचे रंग बदलतात, आनी जितल्या प्रमाणांत ते बदलतात ताचेवेल्यान मुतांत वचपी पदार्थांचें प्रमाण थारावंक येता. नॉर्मल आसल्यार रंग बदलना.

डॉक्टर लॅबोरेटरी टेस्टचे परिणाम मागताले. ताका लागून आमी ताच्या मुताचें सॅम्पल डॉ. प.कडेन दर दोन दिसांनी धाडटालीं. दोनूय म्हळ्यार घरचे आनी लॅबोरेटरी टॅस्टाचे परिणाम एकूच येताले. ताका जाय तितल्याच प्रमाणांत मूत जातालें. सामान्यपणान मूत, पोटांत गेल्ल्या पेयांच्या अर्द्या प्रमाणांत जावंक जाय. नीता दिसपट्टें स ग्लास पेय घेतालें. ताच्या मुतांतल्यान प्रोटीन वतालें देखून ताचें आंग सुजूंक लागिल्लें. तें न्हिदल्यार ताच्यो पातकड्यो सुजताल्यो, आनी बसतकच पांय सुजताले.

९ जुलयक ६० मि.ग्रॅम कोर्टिझोन सुरू करून पांच दीस जाल्ले, पूण नीताचे स्थितींत कांयच सुधारणा नासली. मुतांत प्रोटीनचें प्रमाण वाडतच आसलें. तें आतां २ जाल्लें. ताच्या पांयाचे सांधे खुबच दुखताले. ताका सारकें चलूंक येनाशिल्लें. ताका न्हावपाक बंदीच घाल्ली. देखून ताचे कुडींतच हांव ताका स्पंज करतालें. मूत मापचें आशिल्ल्यान, तेंय ताचे कुडींत,

एका टबांत करतालें. फकत सांजचें तें आपणालें हांथरूण सोडून बाल्कनींत कदेलाचेर बसतालें आनी पांय लांब करून एका मेजाग्र दवरतालें. पांय सकल दवल्ल्यार ते सुजताले.

६० मि.ग्रॅम कोर्टिझोन घेवनय नीताक मातूय भूक लागनासली. उलट उणीच जायत वताली. मुतांत प्रोटीन खूब आशिल्ल्यान, बिस्किटींतल्यान जावं दुदांत भरसून प्रोटीन अदीक प्रमाणांत दिवंचें पडटालें. पूण ताच्या वासानूच ताची उरिल्ली भूक ना जाताली.

एक दीस ताचे मैत्रीणीन आरतीन ताका समजावपाचो यत्न केलो. ताणें सट् करून म्हळें, "तूं खा, मागीर तुका कळटलें."

आरतीन म्हळें, "जालें तर. आयज सावन तूं जें खातलें तेंच हांव खातलें. सगळो दीस हांव तुजे मुखारच आसतां न्हय? तूं म्हजेर लक्ष दवरून राव."

५ जुलयपासून आरती दिसपट्टें सकाळपसून सांजेमेरेन आमच्याच घरा आसतालें. हांव दोगांकूय चित्रकला शिकयतालें. ताका लागून नीता तातूंत रमतालें. तांकां दोगांकूय तातूंत खोसय जाताली. ताका खोडरबराचो उपेग करचो पडटालो. तें पळोवन नीतान म्हळें, "आरती, तूं इतली खोडाखोड ओगीच करता. दोनूय दोळे एकाच लॅवलाचेर आयले ना जाल्यार ताका मॉडर्न आर्ट म्हणटकच जालें."

आरतीन म्हळें, "स्वता कितले तरी सुंदर चेहरे काडटा आनी म्हाका असलो सल्लो दिता...?"

"आरती, तूं आतां डॉक्टर जातलें तेन्ना सर्जरी करून तूं लोकांचें व्यंग सुदारूंक शकतलें. पूण हांव..."

आरतीन ताचें वाक्य पुरो जावंक दिलें ना. ताणें मदींच म्हळें, "हांव सर्जन जातलें काय ना हाची म्हाका खबर ना. पूण ही गजाल मात खरी की तुजेसारक्या फुडें जातल्या इंजीनियरान तर 'लॅव्हलिंग' करूंक शिकूंकच जाय. नाजाल्यार मोरयेंतलें उदक व्हाळांत वचचे बदला घरांतच रिगतलें." आरती ताचेकडेन सामकें खेळीमेळीन वागतालें.

९ जुलयक सांजे घरा वचचे पयलीं आरतीन म्हाका म्हळें, "मावशे, म्हाका दिसता फाल्यां सावन हांवें दनपार जातकच आयल्यार बरें. हांव येतां म्हूण नीता न्हिदना. ताका आतां अदीक सुशेगाची गरज आसा अशें म्हाका दिसता."

आरतीचें निरीक्षण बरोबर आशिल्लें. नीता अशक्त जायत वतालें. मुतांतल्यान वचपी प्रोटीनावांगडा ताची शक्तय उणी जायत वताली. पूण ताची जियेवपाची इत्सा मात बळिश्ट आसली. ताचो चड वेळ हांतरुणाचेरच वतालो. जागें आसतकच तें उत्साही दिसतालें. तें पोस्टमनाची वाट उमळशिकेन पळयतालें. आपणाक खंयचे कॉलेजींत ॲडमिशन मेळटलें हें कळपाची ताका उत्कंठा आशिल्ली. 'आतां म्हाका हें कळून कितें करपाचें आसा' अशी निर्शेणी केन्नाच ताणें दाखयली ना. तरीय आतां तें दुबावांत आसतालें. ताणें दुयेंसाचें बळगें वळखल्लें. स्वता तें झूज दितालें. पूण आतां जैताचो दुबाव आसलो. तें आतां मरणाक जाणून घेवपाचो यत्न करतालें.

एप्रिलचे सुरवेक सावन हांवें म्हजे सगळे वेवसाय सोडिल्ले. तरीय बायलो तयार कपडे विकते घेवंक घरा येतालीं. अशे एके बायलेच्या कानांतली वेड पळोवन नीताक आपल्या

वेडींची याद जाली. ती बायल वतकच ताणें म्हळें, ''मम्मी, आतां म्हाका कॉलेजींत वज्राची वेड घालूंक दिशीत?'' हांवें उठून कपाटाकडेन वतां वतां म्हळें, ''तूं तुज्या कानांतलीं मोतयां काडून दवर. हांव तुका आतांच वज्राची वेड दितां.''

ताणें रोखडेंच म्हळें, ''इतली ताकतीक करपाची गरज ना. हांव अजून तशें जियेतलें.''

त्याच सांजवेळा बाल्कनींत बसून आमी, आपापल्या घोंटेराकडेन पर्थून येवपी सवण्यांक नियाळटालीं. दोळ्यांवेली दुर्बीण हालयलेबगर ताणें म्हाका विचारलें, ''तुवें कोणाचो जल्म जातासतना पळयला?''

''तुमच्या दोगांयच्या जल्माचो अणभव म्हाका मेळ्ळा. पूण कोणाचो जल्म जातना प्रत्यक्ष पळोवंक ना. बाळंत जातना हालपाचेंय नासता. म्हूण आपणाक न्हिदून कांयच दिसना.'' हांवें म्हळें. ताणें इतल्यांत म्हळें, ''मम्मी, तुवें कोणाक मरतना पळयलां?''

म्हजे जापेक रावनासतना ताणें म्हळें, ''मनीस मरतकच ताचें कितें करतात? ताच्यो वस्ती काडून घेतात हें खरें? त्या दिसा जशी कितें नवीच घडणूक घडली तेभाशेन तुका चंद्राबेन सांगताली न्हय, कुसूमबेनच्या घोवान तिका मंगळसुत्रासयत अग्नी दिलो, म्हणून हांव तुका हें विचारतां.''

''हय. चडशे लोक अशें करतात. वस्ती काडून घेतात.'' हांवें म्हळें.

''आपलो मनीस वतकच फाटीं रावतल्यांक वस्तींचो मोह आसता?'' ताका संवसाराचे हे पद्धतीचें अजाप दिसलें.

''लागचीं मनशां अशें करिनात. पयसुल्ले आप्त हें काम करतात.'' हांवें सांगलें.

ताणें रागान म्हळें, ''तशें पयसुल्ल्या वळखीच्या मनशांनी म्हाका आफुडचें म्हाका पसंत ना. हावें तर म्हजे सुश्रूषेखातीर नर्स जावं आया तरी खंय दवरूंक दिल्या? तुका खुब्ब त्रास घेवंचे पडटात मम्मी, पूण म्हज्या आंगाक कोणेंय हात लायिल्लो म्हाका खरेंच सोंसचो ना. पप्पा सदांच नव्या नव्या डॉक्टरांक आपोवपाची भास उलयता, पूण खंयच्याय डॉक्टरान म्हाका तपासप म्हाका पसंत ना. पप्पान म्हजो पासपोर्ट तयार करून घेतला, पूण हांव तुका स्पश्ट उतरांनी सांगतां, हांव उपचारा खातीर अमेरिकेक वचचें ना. थंयच्या हॉस्पिटलांत तुका म्हजे म्हच्यांत बसूंक दिवंचे नात. तुजो हात धरून म्हाका न्हिदूंक दिवंचे नात. हांव बरें जातकच आमी भोंवडे खातीर अमेरिकेक वचुंया.''

ल्हानपणासावन तें आपणाले कुडींत एकलेंच न्हिदतालें. ताका काळखाचोय भंय नासलो आनी भुतां-चोरांचोय भंय नासलो. भंयाक लागून देवाचें नांव घेवपाचे ताचेर प्रसंगच येनाशिल्ले. सणाच्या दिसा देरासर (जैन धर्माचें देऊळ) आनी मंदिराच्या सजावटीन तें खोशी जातालें. ताका थंय वचपाची आवड आसली. ल्हानपणांत, तें दुयेंत आसतना हांव भजन, प्रार्थना बी म्हणटकच ताका तें आवडटालें. पूण हें व्हडलें दुयेंस भोगले उपरांत ताची देवावयली श्रद्धा नाशी जाल्ली. तें म्हणी, ''कृमाळू, पितृतुल्य देवाचो म्हाका केन्नाच भास लेगीत जालो ना. आनी जर मनशाक आपणाल्या कर्मांचेंच फळ भोगपाचें आसत जाल्यार, म्हाका फाव कशें दिसता तशें कर्म म्हाका करूं दी.''

शरीरांतल्यान प्रोटीन वतालें ताका लागून ताचें शरीर सामकें अशक्त जाल्लेंच, पूण

मानसिक सहनशक्तय उणी जाल्ली. ताच्यान मोठो आवाज आयकूं नज जातालो. ताणें सांगिल्लें कोणें सट् करून आयकलें ना जांवं तें जर समजलें ना जावं कोणेंय ताका आवडनाशिल्ल्यो गजाली केल्यो तर तें एकदम तिडकतालें.

१० जुलयक म्हजे आवय-बापूय घरा आयले. आयतार आशिल्ल्यान ते अल्पाक आपणावांगडा भोंवपाक व्हरूंक आयिल्ले. पूण अल्पाक नीता म्हऱ्यांतच रावपाचें आसलें. म्हजे आवयक हांवें कितलेंतरी समजायल्लें, तरूय तिणें आपणाले समजुतीप्रमाण नीताक इल्लो उपदेश केलो. ''देवाच्या नांवाची जपमाळ जपली जाल्यार आपलें कठीण कर्म उणें जाता आनी दु:ख सहन करपाची तांक मेळटा.''

नीतान ताबडतोब म्हाका सांगलें, ''मम्मी, सगळ्यांक म्हजे कुडीचे भायर बसय. म्हजी तकली खूब दुखता.''

सगळींजाणां भायर वतकच ताणें म्हळें, ''मम्मी, हांवें ह्या लोकांक केन्ना सांगलां की म्हाका कसल्यो वेदना जातात म्हूण? म्हाका म्हज्या विश्वासाप्रमाण जियेवपाचें आसा. म्हाका देवाची जपमाळ ओडीत ओडीत मरणाची वाट पळोवपाची ना. म्हाका जीण फुकट घालोवपाची ना. म्हाका जियेवपाचें आसा. शिकपाचें आसा. निमणेमेरेन कामांत गुल्ल रावपाचें आसा.''

ताका अदीं मदीं आपणाल्या मरणाविशीं विचार येताले, पूण हेर कोणेंय तेविशीं म्हळें काय तें रागार जातालें. ताचे वेदनेची जाणीव तें क्वचितच दितालें. खूब वेदना जाली तरीय तें ओंठ दाबून हांसपाचो यत्न करी. आपणाल्या दुयेंसाखातीर तें संयुक्तीक कारणां सोदी. स्वताचे आडखळीविशीं तें विवेकबुद्धीन विचार करी. नशीब वा हेर कोणाक बोल लायनासलें. तें दिखाऊ ईश्वरभक्ती करीनासलें. पूण तें केन्नाच फट उलयनासलें. ताची सगळ्यांचेर दया-माया आसताली. ताका कोणाचविशीं वैरभाव जावं असुया नासली. ताका स्वताक नाच आनी व्यायाम करपाची, खेळ खेळपाची परवानगी नासली. तरीय कोणाय वळखिच्यांक तातूंत इनाम मेळ्ळें काय तें मनासावन तांकां परबीं दितालें. स्वता खूब दुयेंत आसलें, हांथरुणाचेर आसलें - जी निमणें ताची मृत्युशय्याच जाली - तरीय ताणें हांथरुणाचेर पडून, खबरांपत्र वाचून म्हाका सांगचें, ''मम्मी, व्योमाचो आयज पेपरांत फोटो आयला. ताका टेबलटॅनिसचो ट्रिपल क्राऊन मेळ्ळा. ताका फोन कर आनी म्हजेवतीन ताका परबीं दी. नाजाल्यार अशें कर, फोन लाय आनी म्हाका दी. हांवूच उलयतां ताचेकडेन.''

शाळेंत साठ विद्यार्थिनींच्या वर्गांत ताचो नंबर पयल्या पांचांत आसचो. जर कोणें म्हळें, ''अशें दुयेंस नाशिल्लें जाल्यार तूं पयलेंच येतलें आशिल्लें'', तें ताबडतोब म्हणी, ''म्हजेकडेन भटकुपाची शक्त आशिल्ली जाल्यार हांवूय घडये घराच बसून इतलो अभ्यास करचें नासलें.'' भायल्यांक तें अशी जाप दितालें पूण अल्पाक सदांच म्हणी, ''अल्पा, तूं कितलो वेळ फुकट घालयता? तुजे भाशेन म्हजी प्रकृती निरोगी आशिल्ली जाल्यार हांव कितलो अभ्यास करतलें आसलें, कितल्यो नव्यो कला शिकतलें आसलें आनी कितल्या विशयांत भाग घेतलें आसलें.''

अल्पाक जेन्नासावन भयणीच्या दुयेंसाच्या गंभीरपणाची जाणविकाय जाल्ली, तेन्नापसून

तें बदलिल्लें. तें चड मन लावन अभ्यास करतालें, नव्यो गजाली शिकतालें. जायत्या विशयांनी वांटो घेतालें आनी आपणाले शक्तीचो आनी कलेचो जाता तितलो बरो उपेग करतालें. शाळेंत जेन्ना अल्पा बक्षिसां मेळयतालें तेन्ना नीताक ताचो अभिमान दिसतालो. रमेश ऑफिसांतसून आयलो तसो तें ताका ताबडतोब खबर दितालें, ''पप्पा पप्पा, आयज आमच्या अल्पाक वक्तृत्वसर्तींत इनाम फावो जालां.''

१२ जुलयक आमी डॉ. ब.चे भेटेक गेलीं. तेन्ना नीताच्या मुतांत प्रोटीनचें प्रमाण वाडून ३ जाल्लें. रिपोर्ट पळयनाफुडें तांचो चेहरो सामको गंभीर जालो. त्या दिसा तेय तांची भावना लिपोवंक शकले नात. सामखारचे वणटीकडेन नदर लायत तांणी म्हळें, ''हें पळयात, इतलीं वर्सां आमी ताचेर कन्झर्वेटिव्ह उपचार केले. पूण रिपोर्ट इज नॉट ॲन्करेजिंग.'' तांणी सामके तोलून मापून, जतनाय घेवन उतरां उलयलीं. ''आतां आमकां इम्युनो सप्रेसिव्ह (जाका किमोथॅरपीय म्हणटात) वखद घेवंक जाय. (कॅन्सरांतय ऑपरेशना उपरांत हें वखद दितात.) तेखातीर ताची रगत तपासणी करची पडटली. धव्यो रगतपेशी ४०००चे वयर आसल्यारच हें वखद दिवंक जातलें.''

१३ जुलयचे फांतोडेचेर डॉ. प. नीताचें रगत काडपाखातीर घरा आयले. भुरगेपणांत होमिओपथीच्यो गोड गोड गुळयो खावन बरें जावपी नीता आतां हे सुयांची टोंचणी मुकाट्यान सोंसतालें.

नीताच्यो धव्यो रगतपेशी धा हजार जाल्ल्यो, देखून नवो उपचार सुरू करपाचो आशिल्लो. वखदां वांगडा सूचना आनी सावधगिरीचें पत्रक वाचून आमी हताश जाल्लीं. हें वखद सुरू करचे आदीं पिडेखोराक 'ॲलोपेशिया' जावपाची शक्यता आसा हें सांगप गरजेचें. 'ॲलोपेशिया' म्हळ्यार सादे भाशेंत 'तकलेक टक्कल पडप.' आमी दिसपट्टे अशे नवेनवे शब्द शिकतालीं. सूचनापत्रकांत अशें बरयल्लें, पूण खंयचोय रोगी, चड करून बायलमनीस आनी तीय यौवनाच्या हुमऱ्यार आशिल्ली - अशी शिटकावणी दितकीच तें वखद घेत काय? आनी घेतलेंय जाल्यार हताश जावन घेतली. अशें करपांत उणो लाव जातलो. अशा विचारान आमी तें पत्रक लिपोवन दवरलें.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं कोर्टिझोनचे गुळये बरोबर ही नवी गुळी पळोवन नीतान रोखडेंच विचारलें, ''हें कितें नवेंशें?''

''ही अँडोक्सानची गुळी. आयजपसून सकाळ सांजवेळा दोन दोन. कोर्टिझोनच्या गुळयां बदला एक ही आनी एक कोर्टिझोनची गुळी घेवंक जाय. दनपरां आदले वरीच दोन कोर्टिझोनच्यो गुळयो घेवंक जाय. म्हणचे आतां तुवें ६० मि.ग्रॅ. बदला ४० मि.ग्रॅ कोर्टिझोन घेवंक जाय.'' हांवें ताच्या उपचारांत जाल्लो बदल विस्तारान सांगलो. म्हाका दिशिल्लें, कोर्टिझोन कमी जाल्लें पळोवन तें खोशी जातलें. पूण ताणें रोखडेंच म्हळें, ''म्हाका अँडोक्सानचें सूचनापत्रक पळोवचें आसा.'' सुन्न जावन, कितें म्हणचें हें सुचनाशिल्ल्यान हांवें मातशें तिडून म्हळें, ''हें पळय नीता, दुयेंतीन चड प्रस्न विचारपाचे नासतात.''

त्या दिसा पयलेच फावट हांवें उकतेपणान ताका रोगी म्हळें जायत. ताणेंय पयलेच फावट हट करूंक नासलो. आदीं अशें घडटकच तें तिडकून म्हणटालें, ''जोमेरेन हें वखद कितें आसा, कित्याखातीर आसा ताची पुराय म्हायती म्हाका सांगली ना तोमेरेन हांव तें घेवचें

ना. दुदांत घालून पियेवपाचें टॉनिक आसल्यारय तें म्हणटालें, ''तूं ताचो वास तरी घेवन पळय. हांव तें पियेवपाचें ना. तें म्हजेकडल्यान पयस व्हर, नाजाल्यार म्हजी आशिल्लीय भूक मरतली.'' आयज ताणें सामके थंडसाणेन म्हळें, ''मम्मी, प्लीज हें नवें वखद घेतलें ना जाल्यार जावंचें ना?'' मागीर म्हज्या तोंडाकडेन पळोवन ताणें म्हळें, ''मातशा वेळान घेतल्यार?'' आतां तें एकदम बदलिल्लें.

रमेश नेमान ऑफिसाक वतालो. पूण थंय तो नीताचोच हुस्को करीत बसतालो आनी ताच्या दुयेंसाविशीं लेगीत जगभर चौकशी करतालो. अमेरिकेंत आसपी म्हजो भाव आनी आमच्या डॉक्टर इश्टांक पत्रां बरयतालो, कॉल करतालो आनी थंय परदेशांत कसले उपचार करतात तें विचारतालो. थंयूय हेच उपचार करताले. कोर्टिझोन आनी इम्युनो सप्रेसिव्ह वखदां. पूण थंय रोगाच्या निदानाखातीर सामकी आधुनिक आनी अदीक भरवंशाची चिकित्सा जाता - ॲन्टीबॉडी, ॲन्टीन्युक्लियर टेस्ट बी. अमेरिकेंतली आप्तमंडळी ह्यो परिक्षा आनी किडनी बायोप्सी करपाक सुचयतालीं. बायोप्सीक लागून किडनींत एस्.एल्.ई.चे कोश (सॅल्स) आसात काय ना हाची खात्री करूं येता. रोगाक एस्.एल्.ई. म्हणटात. पूण रगत आनी हाडांच्या (मॅरो-मज्जा) आनी किडनी टॅस्टाक एस्.एल्.ई.चे सॅल्स (कोश-टॅस्ट) म्हणटात.

एल्.ई. रोग एस्.एल्.ई. रोगापरस वेगळो. फकत एल्.ई. वा जाका 'डिस्कॉइल्ड ल्युपस एरीथ्रिमेटॉस' म्हणटात तातूंत जोर नासता आनी शरीराच्या महत्वाच्या भागांक लुकसाण जायना. तातूंत फकत चामडेचेर परिणाम जाता. तें रोग्याच्या बाह्यरुपाचेर परिणाम करता. एस्.एल्.ई. त सदांच जोर आसता आनी तोय खूब तेंप.

नीताचे बाबतींत दोतोर किडनी बायोप्सीचे आड आसले. ताका एस्.एल्.ई.च आसा हातूंत आतां कोणाकच दुभाव नासलो. नीताच्या रगताचो गोठेवपाचो वेळ निकतोच फावसो जाल्ल्यान दोतोर ताचेर ल्हानशी शस्त्रक्रिया करपाची जोखीम घेवपाक तयार नासले. नीता पिडेची दूख भोगतालें. तातूंत आनी हे चिकित्सेन ताच्या दुखण्यांत वाड करपाची नासली.

नीताक चड करून जाय तितल्या प्रमाणांत मुतूंक जातालें. ताचें वजनय वाडूंक नासलें. तरूय ताचें पोट फुगूंक लागिल्लें. ताका ॲसायटिस (जलोदर) जाल्लो. ताका लागून मूत चड प्रमाणांत जावप गरजेचें आसलें. हेखातीर ताका १४ आनी १५ जुलयक सकाळीं लॅक्सिसची गुळी दिल्ली. ताका लागून ताका चड प्रमाणांत मूत जालें. आतां तें ज्या प्रमाणांत पेय पियेतालें त्या प्रमाणांत ताका मुतूंक जातालें. मूत चड जाल्ल्यान शरिरांतल्यान भायर पडपी प्रोटीनचें प्रमाणाय वाडत वचूंक लागलें. ताका लागून ताचो अशक्तपणा वाडत गेलो. तें चड करून न्हिदिल्लेंच आसतालें. म्हणटकच वाजेलें काय उशाचो आदार घेवन, पांय लांब करून तें हांथरुणाचेरच बसतालें. किडनीच्या रोग्याचें ब्लड प्रेशर एकदम वाडपाची शक्यता आसता, देखून डॉ. ब.न गरज पडली जाल्यार 'सरपासिल' घेवंची म्हूण सुचयल्लें. नीताची केन्ना केन्ना तकली दुखताली. पूण ब्लड प्रेशर वाडूंक नासलें. हेर खंयच्याय कारणान ताचें ब्लड प्रेशर वाडचें न्हय हाची आमी खूब जतनाय घेतालीं. व्हड प्रमाणांत कोर्टिझोन घेतालें. तरीय त्यावेळार

डॉ. ब.न ताका एकांतांत, लोकांच्या संसर्गापसून पयस रावंक सांगूंक नासलें. उरफाटें, ताका घरांत, ताचे कुडीभायर भोंवपाची परवानगी दिल्ली. ताचे आवडीच्या मनशांक घरा आपोवंक सांगिल्लें. कारण ताका वाज येवंचो न्हय आनी ताचें मन आनंदांत उरचें. तशें आसुनय आमी ताचे कुडींत गर्दी आनी गडबड जावंक दिनासलीं. ताचे कुडींत लोकांक बसपाक दोनां परस चड कदेलांय दवरूंक नाशिल्लीं. म्हणून १७ जुलय, आयतारा सांजवेळा जेन्ना म्हजे आवय-बापूय आनी भयण आमच्या घरा आयलीं तेन्ना आमी तांकां दिवाणखान्यांतच बसयलीं. हांवें म्हजे आवयक फोनारच सांगिल्लें, ''कृपा करून नीताक कांयच सल्लो-सुचोवण्यो दिवं नाकात.''

दोन दिसांपसून नीताच्या पांयांचे सांधे दुखनाशिल्ले. पूण पोट थोडें फुगिल्लें आशिल्ल्यान ताका लोकांसामकार चलपाक आवडनाशिल्लें. पूण त्या दिसा तें खोशयेंत आशिल्लें. ताणें म्हाका म्हळें, ''मम्मी, आयज हांवूच भायले कुडीत आयलें जाल्यार? म्हाका मातसो चेन्ज जातलो. म्हजे कुडींत इतलीं मनशां बसूंक पावचीं नात आनी आयज म्हाका सगळ्यांक मेळपाचें आसा.'' तेंच भायर येवन बसलें.

''नीताच्या चेऱ्यावेल्यान आयज तर...'' आमची आई उरफाटें-सुरफाटें कितेंय उलयत ह्या भंयान म्हजे भयणीन, ज्योतीन मदींच विचारलें, ''नीता, तुवें हालीं कितें वाचलां? वा मम्मी कडल्यान कितें आयकलां?''

अशे तरेन सुरू जाल्ली भासाभास आमी भुरगेपणांत कितें वाचतात हाचेर पावली. ज्योतीन म्हळें, ''आमी समाजीक कादंबऱ्यो चड वाचतालीं, रहस्यकथा तर नाच म्हळ्यार जाता. 'व्हेन्डेटा' आनी त्याच लेखकाची ती दुसरी कथा, जातूंत तीन पिळग्यांची कथा येता - कितें गो ताचो माथाळो?''

म्हजे आईन मदींच म्हळें, ''थॅल्मा. आनी लेखकान न्हय, मारी कोरोली नांवाचे लेखिकेन तें बरयलां.''

अजापान चकीत जावन ज्योतीन म्हळें, ''आरे वा, तुका तर सगळीं नांवांय लक्षांत आसात आनी तींय सारकीं.''

हांवेंय म्हळें, ''आई, तुवें तर आयज कमालच केली.'' आई खोशी जाली. तिणें म्हळें, ''नीता, तुज्यांत कितें आपशींच इतली बुद्धी आयली? तुज्यांत म्हजे इल्लेशे जीन्स आयल्यात. पांच भुरग्यांक वाडोवपांत म्हजी बुद्धी खर्ची पडली. हांवूय आमच्या काळांत कॉलेजीक वच.''

नीतान हांसून म्हळें, ''आज्जे, आतां तर तुवें सिक्सरच मारली. जीन्स ह्या शब्दाची लेगीत तुका याद जाली.''

नीताक चर्चा करूंक खूब आवडटालें. जल्मोजल्मीं केल्ल्या कर्मांचें फळ भोगप, ऋणानुबंध आदि तत्त्वज्ञानाचे सिद्धान्त समजावपाखातीर आई नीताक म्हणी, ''तूंच विचार कर, एकाच घरांत दोन भाव लेगीत एकसारके कित्याक नासतात?''

हाका जाप म्हूण नीता तिका वंशपरंपरागत जीन्स सिद्धान्त शिकयी. तांचे चर्चेचो शेवट जायच नाशिल्लो. निमणें वाजेवन हांवें म्हणचें, ''हें पळयात, तुमचो दोगांयचोय जीन्सांचेर विश्वास आसा. नीता, तूं तुज्या वैज्ञानिक जीन्सांचेर भरवंसो दवर आनी आईक तिच्या आध्यात्मिक जिन

महावीराचेर विश्वास दवरुं दी.''

हांसप, हांसोवप आनी भासाभास करप हो नीताचो जल्मजात सभाव आशिल्लो. ताचो चेरो लेगीत कितलो तरी तेजिश्ट दिसतालो. ताची प्रकृती सेर्त सुधारताली. नव्या उपचारांचो (एन्डोक्सान वखदाचो) ताचेर बरो परिणाम जातालो. अशा विश्वासान म्हज्या कुळारचीं मनशां घराभायर सरलीं.

न्हिदिल्ल्या मनशाच्या चेऱ्यावेल्यान ताची खरी परिस्थिती समजता. जागो आसतना मनीस आपणालीं दु:खां लिपोवंक शकता. पूण न्हिदेंत सत दिसून येता अशें कितें तरी रमेशान एका लेखांत वाचिल्लें. म्हूण न्हिदिल्ल्या नीताक पळोवन ते म्हाका म्हणटाले, ''पळय गो उषा, हें बरयल्लें खरें आसत तर नीता नक्कीच बरें जातलें. ताच्या चेऱ्याचेर कितली प्रसन्नता आसा.''

हाचे फुडें कितें जातलें हे विचार म्हज्या मनांत येनाशिल्ले. कारण म्हजें सगळें लक्ष नीताक खंयच्यो गजाली आवडटल्यो, ताचें मन कित्यांत रमतलें आनी कित्यान तें खोशी रावतलें हाचेरच आसतालें.

नीता १८ आनी १९ जुलयकय तितलेंच खोशयेंत आशिल्लें. १९च्या सकाळीं डॉ. प. ताचें रगत काडूंक आयले तेन्ना तांचेकडेन तें तितलेच उमेदीन उलयतालें. १९च्या सांजवेळापसून तें मातशें मोवशें दिसूंक लागलें. ताच्या आंगाची सूज वाडूंक लागली. सबंद पांय मांडयेपासून पांयांच्या धोंपरांमेरेन सुजिल्ले. ताका लागून ताका चलतना खूब त्रास जातालो. तें हांथरुणाचेर पांय लांब करून बसलें जाल्यार पोट फुगचें, पांय जमनीक तेंकोवन बसलें तर पांय सुजताले आनी न्हिदल्यार तोंड सुजतालें. तें जितलें पियेवंक घेतालें तितलेंच ताका मुतूंक जातालें तरूय लेगीत सूज वाडूंक लागिल्ली.

१९चे रगतचिकित्सेंत धव्यो रगतपेशी उण्यो जावन २००० जाल्ल्यो म्हूण एन्डोक्सान दिवप बंद करचें अशें थारलें. ह्या उपचारान अजून मेरेन ताच्या केंसांचेर कांयच परिणाम जावंक नाशिल्लो. २० जुलयच्या सांजवेळा डॉ. ब. नीताक पळोवंक घरा येवपाचे आशिल्ले. तांणी त्यावेळार डॉ. अ.कूय हजर रावंक सांगिल्लें. त्या दिसा सकाळपसून उटंगाराचो पावस पडटालो. वाहनांची सगळी येरादारी ठप्प जाल्ली. म्हूण डॉ. ब. आमच्या घरा पावत हाची आशा उणी आसली. सांजच्या पांच वरांचेर पावस थोडो उणो जाल्लो. तरीय खूब सुवातींनी वाहनांची येरादारी थांबिल्लीच. अशें आसुनय साडे स वरांचेर डॉ. ब. आनी अ. दोगूय आयले.

पावसाक लागून नीताक बाल्कनींत बसोवप शक्य नाशिल्लें. तशेंच, जनेलांय उकतीं करप शक्य नाशिल्लें. ताका लागून निर्माण जाल्ल्या कूंद वातावरणान नीताच्या मनाक चडच खिन्नपण हाडिल्लें. डॉक्टर आयले तेन्ना तें हांतरुणाचेरच न्हिदिल्लें आशिल्लें. डॉ. ब.न ताका पळयलें आनी म्हळें, ''नीता, अशें पडून कित्याक रावलां गो तूं? चल, मातशें ऊठ, बस. थोडें भोंव.''

''डॉक्टर, म्हज्यान चलूं नज. पांय दुखतात.'' ताणें म्हळें. डॉक्टरांनी पळयलें की ताच्या अशक्त पांयांक सुजिल्लें पोट आनी मांडयांचें वजन सोंसनासलें आनी चलतना सुजिल्ल्यो मांडयो एकामेकांचेर घसटताल्यो. ताका लागून ताका चड वेदना जाताल्यो. डॉक्टरांनी स्वता ताका हांथरुणावेल्यान उबें केलें आनी म्हळें, ''चल, आमी यत्न करून पळोवया. घडये तुज्या

कमराक आनी फाटीक मातसो आदार मेळ्ळ्यार तूं चलूंक शकत.'' मागीर तांणी ताच्या कमराक आनी फाटीक आपल्या हातान तेंको दिवन, ताका ल्हवू ल्हवू चलयत बाल्कनींत व्हेलें. मागीर म्हाका म्हळें, ''हें पळय, अशे रितीन ताका चलयात. अशें दिसभर हांथरुणाचेर न्हिदोवन दवरुं नाकात.'' मागीर तांणी नीताक म्हळें, ''पळय, ह्या प्रमाण चलत राव हां. सकाळ, सांजवेळ बाल्कनींत मेकळे हवेंत बसपाचें हां!''

''डॉक्टर, नीता जाय तितल्या प्रमाणांत प्रोटीन घेना.'' डॉ. अ.न तक्रार केली.

डॉक्टर ब.न आपणें आयकलें अशें सुचयत मान हालयली. मागीर तांणी म्हळें, ''ताका आमचें सदचें सादें जेवण दियात. फकत मीठ उणें. एकदम बंद करपाची गरज ना. मीठ इल्ल्या प्रमाणांत खालें जाल्यार कांय हरकत ना. आनी ताका कशे तरेन आराम मेळटा हें पळोवपाचें आसा. ताचेर चड बंधनां नाकात.''

डॉ. ब. परते नीतालागीं गेले. ''नीता, बरें तर. आतां हांव वचूं? तूं आनंदांत राव आनी धीर धर...'' आनी ते गेले.

नीताच्या शरिरांतल्यान प्रोटीन साप्पच उणें जाल्लें म्हूण तांणी ताका प्लाझ्मा (तांबड्यो पेशी जावंचें रगत) दिवंक सांगलें. तांणी विशेश सांगलें, ''नीताक हॉस्पिटलांत व्हरूं नाकात. सगळे उपचार घराच करात.'' नीताक मातपूण शारिरीक जावं मानसिक त्रास जावंक फावना हाची डॉ. ब. खूब्ब काळजी घेताले.

२१ जुलयक दनपरां १२ वरांचेर आपणाले लॅबोरेटरींतल्यान सुट्टकच डॉ. प. नीताक प्लाझ्मा दिवपाखातीर घरा आयले. रमेश घराच आसले. तांणी प्लाझ्माच्यो बाटल्यो हाडून दवरिल्ल्यो. डॉ. प. हे एक तज्ञ पॅथॉलॉजिस्ट. आमकां कोणें सांगलें की प्लाझ्मा दिवपाखातीर निष्णात दोतोर जाय. कारण तातूंत रोग्याक फिट्स येवपाचो भंय आसता. पूण डॉ. प.न आमकां समजायलें की तशी भिरांत रगताचे बाबतींत आसता. रगत रोग्याच्या फाव त्या ग्रुपाचें आसचें पडटा. पूण प्लाझ्मा एकेच तरेचो आसता. डॉ. प.न खात्री दिली की हातूंत व्हडली जोखीम ना. ताचे उपरांत रमेश ऑफिसाक गेलो.

डॉ. प. सभावान सामके आनंदी, नीताक आवडटले अशे आशिल्ले. तांचो चलो नीताच्याच वर्गांत आशिल्लो. ताका लागून पयलीं तांणी नव्या अभ्यासक्रमाविशीं आनी मागीर बारावी आनी इन्टरसायन्स अशे दोन वर्गांचे विद्यार्थी एकाच वेळार व्यावसायिक कॉलेजांत घालपाचे आशिल्ल्यान निर्माण जावपी नव्या समस्यांविशीं आपणालें मत सांगलें. ताचे उपरांत तांणी आपणाल्या व्यवसायांतले कांय अणभव सांगले. स्टँडावेले उरफाटे हुमकळायल्ले बाटलेंतल्यान थेंब थेंब प्लाझ्मा नीताच्या शरीरांत रिगतालो आनी डॉक्टर नीताक एकेक प्रसंग सांगताले. मदीं मदीं ते सूय, नळी आनी रोगी, सगळें सारकें आसा हाची खात्री करून घेताले.

''नीता, हांवें तुजेखातीर ही स्पेशल बारीक सूय हाडल्या. हॉस्पिटलांत इतली बारीक सूय मेळची ना हां!'' नीताचें मन गजालींत रमचें म्हूण तांणी फुडें म्हळें, ''नीता, आगो तुका त्या दिसा हांसो येतालो की ह्या डॉ. प.न आपणाल्या चिकित्सागृहाचे भायर फळयेचेर अश्यो कांय विचित्र सुचना बरोवन दवल्ल्यात म्हूण. पूण जर हांवें त्या मनशाचें पुराय नांव म्हळ्यार

ताचें स्वताचें नांव, बापायचें नांव आनी ताचें आडनांव, मागीर ताची पिराय ही सगळी पुराय म्हायती ताणें हाडिल्ल्या नमुन्याचे बाटलेर बरोवपाचो नेम केलोना जाल्यार खूब गोंदळ जातलो. तुमच्या गुजराथी लोकांमदीं डझनाच्या हिशेबान शांतीलाल शाह आसात. म्हूण बापायचें नांव आनी स्वताची पिराय बरयल्ली आसत जाल्यार हांव थारावंक शकतां की खंयच्या शांतीलाल शाहचो खंयचो रिपोर्ट दिवपाचो आसा. अशी पुराय म्हायती बरयले बगर लोक नमुने दवरून गेल्यार, डायबेटीस आशिल्ल्यांक काविळीचे रिपोर्ट आनी कावीळ आशिल्ल्यांक डायबेटीसचे रिपोर्ट मेळपाचे.''

आतांमेरेन प्लाझमाची अर्दीच बाटली रिती जाल्ली. डॉ. प.न दुसरी गजाल सुरू केली. ''दुसरी एक तुमच्या वाणी लोकांची काणी सांगतां. कितेंय आसलें की ते विचारतले, 'कितले टक्के?' डायबेटीस आसत तरीय कितले टक्के आनी मुतांत रगत जावं आलब्युमिन वता जायत तरी तें कितले टक्के. हांव तांकां म्हणटां, 'आरे बाबांनो, हें काम आतां तुमचें. घरा वचून तुमी आपले टक्के सोदात.' ''

डॉ. प.न टक्क्यांसंबंधीची गजाल निकतीच सांगिल्ली. तरी लेगीत तांची फाट परततकच नीतान म्हळेंच, ''मम्मी, हांवें मेजली तेपरस डॉ. प.ची आवक खूब चड आसतली. हांवें तांच्या रोग्यांक रगत, प्लाझ्मा बी दिवपाची फी तर धरुंकच नाशिल्ली.''

आमी डॉ. प. जावं डॉ. ब. कडेन आमचे पाळयेची वाट पळयत बसतालीं तेन्ना नीता थंय बशिल्ल्या रोग्यांची संख्या मेजतालें आनी ताचेवेल्यान डॉक्टराचे कमाईचो अदमास लायतालें. ल्हान भुरग्यांवांगडा येवपी आवयांची संख्या चड आसता काय बापांयची, काय आवय-बापाय वांगडा येवप्यांची - केन्ना तें तशें हिशेबय करतालें म्हूण आमचे पाळये खातीर थांबपाची आमकां उबगण येनाशिल्ली.

एक दीस ताणें म्हाका म्हळें, ''डॉ. अ. धा विजिटां करून जितले पयशे जोडटात, तितले पयशे कन्सल्टन्ट डॉक्टर एकेच फावटींत व्हरतात.''

''म्हणूनच तुका डॉ. ब. सारके निष्णात जावपाचें आसा न्हय? डॉक्टर जावपाचें आसत तर सेवाभाव जाय, पयशांचो लोभ नासचो.'' हांवें म्हळें.

ताणें जाप दिली, ''डॉक्टरांचो तर रोग्याच्या जिवाकडेन संबंध आसता, म्हूण तांकां तांच्या विशयाची खरी आवड जाय जाका लागून तांकां खरें निदान आनी उपचार करूंक येतले. जांकां आपणाल्या वेवसायाची खरीच आवड आसता ते पयशांचे लोभी आसचे नात. ते आपणालें काम स्वताच्या संतोश आनी आनंदाखातीर करतले. सेवाभावा मदीं म्हाका तर उदारताये बदला दंभच दिसता - हांव तुमचे परस वयल्या पांवड्यार - उच्च आसां, तुमकां म्हजे मदतीची गरज आसा, म्हणून हांव जें कितें दितलों आनी जें कितें म्हणटलों तें तुमी मोन्यांनी आयकपाचें, प्रस्न विचारपाचे नात. अशी तांची वर्तणूक आसता अशी ताणें जाप दिली. तेन्ना तर तें फकत चौदा वर्सांचें आशिल्लें. त्या वेळार ताणें 'द फायनल डायग्नोसिस' पुस्तकाविशीं आयकुंकय नाशिल्लें. तें जायते फावटी म्हणी, ''मम्मी, म्हज्यांत हे दोनूय गूण

आसात. वैद्यकीय विशयांची आवड आनी नवें जाणून जावन घेवपाची आनी शिकपाची जिज्ञासा. हांव नक्कीच डॉक्टर जातलें. पप्पाभशेन आपणाल्या वेवसायाकडेन एकरूप जातलें.'' नीताची म्हजेकडेन चड इश्टागत आसली, पूण ताचो आदर्श मात पप्पाच आसलो.

२२ जुलयक ताका प्लाझमाची आनीक एक बाटली दिली. नीताच्या दोळ्यांत तांबडे ठिपके दिशिल्ले आनी ताका खूब जोर आयिल्लो. आनी हांव डॉ. ब.क घरा आपोवंक लागिल्लें. त्या दिसापासून म्हळ्यार सुमार एक म्हयन्यापसून हांवें घराचे सगळे वेव्हार सोडिल्ले. नीताचे सेवा-सुश्रुशेबगर हांव हेर कित्याचकडेन लक्ष दिनाशिल्लें. जानकी जें रांदतालें तें आमी जेवतालीं. भाजीवाल्याचे आनी इस्त्रीवाल्याचे हिशेब लेगीत तीच दवरताली. इराणी आनी मोदीकडली खरेदी लेगीत तीच करताली. हांवें तिका लागपी पयशेय दिवन दवरिल्ले. ती म्हाका हिशेब सांगूंक लागली काय हांवें तिडकून म्हणचें, ''जें आसा तें दी. तुजो हिशेब म्हाका आयकुपाचो ना.'' म्हजो तिचेर विश्वास तर आशिल्लोच. आनी ती नाय म्हळ्यार लुटून लुटून कितें व्हरतली आसली? म्हज्या नीतूचे जिणेखातीर हांव म्हजी सगळी कमाय दिवपाक तयार आशिल्लें. म्हजी जीणय. पूण अशें फकत बाबर-हुमायूनचे काणयेंतच घडटा आसुंये.

त्या दिसा सकाळीं हांव ताका स्पंज करतालें. हांव ताचो हात पुसतालें तेन्ना ताणें म्हळें, ''मम्मी, आजूनय तुजो हात कितलो मोव आनी गुबगुबीत आसा. ताचेर एक शीर लेगीत दिसना.'' आनी ताणें ताच्या सुकिल्ल्या भागिल्ल्या हाताकडेन पळयलें. म्हाका हांव व्हडलें गुन्यांवकारी कशें दिसलें. हांवें रोखडोच म्हजो हात पदरासकयल लिपोवपाचो यत्न केलो.

तेच रातची गजाल. ताका रातची उणी न्हीद लागची. जलोदर आशिल्ल्यान तें गाढ न्हिदूंकच पावनासलें. हांव ताचे शेजरा पडून जागेंच रावतालें. ताका कितेंय जाय आसत जावं कुशीर जावपाक पालव जायत आसत जाल्यार तेखातीर हांव जागेंच उरतालें. तें न्हिदतालें, पूण मदीं मदीं उठ्ठालें. हांव दोनूय हात जोडून मनांतच प्रार्थना करी, ''हे देवा, ह्या फुलपी फुलाचेर अन्याय करचे बदला म्हजेर कर...''

तें जागें जालें. म्हजी मूक प्रार्थना ताका समजल्ली जावंये. हांसून ताणें म्हळें, ''आगे पिशे, अजून तुजी देवाचेर श्रद्धा आसा गे? हें पळय, तो तुजें सौंदर्य वा तुजी बरी भलायकी म्हाका दिवंचो ना. अशें ताचेकडेन वांटपण करतना तूं हें विसरता की तूं म्हजी एकट्याची न्हय. अल्पा आनी पप्पाकय तुज्या मोगाची इतलीच गरज आसा.''

ताचे उपरांत एखाद्या जाण्ट्याभाशेन ताणें म्हळें, ''अशे तरेन उसरां मेरेन जागत बसून उरली जाल्यार तुजें रूप आनी बरी बलायकी तर तूं नक्कीच होगडायतली, पूण ताचो म्हाका कांयच लाव जावपाचो ना. पळय तरी, तुज्या दोळ्यांसकयल कितली काळपाण दिसूंक लागल्या. मम्मी, तूं विचार कर, हांव आनी पम्मीमावशी (म्हजी इश्टीण जिका कॅन्सर जाल्लो), आमचें कुटुंब आनी तिचें कुटुंब सगळींच कश्ट करून कमोवपी; तरूय कितलें सोंसतात आमी. आनी तो इदी अमीन - आयजच हांवें ताच्या दुष्कर्माविशीं वाचलां. ताका कोण ख्यास्त करतलो? देव खऱ्यांनी नाच.''

आतां तें चड वेळ मेरेन न्हिदचें ना हें खबर आसून लेगीत हांवें ताका म्हळें, ''नीता, तुका न्हीद लागना जाल्यार हांव तुका एक फ्रॅंच कलाकार हेन्री लॉट्रेकचे जिणेर आदारिल्ली कादंबरी

'मूलँ रूज' मदले कांय प्रसंग सांगूं?''

''हेब्रीचो बापूय तर चैन-व्यसनांत बुडिल्लो आसतालो. तो त्या आयुश्याक राजविलासी आनी उच्च संस्कृतायेचें लक्षण समजतालो. ल्हान वयापसून चल्याक लेगीत अशोच संवयो लागूंक फावो अशें ताचें मत आशिल्लें. तो तुज्या पप्पांचे सामके उरफाटे प्रकृतीचो आशिल्लो. तुज्या पप्पाक एकूय व्यसन ना. पयलीं तो बियर घेतालो. पूण तेंय अल्पान सोडूंक लायलें.

''एकदां सांजवेळा पार्टेंतल्यान पप्पा बियर पिवन घरा आयलो. दोन वर्सांचें अल्पा धांवत धांवत ताका वेंगावपाक गेलें. पप्पान ताका खूब अपुर्बायेन उखल्लें. ताणें रोखडेंच म्हळें, 'शी, तुज्या तोंडाक घाण येता. म्हाका सकयल देंवय.' अशें म्हणीत तें पप्पाच्या हातांतल्यान आपणाक सोडोवन पयस धांवलें.

''नीता, तुका घडये ह्या प्रसंगाची याद नासत. बस्स, त्या दिसापसून पप्पा बियरीक आफुडलो लेगीत ना. तो हॅब्रीचो बापूय चल्याक सोरो लेगीत चाखूंक लायतालो. तो भौतेक वेळ आपल्या घरापसून पयस, पॅरीसांत मज्जा मारतालो. आवय एकटीच हेब्रीची सेवा सुश्रुषा करताली.''

कादंबरींत हेब्रीचे स्थितीच्या वर्णनाचें एक वाक्य म्हजे सामके यादस्तींत आसलें. तें हांवें नीताक आयकूंक दिलें - ''फाटल्या वर्सामेरेन तर तो भुरगो आशिल्लो आनी ह्या वर्सा तो दादलो जालो. ताकतिकेन सैमान किशोरअवस्था चुकयल्ली.''

मागीर गोष्टीचो फुडलो भाग सांगतना हांवें म्हळें, ''ताचें वयलें आंग दादल्याभाशेन जाल्लें आनी पांय ल्हानच उरिल्ले. तो बेडौल, वामनावरी दिसतालो. ताचे आवयन एका अपंग भुरग्याची जल्मभर सांबाळ करपाची तयारी दवरिल्ली. पुणून अशा विकृत स्वरुपाची तिणें सपनांतय कल्पना करूंक नासली. मागीर एकदम हताश जावन ती रडूंक लागली.'' ईश्वर खरेंच कसवटणी पळयत आसता. हांवें मनांतच म्हळें आनी मागीर फुडली काणी सांगूंक लागलें.

''हॅब्रीच्या बापायन जेन्ना आपल्या चल्याचें बेडौल रूप पळयलें तेन्ना तो थंयच्यान धांवलोच. वर्सा कणकणी भुरग्याक मेळूंक लेगीत आयलो ना.'' रमेशान नीताचो दाग पडिल्लो चेरो पळयल्ल्या दिसापसून भायल्या गांवांत वचप तर बंद केल्लेंच, पुणून ऑफिसाकय तो उसरां वतालो आनी बेगीन परथून येतालो. घरा आसतना नीताचे म्हर्‍यांतच बसून रावतालो. ताका नीताक मदत करपाची आनी नीताक खोशयेंत दवरपाची उमळशीक आसली पुणून संवय नाशिल्ल्यान ताका कितें करचें आनी कशें करचें हें सुचनासलें.

हांव मनांतल्या मनांत तुळा करूंक लागलें. नीतान म्हाका तंद्रेंतल्यान जागयलें. ''मम्मी, मागीर फुडें कितें जालें तें सांग मगे.''

हांव सांगूंक लागलें. ''हेब्रीची आवय खूब धर्मिश्ट आशिल्ली. एक दीस तिणें हेब्रीक विचारलें, 'तूं तुजी दिसपट्टी प्रार्थना म्हणटा मरे?' हेब्रीन 'ना' म्हळें. आनी खीणभर आवयच्या उलोवपाची वाट पळयत तो ओगी रावलो आनी ताणें म्हळें, 'मम्मी, एक दीस तूं रडटना हांवें तुका पळयलें. आनी तेन्नापसून हांवें प्रार्थना म्हणपाची सोडली. जो ईश्वर म्हजे मम्मीक रडयता ताका हांव केन्नाच भजचों ना. ईश्वराचे चलणुकेंत न्याय सोदपाची तकालस घेवंचे परस ईश्वराचें

अस्तित्वच ना हें स्विकारप सोंपें. मम्मी, प्लीज तूं म्हाका समूजन घे. ज्या ईश्वराक हांव समजूंक शकना आनी आदरय दाखोवंक शकना, ताका भजत रावपांत कितें अर्थ आसा?' ''

म्हाका ही काणी दुयेंतीक आयकूंक दिवपासारकी दिसूंक नासली, पूण आयज नीताक धोंसपी जायत्या प्रस्नांच्यो जापो सोदपाखातीर ही काणी हांवें सांगली.

''मम्मी, आयजमेरेन तुवें म्हाका ही काणी कित्याक सांगली ना? विचार करूंक लावपासारकी काणी ही. रोग्याक आपणाले व्यथेपसून पयस व्हरपी.''

मागीर तें आपल्याच विचारांत गुल्ल जालें. मातशा वेळान ताणें म्हळें, ''मम्मी, तूंय तुजे धुवेचो जल्मभर सांबाळ करतली अशीच आसा. पूण मम्मी, तुका याद आसा? तुवें म्हणिल्लें, म्हजे तकलेर हो पंखो वयल्यान पडचो ना ताची खात्री कितें? मरण कोणाचें, केन्ना, कशे तरेन जाता तें कोणूच सांगूंक शकना. म्हणूनच मम्मी, तूं नासल्यार म्हजें कोण करतलो? म्हाका तसली परावलंबी जीण नाका.'' मागीर म्हजो हात सांसपीत ताणें म्हळें, ''मम्मी, तुकाय म्हजेशिवाय जायना न्हय? म्हाका तशी परावलंबी जीण नाका. मम्मी तूं म्हणटा आनी म्हजीय खात्री जाल्या, म्हजें करपांत तूं भार मानिना. तूं वाजेनाय हें हांव जाणां. तुवें म्हाकाच तुजें जग मानून घेतलां. तूं अल्पाक आनी पप्पाकूय विसरल्या. हेर सगळे संबंध तुवें तोडल्यात. तुजे व्यवसाय लेगीत तुवें सोडल्यात. हांव नासतलें तेन्ना तुजें कशें जातलें? जशे दीस वतात तशी तूं लोकांपसून, वेवसायापसून, भायल्या जगापसून चड चड पयस वता. फुडें तातूंत परतून भरसुपाक तुका खूब कठीण जातलें.''

तें म्हजेकडेन कितलें समरस जाल्लें! ताचेविणें म्हज्या एकमुल्या जिविताची ताका कितली विवंचना आशिल्ली! एका वर्सापयलीं तें हरणाभाशेन उडक्यो मारतालें, वजऱ्याभाशेन खळखळत धांवतालें तेन्ना एका दिसाचेय पिकनिकेक वतना तें म्हाका विचारतालें, ''मम्मी, तूं एकटीच कितें करतली?''

डॉ. अ. सदां सकाळीं नीताक तपासून वताले. ताची पल्स, ब्लडप्रेशर मेजताले आनी सगळें बरें आसा म्हणटाले. ते सदचे रिपोर्ट डॉ. ब. क फोनाचेर कळयताले. डॉ. ब.न कांय सुचोवण्यो दिल्यो जाल्यार ते आमकां सांगताले.

१४ जुलयसावन नीताच्या पोटाचो घेर हांव सदांच मापी. १४क तो २३ इंच आसलो, १८क ३०, २०क ३१ आनी २२ तारखेक ३२ जाल्लो. देखून २३क आनी २५क सकाळीं ताका लेसिक्साचें इंजेक्शन घेवपाक डॉ. ब.न सांगिल्लें. २३ तारखेक इंजेक्शन घेतकच वराभितरच नीताक १२ ओसां मूत जालें. मागीर पुराय दिसांतय बऱ्या प्रमाणांत मूत जालें. ताका लागून दुसऱ्या दिसा ताच्या पोटाचो घेर ३२ इंचांवेल्यान ३० जालो. पूण २५च्या इंजेक्शनान तितलो परिणाम जालो ना. २७ पर्यंत पोटाचो घेर ३० इंचांवयर पावलो. ताका लागून ताचीं धोंपरां दुखूंक लागलीं. श्वास घेवपाकय ताका कुस्तार जावंक लागलें. देखून डॉ. ब.न ताका थोडेंशें भोंवंक आनी उशाक

तेंकून, बाज्जेर बसूंक सुचयलें. चड वेळ न्हिदून राविल्ल्यान फुम्फुसांत उदक एकठांय जावपाचो भंय आसता. डॉ. अ.चे तपासणेवेल्यान तीं अजून मेरेन सुकीं सडसडीत आशिल्लीं.

२५ जुलयच्या इंजेक्शनाचे परिणाम जावंचे तशे जावंक नासले. डॉ.ब.क हें कळ्ळे उपरांत तांणी म्हळें, एक दीस वाट पळोवया, नाजाल्यार मागीर 'वॉटर टॅपिंग' (सुयेन उदक ओडून काडप) करपाखातीर नीताक हॉस्पिटलांत व्हरचें पडटलें. दुसऱ्या आनी तिसऱ्या दिसा डॉ. ब.न आनीक एक दीस वाट पळोवंक सांगलें.

डॉ. अ. आनी डॉ. प. म्हणटाले, ''नीता आतां खूब समजिकायेचें जालां. आमकां आमचें काम करपांत खूब सहकार्य दिता. हालीं नीता 'हें कसलें इंजेक्शन? कित्याखातीर? आयज रगत कसले तपासणेखातीर घेवपाचें आसा?' अशे प्रस्न विचारून डॉक्टरांक पिडी नासलें. 'डॉक्टर, मातशें चड स्पिरीट लायात, मातशी ल्हव सूय उजार करात' अश्यो सुचोवण्यो दिनाशिल्लें.''

म्हजो हात मात तें सोडिनासलें. हेर डॉक्टर जाका 'समजिकाय' आनी 'सहकार्य' मानताले, ताका डॉ. ब. लाचारी आनी हताशपण मानताले. देखून ते नीताक चड त्रास दिवपाक सांगिनासले. तांची इत्सा आसली की नीताक आवडनाशिल्ल्या अशा हॉस्पिटलाच्या वातावरणांत व्हरपाचें ना.

गेल्ल्या एका म्हयन्यापसून हांव नीताचे कुडीभायर वचच नासलें. फोनाचेर लेगीत डॉ. ब. बगर कोणाकडेनच उलयनासलें. देखून अमेरिकेसावन म्हज्या भावांचे, म्हज्या डॉक्टर इश्टिणींचे फोन रमेशाच्या ऑफिसांतच येताले. त्या लोकांचो आग्रो आसलो की नीताक एका बऱ्या नेफ्रॉलॉजिस्टाक (किडनी स्पेशालिस्टाक) दाखोवंक जाय. डॉ. अ.चें आनी डॉ. ब.चेंय तशेंच मत आशिल्लें पूण आग्रो नाशिल्लो. तांकांय खबर आसलें की ही सगळी निमणी धडपड आसली. हताश आनी पराभूत जावन रावप आनी मागीर भविश्यांत कोणाची अशीच प्रकृती सुधारिल्ली अशें आयकून जल्मभर पच्छाताप करचो पडप हें तांकां फाव कशें दिसनासलें. आपणें निमणे मेरेन लडचें ह्या विचाराक मान दिवन आनी नेफ्रॉलॉजिस्टाक घरा आपोवपाखातीर ३० जुलयची सकाळची वेळ थारायली.

नीताक अन्नाची रूच नासली आनी अशक्तपणाक लागून ताका चाबपाचोय त्रास जातालो. थोडेंशें चाबतकच ताच्या कपलाच्यो दोनूय वटो सुजताल्यो. ताका लागून हांव ताचे खातीर मोवच जिन्नस करी. पूण तें आतां तेय खायनासलें. जलोदर जाल्लेपसून, ताका ताचें पोट भरिल्लेंच आसा अशें दिसतालें. आडसराचें उदक आनी मोसंबीचो रोस पियेवन तें वाजेल्लें. वखदाच्यो गुळयो घेवपाखातीर तें थंड कॉफी जावं सरबत घालून दूद पियेतालें. जलोदर आशिल्ल्यान डॉक्टरांनी ताका चड पेय घेवपाची बंदी केल्ली. तें दर दिसा ३०-३५ ओंस पातळ पदार्थ पियेतालें. डॉ. अ.न हेंवूय उणें करपाक सुचयल्लें, पूण तें साप्प कमी खातालें ताका लागून ताका चड दूद दिवंचें पडटालें.

२७ जुलयक ताची भूक साप्पच उणी जाली. सबंध दिसांत ताणें १९ ओंस पेय, १ प्रोटीन बिस्कीट, १ पीच, ४ बदाम, ५ पिस्ते, २ चमचे मोड आयिल्ले मूग, अर्द कप पुडींग खालें. हाचे पयलीं सदां हें सोडून दाळ-शीत, २-३ केळीं आनी केक बी तें खातालें. ताच्या मुतांत उण्या

प्रमाणांत प्रोटीन वचूंक लागलें तेन्नापसून हांव ताचेखातीर दूद आनी कॉफयेंत तांतयांचो धवो भाग भरशितालें आनी दिसांतल्यान एक उकडिल्लें तांतीं दितालें. ही सुचोवणी डॉ. अ.ची आशिल्ली. डॉ. ब. ताचे आड आसलें. ते नीताक पौश्टीक पूण हलकें खाण दिवंक सांगताले. तांच्या लक्षांत येवंक लागिल्लें की पिडेचो ल्हव ल्हव सगळ्याच आंगार परिणाम जायत चल्ला. म्हूण ते नीताक पचपाक जड पदार्थ दिवन ताचे पचनक्रियेचेर ताण दिवपाचे आड आसले. तांतयांची खूब लोकांक ॲलर्जी आसता आनी ॲलर्जी एस्.एल्.ई. रोगांत वाड करता. म्हूण त्या रोगांत अशे पदार्थ वर्ज्य आसतात. आमी शिवराक लोक आसात हाची जाणविकाय डॉ. ब.क आशिल्ली. म्हणून ते गरज नासत जाल्यार तांतीं खावपाक सांगनाशिल्ले. कितेंय कारण आसूं, डॉ. ब. आग्रहपूर्वक सांगताले, ''नीताक आमचे सदचेंच शिवराक जेवण दियात.''

बिरेस्तारा, २८ जुलयक नीताच्या पोटाचो घेर वाडिल्लो. ताचे पांय दुखताले आनी ताका श्वास घेवंक आनी खाण गिळपाक त्रास जातालो. देखून आयज ताणें कालचे परस उणो आहार घेतलो. २७ आनी २८क तें हांथरुणाचेर थंडशें पडून रावलें. इश्टिणी आयल्यो तेन्ना तांच्यो गजाली आयकल्यो पूण तें आपूण जावन कांयच उलयलें ना.

शुक्रार ता. २९ जुलयक, आमच्या घरालागीं आशिल्ल्या व्ही.जे.टी.आय्. इंजीनियरींग कॉलेजांत ताका प्रवेश मेळिल्ल्याचें समजलें. ताच्या आंगांत एक नवें चैतन्य आयिल्लेवरी जालें. ''मम्मी, आयज म्हज्या सगळ्या इश्टिणींक घरा आपय. बरे जिन्नस कर. आमी हांगा म्हजे कुडींतच पार्टी करुंया.

सांजच्यो सगळ्यो इश्टिणी एकठांय जाल्यो. पार्टी जाली, गजाली जाल्यो. फकाणां, हांसप जालें. ''हांव एका म्हयन्यांत एकदम बरें जावन कॉलेजीक वतलें. तोमेरेन म्हज्या पप्पांकडेन शिकतलें.'' ताणें इश्टिणींक खात्री दिवन म्हळें. हांवें नीताचे आवडीचें पीच पुडिंग आनी चॉकलेट केक केलो. पूण ताणें फकत चाखलें. इश्टिणींनी खोशयेन भरपूर खाल्लें पळोवन तें खूबच खोशी जालें.

नीताक एकाय जिनसाची रूच लागनासली. घडये आपणे केल्ले जिन्नस ताका मानवतले अशें समजून शेजारची मीनाबेन खास नीताखातीर बरे सोबीत आनी रुचीक जिन्नस करून हाडटाली, पूण नीता नांवापुरते एक-दोन चमचेच चाखतालें. हांवें घरचो कारभारच सोडिल्लो म्हूण जानकीवयलो भार वाडूं नये आनी रमेशाक चड धांवपळ करची पडूं नये ह्या हेतून, मीनाबेन बाजारांतसून फळां, वखदां हाडून दिताली. भाजीवालो, इस्त्रीवाल्याखातीर दार उकतें केल्यार तेन्नाच 'बाजारांतसून कितें हाडूंक जाय?' अशें ती विचारताली. केन्नाच बॅल मारून आमकां उठयनासली. शेजारच्या ब्लॉकांतच रावन 'नीताक कितें जालें? कशें जालें?' असले प्रस्न विचारून आमकां त्रास दिनाशिल्ली आनी नीताचे कुडींत आमी सांगलेबगर येनाशिल्ली. म्हज्या तोंडावेल्यान, वागपावेल्यान ती म्हजी व्यथा आनी नीताच्या दुयेंसाचें गंभीरपण वळखताली.

शुक्रारा, २९ जुलयक सांजवेळा इश्टिणी गेले उपरांत नीताचो उत्साह सामको तसोच आसलो. ताणें म्हाका म्हळें, ''मम्मी, सोमारा म्हाका बाल्कनींत बसयलें जाल्यार हांव म्हज्या नव्या कॉलेजच्या विद्यार्थ्यांक पळयन. थोड्यो तरी चलयो आसत जाल्यार बरें जातलें.''

सोमार, एक ऑगस्टपसून इंजीनियरींग कॉलेज सुरू जातालें. व्ही.जे.टी.आय. कॉलेज आमच्या घराचे लागींच आशिल्ल्यान बस आनी ट्रेनीन येवपी विद्यार्थी आमच्या घरामुखावेल्यान वताले. कॉलेजचो मुखेल दरवटो आनी बाग आमचे बाल्कनींतल्यान दिश्टी पडटाली.

"मॅडिकल कॉलेजांत वचूंक पावलें ना तरी घराच्या आंगणांतलें कॉलेज बरें." नीतान आपणाल्या मनाची समजूत घाली. तें खूश आशिल्लें पूण ताचे जिणेंत, घराचो हुंबरो हुपून त्या आंगणांत पावल दवरपाचें लेगीत नासलें. आयज घरा सकल विद्यार्थ्यांचे गट रस्त्याचे आनी प्लॉटाचे नकाशे काडपाखातीर लांब मापपट्टी घेवन भोंवत आसतात, तेन्ना दिसता, आमचें नीताय तांतूंत आसतलें आसलें.

नीताची शारिरीक प्रकृती अशक्त जाल्ली, पूण मानसिक प्रकृती तितलीच सशक्त आशिल्ली. ताका दीस, तारीख, चारूय वटांनी कितें चल्लां ह्या सगळ्यांची जाणविकाय आशिल्ली, उमळशीकय आशिल्ली. २९क जेवले उपरांत ताणें म्हाका म्हळें, "मम्मी, ह्या सप्तकाचें 'टाईम' मॅगझीन आयलां जातलें. म्हाका तांतल्यो म्हत्वाच्यो खबरी वाचून दाखय."

२५ जुलय १९७७चो तो अंक आयिल्लो. न्यूयॉर्कांत वीजे पुरवठो बंद जाल्ल्यान निर्माण जाल्ल्या दंग्याची खबर हांवें ताका वाचून दाखयली. "मॅडिकल कॉलमांत कितें छापिल्लें आसा?" ताणें विचारलें.

"कितें विशेश नवेंशें ना." हांव फट उलयलें. 'वूल्फ फेस' ह्या माथाळ्याखाला एस्.एल्.ई. रोगासंबंधी लेख आशिल्लो. तातूंत विशेश कांय आशा दिवपासारकी खबर नासली. रोगाच्या चिन्हांचें वर्णन केले उपरांत, वेगवेगळ्या दोतोरांचीं मतां दिल्लीं. एकान म्हणिल्लें, "जर हांव ह्या रोगाचें कारण सोदून काडूंक पाविल्लों तर हांव स्टॉकहोमांत आसपाचों." (म्हळ्यार, नोबेल इनाम विजेतो आसपाचों.) लेखाचे निमणें आशिल्लें, "रोगी आनी डॉक्टरांच्या कंपून एक पारो करीत आशिल्ल्या चौकीदाराचें काम करपाचें आसता. कारण संकट खंयच्यान, कशेतरेन येत हाचो कांयच भरवंसो नासता. म्हूण खंयच्याय परिणामाखातीर तयार रावचें पडटा."

शेनवार, ३० जुलयच्या सकाळीं आठ वरांचेर किडनीचे निष्णात डॉक्टर नीताक पळोवंक आयले. नीताचें पोट फुगिल्लें. किडनी सारकें काम करिनाशिल्ली तरी रगतांत युरिया जावप, मूत बंद जावप, ब्लड प्रेशर वाडप अशे इबाड जावंक नासले. डॉक्टरांनी कांय गुळयो बरोवन दिल्यो पूण तांचो तीन दिसां उपरांतय कांय फायदो जालो ना तर 'टॅपिंग'खातीर हॉस्पिटलांत वचचें पडटलें अशें तांणी म्हळें. त्या दिसा रमेशाच्या ऑफिसांतलो फोन इबाडिल्लो म्हणून अमेरिकेसावन म्हज्या भावाचो आनी म्हज्या डॉक्टर इश्टिणीचो फोन घरा आयलो. रमेश ऑफिसांत आशिल्लो म्हूण फोन म्हाकाच घेवंचो पडलो. फोन शेजारचे कुडींत आसलो पूण नीता म्हजें उलोवप कान दिवन आयकतालें. दोनूय कॉल अमेरिकेचे आशिल्ले हाची ताका खात्री आशिल्ली.

आयज सकाळीं किडनी स्पेशलिस्ट येवन गेले. ताचे उपरांत रोखडेच अमेरिकेसावन दोन कॉल्स आयले ताका लागून नीता खूबच निर्शेल्लेवरी जालें. ताका दिसलें, तें आतां हांतूंतसून वांचचें ना, ताचो निमणो क्षणच लागीं आयला. ताका आपणाक आतां मम्मीची

माया सोडूंकच जाय आनी मम्मीन नीताची, अशें दिसतालें. म्हूण सांजवेळा जेन्ना रमेश ऑफिसांतल्यान घरा आयलो तेन्ना नीतान ताका म्हळें, ''पप्पा, आतां आयज पसून मम्मीक तुमची मदत लागतली. ती एकटी म्हजो भार सहन करूंक शकची ना. आयज तुमीच म्हजे म्हऱ्यांत बसात. मम्मीक मातसो विसव घेवं दी.'' नीतान ताचे बाज्जे लागसारच्या कदेलावयल्यान म्हाका उठयलें आनी रमेश थंय बसलो.

नीता सदांच निवळ आनी व्यवस्थीत रावतालें. ताची कपड्यांची आनी पुस्तकांची आरमार सदांच व्यवस्थीत लायिल्ली आसताली. ताच्यो सगळ्यो वस्तू जंयचे थंय आसताल्यो. ताचें उठप, बसप, न्हिदप आनी हेर वागणूक सामकी व्यवस्थीत आसताली. हांव जायते फावट म्हणी, ''आमच्या अल्पाची तर कंबरच मोडिल्ली आसता. जेन्ना पळोवंचें तेन्ना पुस्तक घेवन हांगा थंय पडिल्लेंच आसता. आनी नीता सदांच कदेलांत सरळ बशिल्लें आसता.''

''आमच्या नीताक ताचे कपडे मात पसून चुरिल्ले नाकात. तेन्ना तें कदेलाचेर सरळ बसतलेंच न्हय?'' म्हजी मांय सदांच म्हणी.

कळयनासतना घरा आयिल्ले सोयरे नीताक पळोवन विचारताले, ''हें खंय भायर सरलां?'' घरांतय तें तितलेच व्यवस्थीत कपडे घालतालें. तें दुयेंसान जेन्ना हांथरुणाचेर आसतालें तेन्ना ताचे न्हिदचे वेळचे कपडे, चादरी, उशाचें कव्हर, पांघरूण, सगळें सामकें लींप आनी व्यवस्थीत आसचें पडटालें. चादरीक कॉलनवॉटरचो सुगंध जाय आसलो. ताचे कुडींत गुलाबाचें फूल तर जायच आशिल्लें. दुयेंतीचे कुडींतलें वातावरण प्रसन्न आसूंक जाय. ताचें शरीर आनी मन प्रसन्न दवरचें अशें ताचें म्हणणें आशिल्लें.

हांव ड्रेसिंग टेबलावयल्या वाजांत गुलाब घालतालें. ड्रेसिंग टेबलार वाज दवरपाची कल्पना नीतान दिल्ली. ताका लागून हारशांत फाटले वटेनचे गुलाबय दिसताले. त्या हारशांत हांवें पळयलें तेन्ना नीता ओंठ हालयतालें आनी उशावयल्यान मान वयर काडपाचो यत्न करतालें. तें बसूंक सोदता म्हणून म्हाका रोखडेंच समजलें. हांव गुलाब तसोच दवरून ताचे म्हऱ्यांत गेलें आनी ताका सारकें सांबाळून बसयलें आनी ताका फाट तेंकोवपाखातीर उशीं लायलीं. तें खूबच अशक्त जाल्लें. ताच्या आंगांतल्यान जशें काय सगळें प्रोटीन गेल्लें आनी ताच्या कण्यांत एकूय हाड उरूंक नासलें. तें एकूय खीण आदाराबगर बसूंक शकनाशिल्लें. उशीं लावन जाय म्हणसर हांव ताका म्हजे फाटीक तेंकपाक दितालें. तें आपणाले अशे परावलंबी स्थितीक सामकें उबगल्लें. तें फट् करून तिडकतालें.

ताणें रमेशाक सांगलें, ''पप्पा, म्हाका तुमकां कितें सांगपाचें आसा. तुमकां खूब फावटी अशें दिसता की तुमी खूब फावटी भायल्या गांवांत आशिल्ल्यान मम्मीन आमकां तुमचेकडल्यान ओडून व्हेल्यांत म्हूण. जायत्या बापायंक अशेंच दिसता. म्हज्या कांय इश्टिणींचे बापूय तर आरोपच करतात की आवयन तो घरा नाशिल्ल्याचो फायदो घेवन तांचे आड कितें तरी सांगून चलयांक आपल्यो करून घेतल्यात म्हूण. जशें कितें मम्मी आनी पप्पा हीं दोग एकामेकांआड झुजपी दुस्मा. तुमी दादले दीसभर तुमच्या धंद्यांत गुल्ल आसतात आनी मागीर आवय-धुवांचे दाटीची तुमकां असुया दिसता.

''तुमी मनाक लावन घेवं नाकात. पप्पा, म्हजें तुमचेर खूब प्रेम आसा. म्हाका तुमकां दुखोवपाचें ना. पुणून म्हाका लागून तुमचे आनी मम्मीमदीं गैरसमज जावंचो न्हय. मम्मीक आतां तुमची खूब गरज लागतली. तुमकां तिचेकडेन लक्ष दिवंचें पडटलें.

''पप्पा, हें आतांचेंच उदाहरण घे. तुमी म्हजे म्हऱ्यांतच आशिल्ले. तरीय म्हाका बसपाक जाय म्हणपाचें तुमी आयकूंक ना. तुमी पेपर वाचूंक गुल्ल जाल्ले. मम्मीक इतल्या पयसुल्ल्यानय म्हाका कितें जाय तें समजलें. मम्मी जें काम करता तें मन लावन करता. सध्या म्हजेबगर तिचें हेर कित्यांतच लक्ष ना. खिणाखिणाक म्हाका कितें जाय हाचोच हुस्को तिका आसता.

''तुमी ऑफिसांतल्यान येतकच रोखडेच विचारतात, 'नीता, अल्पा खंय आसा? उषा खंय आसा?' आमी धांवत येतात. मागीर तुमी विचारतात, 'आयची खबर कितें?' आमी उत्साहान सांगपाचींच आसतात पूण तुमी रोखडेच म्हणटात, 'आमी पयलीं जेवंया. आदीं एक टेलिफोन करतां.' अशें म्हणटकूच आमी निर्शेतात आनी आमचें उलोवप बंद जाता. हाका लागून तुमकां आमच्यो इश्टिणी, टिचरी, शाळा-कॉलेजांतल्यो मजा कळनात. तुमी जगापसून पयसूच रावतात.

''मम्मीकूय खूब कामां आसतात. अशा वेळार ती सांगता, 'प्लीज, हो लेख सोंपयतां.' 'आगो, हो ड्रेस अर्जंट शिंवपाचो आसा.' अशें केन्नाय जाता. तरी लेगीत तिचें काम सोंपतकच मम्मी आमकां आपोवन रोखडीच विचारता, 'आगो येयात पळोवया. तुमी कितें सांगतालीं? आतां सुशेगाद आयकुया तुमच्यो गजाली.'

''मम्मी आमच्यो पिशेपणाच्यो गजाली लेगीत लक्ष दिवन आयकता. देखून आमी केल्ल्या वर्णनाच्या आदारान ती आमच्या इश्टिणींक वा टिचरींक वळखता ही आमचेखातीर एक आनंदाची गजाल. अशे रितीन आमच्या तिगांतय खाजगी गोष्टी आनी मजा घडत आसताली. तातूंत तुमकां वांटो घेवंक येनाशिल्लो. हाचो अर्थ असो न्हय की म्हजें तुमचेर वा तुमचें म्हजेर उणें प्रेम आसा. दर एकल्याची रीत वेगवेगळी आसता.''

नीताक जियेवपाची खूबच इत्सा आसली. डॉक्टर जालें ना तर इंजीनियर जावपाचें आसलें. त्या विशयांतय रस निर्माण जातलो आशिल्लो पूण मरण जेन्ना निश्चितच आशिल्लें तेन्ना ताचीय तयारी करूंक जाय आसली. म्हऱ्यांत आयिल्ल्या मरणाक लागून जणूं काय तें सगळ्यांची आज्जी जाल्लें. आनी देखूनच तें म्हणटालें, ''आतां हांव चल्लें, तुमी सगळीं एकचारान रावात, सांबाळून रावात.''

नीताच्या ह्या उलोवण्यान थोडो वेळ कुडींतल्या वातावरणाक गंभीर केलें. रमेशय मात्सो मोव जाल्लो. पूण ताणें अभिमानान म्हळें, ''उषा, आमचें नीता कितलें समजिकायेचें. ताचो बापायचे वागणुकीचो अभ्यास आनी ताची चिकित्सा ताचें शाणपण दाखयता. ताचें उलोवणें कोडू सत्य आशिल्लें.''

वर्सांच्या अणभवान डॉक्टर ब.क नीताचे शारिरीक आनी मानसिक प्रकृतीची सारकी म्हायती आशिल्ली. आमकां परतून परतून ताचो आलाशिरो घेवंचो पडटालो. नीताक खंयचें वखद नडत आनी ताचे कितें परिणाम जायत हें तांकां सारकें खबर आशिल्लें. ते केन्नाच

दुसऱ्या दोतोरांचेर वा होमियोपथीची वा आयुर्वेदाची टीका करिनासले. दुसऱ्या दोतोरांकडेन गेल्यांत म्हूण दोशय दिनासले आनी ताका लागून तांचे वागणुकींतय बदल जायनासलो. आपल्या दुयेंत भुरग्याखातीर आवय बापूय शक्य जाता तितले उपचार करून पळयतलेच हें तांकां समजतालें. देखूनच म्हज्या सगळ्या प्रयोगांविशीं तांकां म्हायती सांगपाक म्हाका भंय दिसनासलो. हांव तांकां सगळी खरी गजाल सांगतालें.

किडनी निष्णातांक डॉ. ब.विशीं आदर आशिल्लो. दोगूय एकाच हॉस्पिटलांत आसून गरज आसल्यार तांकां सहकारान काम करप शक्य आशिल्लें. किडनी निष्णातान सुचयल्लीं वखदां सुरू करचे पयलीं हांव डॉ. ब.क तांच्या सल्ल्याखातीर फोन केलो आनी ३० जुलयच्या सांजवेळपसून नीताक ओंकूंक येता हेंय कळयलें.

''आतां तुमी ताका पेन्टीड दिवप बंद करात. ताच्या पोटांत आतां एकूय वखद उरचें ना. ताका फक्त आराम दिसत अशेंच करात.'' डॉ. ब.न परतें नीताक आराम दिसता अशेंच करपासंबंधीं सुचयलें. रमेशाक हें पसंत नासलें. अशे हातार हात धरून बसपाचें ना, सगळे उपाय करून पळोवंकूच जाय म्हूण शेनवारची रात काडले उपरांत आयतारच्या सकाळपसून नवें वखद सुरू केलें. शेनवारची रात सदचे भाशेन, अर्दवट जागी रावन, न्हिदत, गजाली करीत आमी काडली.

दुसऱ्या दिसा ३१ जुलयक आयतार आशिल्ल्यान रमेशाक सुटी आशिल्ली. आदल्या दिसा नीतान थारायल्ले प्रमाण हांवें आराम करपाचो आसलो आनी रमेश ताची वासपूस घेवपाचो आसलो. रमेशानच नीताक तोंड धुवपाक, सकाळचें खाण खावपाक मदत केली. ताचे उपरांत म्हाका म्हज्या हांथरुणावेल्यान उठपाची परवानगी मेळ्ळी. रमेश न्हावपाक गेलो आनी हांव नीतालागीं बसलें. ताणें म्हजो हात धरलो आनी म्हळें, ''मम्मी, आयज तूं हांगसून एक खीणभर लेगीत उठपाची ना.''

''आयक, आगो, मम्मीक न्हावं दी तरी.'' रमेशान म्हळें.

''एक दीस मम्मी न्हाली ना म्हूण कांयच इबाड जावपाचो ना.'' ताणें जाप दिली आनी म्हजो हात घट धरून म्हळें, ''मम्मी, आयज तूं म्हजो हात सोडची ना.''

नवी वखदाची गुळी ताणें ९ वरांचेर घेतली आनी बारा वरांचेर ताका ओंकारो सुरू जालो.डॉ. अ.न. हें सुचयल्लें. ओंकारो थांबोवपाचें वखद पोटांत धरना जालें काय पेय पोटांत गेले बरोबर ताका ओंकारो जावंचो. होमियोपथीच्यो गुळयो उदकाशिवाय घेवंक येतात म्हूण त्यो दिवन पळयल्यो. ताका थोडें बरें दिसलें. ओंकारो थांबलो. ताणें चार चमचे जेली, दोन चमचे पुडींग आनी अर्द कप फ्रूटसॅलड खालें. तें पोटांत उरलेंय बी.

दनपरां चार वरांचेर म्हजो देर आनी जाव आयलीं. तीं भायर सरतालीं तेन्ना म्हजीं आवय बापूय आनी भयण आयलीं. रमेश सालांत बसून सगळ्यांकडेन उलयतालो. हांव नीता म्हऱ्यांतल्यान उठलें लेगीत ना. ताच्या अशक्त हातांत आतां म्हज्या हाताचें वजन सोंसपाची जावं ताका सतत धरून दवरपाची शक्तय नाशिल्ली. म्हूण ताच्या हांथरुणाचेर दवरिल्ल्या म्हज्या हातार आपणालो हात दवरून 'मम्मी लागींच आसा' अशे खात्रीन तें न्हिदिल्लें. ताका

न्हिदोवपाक हांवें बरो वेळ पद म्हणिल्लें.

तें जागें जालें तेन्ना सांजचीं ६ वरां जाल्लीं. सालांत बशिल्ल्या सोयऱ्यांची ताका जाणविकाय जाली. ताणें म्हळें, ''ज्योतीमावशेक हांगा आपय.''

ज्योती भितर आयलें. नीतान ताका म्हळें, ''मम्मीन आयज जायतीं पदां म्हळ्यांत. आतां तूं कितें तरी म्हण.''

ज्योतीक कसलेंच पद सुचनासलें. तरीय ताणें यत्न केलो. उशीर जाल्लो, पूण तें मावशेक उठूंक दिना जालें. ''ज्योतीमावशे सॉरी हां! हांवें तुमचो आयतार इबाडलो. काका तुमची वाट पळयत बसून रावला आसतलो.'' ताणें मावशेक म्हळें. ज्योतीन रोखडेंच म्हळें, ''आगो पिश्या, हातूंत सॉरी कित्याक? तुजे कुडींत प्रवेश करपाचो लाभ जालो अशें म्हण. आमकां सगळ्यांकच तर तुजे लागीं बसूंक खूब आवडटा.''

रातीचीं इकरा वरां जाल्लीं. पावसाक लागून जनेलां घट्ट बंद करून लोक न्हिदिल्ले. उसरां न्हिदपी घरांतल्यानय रेकॉर्डीचो आवाज आयकूंक येनाशिल्लो. चारूय वटांनी किण्ण पडिल्लें. रमेश आनी अल्पा न्हिदिल्लीं. आमी आवय-धूव आमचे कुडींत जागत पडिल्लीं. दुयेंसांत मातूय आवाज सोसूंक नज जाल्ल्या नीताक आयचे रातीचें किण्णपण आवडलें ना. साद्या फिल्मी गीताचें पार्श्वसंगीत सोंसूंक जायनाशिल्ल्या नीताक अल्पाचें आवडटें पश्चिमी पॉप म्युझिक वाजयल्यार हरकत नाशिल्ली. बस्स, आवाज जावंक जाय, शांततेचो भंग जावंक जाय. शांततेचो ताका भंय दिसतालो. ताणें म्हजो हात, स्वता सामकें अशक्त आसुनय, घट धरून दवरिल्लो. तें म्हणटालें, ''मम्मी, म्हजो हात धरूनच दवर. तुज्या हातांतल्यान तो कोणूच सोडोवंक पावचो ना.''

रिकोर्डीच्या संगीतान तें थोड्याच वेळांत उबगलें. ताणें म्हळें, ''मम्मी, हाचेपरस कसली तरी काणी सांग. आमी एकामेकांचे संगतींत फाटीं सारिल्ल्या आनंदाच्या दिसांची आनी प्रसंगांची.'' मागीर आमी ताचे बाल्यावस्थेंत पावलीं आनी तेच दीस पळोवंक लागलीं.

ताका भुरगेपणांत नटपा-थटपाची, सौंदर्य प्रसाधनांची भारी आवड आशिल्ली. सगळ्या चलयांक आसता तशी. कुंकूम, लिपस्टीक, पावडर, सेंन्ट ह्या सगळ्या वस्तूंखातीर तें हट करी. आनी हांवूय तितलेंच हटी. म्हजे छंद सुटनाशिल्ले. आनी ल्हान चलयांनी तशीं प्रसाधनां वापरलीं जाल्यार तांचे नाजूक कातीचें लुकसाण जातलें, ते भायर फ्रॉकाचेर तें सगळें 'मणिबेन' सारकें दिसतलें अशें म्हजें मत आशिल्लें. ताणें असो हट धरलो की हांव म्हाका बाथरुमांत बंद करून घेतालें आनी उदक भरपाक नळासकयल बालदी लायतालें. उदकाच्या आवाजांत नीताचें रडप म्हाका आयकूंक येनासलें. ताच्या रडपाची काकुळ्ट जावं उबगण येवन हांव ताचो हट पुराय करी. म्हाका अशेंय दिस की चलयेक हांव पटोवंक शकना ही म्हजी चूक आनी तेखातीर म्हाका शिक्षा भोगूंकच जाय. बालदी भरून जाली काय हांव नळ बंद करून भायर येतालें. तो मेरेन तें शांत जातालें आनी म्हाका म्हणटालें, ''मम्मी, प्लीज भायर सर मगे. हांव आतां रडचें ना. लिपस्टीक मागचें ना.''

''आनी मागीर याद आसा, हांवें तुजी कशी फजिती केल्ली ती?'' नीतान दुसऱ्या एका प्रसंगाची याद केली.

''हय गो बाये. आमच्यांत म्हण आसा न्हय - चली जावचे पयलीं न्हेसून घेयात, सून येवचे पयलीं खावन घेयात. त्या दिसा तुवें म्हाका तांतलो पयलो धडो सारको शिकयलो.'' हांवें म्हळें.

अल्पाच्या जल्मापयलींची ही गजाल. नीता अडेच वर्सांचें आशिल्लें. आमी तिगांय भायर वतालीं. हांवें नीताक उखलून घेतिल्लें आनी रमेश दाराक कुलूप लायतालो. जालें, नीताची तकली फिरली. म्हज्या आंबाड्यांत खोयिल्लें फूल ताणें ओडून काडलें आनी लागलें रडूंक. 'हांवूच खरें सुंदर दिसतां. मम्मी तर नखरे करून बरी दिसता. आपूण लिपस्टीक लायता, कुकूम लायता, केंसांत फूल माळटा आनी म्हाका म्हणटा की अशें सगळें मणिबेन सारकें कांय करपाचें ना. आतां म्हाका कुकूम लावं दी, केंसांत फूल माळूंक दी.' अशें म्हणून ताणें सोपणांचेरच रडपाक सुरवात केली. शेजारी पाजारी एकठांय जाले. तांकां दिसलें की नीता सोपणांवेल्यान पडलें म्हूण. ताणें शेजाऱ्यांक लेगीत सांगलें, ''खरें देखणें हांवूच. मम्मी तर नट्टा-बिट्टा म्हूण बरी दिसता.''

नीताची एक आवडटी बावली आशिल्ली. ताच्या तोंडार दाग पडिल्ले. ताच्या नाकाचें पोंत मातशें मोडिल्लें आनी ताचे केंस फिकट जाल्ले. पूण नीताची ती खूबच आवडीची आसली.

''नीता, आतां तूं ही बावली उडोवन दी. हांगा दिवाणखान्यांत तर ती मातूय सोबना.'' ज्योती मावशेन एक दीस ताका सांगलें.

''तें म्हजें भुरगें. म्हाका फोड आयिल्ले तेन्ना मम्मीन म्हाका उडोवंक नासलें. आनी दिवाणखान्यांत येवपाची बंदी करूंक नासली.'' नीताच्या उतरांनी ज्योती ओग्गी पडिल्लें.

एकदां आमी म्हज्या कुळारा गेल्लीं. थंय कोणूच ल्हान भुरगें नासलें, म्हूण खेळणींय नासलीं. आमी आमचीं खेळणीं वांगडा व्हरूंक नासलीं. नीतान आपणाले कल्पनाशक्तीन खेळण्यांबगर खेळपाक सुरवात केली. कुडीचे मदीं बसून तें कितें तरी गुणगुणटालें. म्हजी आई ताचेसरीं गेली. तें रडूंक लागलें. ''तूं म्हज्या बाबूवयल्यान चलली. तुवें ताका चिड्डून उडयलो. म्हजो बाबू कितलो शांत बशिल्लो, अभ्यास करतालो.'' ताचो तो आकांत बरोच वेळ चालू आसलो. आई बाबडी कांचवेली. जमनीर तर कांयच पडूंक नासलें. तिणें कितले फावटी तरी क्षमा मागली, समजायलें, ताका पटोवपाचो यत्न केलो. ''आगो, म्हाका कितें खबर तुवें तुजो बाबू थंय बसयला म्हूण? ह्यो घे वाटयो, भुरग्याच्या जाग्यार दवरपाखातीर लेंस दितां, पुस्तक दितां. तुका जाय तें दितां.'' पूण तें बेगीन शांत जालें जाल्यार तें नीता कसलें? तें काल्पनिक सृश्टींत वचून हांसतालें पूण तितलेंच.

नीताच्या 'बेबी बुकां'तल्या अशा कांय प्रसंगांचो उगडास जालो. नीताक व्हड जातकच काल्पनिक सृश्टींत रावंक आवडटालें. तें कॉलेजांत आशिल्लें तेन्ना हांवें केन्नाय ताका न्हिदेंतलें उठयलें काय तें म्हणी, ''म्हाका खूबच सुंदर सपन पडिल्लें. तुवें तें म्हाका पुराय पळोवंक दिलें ना.'' तें रातचें न्हिदतना घालपाचे कपडे लेगीत उमेदीन सोदून काडी आनी न्हिदचे पयलीं निवळ, नितळ, वेवस्थीत तयार जातालें. अल्पा मात हे बाबतींत सामकें आळशी. आमी जर ताचे फाटल्यान लागलीं नात जाल्यार तें स्कुलाचो युनिफॉर्म सांजवेळ मेरेन काडी नासलें. हांवें ताका नीताचें उदाहरण दितकच तें रोखडेंच म्हणी, ''ताचेभाशेन म्हाका सपनांत कोणूच राजकुंवर मेळूंक येना.''

नीताच्या भुरगेपणांतल्यान जेन्ना परतीं आमी चालू काळांत आयलीं तेन्ना सकाळचीं सुमार तीन वरां जाल्लीं. १ ऑगस्ट १९७७. ताका अजूनय न्हीद लागनाशिल्ली. ताणें म्हळें, "एकदां चलो चले माँ, सपनों के गाँव में पद म्हण न्हय." हांव म्हणूंक लागलें. हळूहळू तें न्हिदलें. ताचो हात अजुनय म्हज्या हातांत आशिल्लो.

एका वरान तें परतें जागें जालें. रमेशाचीय न्हीद साप्प उडली. तो आमचे कुडींत आयलो. नीतान ताचेकडेन टेलिफोन डिरेक्टरी मागली.

"आतां कोणाक..." हांवें रमेशाचो प्रस्न सोंपूंक दिलो ना. मदींच म्हळें, "तुमी तें जें मागतात तें दियात. आनी प्लीज, चड प्रस्न विचारूं नाकात."

आमी ताका उशाच्या आदारान बसयलें आनी ताचे मांडयेर डिरेक्टरी दवरली. ताणें थोडीं पानां परतिलीं, वाचलें आनी मागीर डिरेक्टरी बंद करून, थोडो वेळ शांत बसून रावलें. उपरांत ताणें म्हळें, "आवयस्स, म्हजी नदर, याद, विचारशक्त सगळें सारकें आसा."

दुयेंसांत ताका जेन्ना आपणाले नदरे विशीं दुबाव येतालो तेन्ना तें डिरेक्टरी मागतालें. तांतलें बारीक अक्षर वाचूंक आयलें काय तें खोशी जातालें. हांवें म्हणचें, "देवा, परिक्षेचो हो कसलो प्रकार?"

आयजय म्हाका तशेंच दिसलें. परते अशेय विचार आयले, 'तें येदें व्हडलें पुस्तक उखलूंक पावतलें? ताका सामकें अशक्त म्हणूं नज. ताका आपणाले सगळे शक्तीची कितली काळजी आसा. तें नक्कीच वांचतलें.' आजूनय म्हजे आशेची झर आटूंक नासली.

नीताचो ताळो सुकूंक लागलो. ताका पेय उण्या प्रमाणांत दिवपाचें आशिल्लें. मोसंबी खाली जाल्यार ताळोय ओलो उरतलो आनी पोटांत उण्या प्रमाणांत पातळ पदार्थय वतले ह्या विचारान हांवें रमेशाकडल्यान मोसंबी हाडून घेतली. नीतान अजूनय म्हजो हात धरिल्लो. तो तें सोडूंक तयार नासलें. रमेशानूच मोसंबी सोलली आनी ल्हान कुडके केले. ताणें दोन मोसंबी खाल्यो. अशे तरेन रात सोंपली.

सोमार सकाळ जाली. १ ऑगस्ट. आयज ताच्या नव्या कॉलेजाचो पयलो दीस आशिल्लो. ह्या दिसा तें जनेलाकडेन बसून आपले वांगडा शिकपी विद्यार्थ्यांक पळोवपाचें आसलें. पूण ताच्यांत तितलीय तांक नासली. ताका हांथरुणाचेर बसपाकय कुस्तार जातालें. रात सारकी घालयल्ली. मोसंबी पोटांत धरिल्ली म्हूण परत्यो किडनीच्या दोतोरान सांगिल्ल्यो गुळयो दिल्यो. रोखडोच ताका ओंकारो येवंक लागलो. ताचो ताळो सुकिल्लो.

नेमाप्रमाण सकाळीं साडेआठांक डॉ. अ. ताका तपासून गेले. पल्स आनी ब्लड प्रेशर सारकें आशिल्लें. फाटल्या दोन दिसांपसून ताका उशाच्या आदारान बसपाकय खूब जतनाय घेवची पडटाली. ताच्या पोवंटांक जावं मांडयेक मातूय हात लागलो जाल्यार ताका खूब दुखतालें. आतां तें तिडकनासलें, आड्डनासलें. पूण ताच्या सभावाआड तें याचना करी, "मम्मी, प्लीज मातशें सांबाळून." तें म्हजें आड्डुपी नीता नासलेंच.

ताका पांय फुडें पातळावपाचे आशिल्ले. आयज हांवें ताचो पांय धरलो तरीय ताका कांयच जाणवलें ना. ताचो पांय लुळो पडिल्लेवरी जाल्लो. ''अशेंच सगळें आंग धरल्यार कितलें बरें जातलें.'' ताणें म्हळें.

ल्हान व्हड व्याधी ताका वर्साकणकणीं धोंसताल्यो. ल्हव ल्हव तें त्यो सगळ्यो मुकाट्यान सोंसूंक शिकिल्लें. पूण आतां तें सामकें थकिल्लें, उबगल्लें. दुयेंसावांगडा झुजपाचें आतां ताच्यांत मातूय त्राण उरूंक नासलें.

हांव ताका स्पंज करतालें. म्हज्या कांकणाचो ताच्या हातांक स्पर्श जालो मात, ताका तेंय सहन जायनासलें. ताणें म्हळें, ''मम्मी, म्हाका खबर आसा, तूं खूबच सांबाळून घेता. पूण म्हाका आतां मातूय घसटप सोंसना. ह्या म्हज्या नाखटाचेंय बी. आतां म्हाका ह्या लांब नाखटांचीय आवड उरूंक ना. तुवें तुजीं कांकणां आनी हांवें म्हजीं नाखटां काडल्यार?''

पंदरा दिसांपयलींच ताणें अल्पाकडल्यान बाजारांतल्यान वेगवेगळ्या रंगाचें नेल पॉलीश हाडून घेतिल्लें. हांथरुणाचेर आसून लेगीत तें एसेटोनान आदलो रंग काडटालें आनी दुसरो लायतालें. सौंदर्य प्रसाधनांत ताका दोनूच गजालींचें आकर्शण आशिल्लें, सॅन्ट आनी नाखटां वाडोवन रंगोवपाचें. आज ताणें नाखटांय कापून घेतलीं.

हांव ताका स्पंज करतालें म्हूण ताचे कुडीचें दार बंद आसलें. त्या वेळार अल्पा शाळेंत गेल्लें. अल्पा सदांच नीताक मेळून मागीर वतालें. पूण त्या दिसा ताका उशीर जाल्लो. ताकतिकेंत तें नीताक बंद दाराच्या भायल्यान 'आवजो' (येतां) म्हूण सांगपाक विसरलें. रमेशाक नीतान सकाळपसूनच सांगिल्लें, ''पप्पा, आयज ऑफिसाक वचूं नाकात. आयज मम्मीक विसव दिवपाचो आसा.''

''आमी म्हज्या आई-बाबाक आपोवन घेवंया. पप्पाक वचुंदी. तो बेगीन परतो येतलो.'' हांवें म्हळें.

ताणें म्हजें आयकलेंशें केलें पूण ताचो आग्रो चालूच दवरलो. ''पप्पा, आयज तुमी गेले नात जाल्यार चलचें ना? म्हाका आयज तुमकां म्हजेच म्हऱ्यांत दवरपाचें आसा.''

रमेशान म्हळें, ''नीता, तूं अशें कितें उलयता? तुजे मुखार म्हाका काम व्हडलें?''

नीतान आयज म्हाका विसवच दिवंचो म्हूण थारायल्लें पूण आयज हांव सदचे परस चड धांवपळ करतालें. ताका एकसारको ओंकारो लागिल्लो. म्हूण हांव ओंकाऱ्यान भरिल्लें टब उखलून बाथरुमांत आनी बाथरुमांतल्यान ताचे कुडींत अश्यो एकसारक्यो फावटी मारतालें.

ताची नदर कितें तरी सोदताली अशें दिशिल्ल्यान हांवें ताका विचारलें, ''नीता, आगो तुका कितें जाय गो?''

ताणें रोखडेंच म्हळें, ''मम्मी, म्हाका पायनोला, मँगोला, आइस्क्रीम खूब आवडटा. आयज न्हय, एक फावट खावन घेतां. मागीर ओंकून वचूं दी. खावपांत मन घुस्पलां तें म्हाका पसंत ना. म्हाका कितले तरी विचार करपाचे आसात.''

ताचे काल्पनिक विचारसृश्टींत कोणाकय प्रवेश नासलो. देखून कोणाचे विचार, कित्याचे विचार अशें हांवें विचारलें ना.

रमेश ताका जाय आशिल्लें सगळें खाणें-पिणें बाजारांतसून घेवन आयलो. ताणें चमचो चमचो सगळें चाखलें. रोखडेंच ओंकलें. ताणें म्हळें, ''हय, आतां ह्या सगळ्या गजालींतल्यान मन मेकळें जालें. आतां बरे विचार येतले.'' तें विचारांत बुडलें आनी हांसूंक लागलें.

दनपारचे पावणेबारा जाल्ले. तें सामकें अशक्त दिसतालें. इतलें बारीक हांवें ताका केन्नाच पळोवंक नासलें. ओंकून ओंकून पोर डीहायड्रेट तर जावंक ना मू, म्हाका भंय दिसलो. ताचे हात आनी मान साप्प बडकिल्लेवरी दिसताली. परतून डॉ. अ.क आपोवं, हांव मनांत चिंततालें. इतल्यांत ताणें म्हळें, ''मम्मी, म्हाका डॉ. ब.चो नंबर लावन दिता? हांवें खूब फावटी यत्न केलो. पूण तांचो फोन एंगेज्ड आशिल्लो.'' मागीर ताणें म्हळें, ''आसुनी. यो म्हजे म्हऱ्यांत बस.''

''नीता, तुका कितें विशेश तांकां विचारपाचें आसा?'' म्हज्या प्रस्नाची जाप दीत ताणें म्हळें, ''तें तुका कळपाचें ना.'' उपरांत ताणें म्हळें, ''अशें कर. तूंच तांकां म्हजे वतीन थँक्स दी. तांकां सांग की पांच वर्सां इतलें बरें आयुष्य मेळोवन दिल्लेबद्दल नीतान तुमचे आभार मानल्यात.''

''मम्मी, वेदनांनी थकून म्हजी हिंमत खचली तरीय तुवें लडो चालूच दवरूंक जाय.'' ताणें म्हळें. म्हाका ताचें तें वर्सा पयलींचें उलोवप याद जालें. हांवें डॉ. ब.क रोखडेंच येवंक सांगलें. डॉक्टर थोड्याच वेळांत आयले. तांणी नीताक तपासलें. ताची पल्स आनी ब्लड प्रेशर एका धाऱ्यार आशिल्लें.

हांवें विचारलें, ''डॉक्टर, आमी ताका हॉस्पिटलांत व्हेलें जाल्यार? पळयात न्हय, तें सामकेंच कशें बडकलां आनी साप्प अशक्त जालां. ओंकाऱ्याक लागून डीहायड्रेट तर जावंक ना मू तें?''

डॉक्टरान म्हळें, ''तशें तें डीहायड्रेट जावंचें ना. ताच्या पोटांत जायतें उदक भरिल्लें आसा.जर तुमकां टॅपिंगाखातीर व्हरपाचें आसत जाल्यार व्हरुंया.''

ताच्या पोटांतलें उदक पोटांतच थारावल्लें. हेर सगळ्या आंगांनी तें खूबच सुकिल्लें. म्हजे अवैजकी नदरेक अशें दिसतालें. हे परिस्थितीचेर हांवें वैजकी पुस्तकां वाचूंक नाशिल्लीं. कांय दिसांपसून हांवें तीं पुस्तकां वाचपाचेंय सोडिल्लें. तांच्या आदारान प्रस्न विचारल्यार कांय डॉक्टरांक तांच्या कामांत हांव ढवळाढवळ करतां अशें दिसतालें आनी दुयेंसाविशीं म्हायती आसली जाल्यार म्हाका प्रस्न विचारलेबगर रावं नज जातालें.

''नीता, तुका हॉस्पिटलांत व्हरूं?'' हांवें विचारलें.

''म्हाका आतां कांयच सांगचेलें ना. म्हजी कांयच इत्सा बाकी उरूंक ना. तुमकां स्वताक बरें दिसपाखातीर जें करपाचें आसत तें करात.'' ताणें म्हळें.

डॉ. अ.न डॉ. ब.क फोन करून मत विचारलें. ताणेंय तेंच म्हळें - ''नीताच्या आवयबापायची इत्सा आसत जाल्यार ताका हॉस्पिटलांत व्हरात. हांव थंय वतां.''

नीताक आतां सतरां वर्सां जाल्लीं देखून डॉ. ब.च्या वॉर्डांत ताका प्रवेश मेळप शक्य नासलें. किडनी स्पेशालिस्टाच्या वॉर्डांत ताका दाखल करपाचें आसलें. दनपरां तीन वरांचेर ॲम्ब्युलन्स आयली. म्हजे आवय-बापूय सकाळसावन हजर आसले. शेजारची मीनाबेनय आदार करूंक आयली. तिणें हॉस्पिटलांत गरजेच्यो त्यो सगळ्यो वस्तू बॅगेंत भरल्यो. तिणें नीताचो ताळो सुकत म्हणून तोंडांत घालपाखातीर एका थर्मासांत बर्फाचे कुडके भरले.

ॲम्ब्युलन्सांत नीताक ओंकूंक येत जाल्यार, ह्या विचारान तिणें म्हजे शिवणीच्या मशिना म्हऱ्यांत सुतां आनी फाळयो उडोवंक दवरिल्लो प्लास्टीकचो बॉक्सय घेतलो. ''अल्पाचो कांयच हुस्को करुं नाकात. तें शाळेंतल्यान येतकच हांव ताका हॉस्पिटलांत घेवन येतां'' अशें म्हणून ती आमकां ॲम्ब्युलन्सामेरेन पावोवंक आयली.

नीतान घराकडेन एकूय नदर घालीना. ताच्या वस्तूंखातीर कांयच सूचना जावं वेवस्था केली ना. ताणें आतां सगळी मोहमाया सोडिल्ली.

ॲम्ब्युलन्साच्या जनेलांतल्यान तें भायर पळयतालें आनी हांसतालें. थोड्या वेळान ताणें म्हळें, ''चला, ह्या निमतान तरी लांब ड्रायव्ह मेळ्ळो. फाटलो म्हयनोभर हांव घरांतच आशिल्लें.''

हॉस्पिटलांत कूड थारावन आमची वाट पळयत म्हजो देर उबो आशिल्लो. व्हडलो देर आनी जाव लंडनासावन येवपी नणंदेक हाडपाक विमानतळाचेर गेल्ले. एक खीणय वगडायनासतना आमी आमचे कुडींत पावलीं. कांय खिणांतच किडनीचे डॉक्टर आयले. तांणी नीताक विचारलें, ''नीता, हाऊ आर यू?''

''व्हॅरी फायन, थँक यू डॉक्टर.'' अशें म्हणून तें मुमुरखेंशें हांसलें. ताका लागून डॉक्टर फटवले.

''नीता, हांव मातसो शेजारचे कुडींत एका दुयेंतीक पळोवन रोखडोच येतां.'' अशें म्हणून नर्सीक थोड्यो सुचोवण्यो दिवन ते भायर सरले. नर्सीन नीताची पल्स पळयनाफुडें धांव मारली. आनी रोखडेच डॉक्टर आनी तांचे दोन मदतनीस धांवत आयले. नीताचें ब्लड प्रेशर सामकें सकयल गेल्लें. डॉक्टर्स आनी नर्सेसची धांवपळ सुरू जाली.

नीताच्या नाकांत ऑक्सिजनाची नळी आसली. हातांत तीन सुयो तोंपिल्ल्यो - प्लाझ्मा, ग्लुकोज आनी सोडियमच्यो. हे सगळे पदार्थ शरीरांत गेले उपरांत ताच्यांत चेतना आयली. ताणें पयलीं डॉक्टरांच्या प्रस्नाची जाप दिल्ली तेन्ना ताच्या आवाजांत शक्त नासली. पूण आतां तें मातशें व्हडान उलोवंक शकतालें.

डॉक्टरांच्या कामांत आडखळ जावंची न्हय म्हूण हांव नीताचे बाज्जेपसून मातशें पयस एका कदेलाचेर बशिल्लें. नीतान म्हाका म्हऱ्यांत आपयलें आनी म्हळें, ''मम्मी, तूं इतल्यो सुयो आनी नळयो पळोवन भियेवं नाका. म्हाका कसलीच वेदना जायना. आयज हांवें तुजो हात दी अशें खंय म्हळां? म्हाका मातपसून भंय दिसूंक ना. हांव खूब खोशयेंत आसां. तूं तुजेर लक्ष दवर.''

''नीता, आतां पुरो. तूं खूब उलयलें. आतां थोडो विसव घे.'' डॉक्टरान म्हळें.

''डॉक्टर, आतां म्हाका इल्लेंच उलोवंचें आसा. मागीर हांव विसवच घेवपाचें आसां.'' ताणें म्हळें.

डॉक्टरांनी ताचे उपरांत कांयच हरकत घेतली ना. ताचें उलोवप चालूच उरलें. ''मम्मी, आयज एक ऑगस्ट न्हय? फाल्यां अनीताचो वाडदीस. म्हजे वतीन ताका शुभेच्छा सांग. प्रॉमिस? आनी क.क फीचे पयशे दिवंक विसरूं नाका. पयशांखातीर ताचो अभ्यास थांबूंक नाका. पळय, हें सगळें म्हजेंच, तुज्या नीताचेंच काम. विसरूं नाका. मम्मी, तूं जतनाय घे. हांव खूब सुखी

आसां... हांव खूब सुखी आसां...'' अशें म्हणीत ताची जीब एकदमच काळीनिळी पडली.

हांवें हो फरक पडिल्लो पळयलो आनी म्हज्या शेजराच उबो राविल्ल्या डॉक्टरानय पळयलो. ''नीता, नीता, तोंड उगड, तोंड उगड...'' अशें आड्डून तांणी आपणालीं बोटां ताच्या तोंडांत घालपाचो यत्न केलो. पूण जीब काळी निळी पडले बराबर ताचे ओंठ घट मेटले, दोळे वयर गेले आनी पापण्यो सकला आयल्यो. हात एकदां वयर जावन सकला पडलो आनी तातूंत तोपिल्ल्यो सगळ्यो सुयो सुटल्यो.

एका खिणांत सगळें सोंपलें. आमचो सतरा वर्सां आठ म्हयन्यांचो संबंध एका खिणांत सोंपलो. हांव कदेलांत सुन्न जावन पडलें. ''आई, म्हजें नीता म्हाका सोडून गेलें. आयज ताका म्हज्या हाताची गरज पडली ना. आमचे सतरा वर्सांचे संबंध तोडून गेलें.''

''उषा, तूं हें कितें उलयता? इतलें ल्हान भुरगें तुका हिंमत दितालें आनी तूं आतां अशें रडत बसता? हें तुका सोबता तरी?'' आई म्हाका म्हणटाली. नीता व्हडल्या आवाजान उलयलें म्हूण आईक दिसलें की ताची स्थिती आतां सुधारत आसा. तिका समजूंक नाशिल्लें की तो नीताचे जीवनज्योतीचो निमणो उजवाड आशिल्लो.

नीताच्या चारूय वटांनी धा डॉक्टर्स आशिल्ले. एकटो ताच्या काळजाक मालिश करतालो, तर दुसरो कृत्रिम श्वासोच्छ्वास दितालो. ॲनेस्थेसिस्टान नीताच्या पांयांक पोसोभरून स्पिरीट चोळ्ळें. काटुपणान न्हय, हात सोडून. पूण तें सगळें पळोवपाक जावं समजपाक नीता केन्नाच जागें जालें ना.

ॲनेस्थेसिस्ट सूय तोंपपाक सजीव शीर सोदताले, पूण सूय ताच्या आंगांत भितर सरपाक तयार नासली. ते निर्जीव सुयेच्या मनांत लेगीत दया उप्राशिल्ली. ती म्हणटाली जावंये, ताणें खूब सोंसलां, आतां ताका विसव घेवं दी.

दुसरे डॉक्टर इलेक्ट्रीक शॉक दिताले. रमेशय डॉक्टरांवांगडा धांवपळ करताले. नीतान म्हाका ताचे म्हन्यांत आपयल्लें तेन्ना ते कुडींत नाशिल्ले. ते कांय वखदां हाडपांत वा कोणा डॉक्टराक सोदपांत गुल्ल आशिल्ले. अशे सगळे उपचार चालू आशिल्ले देखून आईक दिसलें की नीता अजून जिवें आसा.

''आई, म्हजें नीता आतां म्हाका निमणो नमस्कार करून गेलां. मम्मी, हांव सुखी आसां, तूं तुजो सांबाळ कर.'' आईक इतलें सांगून, कांयच सुचना जावन हांव माक्नाभाशेन नवकार (जैनमंत्र) जपूंक लागलें.

सगळ्यांत पयलीं मांय आयली. थोड्याच वेळांत हॉस्पिटलांतली कूड सगळ्या आप्तांनी भरून गेली. हांव कदेलांत निश्चल बशिल्लें. हांवें नीताच्या मृत देहाक 'म्हजें नीतू, म्हजें नीतू' म्हणून वेंगायलें ना. कदेलांतल्यान उठून परतें ताका पळोवंक लेगीत गेलें ना. खऱ्यांनीच, आमचे दोन आत्म्यांचे संबंध आशिल्ले, शरीराचे न्हय. काय हांव मरणाक भियेतालें?

म्हाका मरणाक आपणावपाचें नाशिल्लें. ताच्या थंड स्पर्शाक हांव भियेतालें. म्हाका ताचेपसून पयस रावपाचें आशिल्लें. कारण, म्हाका म्हज्या काळजांत राखून दवरपाचो आसलो

तो म्हज्या नीताचो हुनहुनीत स्पर्श, ताची जिवी तट्‌टटीत लागसाण आनी ताचो वांगड. आनी तरीय हांव जपतालें, 'नीता गेलें, म्हजें नीता गेलें, म्हाका सोडून गेलें.'

मीनाबेन अल्पाक घेवन आयली. नीताक, जिव्या नीताक मेळूंक. अल्पान म्हाका हात धरून उबें केलें. ''मम्मी, म्हाका नीताक पळोवपाचें आसा. चल म्हजेवांगडा.''

आमी ताचे बाज्जेकडेन उबीं रावलीं. अल्पा हात जोडून उबें आशिल्लें. हांवेंय ताचेभाशेनच केलें. ताणें प्रार्थना म्हळी. ताणें फुडें म्हळें, ''नीता, तूं खूब बहाद्दर आशिल्लें. कोणूच तुका बाबडें म्हणचे नात. तूं जंय आसतलें, थंय सुखीच आसतलें.'' (नीताक 'बाबडो' ह्या उतराची तिडक आशिल्ली.)

हांवेंय प्रार्थना केली, ''नीता, आपणाल्या जल्माजल्मांतल्या ऋणानुबंधाचे संबंध हांगाच सोंपचे. आदल्या जन्माची सुश्रुशेची उधारी फेडपाखातीर फुडल्या जल्मांत कोणूच दुयेंत पडूं नये. जर पुनर्जल्म आसत जाल्यार आमी परतीं इश्ट म्हूण लागीं येवंया.''

नीताचो इश्टिणींचेर खूब मोग आसलो. निमणे घडयेकय ताका इश्टिणींची याद जाताली.

हांवें ताका निमणे दोळे भरून पळोवन घेतलें. तें शांत न्हिदेंत आसलें. ताच्या चेऱ्याचेर वेदना जावं भंय हांचो मातूय मागमूस लेगीत नाशिल्लो. आशिल्ली ती शांत प्रसन्नताय.

आप्तांभायर हेर लोकय येवंक लागिल्ले. कोण जाती ज्ञातीचे तर कोण इश्टागतीच्या संबंधान. एकान सुचयलें की नीताच्या कानांतलें काडून घेवचें. दुसऱ्यानय हयकार दिलो. इतल्या दुखखांतय म्हज्यांत जोर आयलो. हांव रोखडेंच उबें रावलें आनी म्हज्या बापायक आनी ज्योतीच्या घोवाक म्हळें, ''पळयात, सारकें लक्षांत दवरात, हांचेपैकीं कोणाकूच ताका हात लावंक दिवं नाकात. ताच्या कानांतलें काडपाचें ना. हांवें ताका तशें वचन दिलां. ताका हाणें-ताणें आफुडपाचें ना. हांवें ताका घराकडेन कोलनवॉटरान स्पंज केल्लो. आतां थंय स्पिरीटान परतो एकदां स्पंज जाला. आतां ताका कोणेंच हात लावपाचो ना. न्हाण बी कांयच घालपाचें ना. हांवें म्हजे मांयक आनी आवयक सांगलें, ''म्हाका आतां घरा वचपाचें आसा. आतां म्हजी कोणाकच गरज ना. म्हजें काम सोंपलें. हे उपरांतचे सगळे वेव्हार तुमी सांबाळात.''

थंयच्या वातावरणान आनी गर्देन म्हाका कोंडिल्लेवरी जातालें. म्हाका जाणविकाय आसून लेगीत डॉक्टरांकडल्यान आयकुंचें नाशिल्लें की नीताक एस्.एल्.ई.च आसा. तेचप्रमाण म्हाका आयकुपाचें नासलें की 'नीता गेलें, नीता गेलें.' म्हाका अशा कटू सत्यापसून पयस धांवपाचें आसलें. म्हाका घरा वचंपाचें आसलें जंय सगळ्या कोनशांनी भरून आशिल्लो तो नीताचो सतरा वर्सांचे जिणेचो उगडास.

हांव, अल्पा, मीनाबेन, ज्योती, लंडनासाकून निकतीच आयिल्ली म्हजी नणंद (जी नीताक मेळूंक पावली ना) आनी म्हजे दुसरे कांय आप्त घरा आयले. जानकीक व्हडलो धक्को बसलो. जायत्या वर्सांच्या दुयेंसाचें गंभीरपण तिका केन्नाच कळूंक नासलें. तिका अशेंच दिसतालें की नीता सुंदर दिसता, बाई (म्हळ्यार हांव) ताका बरे बरे कपडे शिंवतां म्हूण ताका दिश्ट लागली.

'तुमचो शिकिल्ल्या लोकांचो विश्वास नासत, पूण हांव ताची दिश्ट काडटलेंच' अशें ती म्हणी. नीतान तिचीं फकांडां केलीं जावं कितेंय विचित्र उलयलें तर कितेंय वायट जायत ह्या भंयान ती नीता न्हिदिल्ल्या वेळार ताची दिश्ट काड्टाली. "नीताक दिश्टच लागता, दुसरें कांयच ना. तुमचो ओगीच जीव भियेता आनी तुमी रडटात." म्हज्या दोळ्यांत दुकां पळयतकच ती अशें म्हणी.

अमेरिके सारक्या सुशिक्षीत देशांत लेगीत लोक "ल्युपस? हो कसलो रोग?" अशें विचारतात जाल्यार जानकी सारके शिकूंक नाशिल्ले बायलेक हें कशें समजुचें? म्हजेकडेन तितलो धीर जावं वेळ तरी खंय आशिल्लो?

जानकीचें रडप आयकून शेजारीपाजारी धांवत आयले. कांय लोकांक तर नीताक हॉस्पिटलांत व्हेल्ल्याची खबरय नासली. एक म्हयन्यापसून तें घरांतच आशिल्लें हाचीय कांय जाणांक कल्पना नाशिल्ली. तें सुटयेंत सदांच बरे बरे कपडे घालतालें आनी इश्टिणींवांगडा भोंवतालें. इंजीनियरींग कॉलेजांत ताका प्रवेश मेळिल्लो. ताका आनी असलो असाध्य रोग जाला हें कशें लक्षांत येतलें? सगळ्यांकच हो आश्चर्याचो धक्को बसलो.

अल्पा म्हाका चिकटून आशिल्लें. तें म्हाका सांसपितालें पूण हांव ताचे पसून पयस रावंक सोदी. म्हाका आतां कोणाचीच माया लावन घेवपाची नाशिल्ली. म्हाका खूब भंय दिसतालो, विरहाखातीरच ही माया लागिल्ली काय कितें?

स्मशानांतल्यान दादले परते आयले. रमेशाक तर खूबच व्हडलो धक्को बशिल्लो. हांव तांचें सांत्वन करपाचो यत्न करतालें. "आमी अशें समजुंया की तें अभ्यासाखातीर परदेशाक गेलां..."

ताणें रोखडेंच म्हळें, "उषा, तूं घडये आपणाली तशी फटवणूक करूंक पावत, पूण हांव, ज्या हातांनी ताका पाळण्यांत न्हिदयल्लें, त्याच हातांनी ताका अग्निशय्येंत दवरून आयलां, ह्या म्हज्या हातांनी, म्हज्याच हातांनी..."

ताका धीर दिवपाबदला हांव म्हंजोय धीर शेणोवन बसलें. अल्पाक ताच्यो मावळणी, मावश्यो भितल्ले कुडींत व्हरपाचो यत्न करताल्यो. पूण तें म्हाका सोडूंक तयार नासलें. ताका आपयताल्यो तशें तें म्हाका चडच चिकट्टालें. तें म्हणटालें, "हांव खंय रडटां? हांव शांत बसलां न्हय?" मध्यरातीचें न्हिदेंतलें उठून तें एकदमच रडूंक लागलें. ताणें म्हाका म्हळें, "मम्मी, हांव खूब ल्हान आसां. मरण म्हळ्यार कितें तें म्हाका खबर नासलें. हॉस्पिटलांत नीता म्हजे समोरच न्हिदिल्लें. म्हाका ताका आपोवंक येतालें, ताका सांगूंक येतालें. आतां समजलें की हाचेफुडें हांव ताचेकडेन केन्नाच उलोवंक पावचें ना. आयज सकाळीं हांवें ताका 'आवजो' लेगीत म्हणूंक नासलें. आयज स्कूलबसचो हॉर्न वाजलो तो आयकून हांवें धांव माल्ली. मम्मी, आयज म्हाका ताका शाळेंतल्यो कितल्यो तरी मजेच्यो गजाली सांगपाच्यो आशिल्ल्यो." इतलें उलोवन ताणें बाज्जेवेल्यान उठून, कपाटांतल्यान एक ल्हान डबी भायर काडली आनी ताणें म्हळें, "मम्मी, म्हाका हांसू नाका. हांव तुका कितें दाखयतां." ते सुपुल्ले डबयेंत दोन केंस आनी एक रंगयल्लें नाखूट आशिल्लें. आयज सकाळींच नीतान ताचें कापन घेतिल्लें नाखूट. एखादें नाखूट खंयतरी पडिल्लें जावंये.

WORLD KONKANI LIBRARY

Accn No: 001098

"मम्मी, हे केंस ताचे बाज्जेर मेळ्ळे आनी हें नाखूट ताचे बाज्जे सकयल." ताणें हो ऐवज एकठांय करून बाळगून दवरला हें आमकां कोणाकच कळूंक नाशिल्लें. नीताचो एक फोटो आनी ती डबी आपणाले बाज्जे लागसार टेबलाचेर दवरून तें परतें न्हिदलें. हांव ताचे फाटीवेल्यान हात भोंवडावंक लागलें. नीता दुयेंत आसतना खूब तेंप हांव अल्पाची अपुरबाय करूंक पावंक नाशिल्लें. केन्नाय रमेशाक नीतालागीं बसोवन हांव ताका लागीं ओडी आनी ताका सांसपी. तेन्ना तें रोखडेंच म्हणी, "मम्मी, म्हाका खबर आसा गे, तुजो म्हजेर मोग आसा म्हणून. नीता बरें जालें न्हय, मागीर तूं म्हजी अपुरबाय कर." म्हाका ही याद जाताली आनी हात माक्नाभाशेन अल्पाचे फाटीवेल्यान भोंवतालो. पूण भग्न काळीज ताका थांबयतालें - "तूं माया-ममता वाडोवं नाका, वाडोवं नाका."

दुसऱ्या दिसा, सकाळपसून लोक येवंक लागिल्ले. नीताक इंजीनियरिंग कॉलेजांत प्रवेश मेळ्ळा त्या निमतान जे सगळे पार्टेखातीर विचारताले, ते सगळे आयज धवे कपडे घालून आपूण जावन आयिल्ले.

शाळेंतल्यान नन्स, शिक्षिका आयिल्ल्यो. "आमी वर्सां कणकणीं कितल्या तरी विद्यार्थ्यांक शिकयतात. तरूय आमी नीताक विसरूंक नात. तुमी ताका कशीं विसरतलीं?"

नीताचे आवडीची आपटेबाईय आयली. "म्हाका कालच खबर कळ्ळी. पूण ताचे मेल्ले कुडीक म्हाका पळोवपाचें नासलें. म्हाका म्हज्या नीताक, फुडल्या बांकार बसपी, सदांच हांसत्या मुखामळाची, तेजिश्ट चली म्हणूनच तकलेंत दवरपाचें आसा." आपटेबाईंक आपणालीं भुरगीं नात. ती नीताचो खूब मोग करताली.

वर्साच्या शेवटाक नीताच्यो आदल्या वर्साच्यो बरयल्ल्यो चोपड्यो जायत्यो टीचरी आपणाकडेन दवरताल्यो. केन्नाय गैरहजर आसपी चलयांक मदत करपाखातीर त्यो दितालीं. केन्ना स्वच्छ आनी टापटिपीचो नमुनो म्हूण वर्गांत दाखयतालीं.

सध्याच्या विज्ञान उदरगतीच्या काळांत अशे भुरगे पिरायेचेर मरण हें सगळ्यांकच धक्को दिवपी आशिल्लें. चड करून ताचे पिरायेच्या इश्टीणींक. "आँटी, शुक्रारा तें कितलें खोशयेंत आशिल्लें. आमकां म्हणटालें, एका म्हयन्या उपरांत हांव कॉलेजांत वतलें... आमी इतलीं वर्सां वांगडा शिकलीं, पूण आमकां केन्नाच कळ्ळें ना की तें इतलें दुयेंत आसा म्हूण. तें उरफाटें आमकां दटायतालें की इतले भुरगे पिरायेर जर तुमकां वत सोंसना, धांप लागता, तर तुमी डॉक्टर कशीं जातलीं?"

"पंदरा दिसां पयलीं हांव तुमचेकडेन फ्रॉक घेवपाक आयिल्लें तेन्ना तें आपणाल्या इश्टिणींवांगडा चित्रां काडटालें. तुमी म्हाका केन्नाच म्हळेंना की तें इतलें दुयेंत आसा..."

नीता, तुजी याद सगळे लोक, तूं एक तडफदार, आनंदी आनी प्रसन्न, सदांच कामांत गुल्ल चली अशी करतात. तांणी अशी याद दवरची अशीच तुजी इत्सा आशिल्ली न्हय?

आमचेर मळब कोंसळून पडलां हाची जाणविकाय जावन, जे येवंक पावचे नात अशेय लोक आयिल्ले. वय जालां म्हूण जावं दुयेंसाक लागून जांकां आमचे तीन जिने चडपाची परवानगी नाशिल्ली, अशेय लोक आयिल्ले. आमचे यादींतल्यान सुटिल्लेय लोक आयिल्ले.

पम्मी आयलें. रमेश पयलीं ताका वळखलोच ना. मागीर ताच्या घोवाक पळयतकच ताका ताची वळख पटली, इतलें तें मुदार जाल्लें. तें सामकें अशक्त आनी बारीक जाल्लें. ताच्या दोळ्यां भोंवतणीं काळीं वर्तुळां जाल्लीं. गोबऱ्या पोल्यांचे सुवातेर खप्पडपण आयिल्लें. ताका पळोवन थोडो वेळ हांव म्हजें दु:खय विसरलें. घडये म्हाका दिसतालें तितलें हांव भावना विरयत जावंक नासलें.

हांवें म्हळें, ''पम्मी, तूं कित्याक वयर चडून आयलें? कित्याखातीर इतले जिने चडलें? हांव तुजे गाडयेंत तुका सकयल मेळूंक येतलें आसलें.''

ताणें रोखडेंच म्हळें, ''नीताक मेळूंक हांव आयलें ना. पूण आयज तुका मेळूंक येवपाचेंच न्हय हांवें? अशी साप्प व्यर्थ जीण जियेवपांत कितें अर्थ? नीता कशें निमणेमेरेन खरी जीण जियेलें. इंजिनियरींग कॉलेजांत प्रवेश लेगीत मेळयलो. फाल्यां मरण आसा जाल्यार आयज कित्याक इतले कश्ट घेवपाचे? तें तशें निर्शेवन मरणाची वाट पळयत बसूंक नासलें. तें तर ताचो वेव्हार करीतच उरलें. ताणें खऱ्यांनीच जियेवन दाखयलें.''

हांव पम्मीक जिन्यामेरेन पावोवंक गेलें. घडये आयज तें निमणे फावटी म्हज्या घरा आयिल्लें. ताका धरून चलपाकय जायनाशिल्लें. ताचो घोव ताचो हात धरून ल्हव ल्हव सपणां देंवपाक ताका आदार करतालो. कशे तरेन सपणां चडलीं आसत? ताचें शरीर मरत आशिल्लें, पूण ताचें चैतन्य तट्टटीत आशिल्लें. ताणें म्हज्या सुप्त भावनांकय जागरूकताय हाडिल्ली. घडये चैतन्य केन्ना पालवना.

इंदिरा, उषा, हर्षा, सुधा, नीरू, बिन्दू बी आयलीं. शाळेंत शिकतना आमी लागींच्यो इश्टिणी आशिल्ल्यो. पूण लग्ना उपरांत आमचें मेळप उणेंच जातालें. खंय तरी आपशींच मेळ्ळीं जाल्यार आमी एकामेकांचे टेलिफोन नंबर बरोवन घेतालीं, पूण ताचो उपेग केन्नाच जायनासलो. हें वायट घडूंक नाशिल्लें जाल्यार घडये जिणेंत आमी परतीं केन्नाच मेळूंक पावचीं नासलीं. खूब वर्सां जालीं, आमी एकामेकांक मेळूंक नासलीं. तांचेपैकीं कांय जाणांनी नीताक पळोवंक लेगीत नासलें. तरीय ही दुर्घटना तांच्याच कुटुंबांत घडिल्लेवरी तांचें वागप जालें.

जिणेचो कितें भरवंसो आसा? आपल्याक दिसता की हीं आमचीं भुरगीं, तांचेविशीं आमी कितलीं सपनां रंगयतात. पूण आमच्या हातांत कांयच आसना. हें तर तुमकां आनी आमकां दर्यांतच सोडून गेलें. हे पिरायेचेर चलयो आपणाल्यो इश्टिणी आसतात, साथी-सांगाती आसतात. केन्ना केन्ना उपदेशकय आसतात. आतां गोदड्यो, लंगोट्यो बदलपाची अवस्था तर हांवें केन्नाच घालयल्या. आतां परतें थंयसाकून सुरवातय करप कठीण. अल्पाय सांगातीबगर जालां.

लोक येताले. आपापले परीन दु:ख उकतायताले. मंगळारचो दीस सोंपलो आनी रात जाली. अल्पाक न्हीद लागनासली. ताच्या मनांत तरेकतरांचे विचार येताले. ताका खूब विचार धोंसताले.

''मम्मी, आत्म्याचो संबंध आनी पुनर्जल्माचेर तुजो विश्वास आसा? नीता जंय आसतलें, थंय सुखांत आसतलें आनी परती आमची भेट जातली अशें म्हाका दिसता. परतो एक दुबाव येता, जेन्ना लॅबोरेटरींत भुरगीं जल्माक येतात तेन्ना पुनर्जल्म आनी आत्म्याच्या अमरपणाच्यो

गजाली फट थारतात.'' ताणें म्हळें.

ताका पुनर्जल्माचेर विश्वास दवरपाचो आशिल्लो. तेखातीर ताका म्हजी मदत जाय आशिल्ली. हांवें यत्न केलो. ''कांय भुरगीं सामकीं ल्हानपणापसून कठीण श्लोक म्हणून दाखयतात, तर कांय भुरगीं कम्प्युटराप्रमाण थोड्या खिणांभितर व्हडल्या आंकड्यांचें गणित करून दाखयतात. ताचेफाटल्यान आदल्या जल्माची कांय साधना आसूं येता.''

''रीडर्स डायजेस्टांत 'ॲरिगो'विशीं तुवें वाचलांच. (एका मेल्ल्या डॉक्टराचो आत्मो ताच्या शरिरांत रिगतालो, तेन्ना ॲरिगो नांवाचो एक सादो मेस्त साद्या चाकवान कुस्तार शस्त्रक्रिया करी.) लॅबोरेटरींत जल्म जालो म्हणजे पुनर्जल्माचो सिद्धान्त फट जायना.'' नारदमुनीचे मांडयेंतसून उप्राशिल्ली उर्वशी, धर्तरेची चली सीता, वर्जीन मॅरीक जाल्लो जीझस, पांच पांडवांचो जल्म, गणपतीची उत्पत्ती, महावीर स्वामींच्यो माता त्रिशलादेवी हांचें जाल्लें गर्भपरावर्तन आदी धार्मिक पुराणांतलीं उदाहरणां हांवें ताका सांगलीं. ताच्या मनाचें समाधान जालें काय ना, हें म्हाका कळ्ळें ना. पूण ताका न्हीद लागली इतलें खरें.

दुसऱ्या दिसा जागें जातकच ताणें म्हाका म्हळें, ''मम्मी, हांव तर नीताक वळखतां. ताच्या फुडल्या जल्माच्या नव्या रुपाक हांव कशें वळखतलें? नीताच म्हजी भयण आशिल्ली. ताची सुवात आतां कोणूच घेवंक पावंचो ना. ताचो नवो अवतार लेगीत ना.''

अमेरिके सावन भाव आयलो. अहमदाबाद आनी दिल्लीसावन इश्ट आनी आप्त आयले. आश्रमाच्यो चलयो आनी कार्यकर्ते आयले. नीताच्यो इश्टिणी आयल्यो. दिसान दीस मनशां येतालीं. दिवाणखानो भरून वतालो. पूण नीता बगर तो रितो आशिल्लो. अल्पाची म्हणणी खरी आशिल्ली. फुडल्या जल्माची कोणाक खबर आसा? आयज तर म्हजें चली म्हाका ना जालां.

रमेशाक खिणाखिणाक नीताची याद येताली आनी ताचो जीव तळमळटालो. तो खूब बारीक जाल्लो. तो धार्मिक आनी तत्त्वगिन्यानाविशीं पुस्तकां वाचूंक लागिल्लो. पूण तातूंतय ताच्या मनाक शांतता मेळनासली. कोणेंय जर सुचयलें 'तुमी आतां नीताक विसरपाचो यत्न करात, मन दुसरे गजालींत लायात', तर ते रोखडेच म्हणी, ''कित्याखातीर हांवें ताका विसरपाचें? तें यादस्तींत दवरपा सारकेंच चली आसलें आनी म्हजी तर ती धूव आशिल्ली.''

हांव म्हणी, ''देवान अशें व्हरपाचेंच आशिल्लें जाल्यार तें ताणें म्हाका दिलेंच कित्याक?''

रमेश रोखडोच म्हणी, ''नाका नाका, अशें म्हणूं नाका. सतरा वर्सां तें सुखदिणें आशिल्लें. तुवें तर ताचो आस्वाद घेतलाच. सदांच रिते जिणेपरस सुख दिवपी यादींनी भरिल्ली जीण बरी.'' पूण नीताच्या यादींनी तो रडतच उरलो.

नीताक वचून एक म्हयनो जाल्लो. रमेश ऑफिसाक गेल्लो. तो हालीं उसरां वतालो. म्हजे वांगडा जेवन वतालो. गरज म्हणून वतालो, पूण ताचें लक्ष कामांत लागनाशिल्लें. अल्पा नेमान शाळेंत वतालें आनी अभ्यास करतालें. कदेलांत सरळ बसून. हांतरुणाचेर पडून वाचपाची संवय ताणें सोडिल्ली. शाळेंतसून येवन तें रोखडेंच कपडे बदलतालें, हातपांय धुवन स्वच्छ जातालें. नीताच्यो बऱ्यो संवयी ताणें आपणायल्ल्यो. नीताची एकय गजाल पेल्यान दवरपाक तें दिनासलें.

''मम्मी, व्हडा नामनेच्या मनशांच्या वस्तूंखातीर संग्रहालय करतात तशें आमच्या घरांत आमच्या नीताखातीर एखादो कोनसो करुंया? म्हज्या मतान तें खूब व्हड आशिल्लें, आनी म्हजें आवडटें आशिल्लें.''

''बरोबर. जशी तुजी इत्सा.'' हांवें म्हळें. उपरांत ताणें नीताचें नांव चडशें घेतलेंना. पूण जेन्ना तें एखादो लेख वाची जावं नवीं सवणीं पळयतालें तेन्ना ताचे दोळे भरून येवंचे. तें घरांत आसतालें तितलो वेळ तें सामकें म्हजेर नदर दवरतालें.

अल्पा शाळेंत गेल्लें. निमणे सोयरे आयजच सकाळीं गेल्ले. हांव घरांत एकटेंच पडिल्लें. शिवणीच्या माक्नांत तेल तरी घालुंया, हांवें मनांत म्हळें आनी माक्नालागसारच्या कदेलाचेर बसलें. माक्ना म्हऱ्यांत सुतां-फाळक्यो बी उडोवपाखातीर दवरिल्ली पेटी थंय नाशिल्ली. नीताक ॲम्ब्युलन्सींत ओंकूंक आयलें जाल्यार तेखातीर ती पेटी बरोबर घेतिल्ली. ती पेटी आमी हॉस्पिटलांतच दवरून आयिल्लीं. नीताकय थंयच सोडून आयिल्लीं.

हांव अचकित रडूंक लागलें. हुंडक्यांनी रडलें. खूब खूब रडलें. आयज म्हजेर पारो करपी कोणूच घरांत नाशिल्लो. हांव एकटेंच आशिल्लें. जानकीय दळण हाडपाखातीर गिरणीर गेल्ली. 'मम्मी, तूं एकटी-एकमुळी कितें करतली?' ह्या नीताच्या प्रस्नाची म्हाका याद जाली. दिसान दीस बुजवण करूंक लोक येताले आनी तरातरांच्यो सुचोवण्यो करताले. ईश्वराची भक्ती कर. ध्यानाक बस, समाजसेवा कर. तर कांय जाण म्हणटाले, भोंवंक वच, भायल्या गांवांत वच. घरांत तर नीताची याद येतलीच. एकलो मनीस, जाचीं तिनूय भुरगीं भायर पडिल्लीं, म्हणपाक लागलो; ''आमचेकडेन पळय, आमचीं तिनूय भुरगीं गेलीं. आतां आमी आमचे परस चड दुख्खी आशिल्ल्यांकडेन पळोवन दीस धुकलपाचे.''

ईश्वरान सगळ्यांक सुखी दवरचें. दुसऱ्यांच्या दुःखांतल्यान म्हाका बुजवण मेळोवपाची नाशिल्ली. निरस, निश्क्रिय, व्यर्थ जीणय म्हाका नाका आशिल्ली. नीताचे आवयक तें सोबचें नाशिल्लें. तरीय आयज खंयच लक्ष लागना. नीताची खूब याद येता. ताका विसरचो यत्न करिनासतना, हांव ताचें स्मरण करीत बसतां. ताची जीण परतून एकदां चलचित्रपटाप्रमाण यादीच्या पटाचेर नियाळून घेतां.

ताणें कितले कोडू घांस पचयले. निर्शेणीक आनी कोडूपणाक ताणें आपणाले जिणेंत रिगूंक दिलें ना. ताचे कितले तरी बेत ताका मर्दींच सोडचे पडटाले, तरूय तें परतून नवे बेत आंखून, ते साकार करपांत गुल्ल जातालें. ताच्या त्या रसरशीत चैतन्यान पम्पीच्या चैतन्याक रसरशीत दवरिल्लें. आनी पम्पीच्या चैतन्यान म्हजे सुप्त भावनेक जागृत केलें. चैतन्य अमर आसता. तें स्वरूप बदलता, पूण नश्ट जायना.

केन्ना केन्ना निर्फळतेचे भावनेन हताश जावन हांव म्हणटालें, ''म्हजी सगळी मेहनत फुकट गेली. हांवें म्हजी शक्त फुकट घालयली.'' पूण नीता रोखडेंच म्हणटालें, ''शक्त केन्नाच फुकट वचना. तिचें रुपांतर जाता.'' मागीर तें देख दितालें, ''खळखळ व्हांवपी उदकाक आडावन बांद घालतकच ताचो धबधबो जाता आनी तातुंतल्यान वीज उत्पन्न करूं येता. ती वीज मागीर कितल्या

तरी गांवांक उजवाड दिता.''

आयज हांवें ताचें जीवनचित्र पळयलें. खळखळ करपी वझरो तो. जीवनप्रवाह म्हळ्यार प्रेरणांचे झरेच दिसले. मरणाच्या धरणाक त्या चैतन्याक आडावंक जालें ना.

नीता, हांव आतां तुका सांगतां, हांव एकटें एकमुळें कितें करतलें? तुका तुज्या हांसकुऱ्या चेऱ्याचें, तुजे धडाडीचें, तुजे जिणेच्या उत्साहाचें हांव स्मरण करतलें. तुज्या वियोगाच्या दुःखाक हांव म्हज्या मनांतल्यान पयस करतलें आनी ताका लागून म्हजो भविश्यावेलो अविश्वास ना जातलो. हांव अल्पाचेर तितलोच मोग करतलें. आश्रमाच्या चलयांक म्हऱ्यांत काडटलें. ...रसरशीत सक्रीय उपेगी जीण जियेतलें.

...ज्या हांसत्या मुखामळाचो उगडास काडटलें. सतरा वर्सांच्यो तुज्यो गोड यादी आनी तुज प्ररणा दिवपी जिणेचें स्मरण करतलें. आनी हांव म्हज्या एकमुळेपणांतल्यान नक्कीच भायर सरतलें.

आयज मेरेन हांव तुज्या ह्या प्रेरणा दिवपी स्वरुपाक केन्नाच वळखलें ना. म्हणूनच त्या दिसा, तुज्या जिविताच्या निमण्या खिणाचें स्मरण जातकच हांव तुजेर रागार जाल्लें. तुवें म्हजो हात सोडिल्लो. तुका म्हजी गरज नाशिल्ली, अशी जाणविकाय जातकच म्हजो अहंभाव दुखावल्लो. पूण दुसऱ्याच खिणाक म्हाका उमगलें की ती जाणविकाय नाशिल्ली, म्हजें अज्ञान आशिल्लें. म्हाका गरज आशिल्ली तुज्या हातांची. ते नाशिल्ल्यान हांव निराधार जाल्लें. म्हजी जीण रिती जाल्ली. आदीं अहंभाव दुखावल्लो. मागीर भावना. तूं म्हजें नीतू, अशें अकस्मात सोडून गेलें?

ना, ना. तें जावंकच नज. तुवें म्हजो हात सोडिल्लो, पूण वांगड सोडूंक नासलो.

हें बरयतां बरयतां म्हजीं बोटां दुखूंक लागलीं. फाट धरली. मेंदू थकलो.

आतां हाचेफुडें म्हाका बरोवंक जावंचें ना. आयज ना. फाल्यां ना. हे फुडें केन्नाच ना.हें काम म्हजें न्हय.

हांवें मेजार पेन दवरलें आनी बरोवपांतल्यान लक्ष भायर काडलें जाल्यार तूं मुखार हांसतालें, तुजे दोळे लिकलिकताले. तूं म्हणटालें, ''आगे, जालें इतल्यानूच तुका पुरो? म्हज्या दुयेंसाची पर्वा करिनासतना हांव कदेलाचेर ताठ बसून वरांचीं वरां वाचतालें, बरयतालें.''

म्हाका म्हजीच लज दिसली. हांवें पेन हातांत धरलें आनी फुडें बरोवंक लागलें.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1314

A

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: म्हजें नीता
Mhajem Neeta

YEAR: 2007

AUTHOR: प्रो. उषा शेठ

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

c. No. ____________

Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.

Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

सुधा सुरेश आमोणकर

जल्म : म्हापसा (४-७-१९३९)

१९६१ ते २००० मेरेन शिक्षणिक मळार वावर.

न्यू गोवा हायस्कूल, म्हापसा, (आतांचें जी. एस्. आमोणकर विद्यामंदीर) ह्या विद्यालयाची मुख्याध्यापिका. विमेन्स कॉपरेटिव्ह सोसायटी -पणजी, महिला दक्षता कमिटी, ऑलइंडिया रेडियो-ॲडवायझरी कमिटी, गोवा शिक्षणमंडळ आदि संस्थांनी वावर.

शिक्षणीक मळावयल्या मोलादिक योगदानाखातीर, १९९७ वर्सा भारत सरकारचो राश्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार. 'आत्म्याचें संगीत' ह्या लघुनिबंध संग्रहाक कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय हे संस्थेचो २००३ वर्साचो पुरस्कार फावो जाला.

'आनंद तरंग' ह्या लघुनिबंध संग्रहाक गोवा कलाॲकॅडमीचो २००५ वर्सा चो पुरस्कार फावो जाला.

'जीवनरंग' (२००७) हो मराठी लघुनिबंध संग्रह प्रसिद्ध.